

# श्रीमद् वाल्मीकि रामायण

## ॥ श्री सीतारामाभ्यां नमः ॥

## युद्धकाण्ड

## अध्याय 1

हनुमंताले निवेदन आयकून श्रीरामाले मनांतलो भार उतरलो आनि अत्यानंद जालिल्यान ताणें ते वीर वानराक मोगान आलिंगन दीवनुं म्हळें, हनुमंता, तूंवे एक दुर्लभ आनि असाधारण असलें कार्य केलिलें आसा जें स्वप्नांतु सुद्धां शक्य जावचें दीसना. गरूडाक सोडल्यार समुद्रोल्लंघन करचें अन्य कोणांकयि शक्य आसा अशें दीसना. देव दानवांक किंवा यक्ष गन्धर्वांक सुद्धां रावणान सुरक्षित दवरिलि लंका प्रवेश करचें अशक्य आसा, तें हनुमंतान करनुं दाखयल्यां. राक्षसांनि रक्षण केलिलें आनि रावणान सुरक्षित दवरलि लंका हनुमंताले शिवाय अन्य कोणांकयि प्रवेश करचें शक्य ना. सुग्रीवाक हनुमंतान एक श्रेष्ठ कार्य स्वबळान केलिलें आसा. जो सेवक सांगिल्लें कार्य कठीण आसल्यारियी सफलतेन पूर्ण करता, तो निश्चित श्रेष्ठ आसा. जो सेवक समर्थ आनि शक्य आसल्यारियी जें कार्य दिलिलें आसा तें तितलेंचि करता, तो मध्यम आसता. जो सेवक समर्थ आनि शक्य आसल्यारियी जें कार्य दिलिलें आसा तें करना तो अधम आसता -"यो हि भृत्यो नियुक्तः सन् भर्त्रा कर्मणि दुष्करे || कुर्यात्तदनुरागेण तमहुः पुरुषोत्तमम् | यो नियुक्तः परम् कार्यम् न कुर्यान्नऋपतेः प्रियम् || भृत्यो युक्तः समर्थश्च तमाहुर्मध्यम् नरम् | नियुक्तो नृपतेः कार्यम् न कुर्याद्यः समाहितः || भृत्यो युक्तः समर्थश्च तमाहुः पुरुष्धमम् |"

हनुमंताक लागून सीतेलो शोध घेवनुं रघुवंश, हांवु आनि लक्ष्मण सुरक्षित जाल्यारियी सीतेक शोधचांतु हांवु असमर्थ जालिलें आसा म्हण्णुं हांवु दुःखी आसा. तरीपुण हांवु हनुमंतालो आभार मानत कमींत कमिं आलिंगन दीवनुं आभार व्यक्त तरी करूं शकतां. हे तरेन सांगून श्रीरामान हनुमंताक लागीं घेतिलें. नंतर ताणें सुग्रीवाले दिशेन मान फिरोवनुं म्हळें, ज़री एक महान् कार्य पूर्ण करचांतु आमिं यशस्वी जाल्यारियी लंकेक वच्चे खातिर एक महान् सागर पार करचें आसा ही काळजी माका सतत सतयता. हो महासागर वानर सैन्य पार कशीं करताले म्हण्णुं चिंता मेगेलें मन खात आसा. एक बाजून सीतेलो शोध लागलो म्हण्णुं समाधान आनि दुसरे बाजून वानरांक सागर पार करचें साहस हे विचारांचि मन व्याकुल जालिलें आसा - "सर्वथा सुकृतम् तावत्सीतायाः परिमार्गणम् || सागरम् तु समासाद्य पुनर्नष्टम् मनो मम | कथम् नाम समुद्रस्य दुष्पारस्य महाम्भसः || हरयो दक्षिणम् पारम् गमिष्यन्ति समागताह् | यद्यप्येष तु वृत्तान्तो वैदेह्या गदितो मम || समुद्रपारगमने हरीणाम् किमिहोत्तरम् |".

हे तरेन श्रीराम शोकग्रस्त जालिलें पोळोवनुं सुग्रीव म्हणालो, एक साधारण मनुष्यातरेन विचार तूं कित्याक करता? सोड सर्व चिंता; तुगेलें मन धृढनिश्चित कर. सीतेलो शोध जालिल्यान अधिक चिंता करचि अवश्यकता उरलिं ना. तूं बुद्धिमान आनि शास्त्रांचे ज्ञान तुका आसा. देकून सामान्य मनुष्याले मनांतु येवचे तसले सर्व विचार मनांतल्यान समूळ उपटून काड. आमिं निश्चित सागर पार करताले, निश्चित रावणालो वध करताले. सर्व कार्य असफल जाता जर मनुष्य निरुत्साहित आनि चिंताग्रस्त आसता. हे शूर वीर वानर शक्तीन आनि सामर्थ्यान प्रतिबद्ध आसाचि. तुगे से खातिर प्रखर अग्नींतु प्रवेश करचाक सुद्धां सिद्ध आसाचि. तांगेलो आनंद आनि उत्साह पोळोवनु मेगेलो विश्वास द्विदुणित जालिलो आसा.

देकून लंकेंतु प्रवेश करनु रावणालो वध करनुं सीतेक मुक्त करचे तुगेलो निर्धार सतत निश्चित आसचाक जाय - "मतिमान् शास्त्रवित्प्राज्ञः पण्डितश्चासि राघव | त्यजेमाम् प्राकृताम् उद्धिं कृतात्मेवार्थदूषणीम् || संद्रम् लङ्घयित्वा तु महानक्रसमाकुलम् | लङ्कामारोहयिष्यामो हनिष्यामश्च ते रिपुम् || निरुत्साहस्य दीनस्य शोकपर्याकुलात्मनः | सर्वार्था व्यवसीदन्ति व्यसनम् चाधिगच्छति || इमे शूराः समर्थाश्च सर्वतो हरियूथपाः । त्वत्प्रियार्थम् कृतोत्साहाः प्रवेष्टुमपि पावकम् || एषाम् हर्षेण जानामि

तर्कश्चापि दृढो मम | विक्रमेण समानेष्ये सीताम् हत्वा यथा रिपुम् || रावनम् पापक्रमाणम् तथा त्वम् कर्तुमर्हसि |".

किंबहुना लंकेंतु प्रवेश करचे खातीर तूंवे पयलें ते सागरावयर सेतु खंयचे तरेन बांदचो हो विचार करचाक जाय. कारण रावणाक आमिं तेन्नांचि वध करूं शकताले जेन्नां लंकेक वचून युद्ध करू शकताले. सेतु बांदून लंकेक गेले शिवाय रावणाक पराजित करचें देवांक सुद्धां शक्य जावचें ना. देकून दु:ख करचें सोड कारण दु:ख शक्तिशाली ली मानवाकसुद्धां निर्बल करता. जें करचाक जाय तें कर कारण धैर्यान केलिलें कार्यचि अखेरीय यश प्राप्त करनुं दिता. तुगेले ज्ञान, सामर्थ्य आनि आमगेले मदतीन तूं निश्चित यशस्वी जातालो - "सेतुरत्र यथा बद्ध्येथा पश्येम ताम् पुरीम् || तस्य राक्षसराजस्य तथा त्वम् कुरु राघव | दृष्ट्वा ताम् हि पुरीम् लङ्काम् त्रिकूटशिखरे स्थिताम् || हतम् च रावणम् उद्धे दर्शनादवधारय |अबद्ध्वा सागरे सेतुम् घोरे च वरुणालये || लङ्का न मर्दितुम् शक्या सेन्द्रैरपि सुरासुरैः | तदलम् विक्लबाम् बुद्धिम् राजन् सर्वार्थनाशनीम् | पुरुषस्य हि लोकेऽस्मिन् शोकः शौर्यापकर्षणः || यत्तु कार्यम् मनुष्येण शौण्डीर्यमवलम्ब्यताम् | तदलम्करणायैव कर्तुर्भवति सत्वरम् || तत्त्वम् बुद्धिमताम् श्रेष्ठ  सर्वशास्त्रर्थकोविदः || मद्विधैः सचिवैः सार्धमरिम् जेतुम् समर्हसि |".

तुगेले समान धनुर्धारी तीन लोकांतु दिसचो ना, वानरांक दिलिलें कार्य असफल जावचें ना, सागर पार करनुं थंय तुका सीता दिसतालि. यथायोग्य क्रोध क्षत्रियांले भूषण आसता, अयोग्य क्रोध क्षत्रियांलें स्थैर्य कमिं करता. देकून निश्चित मनान विचार कर खंयचे तरेन सेतु बांदचो. पयलें प्रथम सेतु बांदचांतु आयलो कीं केलिलो प्रयत्न विजय प्राप्त करनुं दिवचाक परिवर्तित जातालो, हें निश्चित म्हण्णुं समज. जास्त कितें उलोवचें जेन्नां सर्व लक्षणं तुगेले विजयाचीचि घोषणा करत आसाचि - "न हि पश्याम्यहम् कम् चित्त्रिषु लोकेषु राघव || गृहीतधनुषो यस्ते तिष्ठे दभिमुखो रणे | वानरेषु समासक्तम् न ते कार्यम् विपत्स्यते |अचिराद्द्रक्ष्यसे सीताम् तीर्त्वा सागरमक्षयम् | तदलम् शोकमालम्ब्य क्रोधमालम्ब भूपते || निश्चेष्टाह् क्षत्रिया मन्दाः सर्वे चण्डस्य् बिभ्यति | लङ्घानार्थम् च घोरस्य समुद्रस्य नदीपतेः || सहास्माभिरिहोओपेतह् सूक्ष्मबुद्धिर्विचारय | लङ्घिते तत्र तैः सैन्यैर्जितमित्येव निश्चिनु || सर्वम् तीर्णम् च मे सैन्यम् जितमित्यवधार्यताम् | किमुक्त्वा बहुधा चापि सर्वथा विजया भवान् || निमित्तानि च पश्यामि मनो मे सम्प्रहृष्यति |".

सुग्रीवाले उत्रं आयकूनु श्रीरामाक समाधान जावनुं तो म्हणालो, तूं जें सांगता तें योग्यचि आसा. एक विचार हो सुद्धां मनांतु येता : कित्याक हांवे मेगेले तप साधनेन किंवा सागर पूर्णतरेन आटोवनुं सागराचें बन्धन तोड न्हंय? हनुमंत माका सांग लंकेंतु कितले क़िल्ले आसाचि, तांतूतले कितले कठीण आसाचि? कितले महल आसाचि, कितले राक्षससैनिकांनी सुरक्षा करत आसाचि? तूवें स्वत: पळयिलें आसा, सविस्तर वर्णन करनुं सांग - "तरसा सेतु बन्धेन सागर उच्चोषणेन वा | सर्वथा सुसमर्थो अस्मि सागरस्य अस्य लन्घने || कति दुर्गाणि दुर्गाया लंकायास् तद् ब्रवीहि मे | ज्ञातुम् इच्चामि तत् सर्वम् दर्शनाद् इव वानर || बलस्य परिमाणम् च द्वार दुर्ग क्रियाम् अपि | गुप्ति कर्म च लंकाया रक्षसाम् सदनानि च || यथा सुखम् यथावच् च लंकायाम् असि दृष्टवान् | सरम् आचक्ष्व तत्त्वेन सर्वथा कुशलो हि असि ||".

हनुमंतान श्रीरामाक लंकेचे रचना, क़िल्ले, राक्षससैन्य, अस्त्र, शस्त्र इत्यादि माहिति दिलि. रावण लंकेचिसुरक्षते विशय अत्यंत जागरूक आसून नित्य निरंतर देखरेख दवरता. देकून लंका अभेद्य, भय निर्माण करचे तसले चतुरंग सैन्य, दुर्गम असले क़िल्ले आशिल्यान प्रवेश साधारणत: असंभव आसा.  हांवे

लंकापुरी कमिं जास्त प्रमाणान भस्म केलिली आसा, अनेक सैन्य नाश केलिलें आसा. देकून जास्त समय वायट करत नासताना जो मार्ग सूचना। ते मार्गान् लंकेचे दिशेन वचयां. श्रीरामान हनुमंतालि सूचना मान्य केलि आनि सैन्याचो व्यूहरचना सिद्ध करचाक सुरवात केलि. पुण हनुमंतान विचारलें, व्यूहरचना कित्त्याक जाय? बस, अंगंद, द्विविद, मैन्द, जाम्बुवन्त, पनस, नल, नील हे सेनापतींक मात्र घेवनुं लंकेक वचयां आनि सीतेक मुक्त करयां. आज्ञा कर आनि युद्धाचि सुरवात जावूं.

हनुमंताले वचन श्रीरामाक मान्य जालें पुण विंगड वानरवीरांक सोडनुं वच्चें ताका पटलें ना. देकून सर्व सशक्त वानरांक बरोबर घेवनुं वच्चें ठरयलें. ताणें विश्वास प्रगट केलो कीं तो निश्चित रावणालि लंकापुरी पूर्ण तरेन भस्म करचो आसा. सीतेलें अपहरण करनुं तो दुष्ट राक्षस वतालो तरी खंय? हांवु लंकेक येत आसा हें समजलें कीं सी चेक जी वनांतु जीव येतालो, जे तरेन वीष पिलिले मनुष्याक अमृताचो घोट पिवचाक मेळता. । मुहूर्त योग्य आसा, सैन्य एकत्रित जावचाक आज्ञा दी. योग्य मुहूर्तावयर केलिलें कार्य सदा यशस्वी जाता. हो क्षण सर्व मुहूर्त लक्ष्यांतु घेवनुं लंकेंतु प्रवेश करनुं सीतेक मुक्त करचाक उत्तम आसा -"निमित्तानि च धन्यानि यानि प्रादुर् भवन्ति मे || निहत्य रावणम् सीताम् आनयिष्यामि जानकीम् |".

पयलें नील सहस्र वानरांक घेवनुं मार्ग सुरळीत आसाकिं ना म्हण्णुं पळयतालो. सशक्त वानरसेना आमगेले बरोबर येवचे, अशक्त वानरसेना किष्किंधा सुरक्षा करचाक उरों. कारण सात्राजितो पार करचें कठीण कार्य आसा. जेकून सहस्रान्सहस्र वानरांनि भाग घेवचें आवश्यक आसा. पर्वतसमान महान् गज, महाबलवान् गवय, आनि गव हे तिग्गंयी मुखावयर आसताले. ऋषभः उजवे बाजून आनी गन्धद्वारा दाव्वे बाजून आसताले. हांवु स्वतः हनुमंताले आनि लक्ष्मण अंगदाले खांद्यावयर आसताले. जांबवंत, सुषेण आनि वेगदर्शी मदें आसताले. श्रीरामाले आदेश आयकूनु सुग्रीवान तेचि तरेन पालन करचाक सांगलें. तदनंतर श्रीरामाले मुखंडतवा सकयल सर्व वानरांले सैन्य घेवनुं दक्षिणदिशेन चलचाक लागले. जेन्नां वानर सैन्य सागरालागीं आयले तेन्नां सुग्रीव श्रीरामाक संबोधन करनुं म्हणालो किं वातावरणांतु बदल जालिलो जाणवता, शुभलक्षणं आकाशांतु आनि धर्तरेर दिसताचि. वारो सुखावला आनि आकाशांतले नक्षत्रं योग्य स्थानवयर जमल्याचि. हे सर्व संकेत आमगेलें कार्य सफल जावचें दर्शयताचि, देकून लाभदायक आसाचि. राक्षसांलो अंतिम काळ निश्चित लागींचि आयला. रात्र दिवस प्रवास करत ती वानर सेना श्रीराम रावणालो वध आनि सीतेक परत हाडचे खातिर उत्साहान युद्ध करचे खातीर आनंदान सहभाग जालिले.

कालांतरान नदी पर्वत पार करत करत अखेरिक तांका सागर दिसलो. तो अथांग सागर पोळोवनुं श्रीराम सुग्रीवाक म्हणालो की आता क्षण आयला हो सागर पार करचो हे विशय विचार करचाक जाय. नंतर सुग्रीवान सर्व सैन्य एकत्रित करनुं श्रीरामाले नंतरचि आज्ञेचि प्रतीक्षा केलि - "ततः शिखरम् आरुह्य रामो दशरथ आत्मजः |कूर्म मीन समाकीर्णम् अपश्यत् सलिल आशयम् || अथ धौत उपल तलाम् तोय ओघैः सहसा उत्थितैः | वेलाम् आसाद्य विपुलाम् रामो वचनम् अब्रवीत् || एते वयम् अनुप्राप्ताः सुग्रीव वरुण आलयम् |इह इदानीम् विचिन्ता सा या न पूर्वम् श्रीसमुत्थिता || रामस्य वचनम् श्रुत्वा सुग्रीवः सह लक्ष्मणः | सेनाम् न्यवेशयत् तीरे सागरस्य द्रुम आयुते ||".

सागर इतलो विस्तारान पसरिलो कीं सागर आनि आकाश एकमेकां बरोबर मिसळनुं तरेन दिसताले। आकाशांतले नक्षत्रं सांगचांतु दिसताले. थंय एकठांय जालिले वानर तो अंत नाशिल्लो महासागर पोळोवनुं आश्चर्यान स्तंभित जालिले - "सागरम् च अम्बर प्रख्यम् अम्बरम् सागर उपमम् | सागरम् च अम्बरम् च इति निर्विशेषम् अदृश्यत || सम्पृक्तम् नभसा हि अम्भः सम्प्क्तम् च नभो अम्भसा || ताद्ृग् रूपे स्म दृश्येते तारा

रत्न समाकुले | अन्योन्यैर् आहताः सक्ताः सस्वनुर् भीम निह्स्वनाः || ऊर्मयः सिन्धु राजस्य महाभेर्य इव आहवे |ततो विस्मयामापन्ना हरयो ददृशुः स्थिताः || ब्रान्त ऊर्मि जल सम्नादम् प्रलोलम् इव सागरम् |".

नीलान आपण्यांलें सैन्य सागरतटाचे उत्तरदिशेन स्थापित केलें. मैन्द आनि द्विविदान सर्व दिशेन लक्ष्य दवरचाक सैन्य सर्वत्र पसरायलें. हे तरेन सैन्य सुसज्जित केले नंतर श्रीराम लक्ष्मणाक म्हणालो, मनांतलें दु:ख जशें जशें सरत वता तशें तशें कमिं जायत आसता. पुण मेगेले सीतेविशय आसाचि काळजी मात्र क्षान्ति क्षणान् क्षण  वाढत आसा. सीता दूर आसा म्हण्णुं किंवा तिगेलें अपहरण जालिलें आसा म्हण्णुं माका चिंता ना, पुण निष्पाप तिगेले वय अनायास वाढत आसा. वार्या तूं तिगेलो स्पर्श कर, मागिर मेगेलो स्पर्श कर, जाका लागून तिगेले अवयवांचो स्पर्श माका अनुभव जातालो, चन्द्रांले रूपान तिगेले दोळ्यांतलो उडगास जातालो. तीणें हे नाथ म्हण्णुं माका आपयलें उरत हे विचारान मेगेलें अंग अंग वीष पिलिले तरेन जळत आसा. तिगेले वियोगान मेगेलें शरीर दिवारात्र भगभगचे उजज्यातरेन जळता, मेगेले मन तापत आसा. जी राक्षसांलो मदें आसून तिका अनाथ तरेन रक्षण करताले कोणिंयी नांचि, जो रक्षण करचो हांवु हांगा आसा. ती राक्षसांले सहवासांतु कशीं जीवन करत आसतालि ? स्वभावान ती कोमल आसा, आनि दु:खान, तप आनि उपवास करनुं ती अजून कृश जालिले उरत. तेन्नां हांवु सीतेले वियोगाचे दु:खांतल्यान मुक्त जातालों.  हे तरेन चिंता करत श्रीराम आसताना तिळसान जालि आनि लक्ष्मणान ताका सांत्वन केलें - "शोकः च किल कालेन गच्चता हि अपगच्चति | मम च अपश्यतः कान्ताम् अहनि अहनि वर्धते || न मे दुह्खम् प्रिया दूरे न मे दुह्खम् हृता इति च |तद् एव अनुशोचामि वयो अस्या हि अतिवर्तते || वाहि वात यतः कन्या ताम् स्पृष्ट्वा माम् अपि स्पृश | त्वयि मे गात्र संस्पर्शः चन्द्रे दृष्टि समागमः || तन् मे दहति गात्राणि विषम् पीतम् इव आशये | हा नाथ इति प्रिया सा माम् ह्रियमाणा यद् अब्रवीत् || तद् वियोग इन्धनवता तच् चिन्ता विपुल अर्चिषा | रात्रिम् दिवम् शरीरम् मे दह्यते मदन अग्निना || ... सा नूनम् असित अपान्गी रक्षो मध्य गता सती | मन् नाथा नाथ हीना इव त्रातारम् न अधिगच्चति || कदा विक्षोभ्य रक्षांसि सा विधूय उत्पतिष्यति | राक्षसीमध्यगा शेते स्नुषा दशरथस्य च || स्वभाव तनुका नूनम् शोकेन अनशनेन च | भूयस् तनुतरा सीता देश काल विपर्ययात् || कदा शोकम् इमम् घोरम् मैथिली विप्रयोगजम् | सहसा विप्रमोक्ष्यामि वासः शुक्ल इतरम् यथा || एवम् विलपतस् तस्य तत्र रामस्य धीमतः | दिन क्षयान् मन्द वपुर् भास्करो अस्तम् उपागमत् ||".

लंकेंतु हनुमंतान केलिलो भयंकर हाहाकार पोळोवनुं आपण्याले प्रभुत्वा वयर आघात जालिलो रावण पूर्णत: अस्वस्थ जालो. ताणें आपण्याले सर्व सेनापतींक आपोवनुंसांगलें कीं एक य:कश्चित् वानर लंकेंतु येता आनि सीतेक सुद्धां भेंटता. अभेद असले हे पुरींतले सर्व महलांचो उध्वस्थ करता, आमगेले श्रेष्ठ योद्धांलि हत्या करता, पुणसर्व विचारताचि ते कांयियी करूं शकनाशिल्लें, आतां ताणिं कितें करचाक जाय! हांवु पूर्ण तरेन असमाधानी आसा. जाणते म्हणताचि किं जे पयले पासून सावधआसताचि तांगेलोचि सदा विजय आसता.   देंकून आमकां रामाले विशय जाणीवपूर्वक विचार करचाक जाय. जगांतु तीन तरेचें   जन आसताचि, उत्तम, मध्यम आनि अधम. तागेलो। गुण आनि दोष हांवु तुमकां सांगता, ध्यान दीवनुं आयकयाचि. तो मनष्य उत्तम आसता, जोकार्य सुरवात करचे पयलें इतरांले हिताचें विचार करत मन्त्रि, मित्र किंवा आप्तबांधवाले बरोबर संवाद साधता किंवा नशीबावयर विश्वास दवरता. तो मनुष्य मध्यमआसता ,जो कार्य सुरवात करचे पयले एकलोचि विचार करता, योग्य अयोग्य विशय एकलोचि निर्णय करता आनि कार्य एकलोचि करता. तो मनुष्य अधम आसता.  जो योग्य अयोग्याचो विचार करत  नासताना वल नशीबावयर अवलंबून आपून  करतां म्हण्णुं दिलिलें कार्य करना. हे तरेन मनुष्यांले वर्ग करचांतु येता आनि

ते तरेन तांगेलें कार्य आसता म्हण्णुं समजका "मन्त्रिभिर् हित सम्युक्तैः समर्थैर् मन्त्र निर्णये || मित्रैर् वा अपि समान अर्थैर् बान्धवैर् अपि वा हितैः | सहितो मन्त्रयित्वा यःकर्म आरम्भान् प्रवर्तयेत् || दैवे च कुरुते यत्नम् तम् आहुः पुरुष उत्तमम् | एको अर्थम् विम्शेद् एको धर्मे प्रकुरुते मनः || एकः कार्याणि कुरुते तम् आहुर् मध्यमम् नरम्| गुण दोषान् अनिश्चित्य त्यक्त्वा दैव व्यपाश्रयम् || करिष्यामि इति यः कार्यम् उपेक्षेत् स नर अधमः | यथा इमे पुरुषा नित्यम् उत्तम अधम मध्यमाः || एवम् मन्त्रोअपि विज्ञेय उत्तम अधम मध्यमः |". तेचि तरेन अनेक एकमेकां विरुद्ध मनांचे विचार करनुं जो निर्णय एकमात्र घेवचांतु येता तो मध्यम आसता. अनेक मतांचो वाद विवाद करनुं ख्यचेयी एक मत श्रेष्ठना, किंवा श्रेय ना तो निर्णय अधम आसता. जेकून तुमिं सर्वांनि मेळनुं ज्ञानपूर्वक योग्य असलें कार्य करचो निर्णय घेवचाक जाय. आनि हें शीघ्र करचाक जाय "बह्व्यो अपि मतयो गत्वा मन्त्रिणो हि अर्थ निर्णये || पुनर् यत्र एकताम् प्राप्तः स मन्त्रो मध्यमः स्मृतः | अन्योन्य मतिम् आस्थाय यत्र सम्प्रतिभाष्यते || न चऐकमत्ये श्रेयो अस्ति मन्त्रः सो अधम उच्यते | तस्मात् सुमन्त्रितम् साधु  भवन्तो मन्त्रि सत्तमाः || कार्यम् सम्प्रतिपद्यन्ताम् एतत् कृत्यतमम् मम |".

मुखार  सरनुं रावण म्हणालो, सहस्र वानर सेना घेवनुं राम लंकेवयर आक्रमण करचाक येत आसा. हो अथांग सागर पार करनुं किंवा सागर आटोवनुं तो सहज लंकेंतुप्रवेश करू शकता. देतून लंका सुरक्षित दवरचाक जें कांय करचाक जाय तें तुमिं सर्वांनि समजावका. रावणान हे तरेन उलयलेकीं थंय जमिले, बलवान् आसल्यारियी मूर्खआनि अनैतिक आशिल्ले राक्षसांनि हात उचलनुं रावणाक म्हणाले, आमगेले सैन्य लोखंडाचें अस्त्र शास्त्रान सुसज्ज आसा. देकून चिंता करचि अवश्यकता ना.पाताळांतले भोगवतीक वचून तूंवे नागलोकां जिंकिल्लें आसा, कैलासाक वचून कुबेरावयर विजय आनि पुष्पक विमान प्राप्त केलिलो आसा. तुका भीवनुं आनि मैत्रिमेळोवचाक आपण्यालि सुपुत्री मंडोदरीक पत्नीरूपान दिलि. रसातळांतले वासुकि, तक्षक, शंख, जटी हे राक्षसांवयर विजयी जावनुं तांका शरण घेवचे तशें केलें. तूं यशस्वी, अजेय, असामान्य योद्धा आसा. तूवें मृत्युवयर सुद्धांविजय प्राप्त केलिलो आसा. देवेन्द्रालि तसले अनेक क्षत्रियांवयर तूंवे विजय मेळयला, जास्त कित्याक स्वत: देवेन्द्राक जिंकून तूंवे लंकेक हाडिल्लें आनि केवलब्रह्मदेवाले शब्दाक मान दीवनुं ताका मुक्त केलिलें. देकून तूंवे कसलेयी काळजी करवें न्हंय, राजकुमार इन्द्रजित एकलोचि ते वानर सैन्यावयर विजय प्राप्त करचाक सक्षम आसा. महेश्वराष्टामी आराधना करनुं ताणें अति दुर्लभ असलो वर प्राप्त केलिलो आसा. अनपेक्षित आयिलें हें युद्ध सामान्य मनुष्याले कडचान. आयल्यां, तूवें लक्ष्य घालचें अवश्यकता ना, रामाले वध सहज करनुंइन्द्रजित यशस्वी जावनुं येतालो, "तिष्ठ वा किम् महाराज श्रमेण तव वानरान् | अयमेको महारज इन्द्रजित् क्षपयिष्यति || अनेन हि महाराज महेश्वरमनुत्तमम् | इष्ट्वा यज्ञम् वरो लब्धो लोकेपरमदुर्लभः || राजन् न आपद् अयुक्ता इयम् आगता प्राकृताज् जनात् | हृदि न एव त्वया कार्या त्वम् वधिष्यसि राघवम् ||".

प्रस्तुत नांवाचो राक्षसांलो सेनापति रावणाक म्हणालो, देव दानव, यक्ष गन्धर्व, नाग दानवांबरोबर तूंवे युद्ध करचें योग्य आसता। पुण एक सामान्य मनुष्यालेबरोबर युद्ध महाप्रतापी रावणान करचें उचित न्हंय. आमिं शूरवीर आसाचि पुण असावध आशिल्यान आमकां हनुमंतान फ़सयलें. देकून जोपर्यन्त हांवु जीवंत आसा तोर्पयन्त हनुमंताक जीवंत आसचाक हांवु सोडचो ना "देव दानव गन्धर्वाः पिशाचपतगौरगाः | न त्वाम् धर्षयितुम् शक्ताः किम् पुनर् वानरा रणे || सर्वे प्रमत्ता विश्वस्तावञ्चिताः स्म हनूमता | न हि मे जीवतो गच्चेज् जीवन् स वन गोचरः ||".

तदनंतर दुर्मुख, वज्रदंष्ट्र इत्यादि अनेक राक्षसवीर रावणाले विशय आशिल्लि भक्तीचि साक्ष दीत ताका

आश्वासित करचाक लागलेकीं ताणें चिंता करचि अवश्यकताना. लंकेचे अपमान ते सहन करचे नांचि.राम, लक्ष्मण, हनुमंत आनि वानरांक ते आकाशांतु आसू किंवा पाताळांतु तांका समूळ नाश करचांतु येताले म्हण्णुं प्रत्येक राक्षस वीर सांगचाक लागले "इदम् न क्षमणीयम् हि सर्वेषाम् नः प्रधर्षणम्॥ अस्मिन् मुहूर्ते हत्वा एको निवर्तिष्यामि वानरान्।प्रविष्टान् सागरम् भीमम् अम्बरम् वा रसा तलम्॥ किम् नो हनुमता कार्यम् कृपणेन तपस्विना। रामे तिष्ठति दुर्धर्षे सुग्रीवे सह लक्ष्मणे॥ अद्य रामम् ससुग्रीवम्परिघेण सलक्ष्मण म्। आगमिष्यामि हत्वा एको विक्षोभ्य हरि वाहिनीम्॥.

ooooo

## अध्याय 2

सेनापतींनिउत्साहान दिलिलें आश्वासनान प्रेरित जावनुं रावणानप्रहस्त सेनापतीक लंकापुरी सुरक्षित दवरचें कार्य सोंपलें. जेन्नां प्रहस्तान प्रभावित जालिलें सैन्य लंका रक्षण करचाक दवरचांतु येतालें म्हण्णु सांगले,तेन्नां रावण समाधानांतु जावनुं म्हणालो, प्रियअप्रिय, सुख दु:ख, लाभ आनि हानि हांचो विचार मनुष्यान धर्म अधर्माचरण करताना ध्यानांतु दवरचाक जाय. देकून माका करचें कार्य यशस्वीतरेन पार पाडताले आनिहांवु कीर्तिवंत जातालो म्हण्णुं विश्वास आसा. हांवु तुमकां पयलें सांगलें ना, कारण कुंभकर्ण निदेंतु आशिल्लो आनि आतां तो जागतो आसा.

मुखार सरनुं तो म्हणालो, हांवे सीतेक दंडकारण्यांतल्यान घेवनुं आयिल्लो. पुण सीता अजून माका वश जावचाक तयार ना. मेगेले मतान सीते इतलि सुंदर स्त्रित्रिलोकांतु मेळचि ना. जशें कांय मय मायाविनं मेगेले खातिरचि निर्माण केलिली आसा. तिगेले गुलाबी रंगाचे पाय पोळोवनुं कामवासना तीक्ष्ण जालिले आसा. यज्ञकुण्डांतले अग्नितरेन तेजस्वी तिगेलें मुखकमल पोळोवनुं मेगेले मनावयलें नियंत्रण सढल जालिलें आसा. देकून मेगेलें मन कामप्रेरित क्रोधान भगभगचे आसा, रामालि प्रतीक्षा करत आशिल्ले सीतेन एक वर्साचो मुक्त मागिल्लि आसा. हांवे तें मान्य केलिलें आसा. मेगेले कल्पनेचे भायर आसा, कशें राम, लक्ष्मण किंवा वानर हो अथांग सागर पार करूं शकताले? पुण हें सुद्धां विसरचाक जायना कशीं एक वानर येवनुं लंकेक इतलो नाश करूं शकता? किंबहुना माका मनुष्यांले कडचान भय ना, शिवाय तुमगेले मदतीन हांवे देव दानवांले वयर विजय प्राप्त केलिलो आसा. राम लक्ष्मण वानरां संयत समुद्राचे पेलतडेन जमिल्ले म्हण्णुं कळनुं आयल्यां. देकून हो विशय गंभीर जावनुं विचार करचाक जाय, जाका लागून सीतेक परत दिवचो प्रसंग येवचो ना, शिवाय राम लक्ष्मणालो मृत्युसुद्धां संभवतालो. माका दीसना ते वानर समुद्रोल्लंघन करू शकताले, देकून आमगेले यश निश्चित आसा.

रावणान हे तरेन उलोवचें पोळोवनुं कुंभकर्ण अस्वस्थ जावनुं रावणाक म्हणालो, हे सर्व विचार तूंवे सीतेले अपहरण करचें पयलें करचाक जाय आशिल्लो. तूंवे कार्य करचें पयलें आमगेले बरोबर संवाद सांगिल्ले आसल्यार तें योग्य आसतालें. जो राजा कार्य करचें पयलें संवाद, विचार विनिमय करनुं कार्य सुरवात करना , ताका नंतर पश्चात्ताप करचें पडता. पूर्वविचार करत नासताना केलिलें कार्य पूर्णतरेन व्यर्थ वता, जे तरेन योग्य मंत्र म्हण नासताना यज्ञकुण्डांतु दिलिलि आहुति व्यर्थ वता. जे व्यक्तीक विचार करचें ज्ञान ना पयलें करचें कार्य नंतर करता आनि नंतर करचें कार्य पयलें करता. जी व्यक्ति अधिक शक्ति प्रतिस्पर्धींतु पळयता, तो पयले प्रतिस्पर्धीलि पोकळी शोधता. जें कार्य तूंवे केलिलें आसा तें वाचा करत नासताना केलिलेंआसा. नशीब रावणान तुका आतां पर्यंत मारनुं उड़लें ना. देकून अनर्थ जावचें पयलें हांवु

तूवें केलिलें कार्याचो परिणाम असंभव जाता अशेंकरता. हांवु ते दोन भावांक, ते इन्द्र आसूं किंवा सूर्य आसूं, अग्निदेव किंवा वायुदेव, यमसदनाक धाडतां. रामान एक बाण सोडनुं दुसरो सोड पर्यंत तागेले गळ्याचे रक्तचाप घोट घेतां. नं तर लक्ष्मण आनि वानरांलो पूर्ण नाश करतां. सीता तुगेलीचि आसतालि, राम लक्ष्मणालो मृत्यु हो अटल आसा.

जेन्नां महापार्श्व सेनापतींनि पळयलें कीं रावण संतापला तेन्नां ताणें तुरंत तागेले मुखार येवनुं नमस्कार केलो आनि म्हळें, तो खरेंचि मूर्ख आसतालो जो अरण्यांतु वचून म्होवांन मूसान एकत्रित केलिलो म्होंव पळयता पुण म्होवं पीत नासताना परत येता. महाराजगंज तुमिं सीतेलो सुख स्वच्छंद घेया. कोंह्यातकेन सीतेविशय परत परत प्रहार कर. कोण तुका येतालो? कोणींयी आयल्यार आमिं ताका पोळोवनुं घेताचि. तूं निश्चिंत ऊर. कुंभकरंकण आनि इन्द्रजित प्रतिकार करचाक सक्षम आसाचि.

रावणाक महापार्श्वाले शब्द आयकूनु आनंद जालो. पुण एक पोरणो संदर्भाचो उडगास जावनुं रावण म्हणालो किं मागशीं एक पटें ताणें एक अप्सरेवयर बलात्कार केलिलो जेन्नां ताका ब्रह्मदेवान शाप दिलिलो कीं जर ताणें भविष्य काळांतु स्त्रीले इच्छिविरुद्ध बलात्कार केलो तर मेगेले शरीराचे सहस्र तुकडे जाताले. देकून सीतेवयर हांवु शक्ति वापरू शकना. पुण रामाक खबर ना किं हांवु सागरातरेन वेगवान् आनि वायुतरेन मेगेलि पोंच आसा, देतून चो मेगेले बरोबर युद्ध करचें येवजिता. अन्यथा कोण धजतालो, निदिले सिंहाक जागयतालो, मृत्यूक स्वत: आमंत्रण दितालो? ताणें पळयले नांचि सर्पातरेन आशिल्ले मेगेले बाण! जेकून तो मेगेले बरोबर युद्ध करचाक विचार करत आसा. हांवु ताका पूर्णतरेन विध्वंस करता, तुमिं पळयत फरा.

रावणाले आनि कुंभकर्णाले अहंकारान उलयिलें शब्द आयकूनु साधुस्भावाचो विभीषण तांका ज्ञानाचि समज दिवचाक मुखार येवनुं म्हणालो, महाराज तुका समजना कशें की सीता तुगेले गळ्यांतु पडिल्लो गळ्यांतु आसा ? देकून ते वानरांनि परत लंका उध्वस्थ करचें पयलें सीतेक परत रामाले स्वाधीन कर. रामाले तीक्ष्ण बाबांनि राक्षसांलि शिरोच्छेद करचें पयलें सीतेक परत रामाले स्वाधीन कर. कुंभकर्ण किंवा इन्द्रजित, महापार्श्व किंवा महोदर, निकुंभ किंवा कुंभ किंवा अचिंत्याश्च रामाक प्रतिकार करू शकचे नांचि. ज़री तुका सूर्यान किंवा मरुद्गणांनि, इन्द्रान किंवा यमान अभय दिल्यारियी किंवा तूं स्वर्गांतु वा पाताळांतु गेल्यारियी तूं रामाले बाणापासून सुटचो ना.

विभीषणाले हे शब्द आयकूनु समज नाशिल्लो प्रहस्त राक्षस म्हणालो, आमिं कोणांकयि भीनांचि, देव दानवांलें, यक्ष गन्धर्व, सर्प किंवा पक्षींले भय ना, तेन्नां सामान्य मानव रामाले भय कसलें आसतालें? विभीषण ज्ञानी आनि समंजसम् आशिल्लो. सर्वांलिं व्यर्थ आनि निष्फल बड़बड आयकूनु तो म्हणालो, जे तुमिं सर्व करत आसाचि ते सर्व असंभव आसा जे तरेन दुष्ट बुद्धीचें मनशाक स्वर्ग मेळचें असंभव आसता. देव सुद्धां दिग्मूढ जाताचि जेन्नां धर्मनिष्ठ, ईक्ष्वाकूकुलोत्पन्न रामाले मुखार ते उभे राबताचि. रामाले तीक्ष्ण तीक्ष्ण बाणांचो अनुभव तुमकां ना, देकून तुमिं असले अहंकाराराचे शब्द उलयताचि. तुमिं कोणिंयी रामाले बरोबर संघर्ष करूं शकताले ? राजा रावणाले मनावयर दुष्ट बुद्धीचें पांघरूण आसा, देकून तो हट्टी आनि अविकारी जालिलो आसा. असले राजाले आजूबाजून तुमगेले तसले मित्र आसून जशें कांय वैरवृत्तीन वागत आसाचि. देकून तुमिं तुमगेले अधर्मी, अहितकारी विचारांतल्यान मुक्त करा. समय आयला जेन्नां ज्ञानीजनांनि जागें जावका, आनि राजाक धर्मावयर आधार आशिल्लो आनी सर्वांले हिताचो सल्लो दिवचाक जाय, आनि अवश्यकता आसल्यारि ताका शक्तीन अयोग्य मार्ग चलचे विशय प्रतिकार करका.

रावण धर्म अधर्म जाणता, ताका हे महासंकटांयल्यान मुकत करचाक जाय. देकून सीतेक रामालें स्वाधीन तुरंत करचाक जाय. जें हांवु सांगतां, तें सर्वांले हिताचें आसा, जर स्वीकारलें तर सर्वांले कल्याण जातालें.

जेन्नां रावणाले पूतान इन्द्रजितान विभीषणाले शब्द आयकलें तेन्नां ताणें म्हळें कीं जें तो उलयता तें सर्व निरर्थक आनि भयंकर आसा. आमगेले राक्षसकुळांतलो कोणिंयी असले शब्द उलोवचो ना किंवा कार्य करचो ना. राक्षसकुळांतलो प्रत्येक जीव शूर, वीर, तेजस्वी, धैर्यवान् आनि पराक्रमी आसता. दिसताकीं विभीषणचि एकलो जन्माक आयला जो हे सर्व गुणांपासून दूर आसा. राम एक सामान्य मनुष्य आसा, ताका खंयचोयी राक्षस सहज मारनुं उडलो शकता. देकून कित्याक आमकां भिसडायता? हांवे स्वत: देवेन्द्राक अपयशी करनुं सोडल्यां, देव सर्व युद्ध सोडनुं धांवल्याचि. देकून देवांक आनि दानवांक अपयश करनुं सोडिल्ले माका रामा लक्ष्मणा तसले सामान्य मानवांक मृत्युमुखांतु घालचाक जावचें ना? देवेन्द्रालेतरेन शक्तिशाली इन्द्रजिताक विभीषणान सांगलें, पीता, तूं अजून ल्हान आसून तुका अनुभव ना. देकून स्वत:क नाश करचे शब्द तूं उलयत आसा. रावणालो पुत्रआसून तागेले कल्याणाचे वचन उलयतना सताना शत्रूतरेन रामाले हातांतल्यान तागेलो नाश जावचे विशय ताका उत्तेजित करत आसा. विभीषणान जे तरेनइंन्दजिताक कठोर शब्दान धमकायें तें पोळोवनुं रावण संतापलो. तो विभीषणाक म्हणालो, शत्रूबरोबर जीवन जीवचें परवडलें, पुण प्रतिस्पर्धी आशिल्लो मित्र नाका. हांवु जाणतां संसारांतले असले जन, जे स्वजातीचें उत्कर्ष सहन करूं शकनांचि. किंबहुना स्वजातीचो जो शूर, वीर, प्रभावी पुढारी आसता, ताकाचि स्वजातीचेचि जन हीन माननुं तागेलि अवहेलना करताचि. असले जन नित्य, निरंतर संकटांतु एकमेकांलो दुस्वास करत आसताचि. असले स्वजातीचे जन शत्रूंक गुप्त मंत्रणा कळयताचि. देकून थोडे जनांक मेगेलें यश, वैभव, शत्रूंवयर जावचो विजय पोळोवचाक जायना. तांगेले बरोबरचि मैत्रि जास्त समय ऊरना, जे तरेन कमलानगर वयलें उदाक ऊरना. जे तरेन हस्ति न्हावनुं जाले नंतर आंगावयर माति घालनुं घेता ते तरेन असले जन आप्तजनांलो लाभ घेवनुं तांकाचि फसयताचि. जे तरेन तूं उलयलो तर तो जीवंत उरचो ना.

रावणाले हे शब्द आयकूनु विभीषण थंयचान भायर सरत रावणाक उद्देशून म्हणालो, तूं मेगेलो ज्येष्ठ बंधु आसा आनि ज्येष्ठ बंधु बापय समान आसता. आनि धर्माचो मार्ग ज़री तो चलना तरियी ताका मान-सन्मान दिवचाक जाय. पुण जे कठीण शब्द तूं उलयता तें मान्य ना. जे मनशालें मन कलुषित जालिलें आसा सत्य उलयिलें पटना . गोड़ गोड़ उलयताले अनेक मेळताचि, पुण कटु सत्य उलोवचे आनि तें कटुसत्य आयकुवचे विरळ आसताचि. मृत्यूके बंधनांतु तूं आशिल्लें किंवा रामाले बाणान तूंवे मेलिलें माका पोळोवचाक जायना. महान् व्यक्ति शस्त्र अस्त्र निष्णात शूर वीर काळ समय आयलो कीं धरण फुटिल्ले तरेन उध्वस्थ जालिलें पळयल्यां. व्होड भाव म्हण्णुं तुगेलें हित तें मेगेलें हित जावनुं आसता. लंका आयलि राक्षसकुळाचें रक्षण कर. तुगेलें बरें जावूं. लंका सोडनुं हांवु दूर वचत आसा.

जीवनांतु असलो एक क्षण येता जेन्नां ताका विवेक बुद्ध वापरनुं निर्णय घेवचो पडता - इन्द्रियान प्रभावित जावनुं शरीर सुख घेवचें कीं इन्द्रियान प्रभावित जाय नासताना आत्माचें सुख शोधचें. दानव-राक्षसांलि प्रवृत्ति अधर्माचरण करनुं शरीर सुख घेवचें, देवांलि-ज्ञानीजनांलि प्रवृत्ति धर्माचरण करनुं आत्मसुख साधचें आसता. शास्त्र सांगता किं एक जीव दुसरे जीवाक जन्म दीना. जीवाक वेगळो एक जीव केवल शरीर प्राप्त करनुं दिता, ते शरीरांतले जीव तागेले भूतकाळांतले कर्मानुसार परमात्म दिता. रावणाले कर्मानुसार राक्षस शरीर आनि राक्षस गुण-स्वभाव प्राप्त जालो, विभीषणाले कर्मानुसार शरीर राक्षसांले आसल्यारियी शरीरांतलो जीव कर्मानुसार दैवी गुण-स्वभावान प्रभावित आशिल्लो. विभीषणान आपण्याले

गुण-स्वभानुसार रावणाक उपदेश केलो, रावणान आपण्याले गुण-स्वभावानुसार तो उपदेश नाकारलो. जे तरेन व्यक्तीली वृत्ति ते तरेन तागेलि प्रवृत्ती आसता. देकून रावण सीतेले रूपान आकर्षित जावनुं लंकेंतु उरलो, विभीषण धर्मान आकर्षित जावनुं दैवी गुण-स्वभावाचे श्कीरामाक शरण गेलो.

विभीषणान तागेले साथीदारांनि येवचें वानरांनि दूरचान पळयलें. तांका पोळोवनुं सुग्रीव विचारांतु पडलो. ताणें हवुमंता म्हळें, हे राक्षस नि:संशय आमगेलि हत्या करचाक आयल्याचि. सुग्रीवान उलयिलें आयकूनु सर्व वानर हातांतु मेळिलें तें घेवनुं विभीषण आनि तागेले साथींवयर प्रहार करचा सिद्ध जाले. पुण विभीषण कसलेयी प्रतिक्रिया दीत नासताना उभो राबलो आनि म्हणालो हांवु लंकाधिपति रावणालो धाकलो भावु, विभीषण मेगेलें नांव आसा. रावणान सीतेक तिगेले इच्छे विरुद्ध अपहरण करनुं बंधन करनुं दवरिलें आसा. हांवे सीतेक परत रामाले स्वाधीन कर म्हण्णुं सांगचें अनेक प्रयत्न केले. ताणें मेगेले हिताचे शब्द स्वीकारलें ना, जे तरेन मूर्ख मनुष्य दिलिलें औषध स्वीकारना. जेन्नां रावणान परोपरीन मेगेलो अपमान केलो तेन्नां हांवु सर्वस्व त्याग करनुं श्रीरामाक शरण आयलां. क्रिपा करनुं श्रीरीमाक सांगाकीं विभीषण शरण आयिलो आसा.

महदाश्चर्य जालिलो सुग्रीव तक्षण वचून श्रीराम आनि लक्ष्मणाक विभीषणालें निवेदन पावयलें. हनुमंत तेन्नां म्हणालो, अनपेक्षित शत्रूंले बाजून एक आमगेलि हत्या करचाक जशें एक गुग्गुम येता कावळ्यांलि हत्या करचाक. हे प्रभु, शत्रूली ही कपट चाल, वानराले आनि स्वत:चे कल्याण ध्यानांतु घेवनुं तूंवे विश्वास दवरतनासताना सावध आसचाक जाय. रावणालो भावु तो, आमगेलेचि एक जावनुं नि:संशय फूट घालचें प्रयत्न करतालो. आमगेले सैन्यांचलि कमतरता जाणून रावणाक तो सांगतालो किंवा आमगेले वयर वार करतालो. स्वत:चे असमर्थ सैनिक परवडतालो, शत्रून धाडिल्लो सैनिक केन्नांयी ना. तो जातीय राक्षस आसा, शिवाय शत्रूंलो भावु, तागेलेवयर विश्वास कशीं दवरचो? देकून ताका बंधनांतु दवरचेंचि योग्य. हे तरेन विवि करनुं सुग्रीव शांत जालो.

श्रीरामान हनुमंताले पूर्ण प्रतिक्रिया आयकलिल्यान आनि म्हणालो, जो कोण मित्र म्हण्णुं शरण येता ताका गुणदोष आसल्यारियी हांवु स्वीकार करतां. हो सुसंस्कृत मनुष्यालो गुणधर्म आसता - "मित्र भावेन सम्प्राप्तम् न त्यजेयम् कथंचन | दोषो यदि अपि तस्य स्यात् सताम् एतद् अगर्हितम् ||". सुग्रीवान विचार करनु म्हळें, जेन्नां तो आपण्याले भावांक सोडू शकता, तेन्नां तो अन्यजनांक कित्याक सोडचो ना? तेन्नां श्रीराम किंचित् हासत लक्ष्मणाक म्हणालो, जें सुग्रीव सांगता, तें शास्त्रांचे अभ्यास केलिलो, जाणत्यांली सेवा केलिलोचि उलोवचे शकता. पुण सद्याचे संदर्भांतु अनेक विचित्र आनि अनपेक्षित घडामोडी घडत आसताचि, हें आमिं पळयत आसाचि. एक कुळांतले भाव-भाव किंवा शेजारचे कुळांतले आप्त बांधवांनि संकट काळांतु एकमेकांबरोबर युद्ध केलिलें दिसून येता. कुळांतले जर सात्विक आसाचि तर ते दुसरे सात्विक व्यक्तीले शब्दांचो मान दवरताले. पुण सामान्यतः सात्विक व्यक्तीक सुद्धां छळचांतु येता. जो पर्यंत शत्रूंले बाजूचे व्यक्तीक स्वीकार करचे आसता, शास्त्र सांगता किं जेन्नां आमिं एक कुळांतले नांचि आनि विभीषणाक राज्य मेळोवचें इच्छा आसता, तेन्नां विभीषणाक मदत करचांतु शाणपण आसता. किंबहुना जन भय नासताना एकत्र आसनांचि, उलट ते एकमेकांपासून वेगळेंआसताचि. विभीषण भीलिलो आसा, देकून ताका स्वीकारचाक जाय. सर्व भाव भरतातेरेन आसनांचि, सर्व पुत्र मेगेले तरेन आसनांचि, सर्व मित्र तुगेले तरेन आसनांचि.

जे श्रीरामान सांगिल्लें सुग्रीव आनि लक्ष्मणान आयकलें पुण तें सुग्रीवाक मान्य जालें ना. देकून नमस्कार करनुं तो म्हणालो, रावणान हे राक्षसांक तुका मारचाक, लक्ष्मण किंवा माका मारनुं काडचाक

धाडिल्लें आसा. विभीषणाले मन विकृत आसा, किर्ते म्हळ्यारियी तो ते दुष्ट रावणालो भाव आसा. देकून ताका आनि तागेले साथीदारांक बंधनांतु दवरचाक जाय. सुग्रीवान म्हणिल्ले नंतर श्रीरामान क्षणभर विचार करनुं सांगले, उरों, तो बरो आसूं वा वायट. माका कसलें तो करू शकतालो? दिसलें तर देव दानव, यक्ष राक्षसांक एक किरंगळीन तांका यमसदनाक धाडनुं दिवूं शकतां. सांगचांतु येता जे तरेन शत्रूले भयान शरण आशिल्ले पारव्याक संरक्षण दीवनुं स्वत:चे मांस अन्न म्हण्णुं दिलें आमंत्रित केलें तेन्नां हांवे किर्ते करचे अपेक्षित आसा? दिलि पुरातन काळांतु कण्वपुत्र कण्डून सांगिल्लें कीं हात जोडनुं याचना करचो दीन मानवालि शत्रु आसल्यारियी हत्या करचि न्हंय. शत्रु आसल्यारियी जर कोणिंयी दुसर्यांचान सुरक्षित आसचाक शरण येता तर स्वत:चो प्राण त्याग करनुंसुद्धां रक्षण करका. जर कोणिंयी भयान, मोहान, स्वेच्छेन किंवा स्वशक्तीन रक्षण करना तें पाप सर्व विश्व स्वीकारना. जर शरण आयिले मनुष्याक सुराता दीना तर तागेले सर्व पुण्य नाश जाता. शरण आयिल्ल्याक सुराता दिलि ना तर ताका स्वर्गसुखाचे मेळना ताज़े विपरीत तागेलें सर्व शक्ति आनि कीर्ति नाश जाता. देकून जें करचाक जाय तेंचि हांवु करचो आसा, कारण शुभ संकल्प आनि शुभ कर्मचि धर्मसिद्ध, यश, कीर्ति आनि स्वर्ग दिता. देकून जी व्यक्ति आपूण शरण आयलां म्हण्णुं सांगता ताका अनेक संकटांतु संरक्षण दिता. तो विभीषण आसूं किंवा रावण आसूं, शरण आयिल्ल्याक संरक्षण दिवचें मेगेलें कर्तव्य आसा. ताका मेगेले मुखार घेवनुं या -"ऋषेः कण्वस्य पुत्रेण कण्डुना परम ऋषिणा || शृणु गाथाम् पुरा गीताम् धर्मिष्ठाम् सत्य वादिना | बद्ध अन्जलि पुटम् दीनम् याचन्तम् शरण आगतम् || न हन्याद्आनृशंस्य अर्थम् अपि शत्रुम् परम् पत ||अर्तो वा यदि वा द्द्प्तः परेषाम् शरणम् गतः ||| अरिः प्राणान् परित्यज्य रक्षितव्यः कृत आत्मना | स चेद् भयाद् वा मोहाद् वाका माद् वा अपि न रक्षति ||स्वया शक्त्या यथा तत्त्वम् तत् पापम् लोक गर्हितम् | विनष्टः पश्यतस् तस्य रक्षिणः शरण आगतः || आदाय सुकृतम् तस्य सर्वम् गच्चेद् अरक्षितः | एवम् दोषोमहान् अत्र प्रपन्नानाम् अरक्षणे || अस्वर्ग्यम् च अयशस्यम् च बल वीर्य विनाशनम्करिष्यामि यथा अर्थम् तु कण्डोर् वचनम् उत्तमम् || धर्मिष्ठम् च यशस्यम् च स्वर्ग्यम् स्यात् तु फल उदये | सकृद् एव प्रपन्नाय तव अस्मि इति च याचते || अभयम्सर्व भूते भ्यो ददामि एतद् व्रतम् मम | आनय एनम् हरि श्रेष्ठ दत्तम् अस्य अभयम् मया ||विभीषणो वा सुग्रीव यदि वा रावणः स्वयम् |".रामाले धर्मनिष्ठ उत्तर आयकूनु सुग्रीव म्हणालो, प्रभु आयचे समाजांतु कोण धर्माचें पालन करता? देकून तूंचि एक धर्मनियम पालन करचो हे तरेन विचार करूशकता. विचा केले मेगेले द्रिश्टीन सुद्धां विभीषण साधु स्वभावाचो आसा म्हण्णुं मान्य आसा. देकून विभीषणाक आमिं मित्र म्हण्णुं स्वीकारचें योग्य आसतालें.

ooooo

## अध्याय 3

श्रीरामाले धर्मनिष्ठ आश्वासन्नाचे शब्द आयकूनु विभीषणाले मनांतु आशेचो किरण चमकलो आनि काळजांतु श्रीरामाले प्रति आदर मिश्रित भक्तिभाव जागो जालो. ताणें श्रीरामाले विशय आयकल्लें तें आयज प्रत्यक्षांतु पळयलें. तो श्रीरामाले प्रति नतमस्तक जालो आनि आ पुण्याचें सहकारींसयत श्रीरामाले पाय पड़त कृतज्ञतेचे उद्गार काडले कीं हांवु रावणालो धाकलो भावु, तागेले कडचान अपमानित जालिल्यान हांवु सर्व जनांलो शरण स्थान जावनुं आशिल्ले तुका शरण वचत आसा. लंका, स्वजन आनि मित्र परिवार सर्व त्याग करनुं हांवु तुका शरण आयिलों आसा.

श्रीरामान ताका आश्वासन दीत रावण आनि लंकापुरीचें शक्ति, सामर्थ्य, सबल आनि दुर्बल विशय विस्तारान निरूपण करचाक सांगलें. हे तरेन विचारिल्यान विभीषण म्हणालो, ब्रह्मदेवान दिलिले वराह लागून रावण सर्व जीव, गन्धर्व, पक्षीपासून अवध्य आसा. तागेले नंतर जन्माक आयिलो मेगेलो भावु कुंभकर्ण अति बलवान्, शूर आनि वीर आसून देवेन्द्रावयर सुद्धां विजय प्राप्त करू शकता. तागेलो सेनापति प्रहस्त आसून ताणें कैलासाचे मणभद्रावयर विजय मेळयला आसा. इन्द्रजित रावणालो पुत्र आसून तागेलें कवच अवध्य आसा. तो स्वत: अदृश्य जावनुं अन्य सैनिकांक मृत्यु समान आसा. महोदर, महापार्श्व आनि अकंपन राक्षसवीर दिक्पालकांतरेन सदा जागरूक आसताचि. लंकेंतु स्वेच्छेन रूपधारण करचे सहस्रान् सहस्र राक्षस आसून रक्त मांस तांगेले अन्न जावनुं आसा.

विभीषणान सांगिल्लें सर्व आयकूनु श्रीराम म्हणालो किं जें सांगले तें सत्य आस म्हण्णुं तो पयले पासून जाणता. हांवु रावणा आनि तागेले साथींलो जीव घेवनुं तुका लंकेचो अधिपति म्हण्णुं घोषित करतां, हे मेगेले वचन आसा. रावणान पाताळाक, रसातळाक किंवा ब्रह्मदेवाले लागीं गेल्यारियी हांवु तागेलो जीव घेतिले शिवाय सोडचो ना. रावणालो मृत्यु जाले शिवाय हांवु परत अयोध्येंतु पाय दवरचो ना. श्रीरामाले वचन आयकूनु विभीषण कृतज्ञतेन भारावलो आनि कितें करचें हें सूचित नासताना श्रीरामाक नतमस्तक जावनुं पाय पडलो. रामान ताका दोन्नीं हातान उभें केलें आनि सांगले चला समुद्रांतले थोडें उदाक घेवनुं या. माका लंकेचो राजा म्हण्णुं अभिषेक करचें आसा. नंतर लक्ष्मणान उदाक हाडलें आनि विभीषणालो योग्य तरेन अभिषेक करचांतु आयलो.

मागिर  सुग्रीव आनि हनुमंतान विभीषणाक समुद्रोल्लंघन करचे विशय उपाय विचारलो. विभीषणान सागराक शरण वच्चोचि एतमेव उपाय म्हण्णुं सांगलो. सुग्रीव आनि हनुमंतान विभीषणालें मत श्रीरामाक निरूपण केलो. श्रीरामान लक्ष्मण आनि सुग्रीवा सांगलें कीं विभीषणालो विचाराधारा मानवलो, देकून जो मुखावयले कार्य करचाक जाय ते हातांतु घेवचाक सांगलें. ते दोग्गांलोयी विचार समुद्रावयर ए क सेतु बांदचाक जाय. अन्यथा  सागर पार करचें देवांक सुद्धां साध्य जावचें ना.  श्रीरामान म्हळें,विभीषण जें सांगता, तें योग्य आसा. देकून मार्ग करचे आमगेले प्रयत्नांक सागराधिपति वरुणदेवालि अनुमति शीघ्र प्राप्त करचाक जाय. तेन्नां श्रीरामाले आज्ञेनुसार सर्व जन सागरतटाचे दिशेन गेले. समुद्रतटावयर श्रीराम आनि लक्ष्मणान असामान्य वानरसमूह घेवनुं आयिलो समाचा रावणालो शार्दूल नांवाचे राक्षसांन पळयलें आनि तक्षण ताणें तो समाचार रावणाक दिलो. रावणान तो समाचार आयकूनु आपण्याले सेनापतींक तक्षण एकत्रित केलें. सर्वांले एकमत जालें कि वानरसेनेक श्रीरामाले पासून वेगळें करचे प्रयत्नावयर जास्त भार दिवचांतु आयलो. रावणान शार्दूल राक्षसाक सांगलें, तूं तक्षण सुग्रीवाले लागीं वच, ताका मान सन्मान दीवनुं आदरान सांगाकीं

तो वानरश्रेष्ठ उत्तम कुळांतु जन्माक आयिलो आसून, ऋक्षराजालो सुपुत्र आसा. श्रीरामाक मदत करनुं तुका कसलोयी लाभ जावचो ना. शिवाय तूं राक्षसराजा रावणालो भावासमान आसा. जर हांवे सीतेलें अपहरण केलें तर तुका ताका लागून  श्रीरामाक सांगलें. देकून रामाक मदत करचें सोड आनि किष्किंधेंतु परत वच. लंका देव गन्धर्वांक सुद्धां पराजित करचें शक्य ना. रावणाले आज्ञेचें अनुसार तो राक्षस शार्दूलान आपण्यांलें रूप एक पक्षीले रूपांतु परिवर्तन करनुं घेतलें. आनि सुग्रीवान सुग्रीवा लें लागीं गेलो. आनि ताका  जें रावणान सांगिल्लें ते तरेन उलयलो. पुण  सुग्रीवालि प्रतीक्रिया ताका अनपेक्षित आशिल्लि, कारण तागेले शब्द आयकूनु सुग्रीवान तागेलो जीवघेवचाक आकाशांतु उड़ी घेतली आनि ताका सकयल हाडलें. वानर ताका धरनुं मारचाक लागले. तेन्नां कळवळत ताणें श्रीरामाक म्हळें, दूत म्हण्णुं

आयिल्ल्यालो जीव घेव न्हंय. वानरांक नियंत्रित कर. पक्षीले कळकळ आयकूनु श्रीरामान पक्षीक मार नाका म्हण्णुं सांगलें.

श्रीरामाले कडचान जीवदान मेळिल्यान पक्षिरूपांतलो तो राक्षसविचारचाक लागलो रावणाक तुगेलो संदेश म्हण्णुं सांगू? युगे,कीव म्हणालो, सांग रावणाक, तूं मेगेलो सहचर न्हंय, तो करुण दाखोवचो तसलो ना, मेगेले कडचान कसलेयी अपेक्षा करनाका, तूं तुगेले सहकारी संयत यमसदनाक वच्चाक योग्य आसा. आमिं लंकेक येवनुं तुका, तुगेले आप्त बांधवांक मारनुं लंकापुरी उध्वस्थ करचे आसाचि. मूर्ख राक्षसा, तुका आनि कुंभकर्णाक मारयलें शिवाय श्रीराम स्वस्थ आसचो ना, ज़री तूं आकाशांतु किंवा पाताळांतु निपून बसलो वा कैलासांतु शिवाक शरण गेलो. हे तीन लोकांतु तुका रक्षण करचे कोणिंयी नांचि. तुगेले पेक्षां वयान जास्त जटायूलि तूंवे हत्या केलि, जर तूं शूर वीर आसा तर श्रीराम लक्ष्मण आसतानां सीतेलें अपहरण कित्याक केलें ना? तूं जाणना, श्रीराम कितलो पराक्रमी आसा, जो देवांपेक्षा जास्त शक्तिमान आसा. तो तुका मारनुं सोडलें शिवाय स्वस्थ आसचो ना.

तेन्नां अंगद म्हणालो तो दूत न्हंय, माका दिसता तो गुप्तचर आसतालो. जेन्नां वानरांनि परत त्रास दिवचाक सुरवात केलि तेन्नां ते राक्षसांन कळवळ श्रीरामक विनवणि केलि कीं केवल तोचि तागेलें रक्षण करूं शकता. अन्यथा जें पाप हांवे जन्मापासून केलिलें आसा तें सर्व तुगेले पदरांतु पड़तालें. श्रीरामाक ते पक्षीक जावचे पोळोवचाक जाले ना , देकून ताका मुक्त करचि आज्ञा दिलि. शार्दूल राक्षसाक मुक्त केले नंतर श्रीराम समुद्राचे चटावयर दर्भाचे हांतळावयर पूर्वदिशेक मुख आनि आपण्यालो हातूचि मस्तकाक आधार दीवनुं निकलो. जे हातांतु पयलें सीता आसतालि, जे हातान पयलें शत्रूंक भय निर्माण करताले, जे हात पयलें मित्रांक आनंद आनि दुर्बलांक आधार दिताले, दान दिताले धैर्य दिताले ते हाता आतांसमुद्र तटावयर आशिल्ले. डाव्वो हात धनुष्य धरनुं सबळ जालियों उजवो हात बाण अचूक नेम धरचांचु तत्पर आशिल्लो तो आयज श्रीरामाले शिर स्थिर दवरनुं विचारकरचाक मदत करत आशिल्लो.

श्रीराम मुखा वयलें कार्याचो विचार करत वरुणदेवालि प्रार्थना करत आशील्लो. तरियी जेन्नां वरुणदेव धर्म रीत रीवाजाप्रमाणे प्रसन्न जावनुं दर्शन दीना जालो तेन्नां श्रीराम समुद्रावयर क्रोधित जालो, दोळे सान जावनुं ताणें लक्ष्मणाक म्हळें, पळयवरुणालो अहंकारु! साधुस्भाव, शुभसंकल्प, मृदुवचन असले लक्ष णं अवगुणांनि आशिल्यांक मान्य आसनांचि. संसारांतु जो आत्मप्रशंसा करता, लांच घेता, लाज सोडता,तेचि मनुष्याली प्रशंसा जायत आसता. लक्ष्मण ध्यानांतु दवर, हे संसारांतु श्रेष्ठत्व, ऐश्वर्य, कीर्ति मेळोवचें संवाद करनुं सहसा साध्य ना "समुद्रस्य ततः क्रुद्धो रामोरक्त अन्त लोचनः | समीपस्थम् उवाच इदम् लक्ष्मणम् शुभ लक्ष्मणम् || अवलेपम् समुद्रस्य न दर्शयति यत् स्वयम् | प्रशमः च क्षमा चैव आर्जवम् प्रिय वादिता || असामर्थ्यम् फलन्ति एते निर्गुणेषु सताम् गुणाः | आत्म प्रशंसिनम् दुष्टम् धृष्टम् विपरिधावकम् || न साम्ना शक्यते कीर्तिर् न साम्ना शक्यते यशः || प्राप्तुम् लक्ष्मणलोके अस्मिन् जयो वा रण मूधनि |"

देकून श्रीरामान मनांतु निश्चय केलो कीं वरुणदेवालो अहंकार समूळ नश्ट करका आनि आपण्याले कार्यांतु सहभाग जावका. तो लक्ष्मणाक म्हणालो, पळय आतां मेगेलेएक बाणान सागराचें उदाक पूर्ण सुखोवनुं का डतां. क्षमाशील आशिल्ले माका हो सागर समजता किं हांवु दुर्बल आसा. अहंकारी वरुणा क्षमा करचि एक व्होड चूक जातालि.मृदु शब्द उलयिल्यान वरुण प्रत्यक्ष जावचो ना.मेगेलो धनुष्य बाण घेवनुं यो, वरुणाक समज दिवचो क्षण आयला. वानरांक सहर पार करचे खातिर सागर सुखोवनुंकाढ़ता. हे तरेन सांगताना श्रीरामाले दोळे बाण धनुष्याक लायताना लांलबुंद जाले, जे तरेन विश्वाचो विनाश जाताना काळाग्नि

भगभगता. जेन्नां तो बाणधनुष्यांतल्यान सुटलो तेन्नां तो देवेन्द्रालो घोर वज्रायुधातरेन झळकतालो. समुद्राचिं पाळं ते बाणांक लागून सर्पांतरेन सळसळचाक लागलिं.  अनेक मासळी आनिसिसरी कलकल अवाज करताले आनि वारो वेदान् व्हांवचाक लागलो. समुद्रांतल्यान शिंपले, शंख पाळांसकट वयर आयले. पाताळांतल्यान अनेकानेक दानव, नाग, सर्पआनि। अन्य निवासी खळबळले. विन्ध्य आनि मन्दार पर्वता तरेन महान् पाळं सागरालि पातळी वयर घेवनुं आयले ."सम्पीड्य च धनुर् घोरम् कम्पयित्वा शरैर्जगत् | मुमोच विशिखान् उग्रान् वज्राणि इव शत क्रतुः || ते ज्वलन्तो महावेगास् तेजसा सायक उत्तमाः | प्रविशन्ति समुद्रस्य सलिलम् त्रस्त पन्नगम् || ततो वेगःसमुद्रस्य सनक्र मकरो महान् | स बभूव महाघोरः समारुत रवस् तदा || महाऊर्मि माला विततः शन्ख शुक्ति समाकुलः | सधूम परिवृत्त ऊर्मिः सहसा अभून् महाउदधिः || व्यथिताः पन्नगाः च आसन् दीप्त आस्या दीप्त लोचनाः | दानवाः च महावीर्याः पाताल तल वासिनः || ऊर्मयः सिन्धु राजस्य सनक्र मकरास् तदा | विन्ध्य मन्दरसम्काशाः समुत्पेतुः सहस्रशः ||".

तेन्नां श्रीमान सागर सुखोवनुं काडचो परिणाम लक्ष्यांतु येवनुं लक्ष्मण तक्षण म्हणालो, राम तूंवे शांत जावचाक जाय. परत फिर म्हण्णुं सांगून ताणें बाण सोडचे पासूनताका राबोवनुं सांगलें, सागर नाश केले शिवाय दुसरो मार्ग आसूं शकता आनि आमगेलें लक्ष्य प्राप्त जावू शकता. तुगेले तसले पुरुषान् क्रोधाक वसी पडन्हंय. देकूनतुगेलो क्रोध त्याग कर. स्वस्थ आसून शांत मनान विचार करयां. शिवाय आकाशवाणी मुखांतर ऋषीमुनींनीं सांगल्यां, बस, पुरों आतां! पुण अजून कोप आयिल्लेंश्रीरामान सागराक म्हळें, राह आयतां तुका पाताळासयत पंखों नुं सोडतां, जाका लागून मेगेलि वानर सेने सहज पार करनुं लंकेक वचू शकतालि. सागरा तुका मेगेलेशक्तीची कल्पना ना. तुका निश्चित् पश्चात्ताप करचो क्षण शीघ्र येतालो. तदनंतर आपण्यांलें ब्रह्मास्त्रधनुष्या क लावनुं दोरि ओढनुं सागराचें दिशेन  नेम धरलो.तेन्नां असो भास जालो जशें कांय धरती पासून आकाश वेगळो जायत आसा. सूर्य, चंद्र, नक्षत्रं जशें कांय वांकडे फिरताचि. आकाशांतु सूर्याचो प्रकाश पसरत आसल्यारियीसर्वत्र अंधःकार दिसतालो. सहस् उल्का पसरचें दिसताले आनि मेघाचो गड़गड़ाट आयकताले."विचिन्वन्नाभिजानासि पौरुषम् वापि विक्रमम् | दाव्नवालय सम्ताप म्मत्तो नाम गमिष्यसि || ब्राह्मेणास्त्रेण सम्योज्य ब्रह्मदण्डनिभम् शरम् | सम्योज्य धनुषि श्रेष्ठे विचकर्ष महाबलः || तस्मिन्विकृष्टे सहसा राघवेण शरासने | रोदसीसम्पफालेव पर्वताश्च चकम्पिरे ||  तमश्च लोकमावव्रे दिशश्च न चकाशिरे | प्रतिचुक्षुभिरे चाशु सरांसि सरितस्तदा || तिर्यक् च सह नक्षत्रैः संगतौ चन्द्र भास्करौ |भास्करांशुभिरादीप्तम् तमसा च समावृतम् || प्रचकाशे तदाकाशमुल्काशतविदीपितम् | अन्तरिक्षाच्च निर्घाता निर्जग्मुरतुलस्वनाः ||".

सर्व दिशेन विपरीत लक्षणं दिसत आसल्यारियी श्रीरामान पळयलें की सागर नरम जाला अशें दिसलें. तेन्नां जे तरेन सूर्य दिलिलें आपूर्व दिशेंतल्यान वयर येता चेततरेन सागरांतल्यान आभरणान सुभूषित वरुणदेव वयर येवचें दिसलें. श्रीरामाक नमस्कार करत म्हणालो, पृथिवी, वायु, आकाश, जल आनि अग्नि हे सर्वांक ऋतुनियमांक लागून जे स्थान दिलिलें आसा तें स्थान तान्निं योग्य तरेन वावुरचाक दिवचांतु लोक कल्याण आसा "पृथिवी वायुर् आकाशम् आपो ज्योतिः च राघवः |स्वभावे सौम्य तिष्ठन्ति शाश्वतम् मार्गम् आश्रिताः || तत् स्वभावो मम अपि एष यद् अगाधो अहम् अप्लवः | विकारस्तु भवेद् राध एतत् ते प्रवदामि अहम् || नकामान् न च लोभाद् वा न भयात् पार्थिव आत्मज | रागान्नक्राकुलजलम् स्तम्भयेयम् कथंचन || विधास्ये येन गन्तासि विषहिष्ये ह्यहम् तथा ||".

सागर मुखार सांगता, मेगेले प्राकृतिक स्वभावाक लागून कोणांकयि स्वेच्छेन, लोकान् किंवा भयान माका पार करचें सहसा साध्य जायना. देकून वानरांक सहज पारकरचे खातिर हांवु जागो तुमकां उपलब्ध

करनुं दिता. श्रीराम सागराचें वचन मान्य करता आनि ताणें ओढिल्लो बाण व्यर्थ वचना म्हण्णुं तो खंय सोडचो म्हण्णुं सांगम्हणता. सागर तागेले उत्तरदिशेन निदर्शन करनुं सांगता कीं थंय अभद्र जातीचे जन आसाचि जे मेगेलें उदाक स्पर्श करनुं तें दूषित करताचि. तो बाण तांगेले वयरसोड. श्री राम तागेलें म्हणणें मान्य करता आनि बाण सोडता. तेन्नांचान अभीरांलि ती भूमीं दुभंग जावनुं पाताळांतलि भूंय वयर येवनु ती (सद्याचो राजस्थानप्रदेशांतलि) मरुभूमि रूपान परिवर्तन जालि आनि त्रिलोकांतु श्रीरामान निर्माण केलि म्हण्णुं प्रख्यात जालि "तेन तन्मरुकान्तारम् पृथिव्याम् किल विश्रुतम् ||विपातितः शरो यत्र वज्राशनि समप्रभः | ननाद च तदा तत्र वसुधा शल्यपीडिता || तस्माद्व्राणमुखात्तोयमुत्पपात रसातलात् | स बभूव तदा कूपो व्रण इत्येव विश्रुतः || . . अवदारणशब्दश्च दारुणः समपद्यत || तस्मात्तद्व्राणपातेन अपः कुक्षिष्वशोषयत् | विख्यातम् त्रिषु लोकेषु मधुकान्तारमेव च || शोषयित्वा तु तम् कुक्षिम् रामो दशरथात्मजः |". नंतर तो प्रदेश पूर्णतरेन ओसाड पडिल्ले तरेन जालो आनि श्रीरामाले अनुग् हाँक लागून थंय परत पशुपालन आनिसं वर्धन खातीर योग्य जालो, दूध दहीन, वन वनस्पतीन समृद्ध जालो "पशव्यश्चाल्परोगश्च फलमूलरसायुतः | बहुस्नेहो बहुक्षीरः सुगन्धिर्विविधौषधिः ||एवमेतैर्गुणैर्युक्तो बहिभिः सम्युतो मरुः | रामस्य वरदानाच्च शिवः पन्था बभूव ह ||".

तदनंतर रामाले क्रोधाक लागू घाबरलेलो सागराचो अधिपति वरुणदेव श्रीरामाक उद्देशून म्हणालो, विश्वकर्मालो सुपुत्र नल वानरसेनेतु आसून आपण्याले बापयलेआशीर्वादाक लागून प्रति विश्वकर्म जावनुं आसा. ताणें मेगेले वयर एक सेतु बांदचो जो हांवु उकळनुं धरतां. हे तरेन आश्वासन दीवनुं वरुणदेव अदृश्य जालो. तदनंतरनल श्रीरामाले सन्मुख आयलो आनि जें वरुणदेवीन सांगलें। तें सद्य जावनुं आसा. देकून तो तें पूल अवश्य वानरांले मदतीन बांदतालो, हें आश्वासन श्रीरामाक दिलें. तें आयकूनु सर्व वानरसेनेतु एक चि हर्षोल्लास पसरिलो "समर्थ्श्चाप्यहम् सेतुम् कर्तुम् वै वरुणालये || तस्मादद्यैव बध्नन्तु सेतुम् वानरपुङ्ग वाः | ततो निसृष्ट रामेणसर्वतो हरि यूथपाः || अभिपेतुर् महाअरण्यम् हृष्टाः शत सहस्रशः |".सेतु निर्माण करचें कार्याचि सुरवात जालिकीं व्होड व्होड वृक्ष समूळतोड़नुंआनि जड़ जड़ फातर उकळनुं हाडले. नंतर एकत्रित केलिले वृक्ष आनि फातरान नीलान वानरांले मदतीन सेतूचें निर्माण कार्याचि सुरवात केलि. थोडे वानरांनि वृक्ष आनि फात्तर हास्यास्पद वेगळें वानरांनि सेतु बंदचांतु मदत केलि. पांच दिवचांतु वानरांनि धा योजन रुंद आनि शंभर योजन लांब सेतूचें निर्माण कार्य नलाले बापयले आशीर्वादान पूर्ण केलें. तें महदयाश्चर्याचें कार्य करतानां आकाशांतु अनेक देव, गन्धर्व, ऋषीगण, सिद्ध पुरुष जमिले. सर्वांक दिसतालें किं असलो अद्भुत सेतु बांदचें अशक्य, आश्चर्य चकित करचें आसा "नलः चक्रे महासेतुम् मध्ये नद नदी पतेः || स तदाक्रियते सेतुर्वानरै र्घोरकर्मभिः | दण्डनन्ये प्रगृह्णन्ति विचिन्वन्ति तथापरे || वानरैः शतशस्तत्र रामस्यज्ञापुरःसरैः | पञ्चमेन तथा चाह्ना प्लवगैः क्षिप्रकारिभिः ||योजनानि त्रयोविंशत्सुवे लमधिकृत्य वै | ततो देवाः सगन्धर्वाः सिद्धाः च परम ऋषयः || आगम्य गगने तस्थुर्द्रष्टुकामास्तदद्भुतम् | द शयोजनविस्तीर्णम् शतयोजनमायतम् || ददृशुर्देवगन्धर्वा नलसेतुम् सुदुष्करम् | आप्लवन्तः प्लवन्तः च गर्जन्तः च प्लवम् गमाः || तम् अचिन्त्यम् असह्यम् च अद्भुतम् लोम हर्षणम् | ददृशुः सर्वभूतानि सागरे सेतु ब न्धनम् ||".

तदनंतर कोटि कोटि वानर सागरावयलो तो सेतु सहज पार करनुं लंकाद्वीप गेले. सर्व प्रथम विभीषणान आपण्यालि गदा घेवनुं आपण्याले सहकारी सहित पारिप्लवाथा केलें. तेन्नां सुग्रीवान वीनंति केलि कीं श्री रामान हनुमंतालेखांद्यावयर आनि लक्ष्मणान अंगदाले खांद्यावयर बसून आकाशभ्रमण करनुं येवचाक जाय. सुग्रीवान सांगिल्ले तरेन श्रीराम आनि लक्ष्मण सर्वांपयले लंकाद्वीपावयर पावले. वानर अति

उत्साहानसेतु पार करत आशिल्यान वानराले कोलाहलांतु सागराचो अवाज आयकुवचाक येतनाशिल्लो. श् की रामालें हें अद्भुत आनि कठीण कार्य पोळोवनुं आकाशांतु जमलेले देव, सिद्ध, ऋषिगन्धर्वा आश्चर्यान पळयत पुष्पांचो वर्षाव परत परत करत आशिल्ले. ताणिं श्रीरामाक आशीर्वाद दिलो, शत्रूंवयर विजय प्राप्त कर, धर्तरि आनि सागरा वयर साम्राज्य स्थापित कर म्हण्णुं देव समान आशिल्ले ते अनेक सिद्ध, ऋषीगणांवि आशी  वर दिलो. "जयस्व शत्रून्  नर देव  मेदिनीम् | ससागराम् पालय शाश्वतीः समाः | इति इव रामम् नर देव सत्कृतम् | शुभैर् वचोभिर् विविधैर् अपूजयन् ||".

ooooo

## अध्याय 4

श्रीरामाक सेतु बांदून पूर्ण जालिलो पोळोवनुं आनंद जालो आनि तो लक्ष्मणाक आलिंगन दीत म्हणालो, आमिं लंकेंतु आयिल्ले काआसाचि. पुण विपरीत लक्षणं द्रिश्टीक पड़त आसाचि. “वाताश्च कलुषा  वान्ति वसुन्धरा | पर्वताग्राणि वेपन्ते पतन्ति च महीरुःआः || मेघाः क्रव्यादसम्काशाः परुषाः कम्पते च परुषस्वनाः | क्रूराः क्रूरम् प्रवर्षन्तिमिश्रम् शोणितबिन्दुभिः || रक्तचन्दनसम्काशा संध्या परमदारुणा | ज्वलतः प्रपतत्येतदआदित्यादग्निमण्डलम् || दीना दीनस्वराः क्रूराः सर्वतो मृगपक्षिणः | प्रत्यादित्यम् विन र्दन्ति जनयन्तो महद्भयम् || रजन्यामप्रकाशस्तु सम्तापयति चन्द्रमाः |कृष्णरक्तांशुपर्यन्तो लोकक्षय इवोदि तः ||" - वारो विचित्र व्हांवत आसा, धर्तरी थरथरत आसा. पर्वताचे शिखर हालयताना आनि झाडं झडनुं सकयल पड़ताना, काळे मेघ अवाज करत गड़गड़ताना, रक्तान मिसळिलो पावूस पड़ताना, ित्र येता सांजेचो आकाश रक्तचंदनतरेन लाल जालिलो आनि सूर्य वचुटकुले पडताकीं कांय,  प्राण-पक्षींनी मान वयर करनुं भितीन ंतु नामरडताना, चन्द्रावयर सृष्टिचो संहार जाताना, सूर्याचो किरणं तांबूस रंगाचे जालिले तरेन दिसताना, मनांतु विचार येवनुं सृष्टि संहार जावचो आसा अशें भास आसला,

युद्धाचि सुरवात जाले नंतर अनेक शूर वीर वानरांलो संहार जावचोचि आसा. रणांगण मेलिले शरीरान आनि तांगेले रक्तान भरनुं वच्चें आसा. रावणालो जीव हांवु घेवचो आसा, सीतेक मुक्त करचें आसा. देकून आमिं समय वायट करचो न्हंय, दर एक क्षण महत्वाचें आसा. आतां सर्व सैन्य वेगळें वेगळें करनु व्यूहरचना करचाक जाय; प्रत्येकांक विंग-विंगड काम करचाक जाय. श्रीरामान लक्ष्मण, विभीषण, सुग्रीव, हनुमंत, अंगद, बरोबर संवाद, विचार विनियम करनुं मागिर लंकापुरीचे दिशेन चलले. सर्वांनि हे तरेन उत्साहान युद्धाक वच्चें पोळोवनुं सर्वत्र आनंद पसरिलो.  लंकापुरीचे दिशेन आकाशा मेरेन दुमदुचे अवाच करत येवचें आनि अथांग सागरातरेन पसरलेले श्रीरामालें वानरसैन्य पोळोवनुं रावणाले दोळे क्रोधान लाललाल जाले आनि मनांतु एक अनपेक्षित चिंतेचि कीट दिसलि. ताणें तक्षण अकस्मात् शुक आनि साराना वयर तापलो. जशें जशें रावणालें तोंड काळें नीळें जायत आसतालें तशें तशें शुक आनि कारण माथें वाकून शिक्षा मेळचि वाट आशिल्ले. पुण रावण रागावलों ना, तांगेलें पयलेंचि सेवा लक्ष्यांतु घेवनुं तांका क्षमा केलि.

तदनंतर रावणान नवे गुप्तचरांक तागेले मुखार उभे करचाक सांगलें. ते आयलेकिं तांका श्रीरामाले, तागेले सहकारींले, हितचिंतकांलि सविस्तर वृत्तांत प्राप्त करचाक,तेचि तरेन ते केन्नां निदिले आसताचि आनि के न्नां जागे आसताचि ती माहिती प्राप्त करचाक आज्ञा दिलि. जेन्नां ते राक्षस गुप्तचर श्रीरामाक शोधत गेले ते न्नां तोलक्ष्मण आनि सुग्रीवाले बरोबर उलयत बशिल्लें पळयलें. ती महान् वानरसेना ते पळयत आसताना विभीषणाले नदर तांगेले वयर पडलि आनि तांतूतले शार्दूल नांवाचे क्रूर राक्षसाक ताणें पकडलें. आनि

उरलेले राक्षस जीवनांतु जीव शांभाळनुं लंकेक परत पावले आनि ताणिं राम सुवास पर्वता लागीं ठाण्य मारनुं बसला .

तो समाचार आयकूनु रावण अस्वस्थ जावनुं गुप्तचरांक म्हणालो, तुमगेलें सर्वांलिं स्थिति निराश जालिले तरेन दिसता, तुमकां कसलें सांगचें आसा. तेन्नां ते गुप्तचर म्हणाले किं वानरांनि रामाक इतलें। सुरक्षित दवरिलें आसा कीं तागेले विशय माहिती गोळा करचें साध्य जालें ना. आमकां विभीषण आनि रामाक शरण गेलिले राक्षसांनि ओळोखून आमकां परोपरीन विचारताले. आमगेलि अनेक तरेन मारहाण केलि आनि अखेरिक रामाले सन्मुख उभें केलें. आमगेले शरीर रक्तबंबाळ आनि मन भ्रमिष्ट जालिलें. जेन्नां वानरसेनेक परत परत मारत आशिल्ले तेन्नां रामान तांका राब राब म्हण्णुं राबयलें. रामान असंख्य फात्तर आनी झाडं समुद्रांतु घालनुं एक लांब रुंद सेतु बांदून शस्त्र अस्त्रांनि समृद्ध असलें वानरसैन्य घेवनुं लंकाद्वीपांतु प्रवेश केलिलो आसा. माका कामान् मुक्त चर केलें पुण लंकापुरीवयर आक्रमण करचे खातीर सर्व दिशेन गरुड़ पक्षीतरेन व्यूह रचना केलिलि आसा. देकून ताणें लंका पुरीचें द्वार खटखटायें पयलें सीतेक रामालें स्वाधीन करचेंचि योग्य दिसता. पुण रावणाक तें मान्य जालें ना. तो म्हणालो, देव-दानव, यक्ष-गन्धर्वांनि सांगल्यारियी हांवु सीतेक रामाले स्वाधीन करचो ना. तुमिं रामाले सेनेंतले शूर सैनिक कोण आसाचि, ही माहिती काडिल्ले आसावे? तसलो तांगेलो प्रभाव आनि कितलिं कठीण तांगेले वयर विजय प्राप्त करचें? तें सर्व समजूनचि मेगेले नंतरचे विचार निश्चित करू शकतालों.

तेन्नां सारण गुप्तचरांन सुग्रीव, जांबुवंत, अंगद, नील पासून हनुमंत पर्यंत वानरवीरांलि ओळख करनुं दीवनुं अखेरिक श्रीराम लक्ष्मणालि महत्व पटोलनुं दिवचो प्रयत्न केलो. राम सिंहातरेन चलचो दशरथालो पुत्र आसून ताणेंचि घर आनि त्रिशिरालि हत्या केलिलि. तागेले समान शूर वीर अन्य कोणिंयी अन्य नासून ताणेंचि विरोध आनि कहन्धालो वध केलिलो. हे धर्तरिर कोणिंयी नांचि जे तागेले शौर्याचें वर्णन करू शकताले. लक्ष्मण तागेलो धाकलो भावु, सहस्र हस्तीलें शक्ति आशिल्लो, कोणांले बाणांचोप्रतिकार इन्द्र सुद्धां करचाक शकना. तांका विभीषण मदत करत आसा , सिंहातरेन चलचो दशरथालो पुत्र आसून ताणेंचि घर आनि त्रिशिरालि हत्या केलिलि. तागेले समान शूर वीर अन्य कोणिंयी अन्य नासून ताणेंचि विरोध आनि कहन्धालो वध केलिलो. हे धर्तरिर कोणिंयी नांचि जे तागेले शौर्याचें वर्णन करू शकताले लक्ष्मण तागेलो धाकलो भावु, सहस्र हस्तीलें शक्ति आशिल्लो, कोणांले बाणांचोप्रतिकार इन्द्र सुद्धां करचाक शकना. तांका विभीषण मदत करत आसा - "पुत्रो दशरथस्येष सिम्हसम्हननो युवा | दूषणो निहतो येन खरश्च त्रिशिरास्तथा || नास्तिरामस्य सदृशो विक्रमे भुवि कश्चन | विराधो निहतो येन कबन्धश्चान्तकोपमः || वक्तुम् न शक्तो रामस्य गुणान् कश्चिन्नरः क्षितौ | जनस्थानगता येन तावन्तोराक्षसा हताः || लक्ष्मणश्चात्र धर्मात्मा मातङ्गवामिवर्षभः | यस्य बाणपथम् प्राप्य व जीवेदपि वासवः || राक्षसानाम् वरिष्ठः च तव भ्राता विभीषणः | परिगृह्य पुरीम्लंकाम् राघवस्य हिते रतः||".

ते नंतर शुक गुप्तचर वानरांले तें सैन्य दाखयत म्हणालो, पळय क चा परिवर्तन करू शकताचि. पळय ते कोटि सहस्रान् सहस्र वानर जे तिषकिन्धापति सुग्रीवाले सेवक आसाचि. हस्तितरेन मदमत्त, शक्तीन समुद्रांतु कल्लोळ करू शकचो वानरश्रेष्ठ, जो पयलें लंकेंतु सीतेलों शोध घेत आयिल्ल्यान तूं जाणता, जो केसरीलो पुत्र आसून वायुदेवाले अनुग्रहान जन्म घेतिल्लो, जो वीर आनि वायुतरेन शीघ्र आसून ताणें समुद्रोल्लंघन केलिलें, उशःकाळांतु उद्यान येवचो सूर्य पोळोवनुं खावचें फल म्हण्णुं समजून तीन सहस्रयोजन उड़ी मारलि, तोचि हनुमंत आसा. तागेले शक्तीचें वर्णन करचें सहसा साध्य ना. लंकेचो पयलें उन नाश केलिले तरेन तो परत सर्व उध्वस्थ करचाक अनुमति मागत आसा.

हनुमंताले लागीं उभो आशिल्लो नीलवर्णाचो, कमलफुलातरेन दोळे आशिल्लो, ईक्ष्वाकू कुळांतलो महारथी, त्रिलोकांतलो पुरुषोत्तम, कोणांले वर्तनांतु धर्म-अधर्मांतु विपरीत व्यवहार ना, ब्रह्मास्त्र धनुष्या वापरचांतु निष्णात आनि वेदविद्येंतु पारंगत, जो आपण्याले बाणान आकाशांतु छेद आनि पर्वत चूर चूर करू शकता, कोणाक मृत्युतरेन क्रोध आनिइन्द्रातरेन पराक्रम आसा, कोणांले पत्नीरूपान तुगेलें अपहरण केलिलें आसा, तुगेले बरोबर युद्ध करचाक आयिलो तो राम आसा - "यः च एषो अनन्तरः शूरः श्यामः पद्म निभ ईक्षणः || इक्ष्वाकूणाम्अतिरथो लोके विख्यात पौरुषः | यस्मिन् न चलते धर्मो यो धर्मम् न अतिवर्तते || यो ब्राह्मम् अस्त्रम् वेदामः च वेद वेदविदाम् वरः | यो भिन्द्याद् गगनम् बाणैःपर्वतामः च अपि दारयेत् || यस्य मृत्योर् इव क्रोधः शक्रस्य इव पराक्रमः | यस्य भार्या जन्स्थानात्सीता चापि हृता त्वया || स एष रामस् त्वाम् योद्धुम् राजन्समभिवर्तते |".

रामाले उजवे बाजून भांगरातरेन प्रभावित, तांबूस रंगाचे दोळ्यांचो, विशाल भुजांचो, कुरळे केसांचो तागेलो भावु लक्ष्मण, प्राणापेक्षा प्रिय आसून तो सर्व शास्त्र निष्णात आसा. स्वभावान शीघ्रकोपी, विजय प्राप्त करचाक कठीण, बुद्धिमान् आनि बलवान्, रामाले खातीर जीव दिवचाक सदा सिद्ध, सर्वराक्षसांलो विद्धंस करचि इच्छा धरता "यः च एष दक्षिणे पार्श्वे शुद्ध जाम्बू नद प्रभः || विशाल वक्षास् ताम्र अक्षो नील कुन्चित मूर्धजः | एषो अस्य लक्ष्मणो नाम भ्राता प्राण समः प्रियः || नये युद्धे च कुशलःसर्व शास्त्रभृताम् वरः | अमर्षी दुर्जयो जेता विक्रान्तो बुद्धिमान् बली || रामस्य दक्षिणो बाहुर् नित्यम् प्राणो बहिः चरः | न हि एष राघवस्य अर्थे जीवितम् परिरक्षति ||एष एव आशंसते युद्धे निहन्तुम् सर्व राक्षसान् |".जो डाव्वो बाजून दिसता तो विभीषण आसा. रामान ताका राजा म्हण्णुं अभिषिक्त केलिल्यान तो तुगेले विरुद्ध युद्ध करचाक उभो राबला. ते सर्वांक मदत करचाकसहस्रान् सहस्र को ि वानरांक घेवनुं किष्किंधाधिपति सुग्रीव आयला. हें विशाल प्रज्वलित ग्रह तरेन भगभगचो सैनिकांलो समुदाय ध्यानांतु घेवनुं शत्रूंचान पराजित जाय नासतानानिश्चित विजय प्राप्त करचो निर्णय तुका आतां घेवचो आसा "इमाम् महाराज समीक्ष्य वाहिनीम् | उपस्थिताम् प्रज्वलित ग्रह उपमाम् | ततः प्रयत्नः परमोविधीयताम् | यथा जयः स्यान् न परैः पराजयः ||".

ooooo

## अध्याय 5

श्रीराम, लक्ष्मण, सुग्रीव, हनुमंत, विभीषणाले शूरवीरांनि एकत्रित यंत्रणेंतु हाडिल्लें आनि गुप्तचरान निदर्शन केलिलें विशाल वानरसैन्य पोळोवनुं रावणालें काळीज कळवळलें. क्रोध येवनुं हो अशुभ समाचार दिलिले आनि युद्धाचितयारि जायत आसतानां, शत्रूंले शौर्याचें कथन करचे धाडस केलें म्हण्णुं तो ते गुप्तचरांवयर ओरडलो. गुरु आनि म्हालगड्यांले कडचान कांयी ख आनि शिकत नासतानातुमिं व्यर्थ जीवन जगत आसाचि. तुमिं मूर्ख आनि अज्ञानी आसून आतां पर्यंत तुमगेले ले मदतीन हांवे राज्य कशें सांभाळचें, हेंचि आश्चर्य जाता. माका असले अशुभसमाचार दिवचें पयलें तुमकां मरणांचे भय कशें दिसलें ना? रानांतु उजो लागल्यारियी थोडी झाड़ जीवंत आसू शकताचि, पुण राजाले दिशेन अपराध जाल्यार ताका क्षमाना. तुमगेले मेगेलेप्रति पूर्व सेवा लक्ष्यांतु घेतलें नासल्यार हे गुप्तचरांक शिक्षा निश्चित आशिल्लि. रावणाले उत्रांनि ते गुप्तचर कासावीस जाले आनि तक्षण थंयचानदूर गेले.

रावणालें मन व्होड संभ्रमांतु पडलें. दुष्टचरांवयर असंतोष व्यक्त केले तरियी रामाले शक्तीचें वर्णन आयकूनु ताका आपण्याले शक्ति विशय मनांतु पाल चुक चुकलि.तागेलें दुष्ट मन अजून विकृत विचार करचाक लागलें. सरळ मार्ग दीसना तर वांकडो मार्गावयल्यान वच्चें बरें, शीवाय आतां पर्यंत ताणें सरळ मार्ग खंय स्वीकारिलो?रावण बुद्धिमान आसून धर्म-अधर्माचें ज्ञान आशिल्लें. पुण तागेले गुण सभाव विकृत आशिल्यान धर्म जाणत आसल्यारियी धर्माचरण ताका मानवालें ना, अधर्म जाणतआसल्यारियी अधर्माचरण ताका सुटलें ना. देकून ताणें तुरंत महामायावी विद्युज्जिह्व राक्षसाक समक्ष येवचाक सांगलें. ताका घेवनुं सीता आशिल्ले स्थाना दिशेन अंशोंकवनांतु गेलो. अशोकवनायंतु पावलेकिं रामाले साद्दश्य एक शिर आनि सम समान बाण धनुष्य मायाशक्तीन निर्माण करचाक सांगलें.

विद्युज्जिह्व मायावीन सांगिल्ले तरेन केलिले शिर, बाणधनष्य घेवनुं तो सीतेले सन्मुख गेलो. तेन्नां दीन अवस्थेंतु आशिल्लि सीता श्रीरामालो उडगास क़ाडत दु:खीमनान बशिल्लि. तिका पोळोवनुं तो म्हणालो, जे मनुष्याविषय तूं सतत विचार करत आसता आन कोणांले खातीर तूंवें माका स्वीकारलें ना, तो राम युद्ध करताना मृत्युमुखांतु पडिल्लो आसून तुगेले अहंकार दुखावला आनी तूं आतां निराश्रित जालिलि आसा. तूं मेगेलि पत्नि जावचाक कसलेयी अड़चण ना. देकून सोड हो तुगेलो हट्ट आनि मेगेलि राणी जावनुं सुख भोग. अयशस्वी विवाहानंतर आयक आतां जे तरेन राम युद्धांतु मृत्युमुखांतु पडलो. विशाल वानरसैन्य घेवनुं मेगेलि हत्या करचाक राम लंकेंतु आयिलो

पुण जेन्नां तागेलें सैन्य रात्रि निदिलें तेन्नां मेगेले सैनिकांनि ते सर्वांक थंयीचि मारनुं उलयलें. तेन्नां प्रहस्त नावांचे एक राक्षसवीरान रामाले शिरोच्छेद केलें, विभीषणाकबंदी केलें, लक्ष्मण आनि अन्य वानर सैन्य वेगवेगळें दिकान धांवनु गेले किंवा यमसदनाक गेले. हे तरेन तुगेले पतीलें सर्व सैन्य यशस्वी जाय नासताना पूर्णतरेन नाशजालें. रामालें वेगळें केलिलें शूर घेवनुं मेगेले सैनिक आयले. मागिर सीतेन आयकुवचाक जाय तितलें व्होड अवाजान रावणान थंय आशिल्ले राक्षसींक सांगलें, रामालें शीर घेवनुं आयिले ते विद्युज्जिह्वाक आपय. तेन्नां तो राक्षस सांगिल्ले तरेन शिर आनि धनुष्य-बाण घेवनुं आयलो. सीतेले सन्मुख दवरनुं गेलो. तेन्नां पळय रामाले त्रिलोकांतु प्रसिद्ध आशिल्लि धनुष्य-बाण, म्हणत रावणान ते सीतेले पाया सकयल उडयले. मेगेले पत्नि जाल्ले शिवाय तुका गत्यंतर ना म्हण्णुं सांगलें.

जेन्नां रामाले साद्दश्य तें मायावी शिर सीतेन पळयलें तेन्नां तें द्दश्य असह्य जावनुं ती व्होड स्वरान रडत हे सर्वांक मूळ कारण जावनुं आशिल्ले कैकयीक दोष दीत आक्रोश करचाक लागलि.कैकेयीतुगेलि मनोकामना पूर्ण जालि, ईक्ष्वाकू कुलदीपक आयज अस्तंगत जालो. कुळाचे सर्व नाश जालो केवल एक कलहप्रिय स्त्रीक लागून! कामान् तुगेलो कसलोा अपराध केलिलो जे खातिर तूंवे रामाक वल्कल धारण करनुं रानावनांतु धाडलें? हे तरेन विलाप करत सीता कापिलें झाड़ पडिल्ले तरेन बेशुद्ध पडलि.

थोडे क्षण नंतर शुद्ध येवनुं सीता ते शीर पळयत म्हणालि, हांवे तुगेलें मरण पळयलें, हांवु विधवा जालिं. पत्नी पयलें मरचें हें अशुभ चिन्ह म्हणताचि, तूं सत्कर्मी आसून पयलें तूं गेलो. मेगेले द:खांतु साथ दिवचो, तोचि शत्रूंपासून मरणोन्मुख जालो. कौसल्या आतां आपण्याले पुत्रविना रोकी जालि, जे तरेन गाय वासरूविना! ज्योतिषी सांगताले तुका दीर्घ आयुष्य आसा, पुण तुगेलें वयोमान तर क्षीण जालो. शास्त्र जाणचे तुका अनपेक्षित मृत्यु कशें साध्य आसतालो ? अनर्थ दूर करचें ज्ञान आशिल्ले हे तरेन सीता तुका मृत्यु कित्याक धुंकळचाक जालो ना ? तुगेलो पिता मेगेले श्वशूर राजा दशरथाक तूं निश्चित स्वर्गांतु भेटिलो आसतालो. तूं कित्याक माका पळयना, कित्याक उलयना, पत्नि हांवु साथी तुगेली, जीवनभरचि. याद कर,

जीवनभर रक्षण करता म्हण्णुं तूंवे दिलिलें आश्वासन. सोडनुं गेलो कित्याक मदेंचि हात सोडनुं? हांवूचि अपशकुनी, पूर्व जन्मांतु पाप केलिलें षासतालें. श्रीरामाले बरोबर विवाह करनुं तागेले मृत्यूक कारण जालें. रावणा मारनुं काडा माका, मेगेले पतीले मुखार, जाका लागून उत्तम पुण्य प्राप्त कर. हे तरेन दु:ख करत सीता परत परत हळहळतालि. हे तरेन द:खान सीता आक्रोश करतालि तेन्नां रावणाक दरबाराचे कार्यक्रम पूर्ण करचे खातीर मंत्रिजन  आयले, देकून रावण दरबाराचे दिशेन गेलो.  रावणान थंयचान गेलेकीं तें शिर आनि धनुष्य-बाण सुद्धां दीसनाशीं जाले.

दरबारांतु गेलिलें पोळोवनुं सीतेले रक्षण करचाक दवरिलें राक्षसींतु क्रमात् नांवाचे एक राक्षसीक समजून चुकिलि किं रामालें शीर म्हण्णुंजें सीतेक रावणान दाखयिलें तें सत्य नाशिल्लें पुण सीतेक फसोवनुं वापरि लें एक मायावी कपट कारस्थान आशिल्लें. देकून तिगेलें मनांतु दयेचें अंकुर फुटून ती सीतेकसांत्वन कर त म्हळ्ळें किं जें तुका रावणान सांगले तें हांवे आयकल्यां आनि जे तरेन तुगेलि .प्रतिक्रिया आशिल्लि ती प ळयल्यां. जे तरेन रावण गड़बड़ाने तुका सोडनुंगेलो हें सुद्धां हांवे जाणून घेतल्यां. रामाक निदिल्ले तेन्नां मारचें अशक्य आसा आनि तो जागें आसताना मारचें असंभव आसां. विश्वास दवर, रामाक कोणिंयी मारलें ना,रामाक मरण आयलें ना. खंयचेंयी वानरांक मरण आयिलें ना, रामाले सुरक्षतेक लागून तांका मर ण येवचें सुद्धां असंभव आसा. रावणाले विकृत बुद्धीन लागून तुगेलेविशय कपट कारस्थान निर्माण करचांतु  आयल्यां. देकून शोक करचें सोड, सर्व शुभ समाचार शीघ्र तुगेले दिशेन येवचे आसाचि. जें हांवु साँचा, तें ल क्ष्य दीवनुं आयक.समुद्रोल्लंघन लंघन करनुं रामान लंकेंतु प्रवेश केलिलोआसा. हांवे पळयल्यां ताका "न शक्यम् सौप्तिकम् कर्तुम् रामस्य विदित आत्मनः | वधश्च पुरुष व्याघ्रेतस्मिन्न् एव उपपद्यते || न च एव वान रा हन्तुम् शक्याः पादप योधिनः | सुरा देव ऋषभेण इव रामेण हि सुरक्षिताः || अयुक्त बुद्धि कृत्येन सर्व भूत वि रोधिना | इयम्प्रयुक्ता रौद्रेण माया मायाविदा त्वयि | शोकस् ते विगतः सर्वः कल्याणम् त्वाम् उपस्थितम् | ध्रुव म् त्वाम् भजते लक्ष्मीः प्रियम् प्रीति करम् शृणु || उत्तीर्य सागरम् रामःसह वानर सेनया | सन्निविष्टः समुद्र स्य तीरम् आसाद्य दक्षिणम् ||".

जेन्नां सरमा सीतेक सांत्वन करत आशिल्लि तेन्नां अकस्मात् दूरचान शंख, ढोल, झांझ, तुतारी वाजयिलो मेघांचो  गडगडाट  तरेन  भयंकर अवाज आयकुवचाक आयलो. सरमा सीतेक म्हणालि,  तो अवाज एकचि सूचित करता, युद्धाक आतां सुरवात जालिलि आसा. तुगेले  दु:खाचो काळ सोंपलो, कल्याणकारी क्षण शुभ समाचार घेवनुं येतआसा. राक्षसांक भयंकर अपयश आनि क्रोधावयर नियंत्रण दवरिलें पराक्रमी रामाक यश स्पश्ट दिसून येता. रावणालो वध जालोकिं तूं तुगेलो पति रामलो सहवास भोगतालि. शीघ्र तूंवे रामाले बाजून बशिल्लें हांवु निश्चित पळयतालिं. जेन्नां राम तुका आलिंगन दितालो तेन्नां छातीवयर तुगेले अानंदाश्रूंचि धार निश्चित व्हावत आसतालि. रामाले तेज:पुंज मुखौटे दर्शनान तुगेले सर्व दु:खाचे दिवस विसरचांतु येताले. रावणाक वध करनुं राम तुगेले सहवासांतु वर्सान् वर्स सुख, समाधान, ऐश्वर्य कीर्तिवंत उपभोग घेतालो.

युद्धाक आमंत्रण दिवचो शंखनाद आयकूनु रावणान आपण्याले मंत्रि आनि सेनापतींक आपोवनुं विचार करचाक सुरवात केलि. तो म्हणालो, राम आनि तागेले साथी, वानर सेने विशय विस्तारान समजून घेतिल्लें आसा. हांवु जाणतां किं तुमिं सर्व शूर, वीर आसून शस्त्र वापरचांतु निष्णात, युद्कलेंतु कुशल आसाचि. हांवु जाणतां किं तुमिं सर्व रामाले आक्रमणेचे विरुद्ध माका सहकार्य विश्चित आनि नि:संदेह दिताले.  रावणालि उत्रं आयकूनु माल्यवान् नांवाचो एक वृद्ध राक्षस म्हणालो, सांगचांतु येता कीं जी व्यक्ति चार वेद, स वेदांग, पुराण, मीमांस, न्याय आनि धर्मशास्त्रांतु पारंगत आसता, तो दीर्घकाळ शासन करता,

इतलेंचि न्हंय तर शत्रूंक सुद्धां वश करता. जो शत्रूंबरोबर सुद्धां समजूत करता, आनि योग्य समय पोळोवनुं युद्ध करता, तो आपण्याक सामर्थ्यवान् आनि ऐश्वर्यवन् करता. जर शत्रु जास्त बलिष्ठ किंवा समसमान आसता तर संधीचो प्रस्ताव मान्य करका, जर शत्रु कमज़ोर आसता तर ते शत्रूबरोबर संघर्ष करका. मेगेले मतान तूंवे रामाले बरोबर संधीचो प्रस्ताव दवरनुं सीतेक तागेले स्वाधीन करका. सर्व देव, गन्धर्व आनि ऋषी रामाले विजयाचीचि प्रार्थना क्रंच आसताचि. देकून तागेले बरोबर विरोध न्हंय मैत्रि करचाक जाय.

देव धर्म पालन करताचि, राक्षस अधर्म पालन करताचि. विषयासक्त जावनुं तूं अधर्माचो मार्ग चलत आसा. हांवु मानतां की राम दुसरो कोणिंयी नासताना साक्षात्विष्णूचि आसा. सामान्य मानवांक समुद्रोल्लं घन करचें शक्य ना. देकून युद्ध करच्चो विचार सोडनुं दी आनि सीतेक रामाले स्वाधीन कर. तदनंतर राव णाक आपण्यानसांगिल्लें पटलें ना म्हण्णुं दिसिल्यान माल्यवान् राक्षस स्तब्ध बसलो.मृत्यूचे सावळींतू वावु रचें रावणाक ते ज्ञानी राक्षसाले साधुवचन आयकुनुं अस्वस्थ जालो. क्रोधान बुद्धचीवयर फांघरूण घालिले रावणालें तोंड लाल लाल जालें, भोवंयो वांकडे जाले आनि दोळ्यांतल्यान उज्यांतु कीट उसळताचि. तुगेलें उत्रं हितकारी आसल्यारियी, ती शत्रूले प्रशासेचि आशिल्यान नाका ते आयकुवचें ना. जो एक सामान्य मानव आसून बापयले झिडकारिल्यान रानावनांतु भटकता, वानरांलि मदत घेता, तो मेगेले विरूद्ध युद्ध करचाक कशें शकतालो? उलट देव सुद्धां जे व्यक्तीक भीताचि, जो स्वत: सर्व शक्तिमान आसा, तो रामाले लागीं युद्ध करचाक कशें असमर्थ आसतालो? माका दिसता किं तुगेले हे कठीण शब्द मेगेले प्रति द्वेष आनि शत्रूले विशय पक्षपाताक लागून आसा. अन्यथा शास्त्रांतु प्रवीण आशिल्लो खंयचो पण्डित हे तरेन शक्तिशाली व्यक्तीक उलोवूं शकता?
दूरचान हाडिल्लें आनि लक्ष्मीतरेन शुभआशिल्ले सीतेक हांवु कित्याक रामाले स्वाधीन करूं? जे रावणाक देव सुद्धां विरोध करू शकना, कशीं एक सामान्य मानव विरोधकरू शकता? मेगेले दोन तुकडे जावूं पुण हांवु शरण वच्चे ना. हांवु जन्मापासून अशीं आसा आनि मरपर्यंत असींचि आसतालो. समुद्रावयर सेतु बांदल्या तांतूत कौतुककरचें कसलें आसा. सेतु पार केलिलो राम परत जीवंत वच्चो ना.रावणाले क्रोधाक प्रतिकारचाक जा वच्चे साध्य ना म्हण्णुं मान्य करनुं माल्यवान् शिष्टाचारानुसार रावणाक अभिनंदन करनुं स्वस्थानक गेलो. तदनंतर रावणानउरिल्ले मंत्रि आनि सेनापती सहित युद्धाचो तयारीक सुरवात केलि. व्यूहरचनेचे अंतर्गत ताणें प्रहस्ताक लंकापुरीचे पूर्वदिशेचे द्वार, महापार्श्व आनि महेदराक दक्षिणदिशे चें द्वार, इन्द्रजिताक पश्चिमदिशेचें द्वार, शुक आनि सारनाथ उत्तर दिशेचें द्वार,विरूपाक्षाक लंकापुरीचे मेलों भाग रक्षण करचाक आदेश दीवनुं स्वत: र्सवांवयर नदर दवरचें ठरयलें. है तरेन प्रत्येकांक तांगेलि स्थान निदर्श करनुं रावण समाधानी जालो. मागिर समेटें विसर्जन करनुअंत:पुरांतु प्रस्थान करतालो जालो.

ooooo

## अध्याय 6

जेन्नां रावण आपण्याले बाजून युद्धाचि रचना निश्चित करत आशिल्लो तेन्नां श्रीराम सुग्रीव, हनुमंत, जांबुवंताले बरोबर मेळनुं आपण्यालि व्यूहरचनेचो विचार विनिमय करत आशिल्लो. श्रीरामान सर्वांक लक्ष्यांतु घेवचाक सांगलें किं रावणाले लंकेक अजून पर्यंत देव दानव, किंवा नाग गन्धर्वांक जिंकून शकले नांचि. देकून लंका जिंकटे मार्गाचि विचार शीघ्र करचाक जाय. तेन्नां विभीषण म्हणालो, मेगेले साथीदार - अमल, शरभस, संपाति आनि प्रमति लंकेचो सविस्तर समाचार घेवनुं आयिल्ले आसाचि. तान्निं रावणालि

समग्र व्यूहरचना पळयल्यां आनि समजून घेतिल्लि आसा. जी माहिती विभीषणान समजून घेतिल्लि ती ताणें श्रीरामाक विस्तारान निरूपण केलि.

विभीषणाले साथीदारांनीं मुखारसरनुं सांगलें कीं जेन्नां रावणान कुबेरावयर विजय प्राप्त केलिलो तेन्नां सुद्धां रा वाले लागीं असंख्य सैन्य आशिल्लें. हें सर्व तुका भिडरावचाक सांगनांचि, पुण तुगेलो क्रोधाक वाढ मेळचें म्हण्णुं सांगत आसा, शिवाय तूं देवांवयर सुद्धां विजय प्राप्त करूं शकता, हें आमिं जाणताचि. तदनंतर श्रीरामान वानरांक युद्धाक तयार जावचाक आज्ञा दीवनुं सांगलें कीं वानरवीर नीलान पूर्वदिशेचे द्वार सांभाळचे प्रहस्ताले वयर आक्रमक जावका. अंगदान दक्षिणद्वार रक्षण करचे महापार्श्व आनि महाउदराक अपयशस्वी करका. हनुमंतान वानरसैन्य घेवनुं पश्चिम द्वारांतल्यान प्रवेश करका. उत्तरदिशेचे द्वाराचे लागीं खंय रावण उभो आसा थंय स्वत: श्रीराम आनि लक्ष्मण वचून तागेले बरेबर युद्ध करताले. सुग्रीव,जांबुवंत आनि विभीषण मध्य क्षेत्र सांभाळताले. वानरांनि युद्ध करताना मनुष्यालें रूप घेवचें न्हंय. वानरांक ओळखुवचांतु मदत जातालि.

केवल सात जन - हांवु, लक्ष्मण, विभीषण आनि तागेले चार साथीमात्र मनुष्य रूपांतु आसताले. हे तरेन सर्वांक तांग-तांगेलें कार्य दीवनुं लंकापुरींतु प्रवेश करचें पयलें श्रीराम, लक्ष्मण आनि विभीषणा सहित विश्रांति घेवचगेलो. तांगेले बरोबर सुग्रीव, हनुमंत, अंगद, जाम्बुवंतादि प्रमुख लंकोचों अधिपति जो रावण सुद्धां आशिल्ले. वयर गेले नंतर श्रीराम म्हणालो, लंकेचो अधिपति रावण जो अधर्मी आनि दूरात्मा आसा, जे कोणें मेगेले पत्नीक अपहरण करनुं नीच कृत्य आनि घोर अपराध केलिलो आसा, ताका मृत्यु लागींचि आयिलो आसा. तांगेलें नांव आयकलें कीं मेगेलो क्रोध मस्तकाक वता. देकून तागेलो आनि राक्षसांलोसर्वनाश केले शिवाय हांवु स्वस्थ बसचो ना. एक मनुष्याले पापकर्माचें लागून असंख्य जनांक दु:ख भोगचें पडचा, हेंचि जीवनाचें सत्य आसा.

तदनंतर लंकेचे निरीक्षण श्रीराम आनि अन्य साथी करत आसताना सूर्यदेव संध्याकाळ जावनुं तो अस्त जालो. जेन्नां ते दुसरे दिवस जागे जाले तेन्नां तांका विशाल वन वनांनि, अनेक जातीचे वृक्षांनि भरिल्ले वन, चित्र विचित्र फ़ल फुलांनि भरिल्ले वन-उपवन, रम्य भोंवरे आनि सौम्य पक्षी-प्राणींले अवाजान दुमदुचे देवेन्द्रालि अमरावति समान लंकेचें सौन्दर्य पोळोवनुं ते वानर सैन्य विस्मित जाले. अनपेक्षित सौंदर्य आनि वैभवान प्रभावित जालिले आसल्यारियी तांगेले आश्चर्यान वानरसैन्य दिग्मूढ किंवा आण्याले मूळ लक्ष्यापायून विचलित जाले नांचि. ते विपरीत असले स्वर्णमयी लंकेवयर रावण तसलो असंस्कृत राजा अधिकार चलत आसा म्हण्णुं तांगेलो क्रोध, संताप, रोष जास्त वाढलो, तांगेलें लक्ष्य केंद्रित आनि तांगेलो निर्धार धृढ जालो. तांगेलि द्रिश्टी निश्चित जालि, तांगेले मार्ग सरळ आनि सुरळीत जालो, तांगेले पायांतु स्थैर्य आनि तांगेले भुजांतु धैर्य आयलें. ते चलताना धर्तरी सपाट जालि, वातावरण धूळीन भरलें. पशु पक्षी भीवनुं चारी दिशेन पसरले, चित्र विचित्र अवाज काडनुं जशें कांय मुखार येवचे हाहाकार निदर्शित करत आशिल्ले.

लंकापुरि अत्यंत आकर्षक आनि वैभवान समृद्ध आसून ऊंचऊंच द्वार शोभत आशिल्ले. सहस्रान् सहस्र स्तंभ आशिल्ले अनेक महलांतल्यान सुमधुर संगीत आयकुवचांतु येत आसून फुलांचे परिमळान वातावरण सुगंधित जालिलें. राक्षसांनि सतत सुरक्षित दवरिलि रावणालि लंकापुरी देवेन्द्रालि पुरि अमरावति तरेन झगमगतालि. भव्य महल, सुंदर वन उपवनांनि, नाना तरेचें पशुपक्षींनि आनी तरतरेचे फुलफलांनि शोभचि ती अत्यद्भुत नगरी पोळोवनुं श्रीराम आश्चर्यचकित जालो. जें दिसचांतु आकर्षक आसता तें विलोभनीय आनि प्रलोभनीय आसता, तें जीवनांतु आवश्यक किंवा अनुरूप आसता म्हण्णुं

मानचें योग्य आसना. अशुभ संकल्प आनि अधर्माचरणेन प्राप्त जालिलें धन-ऐश्वर्य, सत्ता-अधिकार, मान सन्मान मनुष्याक परमागति प्राप्त करनुं दीना. समय, काळ आयलेकिं ताका अधोगतीक पावयलें शिवाय गत्यंतर ना. पुण तरियी एक सुंदर कृति क्रूर आनि द्वेशान नाश करचि इच्छा ज्ञानि मनुष्याक केन्नांयी जावचि ना, आनि लंका पुरी तर साक्षात् विश्वकर्मान कुबेरलो खातीर बांदिल्लि. ती पुरी नाश करचें तर महा अपराध जातालो.

हे तरेन श्रीराम विचार करत आसताना तांक दूर लंकापुरीचे प्रधान द्वाराचे गोपुरा वयर उभो आशिल्लो चंदनाचो लेप, सुवर्णाचे अलंकार, लालरंगाचे वस्त्रान आकाशांतलो मेघ जशें दिसचो रावण पळयलो. रावण दिसलोकिं सुग्रीवालें पित्त खवळलें आनि श्रीराम, लक्ष्मण, हनुमंतादीनिं पळयत आसताना सुवेला पर्वतावयले ऊँची वयल्यान ताणें एक लांब झेप घेवनुं सरळ रावणावयर उड़ी घेतली आनि रावणाक म्हणालो, हांवु सुग्रीव, श्रीरामालो मित्र आनि दास, तुगेलो जीव घेतलें शिवाय उरचो ना. हे तरेन उलयताना झेप घेवनुं रावणाले माथ्यावयरचे किरीट सकयल पाडायलें. सुग्रीवान परत येवनुं वार करचें पोळोवनुं रावणान ताका धमकी दिलि, तुगेलि मान सरळ आशिल्यान तुगेलें नांव सुग्रीव म्हण्णुं पडले, आतां तें हातंवु वांकडे करचो आसा तेन्नां तुगेलें नाव हीनग्रीव जातालें. हे तरेन म्हण्णुं रावणान सुग्रीवाक उचललें आनि जमीनेवयर आपटलें. पुण सुग्रीव सुद्धां मल्ल युद्धांतु कमिं नाशिल्लो, ताणें सहजतेन रावणाक उचलनुं तेचि तरेन धर्तरिर आपटलें. ते एकमेकां बरोबर समसमान युद्ध करताशिल्ले, एकमेकांक धर्तरिर आपटायत आशिल्ले, समसमान रक्तबंबाळ जायत आशिल्ले, पुण एकमेकांक सोडनाशिल्ले. जेन्नां दोग्गंयी एकमेकांकयी जिंकू शक्लें नांचि आनि थकले कीं दोग्गंयी धर्तरिर पडनुं उरले.

तदनंतर रावणान आपण्यालि माया शक्तीचो उपयोग करचो विचार करचें पोळोवनुं सुग्रीव सटकन् आकाशांतु झेप घेतली. तें पळयलें किं रावण आश्चर्य चकित जालो. यशस्वी, शूर, वीर म्हण्णुं कीर्ति मेळयलो सुग्रीव आकाशांतु उडलो आनि श्रीरामाले समक्ष उतरलो. सुग्रीवान रावणाले मायावी जालेंतल्यान सहज आनि सुरळीत सुटून परत आयिलें पोळोवनुं वानर सेना आनंदान सहर्ष सर्वगतं केलें.

सुग्रीवाले शरीर रक्तबंबाळ जालिलें पोळोवनुं श्रीरामान सुग्रीवाक आलिंगन दीत म्हळ्ळें, मेगेले बरोबर संवाद साधत नासताना यथोचित विचार विनिमय करत नासताना असलें साहस करचें एक राजाक शोभनां. हे तरेन अनपेक्षित कार्य करनुं तूंवे माका आनि समस्त वानरसेनेक चिंतेंचु घालिले. देकन मुखार असलें व्र्थ धाडस करनाका. जर तुका कांयी अवाच जालिलो तर सीतेक परत मेळोवचें मेगेलि आशा पूर्ण तरेन नश्ट जातालि. मेगेलि एकमात्र इच्छा, जातालि. कबहुना मेगेलि एकमात्र इच्छा, सीतेलें अपहरण केलिले रावणाक युद्ध करनुं नाश करचें, विभीषणाक लंकेचो राजा म्हण्णुं अभिषिक्त करचें, भरताक अयो ध्येचें राज्यसोंपोवचें आनि अखेरिक सर्व त्याग करचें आसा "त्वयि चानागते पूर्वमिति मेनिश्चिता मतिः | जानतश्चापि ते वीर्यम् महेन्द्रवरुणोपनु || हत्वाहम् रावणम् रावणम् युद्धेसपुत्रबलवाहन्म् | अभिषिच्य च लङ्कायाम् विभीषण मथापि च | भरते राज्यमारोप्य त्यक्ष्ये देहम् महाबल |".

श्रीरामाले वचन शिरसावंद्य म्हण्णुं मान्य करत आसताना आपण्यालि स्वाभाविक प्रवृत्ती विशय सुग्रीव म्हणा लो, रावणाक पळयलें मेगेले मनांतु इतलो क्रोध आयलो आनि स्वत:चि शक्तीचो जाणीव आसताना हांवु वेगळें कितें करूं शकतालों. लोकक्षय जावचि भयानक संकेत दिसत आसाचि. वादळी वारो सुटत आसा, धर्तरी कांपत आसा, पशु पक्षींले चित्रकार आयकुवचांतु येत आसा. मेघांचो गड़गड़ाट, रक्ताचो पावूस पड़त आसा, यूर्यकिरणांतल्यान उजो पड़त आसा, हे सर्व संकत भयंकर आसून काळजांतु थरकांप अनुभवतांतु येत आसा. देकून शीघ्र लंकेवयर आक्रमण करनुं रावणालो वध करयां.

हे तरेन उलयिलें कथन आयकूनु श्रीराम पर्वताचे शिरावयल्यान घेवनुं सकयल आयलो. सकयल येवनुं कठीण युद्धाक प्रत्युत्तर दिवचाक वानरसेनेचें बल परीक्षण केलें.युद्ध प्रारंभ करचाक योग्य समय आनि संधी लक्ष्यांतु घेवनुं स्वत: सिद्ध जालो. श्रीराम आपण्यालो धनुष्य हातांतु धरनुं सर्वांले मुखार चलत आसून ताका लागून सर्वांकधैर्य दीवनुं उत्साहित करत आशिल्लो.तागेले मागशीं विभीषण, सुग्रीव, हनुमंत, जांबुवंत नल, नील, लक्ष्मण  चलत आशिल्ले. ते सर्वांले मागशी वानरांली ती असंख्यजयघोष करत येताले.

थोडेचि समय पश्चात् श्रीरामालि सेना लंकापुरीचे द्वार खटखटवचाक लागलि. श्रीरामाक विजय मेळूं म्हण्णुं तागेलि आनि ध्वजाचि पूजा केलि. तदनंतर लक्ष्मण, सुग्रीव, हनुमंतादि सहकारी सहित लंकेचे प्रधान द्वारासक्षम स्वंय रावण स्वत: उभो आशिल्लो. कारण श्रीरामाले व्यतिरिक्त कोण दुसरो  योद्धा रावणाले तसले महायुद्धा युद्ध करू शकतालो. रावणान जमयिल्ले अनेकानेक अस्त्रं शस्त्रांचे निरीक्षण केलें. नील, मैंदा आनि द्विविद पूर्व दिशेचें द्वारा लागिं पावले. अंगद, ऋषभ आनि गँवाना बरोबर दक्षिण द्वारा लागीं पावले. हनुमंत, प्रजंघ आनि तरस पश्चिम द्वारा सांभाळताले गेले.  सुग्रीव स्वत: अनेक शूर वीर सैनिकांक घेवनुं पुरीचे मदले स्थान सांभाळचें निश्चित केलें  सर्व वानर सैन्य  श्रीरामाले आज्ञेचि  प्रतीक्षा करत उरले.

तेन्नां धर्माचे नियमानुसार आनि युद्धकौशल्यांतु सर्वतरेन निष्णात आशिल्ले श्रीरामान अंगदाक समक्ष आपयलें आनि सांगलें, अंगद तूं तक्षण निर्भीढ आनि नि:शंक लंकेक रावणाले दरबारांचु मेगेले दूत म्हण्णुं वच. ताका मेगेलो संदेश दी. अधर्माचो उपयोग करनुं आनि मूर्ख साथीदारांनीं मदत घेवनुं राज्याचो उपभोग घेवचो मुखार क्षणभर सुद्धां तुका शक्य जावचें ना. निशाचर रावण, तुगेले दुराचाराक लागून देव, गन्धर्व, अप्सरा, नाग, यक्ष, राजे, ऋषी, साधु संतप्त जालिल्याचि. आतां मुखार असले अहंकारी आनि विपरीत वर्तणूक सहन करचांतु येवचें ना. मेगेलि पत्नि सीतेलें अपहरण करनुं तूवें घोर अपराध केलिलो आसा. देकून तुका दण्ड दिवचेंचि योग्य आसा. देकून लंकापुरीचे मध्यद्वाराचे समीप उभो आसा. देकून मेगेले हातांतल्यान मरण प्राप्त करचाक सिद्ध जावनुं राब. जी शक्ति, माया, कपट तूंवे सीतेक अपहरण करतानां वापरिलें ती आतां वापरचाक सिद्ध जावनुं राब. तूं जर माका शरण आयलो ना आनि जीवांचि याचना करचो ना तर तुका आनि समस्त राक्षस समुदाय पूर्णतरेन नाश करतालों. मेगेले शरण आयिलो विभीषण धर्मनिष्ठ आसून राक्षसांतु श्रेष्ठ आसा. समृद्ध लंकेचे ऐश्वर्य चिरंतन आनी कसलेंयी कंटक नासताना चिरंतन काळ आसचें खातीर ताणें लंकेवयर अधिष्ठान स्थापित करचें आवश्यक आसा.

अन्यथा मेगेले बरोबर युद्ध करनुं रणभूमि वयर प्राण करचाक सिद्ध जावनुं राब. कारण पक्षीलें रूप घेवनुं त्रीलोकांतु भ्रमण केले तरी मेगेले बाणापासून तूं सुटचो ना.सर्वदिशेन वानरसैन्य द्रिश्टीक पड़तालें. वानरां ले तें अपार सैन्य  लंकापुरीचे द्वार खटखटायत आसाचि. वानरांले तें अपार सैन्य  लंकापुरीचे द्वार खटखटायत आसाचि. महासागराचे महान् गर्जने तरेन वानर सैनिकांलि गर्जना आयकूनु राक्षस सैन्य दिशाभूल जावनुं भीतीन थरथरत आशिल्लें. तांगेले  काळजांतु थरकांप भरनुं तांका भास जावचाक लागलेकीं श्रीराम, लक्ष्मण आनि सुग्रीवाले देखरेखी सकयल युद्ध करचे आनि ते वानर सैन्यावयर विजय प्राप्त करचें असंभव इतलेंचि न्हंय तर अशक्य आसा.

श्रीरामाले आदेशानुसार अंगद तक्षण रावणाले राजसभेंतु गेलो आनि एक ऊंच सिंहासनावयर बशिल्ले रावणाले समक्ष उभो राबलो. आनि आपूण वानरश्रेष्ठ वालीलो पूत आसून श्रीरामालो दूत म्हण्णुं ओळख दीवनुं श्रीरामान दिलिलो संदेश जशें दिलिलो तेचि तरेन ताका आयकयलो. सीतेक अपहरण करनुं तूंवे

महान् अपराध केलिलो आसा. ते खातीर तुका दिलिलि शिक्षा अपूर्णचि आसतालि. देकून सन्मानान सीतेक परत मेगेले स्वाधीन कर. अन्यथा हांवु तुगेलो तुगेले बन्धु बान्धव, सगे सोयरे सर्वांलो नाश करनुं देव दानव, यक्ष गन्धर्व, नाग ऋषीलें सुख परत द ितालों. धैर्य आसल्यार राक्षसकुळाचो मान सुरक्षित दवरचो आसल्यार सिद्ध जावनुं युद्ध कर. युद्धांतु तुगेलो मृत्यु जालो कीं विभीषण निश्चित लंकाधिपति जातालो.

श्रीरामान अंगदाले मुखांतर धाडिल्लो संदेश आयकूनु रावण संतापान बेभान जालो. ताणें आपण्याले। सैनिकांक हे मूर्ख वानराक वध करचाक आदेश दिलो. जेन्नां राक्षसांनि ताका पकडलें तेन्नां अंगदान आपण्याले शक्तीची साक्ष पटोवनुं दिवचाक कसलोयी प्रतिकार करत नासताना आपण्याक स्वत: पकडनुं घेतलें. पुण शीघ्र अंगदान आकाशांतु इतलि व् होड़ झेप घेतली कीं ताका चिकटून धरचें राक्षस तांगेलि पकड़ सुटून ज़मीनें वयर रावणाले समक्ष पडले. आनि पर्वताचे तरेन ऊंच आशिल्ले रावणाले राजभवनाचे शिखरावयर वचून बसलो. ते शिखर पूर्णतरेन उपटून तो आपण्यालि ओळख करनुं दीवनुं हासत हासत परत आकाशांतु उडलो.

हे तरेन राक्षसांले सैन्यांतु हाहाकार निर्माण करनुं अंगद परत श्रीरामाले सन्मुख येवनुं उभो राबलो. तेन्नां लंकेंतु आपण्याले राजवाड्याचें शिखर नाश केलिलें पोळोवनुं रावण अति क्रोधित जालो आनि आपण्याले अवनतीचें चिन्ह दाखयत आसाकीं काय म्हण्णुं चिंतेंचु पडलो. अंगदान सांगिल्लो समाचार आयकूनुं वानरसैन्यांतु आनंदाचो जल्लोष निर्माण जालो. श्रीराम स्वत: आपण्यालो समाधान व्यक्त करनुं युद्धाचे नंतरचे कार्य करचाक सिद्ध जालो. महावीर सुषेण आपण्यांलें सहस्रान्सहस्र वानरसैन्यांतु सहित सिद्ध आशिल्लोचि. तें अपार सैन्य पोळोवनुं थोडे राक्षस आश्चर्यचकित जाले इतलेचि न्हंय तर थोडे युद्ध करचे विचारान फुरफुरले तर थोडे विचित्र संकट येवचे भयान त्रस्त हाय हाय म्हण्णुं हळहळले. वानर सैन्य लंकापुरीचे द्वारा लागीं जमिलें पोळोवनुं राक्षस सैनिक तक्षण समाचार रावणाक पावयलो. समाचार आयकूनुसंतापान रावणान आपण्यांलें सैन्य प्रतिकार करचाक सांगून स्वत: एक ऊंच प्रदेशावयर वचून नि रीक्षण करचाक लागलो. तेन्नां आपण्यालि स्वर्णशोभित लंकासर्व दिशेन वानरांनि पांघुरलेलें रावणान पळ यलें आनि हें संकट तो खंयचे तरेन नाश करूं शकतालो, हो विचार करचाक लागलो. आत्मविश्वासान श्री रामाले दिशेन ताणेंआपण्यालि द्रिश्टी फिरयलि. श्री राम हनुमंताले भुजांवयर बसून लंकापुरीचे दिशेन येवचें ताका दिसलें.

जशें जशें श्रीराम लंकापुरीचे लागीं येत आशिल्लो तेन्नां तागेले सर्व विचार केवल सीतेले सुरक्षितेचे दिशेन केन्द्रित आशिल्ले. मनांतले मनांतु तो म्हणचाक लागलो मेगेले कारणांक लागून कोमल, हरियाले दोळ्यातरेन सुंदर दोळे आशिल्ले जनकपुत्रि सीतेक हें दु:ख सहन करचें पड़त आसा. सीतेक जावचि पीड़ा सहन जायतनासतानाश्रीरामान तक्षण युद्ध सुरवात करचाक आज्ञा केलि. श्रीरामालि आज्ञा प्राप्त जालि कीं युद्ध करचि प्रती क्षा करत आशिल्ले असंख्य वानरांनि जयघोष करततुतारीवाजोवचाक लागले. आतां लंका पुरीचे नाश निश्चि त म्हणत वानरांले तुतारीचे अवाजान सर्व रणभूमीं दुमदुमलि. आन तो कोलाहल आयकू न राक्षसांले काळजांतुथरकांप सुटलो.मेळिलें आयुध आनि मेळिलें ती दिशा ती घेवनुं ते लंकेंतु प्रवेश करत आशिल्ले. ते वानरांनि हातांतु मेळिलो फातर, झाड़ घेवनुं रामाले खातीर जीव दिवचाक तयारजालिले ते वा नरांक रावण पळयत उरलो. आश्चर्यान रावण दिग्मूढ जायत आसताना ते वानर लंकेचें रक्षण करचाक राब यल्ले सर्व अडथळें वानर पूर्णतरेन विध्वंस करतआशिल्ले. लंकेचो विनाश करत आसताना ते वानर

परत परत श्रीराम राम विजयी जावूं, वीर लक्ष्मणाक यश मेळूं, राजा सुग्रीवाक सदा श्रीरामालो अनुग्रह मेळूं म्हणतजयजयकार आशिल्ले.वानरसैन्यान श्रीरामाले आदेशानुसार आपआपण्याले स्थानवयर सुसज्ज जा

लिलें पोळोवनुं संतापान आपण्याले। समस्त सैन्य युद्ध करचाक सिद्ध केलें. रावणालि आज्ञाआयकूनु राक्षस सैन्य सर्व दिशेंतल्यान भयंकर अवाज करत जमलें, जशें आकाशांतु काळे मेघ गड़गड़ाट करत जमल्याचि. रावणान आज्ञानुसार तें राक्षस सैन्यमहासागराचिं पाळं घर्तरेर आपटत आसाचि. जशें कांय भास जावचाक लागलो देव दानव, असुरांलो संघर्ष जायत आसा. दर एक बाज़ू प्रभावी शक्तीन आनि कौशल्यानएकमेकां वयर तुटून पड़त आशिल्ले. दोन प्रतिस्पर्धींतु जास्त सक्षम आसाचि म्हण्णुं सांगचें कठीण जायत आसतालें. वालीपुत्र अंगद रावणालो ज्येष्ठपुत्र इन्द्रजिताले बरोबर युद्ध करत आसल्यार, शूर संपत्ति वानर असामान्य प्रवीण प्रजन्ध राक्षसाबरोबर, हनुमंत जंम्बूमालिनबरोबरसंघर्ष करत आशिल्लो. विभीषण आनि राक्षसांलो वीर मित्रघनारोबर द्वंद्व चलतालें. सुग्रीव प्रघस राक्षसाक आनि लक्ष्मण विरूपाक्ष राक्षसाक भिड़लो. श्रीराम स्वत:एकलोचि अग्निकेतु, रश्मितेतु, सुप्तघ्न आनि यज्ञकोप राक्षसांले बरोबर संघर्ष करत आशिल्लो. साधारण तरेन सुरु जालिलें युद्ध एक महासंग्रामांतु परिवर्तन जायत आसतालें.

गदायुद्धांतु शौर्यांतु अजून कोणिंयी प्रतिस्पर्धी नाशिल्ले इन्द्रजितान अंगदाले वयर प्रहार केलो. प्रत्युत्तररूपान अंगदान इन्द्रजितालो रथ चूर चूर केलो. युद्ध तीव्रजावनु प्रजंघाले तीक्ष्ण बाणा घाय जालिले संपातीन एक महान् वृक्ष घेवनुं प्रजंघ राक्षसालो जीव घेतलो. जांबुमालीन आपण्याले रथांतु आशिल्लो भाल घेवनुं हनुमंताले छातीवयर मारलें. पुण हनुमंतान तक्षण ते राक्षसाले रथावयर चडनुं तो रथ आनि ते राक्षसाक नश्ट केलें. सुग्रीवान प्रघस राक्षसालो वध करनुं अनेक वानरां वांचयलें. स वीरूपाक्ष राक्षसांवयर बाणांचो वर्षाव करनुं तागेलो जीव असह्य करनुं अखेरिक तागेलो जीव घेतलो. श्रीरामानअग्निकेतुष, रश्विकेतुष आनि मित्रघ्न राक्षसांले वयर आपण्याले बाण सोडनुं तांगेले हात कापून घायाळ केले.

हे तरेन युद्ध मध्य सतत चलनुं वानर आनि राक्षसांले मृतदेह, मेलिल्ले हस्तिघोड़े, मोडिल्ले रथ, तुटिल्ले रथ, शस्त्रास्त्रांचे अवशेषान रणभूंय भरनुं गेलि. खंय मानवालिवसाहत आसतालि थंय आतां वानर राक्षसांलि हताहत जालिल्यान हिंस्र पशु पक्षींलि भोजन स्थान जशें दिसतालि. आनि जे सैनिक अजून जीवांतु जीव धरनुं आशिल्ले,ते सूर्य अस्तमेक वच्चे समयाचि प्रतीक्षा करत आशिल्ले कारण निशाचर आशिल्यान तांका दिवस रात्रीचो फ़रक नाशिल्लो. तांगेले द्रिश्टीन रात्रीचे काळोखांचु वानरांकयमसदनाक धाडचें सुलभ जातलें. पुण श्रीराम, लक्ष्मण आनि तेचि तरेन सुग्रीव, हनुमंतादि वानर रात्रीचे अंध:कारांतु सुद्धां युद्ध करचांतु निष्णात आशिल्ले. देकून ताणिं युद्ध मुखार सरयलें. जशें जशें राक्षसतांगेले वयर प्रहार करताशिल्ले तशें तशें श्रीराम, लक्ष्मण आनि वानरसैन्य प्रत्युत्तर दीत आसताले. अंध:कारांतु राक्षस प्रहार करताशिल्ले आनि

श्रीरामालें वानरसैन्यालेकडचान समसमान प्रत्युत्तर मेळत आसतालें. श्रीराम लक्ष्मणांनि असंख्य दृश्य-अदृश्य राक्षस वीरांलो नाश केलो. हे तरेन एक बाजून रोमांचकारी युद्ध प्रसंग चलतआसताना दुसरे बाजून रक्ताचि नदी व्हांवत आसतालि. सामान्यांनि कल्पना। करचे पेलतडेन ती रात्र अति भयंकर काळ रात्र जालिलि दिसलि. जशें जशें ते राक्षस काळोखाचे सहाय्यान श्रीरामाले वयर प्रहार करताले तशें तशें श्रीरामाले बाण तांगेलो जीव थंयीचि समाप्त करताले. हे तरेन अनेक राक्षस पतंगातरेनपटपट मरचाक लागले. जेन्नां

अंगदान इन्द्रजितालो रथावयर प्रहार करनुं चूरचूर केला, तेन्नां तो मायावी राक्षस इन्द्रजित रणभूमीवयल्यान अदृश्य जालो. वालीपुत्र अंगदालें कर्तुत्व पोळोवनुं राम आनि लक्ष्मण, आकाशांतले सर्व देव आनि ऋषी तागेलें कौतुक करचाक लागले. विश्वांतले सर्व इन्द्जितालो पराक्रम जाताचि आशिल्यान

अंगदाले पराक्रम तांका महत्वाचो आनि आनंद विशिष्ट आशिल्लो. इन्द्रजित प्रजाभूत जावनुं रणांगण सोडनुं गेलिल्यान सुग्रीव, विभीषण आनि वानरानि अंगदालें सहर्ष आनि समाधानान स्वागत केलें.

ooooo

## अध्याय 7

वानर सैन्य लंकापुरीचे द्वारा लागीं जमिलें पोळोवनुं राक्षस सैनिक तक्षण श्रीरामान विशाल वानरसैन्य घेवनुं आयिलो समाचार रावणाक पावयलो. समाचार आयकूनु संतापान रावणान आपण्यांलें सैन्य प्रतिकार करचाक सांगून स्वत: एक ऊंच प्रदेशावयर वचून निरीक्षण करचाक लागलो. तेन्नां स्वर्णशोभित लंका सर्व दिशेन वानरांनि पांघुरलेलें रावणान पळयलें आनि हें संकट तो खंयचे तरेन नाश करूं शकतालो, हो विचार करचाक लागलो. आत्मविश्वासान श्रीरामाले दिशेन ताणेंआपण्यालि द्रिश्टी फिरयलि. श्री राम हनुमंताले भुजांवयर बसून लंकापुरीचे दिशेन येवचें ताका दिसलें. जशें जशें श्रीराम लंकापुरीचे लागीं येत आशिल्लो तेन्नां तागेले सर्व विचार केवल सीतेले सुरक्षितेचे दिशेन केन्द्रित आशिल्ले. म नांतले मनांतु तो म्हणचाक लागलो मेगेले कारणांक लागून कोमल, हरियाले दोळे आशिल्ले सुंदर जनकपुत्रि सीतेक हें दु:ख सहन करचें पड़त आसा. सीतेक जावचि पीड़ा सहन जायत नासताना श्रीरामान तक्षण युद्ध सुरवात करचाक आज्ञा केलि. श्रीरामालि आज्ञा प्राप्त जालि कीं युद्ध करचि प्रती क्षा करत आशिल्ले असंख्य वानरांनि जयघोष करचाक लागले. आतां लंकापुरीचे नाश निश्चि त म्हणत वानरांले तुतारीचे अवाजान सर्व रणभूमीं दुमदुमलि. तो कोलाहल आयकून राक्षसांले काळजांतुथरकांप सुटलो. मेळिलें आयुध आनि मेळिलें ती दिशा घेवनुं ते लंकेंतु प्रवेश करत आशिल्ले. ते वानरांनि हातांतु मेळिलो फातर, झाड़ घेवनुं रामाले खातीर जीव दिवचा क तयारजालिले ते वानरांक रावण पळयत उरलो. आश्चर्यान रावण दिग्मूढ जायत आसताना ते वानर लंके चें रक्षण करचाक राबयल्ले सर्व अडथळें वानर पूर्णतरेन विध्वंस करतआशिल्ले. लंकेचो विनाश करत आस ताना ते वानर परत परत श्रीराम राम विजयी जावूं, वीर लक्ष्मणाक यश मेळूं, राजा सुग्रीवाक सदा श्रीरामा लो अनुग्रह मेळूं म्हणतजयजयकार आशिल्ले. वानरसैन्य

श्रीरामाले आदेशानुसार आपआपण्याले स्थानवयर सुसज्ज जालिलें पोळोवनुं संतापान आपण्याले। समस्त सैन्य युद्ध करचाक सिद्ध केलें. रावणालि आज्ञाआयकूनु राक्षससैन्य सर्व दिशेंतल्यान भयंकर अवाज करत जमलें, जशें आकाशांतु काळे मेध गड़गड़ाट करत जमल्याचि. रावणान आज्ञानुसार तें राक्षस सैन्यमहासा गराचिं पाळं धर्तरिर आपटत आसाचि. जशें कांय भास जावचाक लागलो देव दानव, असुरांलो संघर्ष जायत आसा. दर एक बाज़ू प्रभावी शक्तीन आनि कौशल्यानएकमेकां वयर तुटून पड़त आशिल्ले. दोन प्रतिस्पर्धींतु जास्त सक्षम आसाचि म्हण्णुं सांगचें कठीण जायत आसतालें.
वालीपुत्र अंगद रावणालो ज्येष्ठपुत्र इन्द्रजिताले बरोबर युद्ध करत आसल्यार, शूर संपत्ति वानर असामान्य प्रवीण प्रजन्ध राक्षसाबरोबर, हनुमंत जंम्बूमालिनबरोबरसंघर्ष करत आशिल्लो. विभीषण आनि राक्षसांलो वीर मित्रघनारोबर द्वंद्व चलतालें. सुग्रीव प्रघस राक्षसाक आनि लक्ष्मण विरूपाक्ष राक्षसाक भिड़लो. श्रीराम स्वत:एकलोचि अग्निकेतु, रश्मितेतु, सुप्तघ्न आनि यज्ञकोप राक्षसांले बरोबर संघर्ष करत आशिल्लो.

साधारण तरेन सुरु जालिलें युद्ध एक महासंग्रामांतु परिवर्तन जायत आसतालें.गदायुद्धांतु शौर्यांतु अजून कोणिंयी प्रतिस्पर्धी नाशिल्ले इन्द्रजितान अंगदाले वयर प्रहार केलो. प्रत्युत्तररूपान  अंगदान  इन्द्रजितालो रथ  चूर चूर केलो. युद्ध तीव्रजावनु प्रजंघाले तीक्षण बाणा घाय जालिले संपातीन एक महान् वृक्ष घेवनुं राक्षसालो जीव घेतलो. जांबुमालीन आपण्याले रथांतु  आशिल्लो भाल घेवनुं हनुमंतालेछातीवयर मारलें. पुण हनुमंतान तक्षण ते राक्षसाले रथावयर चडनुं तो रथ आनि ते राक्षसाक नश्ट केलें. सुग्रीवान प्रघस राक्षसालो वध करनुं अनेक वानरां वांचयलें. स वीरूपाक्ष राक्षसांवयर बाणांचो वर्षाव करनुं तागेलो जीव असह्य करनुं अखेरिक तागेलो जीव घेतलो. श्रीरामानअग्निकेतुष, रश्विकेतुष आनि मित्रघ्न राक्षसांले वयर आपण्याले बाण सोडनुं तांगेले हात कापून घायाळ केले.
 हे तरेन युद्ध मध्य सतत चलनुं वानर आनि राक्षसांले मृतदेह, मेलिल्ले हस्तिघोड़े, मोडिल्ले रथ, तुटिल्ले रथ, शस्त्रास्त्रांचे अवशेषान रणभूंय भरनुं गेलि. खंय मानवालिवसाहत आसतालि थंय आतां वानर राक्षसांलि हताहत जालिल्यान हिंस्र पशु पक्षींलि भोजन स्थान जशें दिसतालि. आनि जे सैनिक अजून जीवांतु जीव धरनुं आशिल्ले,ते सूर्य अस्तमेक वच्चे समयाचि प्रतीक्षा करत आशिल्ले कारण निशाचर आशिल्यान तांका दिवस रात्रीचो फ़रक नाशिल्लो. तांगेले द्रिश्टीन रात्रीचे काळोखांचु वानरांक यमसदनाक धाडचें सुलभ जातालें.  पुण. श्रीराम लक्ष्मण आनि तेचि तरेन सुग्रीव, हनुमंतादि  वानर रात्रीचे अंध:कारांतु सुद्धां युद्ध करचांतु निष्णात आशिल्ले. देकून ताणिं युद्ध मुखार सरयलें. जशें जशें राक्षसतांगेले वयर प्रहार करताशिल्ले तशें तशें श्रीराम, लक्ष्मण आनि वानरसैन्य प्रत्युत्तर दीत आसताले. अंध:कारांतु राक्षस प्रहार करताशिल्ले आनि श्रीरामालें वानरसैन्यालेकडचान समसमान प्रत्युत्तर मेळत आसतालें. श्रीराम लक्ष्मणांनि असंख्य दृश्य अदृश्य राक्षस वीरांलो नाश केलो. हे तरेन  एक बाजून रोमांचकारी युद्ध प्रसंग चलतआसताना दुसरे बाजून रक्ताचि नदी व्हांवत आसतालि. सामान्यांनि कल्पनाा करचे पेलत डेन ती रात्र अति भयंकर काळ रात्र जालिलि दिसलि.

जशें जशें ते राक्षस काळोखाचे सहाय्यान श्रीरामाले वयर प्रहार करताले तशें तशें श्रीरामाले बाण तांगेलो जीव थंयीचि समाप्त करताले. हे तरेन अनेक राक्षस पतंगातरेनपटपट मरचाक लागले. जेन्नां अंगदान इन्द्रजितालो रथावयर प्रहार करनुं चूरचूर केला, तेन्नां तो मायावी राक्षस इन्द्रजित रणभूमीवयल्यान अदृश्य जालो. वालीपुत्र अंगदालें कर्तुत्व पोळोवनुं राम आनि लक्ष्मण, आकाशांतले सर्व देव आनि ऋषी तागेलें कौतुक करचाक लागले. विश्वांतले सर्व इन्द्जितालो  पराक्रम जाताचि आशिल्यान अंगदाले पराक्रम तांका महत्वाचो आनि आनंद विशिष्ट आशिल्लो. इन्द्रजित प्रजाभूता जावनुं रणांगण सोडनुं गेलिल्यान सुग्रीव, विभीषण आनि वानराेनि अंगदालें सहर्ष आनि समाधानान स्वागत केलें.

जेन्नां अंगदान इन्द्रजितालो रथ चूर चूर करनुं तागेलो सारथी, घोड़े सुद्धां नश्ट केलिलो तेन्नां तागेलो संताप नियंत्रणेंतु दवरचाक जाय नासताना तो तक्षण थंयचान मायाशक्तीन अदृश्य जालिलो. पुण तागेलो संताप शांत जालो ना आनि परत आपण्यालि माया शक्तीचो उपयोग करनुं श्रीराम आनि लक्ष्मणांक मोहांतु घालनुं तांगेले वयर सर्पातरेन तीक्षण बाणांचो वर्षाव केलो आनि तांका सर्पास्त्रान बांदलें. तांका हे तरेन बन्धिस्त केलिलें हनुमंतान पळयलें. तांका जीवंत पकड़चाक जालिले नाशिल्यान इन्द्रजितान आपण्यालि मायाशकितीचो दुरुपयोग केलिलो आसा, हें हनुमंताले लक्ष्यांतु आयलें.

 तेन्नां इन्द्रजितान आशिल्लें स्थान शोदून काडचाक धा चतुर वानरांक चारी दिशेन गेले. परंतु मायावी इन्द्रजितालो धाही वानरांक सुद्धां बंधिस्त केलें. आनि इन्द्रजित तागेले मायाशक्तीन लागून अदृश्यचि उरलो आवि ते वानरांक दिसलो ना.श्रीराम आनि लक्ष्मण ते सर्पास्त्राक लागून रक्तबंबाळ जाले. तेन्नां

स्वत: अद्दश्य ऊरनुं इन्द्रजित श्रीराम लक्ष्मणांक उद्देशून म्हणालो, हांवु मेगेले मायाशक्तीक लागून देवेन्द्राक सुद्धां जेन्नां अद्दश्य आसा, तन्वां तुमगेले तसले य:कश्चित् मानवांक कशें शक्य आसतालें ? देकून मेगेलो क्रोध तेन्नांचि शांत जातालो जेन्नां तुमकां हांवु यम कोणाक धाडतालों. हे तरेन उलयत ते निशाचरान श्रीराम लक्ष्मणाक तीक्ष्ण बाणान दुखोवचाक लागलो. आपण्याले बाण परत परत सोडत श्रीराम आनि लक्ष्मणाक त्रास दिवचाक लागलो. ते दोन्नीं दाशरथीपुत्र सर्पास्त्रान बांदिल्ले आशिल्यान कांयी करू शक्लें नांचि, इत लेंचि न्हंय तर शक्ति क्षीण जालिल्यान दोळे उघडनुं पोळोंवशकले नांचि. आंगांतल्यान जास्त रक्त व्हांवनुं गेलिल्यान  ते दोग्गंयी रक्तबंबाळ जालिले वीर पुरुष शुद्धि वचून धर्तरारि निस्तेज पडले.

 पोरणें काळांतु देवेन्द्रावयर यश प्राप्त केलिले इन्द्रजिताक लागून पयलें श्रीराम पडलो. आपण्याले धनुष्याचि दोरी सढल करनुं श्रीराम ते धनुष्याचि सहित धर्तरेर पडिल्लो. आनि लागींचि लक्ष्मण सुद्धां अनेक बाणांन  घायाळ जावनुं बेशुद्ध पडिल्लें पोळोवनुं सर्व वानर कांयी समजत नासताना शोक करचाक लागले. हनुमंत नियतीचो खेळ पळयत चिंतेंतु आशिल्लो. शोक करचाक लागले. सुग्रीव आनि विभीषण हताश जावनुं दु:खांतु बुडिलो. ते सर्वांनि आकाराचे दिशेन पळयलें पुण तांका इन्द्रजित दिसलो ना, पुण विभीषणाक तो स्पश्ट दिसतालो. आनी मागिर तक्षण इन्द्रजित आपण्याले पराक्रमाचि विस्तृत समाचार रावणाक दिवचे खातीर आपण्याले सन्मुख गेलो. तो म्हणालो। हांवे राम आनि लक्ष्मणाक सर्पास्त्रान बांदल्या आनि ते आतां मरणावस्थेंतु आसाचि. देव दानव किंवा यक्ष ऋषी आसल्यारियी तांका सर्पास्त्रांतल्यान किंवा मृत्युमुखांतल्यन मुक्ति ना. जे क्षुद्र जंतु समान मनुष्यांन मेगेले बापयलि तीन चार रात्रीचि नींद हरण केलि जाका लागून ताका दु:ख जालो ते आतां मरणचि वाट पळयत आसाचि. जे तरेन शरद ऋतूंतु पावसाचि अवश्यकता ना ते तरेन राम लक्ष्मण  किंवा वानरांलि लंकेक  अवश्यकता ना. तदनंतर ताणें बाण मारनुं अन्य वनरांका मारनुं तांका सुद्धां त्रसांतु घातलें. आनिराक्षसांक उद्देशू सांगलें प ळया रावणाक विरोध करतल्यांलि दुर्दशा !

 पुण विभीषण जाणतालो किं सत्याक केन्नांयि अ पयो ना. देकून ताणें सुग्रीवाक सांत्वन करत सांगले, दु; ख करनाका, युद्धांतु असल े प्रसंग अनेक येत आसताचि. सत्याचो केन्नांयी विजय आसता. श्रीराम आनि लक्ष्मण शीघ्र शुद्धीक येताले. हो क्षण दु:ख करचो समय न्हंय. आतां खंयचे तरेन श्री राम आनि लक्ष्मण परत शुद् झींक ये ताले, हो विचार करचाक जाय. जे क्षण ते परत शुद्धीक येताले तेन्नां सर्वांले कल्याण तो स्वत: निश्चित करतालो. श्रीरामाले द्रिश्टीन हें कांयिं न्हंय आनि श्रीरामाक मरण येवचें साध्य ना. तागेले असलें तेज आसा किं ताका मृत्यु स्पर्श करतालो अशें दीसना. देकून तूं स्वत:क सावर, तो पर्यंत हांवु दुसरे सर्वांक सावरतालो. पळय ते वानर सैनिकांक भितीन दोळे झांकल्याचि, तरियी आप-आपसांतु कांयि तरी कुजबुजताचि. तांका उत्साहित करत धडपडचें माका पोळोवनुं पोरणो हार उडयिलें तरेन तागेलें भय दूर उलोवनुं उमेद परत येतालि. हे तरेन सुग्रीवाक उत्साहित करनुं विभीषणान  आपण्यालें लक्ष्य वानरांले दिशेन वळयलें.

जेन्नां विभीषण वानरांक धैर्य दीत आसतालो, तेन्नां इन्द्रजित रावणाक प्रणाम आनि अभिनंदन करत उमा लक्ष्मणालो अंत आनि आपण्यालो विजयाचो उत्सव लंकेंतु करत सजयत आशिल्लो. जेन्नां रावणान हो समाचार आयकलें तेन्नां रावण आपण्याले पुताक आलिंगन दीत आनंदान नांचचाक लागलो. जेन्नां जे पतीवयर आपण्यान नितांत प्रेम केलो तो श्रीराम आनि जे दीर्घावयर स्वत:तो पुत्र म्हण्णुं मोग केलिलो लक्ष्मण दोग्गंयी युद्धांतु मृत्युमुखांतु पडले म्हण्णुं ते पतिव्रता सीतेक सांगचांतु आयलें, तैन्नां ती शोकान

पूर्णतरेन विलाप करचाक लागलि. आपूण केन्नांयी विधवा जावचि नां ते उलट सुवासिणी आसून आपण्याक मृत्यु येतालो, श्री राम राजा आनि हांवु तागेलि राणी म्हण्णुं सिंहासनावयर बसतालीं, माका पुत्रयोग निश्चि त आसा म्हण्णुं भविष्य सांगिल्ले ब्राह्मणांक दोष दीत तांन्निं सांगिल्लें सर्व चूक जालिल्यान ते शिक्षक पात्र आसाचि म्हणत ती दु:खान अक्रोश करचाक लागलि.

सीता जाणत्यांली कीं श्रीराम सामान्य योद्धा न्हंय तर सर्व शस्त्रास्त्रांतु प्रवीण, वायु, अग्नि, वरुण, ब्रह्मास्त्रांचो जाणतालो, कपट किंवा माया शक्तीनचि ताका मृत्युमुखांतु घातिल्लें उरत. शिवाय देवेन्द्रातरेन शूर आशिल्ले श्रीरामाक अन्य तरेन मरण येवचें साध्य ना. मनातरेन शत्रूलागीं तीक्ष्ण बाण आसल्यारियी श्रीरामान युद्धांतु अपयशी जावचें असंभव आसा. अंतसमयाक काळ महा बलवान आसा। तेंचि सत्य आसा. पुण श्रीराम, लक्ष्मण किंवा मेगेले खातिर इतलें दु:ख भोगना जितेलें दु:ख मेगेलि मांय कौसल्येखातिर भोगत आसा. कारण ती सदा समय चिंतेंतूचि आसता कीं जेन्नां वनवास सोंपतालें आनि केन्नां ती लक्ष्मणाक रामसीतेले सहित पळयतालि.

सीतेन हे तरेन परत परत दु:ख करचें पोळोवनुं रावणान सीतेवयर लक्ष्य आसूं म्हण्णुं दवरिलें एक गराक्षसीक पोळोवचाक जालें ना. तीणें सीतेक सांगलें, दु:ख कर नाका, तुगेलो पति अजून जीवंत आसा. कारण तुका सांगता, सेनाधिपति जर घायाळ जालो किंवा मृत्युमुखांतु पडलो म्हण्णुं सेना निराश जायत नासताना युद्ध करत आसता. तूं दु:ख कर नाका, तुगेले पतीक कांयी जालें ना. तागेलि काळजी वानर निश्चित घेत आसताले. तुगेलि काळजी दिसता म्हण्णुं हांवु तुका सांगत आसा. हांवे असत्य केन्नांयी उलयिलें ना आन मुखार सुद्धां उलोवचें ना. तुगेलें पातिव्र्यचि माका तुगेले दिशेन आकर्षित केलिलें आसा. देव दानव सुद्धां ते दोन शूर वीरांक कसलोयी हानि करचे शकनांचि. तुगेले ध्यानांतु आसूं, बे शुद्ध अवस्थेंतु आसल्यारियी ते निस्तेज जायनासताना ते अजून तेज:पुंज आसाचि. जे मनुष्यालो प्राण केलिलो आसा ते निस्तेज जालिले आसताचि, तुगेलो पति किंवा दूर निस्तेज जालिले नांचि. देकून जनकपुत्रि शोक त्याग कर कारण रामलक्ष्मणांनि मरण पांवचें अशक्य आसा. तीं समाधानाचें वचन आयकूनु सीतेन दोन्नीं हात जोडनुं देवांक नमस्कार करत म्हळ्ळें तथास्तु - तशेंचि आसूं. तदनंतर शांत मनान देव आनि म्हालगड्यांले वयलें विश्वासान अशोकवनांतु परत प्रवेश केलो.

ooooo

## अध्याय 8

जेन्नां अंगदान इन्द्रजितालो रथ चूर चूर करनुं तागेलो सारथी, घोड़े सुद्धां नश्ट केलो तेन्नां तागेलो संताप नियंत्रणेंतु दवरचाक जाय नासताना तो तक्षण थंयचान मायाशक्तीन अद्दश्य जालिलो. पुण तागेलो संताप शांत जालो ना आनि परत आपण्यालि माया शक्तीचो उपयोग करनुं श्रीराम आनि लक्ष्मणांक मोहांतु घालनुं तांगेले वयर सर्पातरेन तीक्ष्ण बाणांचो वर्षाव केलो आनि तांका सर्पास्त्रान बांदलें. तांका हे तरेन बन्धिस्त केलिलें हनुमंतान पळयलें. तांका जीवंत पकड़चाक जालिले नाशिल्यान इन्द्रजितान आपण्यालि मायाशकितीचो दुरुपयोग केलिलो आसा, हें हनुमंताले लक्ष्यांतु आयलें.

तेन्नां इन्द्रजितान आशिल्लें स्थान शोदून काडचाक धा चतुर वानरांक चारी दिशेन गेले. परंतु मायावी इन्द्रजितालो धाही वानरांक सुद्धां बंधिस्त केलें. आनि इन्द्रजित तागेले मायाशक्तीन लागून अद्दश्यचि उरलो आवि ते वानरांक दिसलो ना.श्रीराम आनि लक्ष्मण ते सर्पास्त्राक लागून रक्तबंबाळ जाले.

तेन्नां स्वत: अदृश्य ऊरनुं इन्द्रजित श्रीराम लक्ष्मणांक उद्देशून म्हणालो, हांवु मेगेले मायाशक्तीक लागून देवेन्द्राक सुद्धां जेन्नां अदृश्य आसा, तन्वां तुमगेले तसले य:कश्चित् मानवांक कशें शक्य आसतालें ? देकून मेगेलो क्रोध तेन्नांचि शांत जातालो जेन्नां तुमकां हांवु यम कोणाक धाडतालों. हे तरेन उलयत ते निशाचरान श्रीराम लक्ष्मणाक तीक्ष्ण बाणान दुखोवचाक लागलो. आपण्याले बाण परत परत सोडत श्रीराम आनि लक्ष्मणाक त्रास दिवचाक लागलो. ते दोन्नीं दाशरथीपुत्र सर्पास्त्रान बांदिल्ले आशिल्यान कांयी करूं शक्लें नांचि, इत लेंचि न्हंय तर शक्ति क्षीण जालिल्यान दोळे उघडनुं पोळोंवशकले नांचि. आंगांतल्यान जास्त रक्त व्हांवनुं गेलिल्यान  ते दोग्गंयी रक्तबंबाळ जालिले वीर पुरुष शुद्धि वचून धर्तरारि निस्तेज पडले.

पोरणें काळांतु देवेन्द्रावयर यश प्राप्त केलिले इन्द्रजिताक लागून पयलें श्रीराम पडलो. आपण्याले धनुष्याचि दोरी सढल करनुं श्रीराम ते धनुष्याचि सहित धर्तरिर पडिल्लो. आनि लागींचि लक्ष्मण सुद्धां अनेक बाणांन  घायाळ जावनुं बेशुद्ध पडिल्लें पोळोवनुं सर्व वानर कांयी समजत नासताना शोक करचाक लागले. हनुमंत नियतीचो खेळ पळयत चिंतेंतु आशिल्लो. शोक करचाक लागले. सुग्रीव आनि विभीषण हताश जावनुं दु:खांतु बुडिलो. ते सर्वांनि आकाराचे दिशेन पळयलें पुण तांका इन्द्रजित दिसलो ना, पुण विभीषणाक तो स्पश्ट दिसतालो. आनी मागिर तक्षण इन्द्रजित आपण्याले पराक्रमाचि विस्तृत समाचार रावणाक दिवचे खातीर आपण्याले सन्मुख गेलो. तो म्हणालो। हांवे राम आनि लक्ष्मणाक सर्पास्त्रान बांदल्या आनि ते आतां मरणावस्थेंतु आसाचि. देव दानव किंवा यक्ष ऋषी आसल्यारियी तांका सर्पास्त्रांतल्यान किंवा मृत्युमुखांतल्यन मुक्ति ना. जे क्षुद्र जंतु समान मनुष्यांन मेगेले बापयलि तीन चार रात्रीचि नींद हरण केलि जाका लागून ताका दु:ख जालो ते आतां मरणचि वाट पळयत आसाचि. जे तरेन शरद ऋतूंतु  पावसाचि अवश्यकता ना, ते तरेन राम लक्ष्मण किंवा वानरांलि लंकेक अवश्यकता ना.
 तदनंतर ताणें बाण मारनुं अन्य वनरांका मारनुं तांका सुद्धां त्रसांतु घातलें. आनिराक्षसांक उद्देशू सांगलें प ळया रावणाक विरोध करतल्यांलि दुर्दशा !

पुण विभीषण जाणतालो किं सत्याक केन्नांयि अ पयो ना. देकून ताणें सुग्रीवाक सांत्वन करत सांगले,  दु; ख करनाका, युद्धांतु असले प्रसंग अनेक येत आसताचि. सत्याचो केन्नांयी विजय आसता. श्रीराम आनि लक्ष्मण शीघ्र शुद्धीक येताले. हो क्षण दु:ख करचो समय न्हंय. आतां खंयचे तरेन श्री राम आनि लक्ष्मण परत शुद् झींक ये ताले, हो विचार करचाक जाय. जे क्षण ते परत शुद्धीक येताले तेन्नां सर्वांले कल्याण तो स्वत: निश्चित करतालो. श्रीरामाले द्रिश्टीन हें कांयिं न्हंय आनि श्रीरामाक मरण येवचें साध्य ना. तागेले असलें तेज आसा किं ताका मृत्यु स्पर्श करतालो अशें दीसना. देकून तूं स्वत:क सावर, तो पर्यंत हांवु दुसरे सर्वांक सावरतालो. पळय ते वानर सैनिकांक भितीन दोळे झांकल्याचि, तरियी आप-आपसांतु कांयि तरी कुजबुजताचि. तांका उत्साहित करत धडपडचें माका पोळोवनुं पोरणो हार उडयिलें तरेन तांगेलें भय दूर उलोवनुं उमेद परत येतालि. हे तरेन सुग्रीवाक उत्साहित करनुं विभीषणान  आपण्यांलें लक्ष्य वानरांले

जेन्नां विभीषण वानरांक धैर्य दीत आसतालो, तेन्नां इन्द्रजित रावणाक प्रणाम आनि अभिनंदन करत उमा लक्ष्मणालो अंत आनि आपण्यालो विजयाचो उत्सव लंकेंतु करत सजयत आशिल्लो. जेन्नां रावणान हो समाचार आयकलें तेन्नां रावण आपण्याले पुताक आलिंगन दीत आनंदान नांचचाक लागलो. जेन्नां जे पतीवयर आपण्यान नितांत प्रेम केलो तो श्रीराम आनि जे दीर्घावयर स्वत:तो पुत्र म्हण्णुं मोग केलिलो लक्ष्मण दोग्गंयी युद्धांतु मृत्युमुखांतु पडले म्हण्णुं ते पतिव्रता सीतेक सांगचांतु आयलें, तैन्नां ती

शोकान पूर्णतरेन विलाप करचाक लागलि. आपूण केन्नांयी विधवा जावचि नां ते उलट सुवासिणी आसून आपण्याक मृत्यु येतालो, श्री राम राजा आनि हांवु तागेलि राणी म्हण्णुं सिंहासनावयर बसतालीं, माका पुत्रयोग निश्चि आसा म्हण्णुं भविष्य सांगिल्ले ब्राह्मणांक दोष दीत तांन्निं सांगिल्लें सर्व चूक जालिल्यान ते शिक्षक पात्र आसाचि म्हणत ती दु:खान अक्रोश करचाक लागलि.

सीता जाणत्यांली कीं श्रीराम सामान्य योद्धा न्हंय तर सर्व शस्त्रास्त्रांतु प्रवीण, वायु, अग्नि, वरुण, ब्रह्मास्त्रांचो जाणतालो, कपट किंवा माया शक्तीनचि ताका मृत्युमुखांतु घातिल्लें उरत. शिवाय देवेन्द्रातरेन शूर आशिल्ले श्रीरामाक अन्य तरेन मरण येवचें साध्य ना. मनातरेन शत्रूलागीं तीक्ष्ण बाण आसल्यारियी श्रीरामान युद्धांतु अपयशी जावचें असंभव आसा. अंतसमयाक काळ महा बलवान आसा। तेंचि सत्य आसा. पुण श्रीराम, लक्ष्मण किंवा मेगेले खातिर इतलें दु:ख भोगना जितेलें दु:ख मेगेलि मांय कौसल्येखातिर भोगत आसा. कारण ती सदा समय चिंतेंतूचि आसता कीं जेन्नां वनवास सोंपतालें आनि केन्नां ती लक्ष्मणाक रामसीतेले सहित पळयतालि.

सीतेन हे तरेन परत परत दु:ख करचें पोळोवनुं रावणान सीतेवयर लक्ष्य आसूं म्हण्णुं दवरिलें एक गराक्षसीक पोळोवचाक जालें ना. तीणें सीतेक सांगलें, दु:ख कर नाका, तुगेलो पति अजून जीवंत आसा. कारण तुका सांगता, सेनाधिपति जर घायाळ जालो किंवा मृत्युमुखांतु पडलो म्हण्णुं सेना निराश जायत नासताना युद्ध करत आसता. तूं दु:ख कर नाका, तुगेले पतीक कांयी जालें ना. तागेलि काळजी वानर निश्चित घेत आसताले. तुगेलि काळजी दिसता म्हण्णुं हांवु तुका सांगत आसा. हांवे असत्य केन्नांयी। उलयिलें ना आन मुखार सुद्धां उलोवचें ना. तुगेलें पातिव्र्यचि माका तुगेले दिशेन आकर्षित केलिलें आसा. देव दानव सुद्धां ते दोन शूर वीरांक कसलोयी हानि करचे शकनांचि. तुगेले ध्यानांतु आसूं, बे शुद्ध अवस्थेंतु आसल्यारियी ते निस्तेज जायनासताना ते अजून तेज:पुंज आसाचि. जे मनुष्यालो प्राण केलिलो आसा ते निस्तेज जालिले आसताचि, तुगेलो पति किंवा दूर निस्तेज जालिले नांचि. देकून जनकपुत्रि शोक त्याग कर कारण रामलक्ष्मणांनि मरण पांवचें अशक्य आसा. तीं समाधानाचें वचन आयकूनु सीतेन दोन्नीं हात जोडनुं देवांक नमस्कार करत म्हळ्ळें तथास्तु - तशेंचि आसूं. तदनंतर शांत मनान देव आनि म्हालगड्यांले वयलें विश्वासान अशोकवनांतु परत प्रवेश केलो.

ते अत्यंत बलवान् सर्पास्त्रान बांदचांतु आयिले आनि रक्तबंबाळ जालिले श्रीराम आन लक्ष्मण सर्पान फूत्कार सोडिल्ले तरे दीर्घ श्वास सोडत आशिल्ले आनि सुग्रीवादि वानर शोकग्रस्त जावनुं वर्तुळाकारान उभे आशिल्ले. तेन्नां श्रीरामान शरीर रक्तान डबडबलें आनि बाण अजून शरीरावयर आसल्यारियी आपण्याले स्वसामर्थ्यान सावकाश दोळे उघडनुं शुद्धीवयर आयिलो संकेत दिलो. तेन्नां बाजून लक्ष्मण अजून बेशुद्ध आशिल्लें पोळोवनुं दु:खी मनान म्हणालो, जेन्नां मेगेले मोगाचो भावु अजून बेशुद्ध आसताना सीतेक शोधचांतु हांवे जीवंत आसचांतु कसलो प्रयोग आसतालो ? प्रयत्न केल्यारि सीतेले समान दुसरे स्त्री माका पत्नि म्हण्णुं कदाचित मेळताली, पुण लक्ष्मणालो भाव मेळचो अशक्य आसा. जर लक्ष्मणालो प्राण पंचतत्वांतु विलीन जाय नासताना तो जीवंत उरतालो तर मातासुमित्रेक अत्यानंद जा तालों, देकून हे वानरांले समक्ष हांवु प्राण त्याग करचाक सिद्ध आसा. अयोध्येक परत गेले नंतर हांवु माता कौसल्या, कैकेयीक कितें सांगू, मात सुमित्रेक कशिं तोंड दाखोवूं?लक्ष्मण दिसलो ना, तेन्नां भरत शत्रुघ्नाक कितें सांगू? मेगेलागीं कसलेंयी उत्तर आसचें ना, ताज़े पेक्षा हांगाचि प्राण त्याग करचेंचि श्रेयस्कर आसतालें. मेगेलो धि:कार आसूं, मेगेले दुष्कर्म आनि अनार्य प्रवृत्तींतु लागून लक्ष्मणाक जीव सोडचो पडता. लक्ष्मण,

तूं केन्नांयी माका आश्वासन दीत आसतालो, तुगेले मृत्युनंतर माका योग्य सल्लो कोण दितालो? जो युद्धांतु अनेक राक्षसांक मृत्युमुखांतु धाडतालों तोचि आयज मृत्यु मुखांतु पडिल्लो आसा.

शरपंजरावयर रक्तान डबडबिलो तूं अस्तमेंतु अदृश्य जावचो सूर्यातरेन दिसत आसा. जे तरेन तूं मेगेले बरोबर वनवासांतु निवास करचाक आयतो ते तरेन हांवु तुगेले मागशीं यमसदनांतु येत आसा. हांवु दुःख अनभवतां, कारण आत्मविश्वासान विभीषणाक लंकेचो करतां म्हण्णुं केलिलि प्रतिज्ञा आतां पूर्ण करू शकचो ना. सुग्रीव, तूं तक्षण परत किष्किंन्धेक  वच कारण हांवु तुका आतां मदत करू शकचो ना. अन्यथा रावण तुगेलो वध केले शिवाय उरचो ना. हनुमंतान योग्य चूसेगा केलिलि आसा आनि हांवु जांबुवंतालो सुद्धां आभारी आसा. इंगद' मैंद आनि द्विवेदांक तर माका विसरचाक जावचें ना. सुग्रीव मानवांक नियतीपासून सुटकारो ना. हांवु तुमगेले सर्वांलिं अनुमति घेत आसा. तुमिं योग्य तो मार्ग स्वीकारचाक स्वतंत्र आसाचि.

श्रीरामाले काळजांतु पीळ दिवचे शब्द आयकूनु ते समस्त वानर वृंद दोळ्यांतल्यान अश्रु गळयत कांयी उलयत नाका थंयीचि स्वस्थ राबले. तेचि क्षणाक विभीषण सर्व वानर सैन्यांतु विश्वास आनि उत्साह परत निर्माण करनुं थंय येवनुं पावलो. पुण तागेलें राक्षसकुळाचो रंगरूप पोळोवनुं थंय आशिल्ले थोडे वानर इन्द्रजित परत आयलोकिं कांय म्हण्णुं भीवनुं थंयचान पलायन केलें. तें पोळोवनुं सुग्रीव विचारचाक लागलो, हें कसलें, कितें जाल तुमिं सर्व घाबरून चिंतेंतु आशिल्ले तरेन वागत आसाचि? सुग्रीवाले हे प्रश्न्याक वालीपुत्र अंगद म्हणालो कीं श्रीराम लक्ष्मण हे तरेन रक्तबंबाळ अवस्थेंतु निस्तेज पाडिल्यान  ते घाबरल्याचि. सुग्रीव म्हणालो, ना वानरांनि भिवचायक जुसरेंचि एक कारण आसू शकता.

हे तरेन सुग्रीव आनि अन्य वानर विचार करत आसताना थंय श्रीरामाक विजय आसों, लक्ष्मणाक विजय आसों म्हणत गधा हातांतु घेवनुं विभीषण आयलो. विभीषणान आयिलें पोळोवनुं जांबुवंत सुग्रीवाक म्हणालो, विभीषणाक पोळोवनुं तो इन्द्रजित म्हण्णुं वानरांनि समजिल्यान तोचि तें कारण आसू शकता. देकून तूं ते सर्व वानरांक सांग तो विभीषण आयला, भिवचें कारण नां, ते सर्वांक परत एकत्रित कर. सुग्रीवान ते तरेन वानरांक एकत्रित केलें. आनि तांगेल्यांतु परत विश्वास आनि उत्साह दिलो.

श्रीराम लक्ष्मण हे तरेन निस्तेज पडिल्लें पोळोवनुं विभीषणाले दोळ्यांचो अश्रु जमलें. चो म्हणालो माया शक्ति आनि कपट कारस्थान  वापरिल्यानहे ज़ोन शूर वीर युवकांलि ही स्थिती उद्भवल्या. रावणालो ज्येष्ठ पुत्र इन्द्रजितान कपट कारस्थान करनुं हे राजपुत्रांवयर ही दश निर्माण केलिलि आसा. लंकेवयर राज्य करचें स्वप्न नश्ट जालें रावणालि इच्छा आतां पूर्ण जालि. विभीषणान हे तरेन विलाप करचें पोळोवनुं सुग्रीव म्हणालो, विभीषण चूँ निश्चित लंकेचो राजा जातालो आनि तो राज्याभिषेक स्वत: श्रीरामाले वरदहस्तान सामको जातालो. श्रीराम आनि लक्ष्मण अजून जीवंत आसाचि. तांका जालिलि हानि तीक्ष्ण ना. सर्पास्त्राक लागून ते शुद्धीवयर आसाचि. सर्पास्त्राचो प्रभाव शीघ्र कमिं जातालो आनि श्रीराम आनि लक्ष्मण परत तेजान कार्यरत जाताले, आनि रावणालो वध करताले, हांतूत कांयी संदेह ना. देकून सुग्रीवान आपण्लो मांव सुषेणाक हे दोन्निंयी राजपुत्रांक किष्किंन्धेक व्हरचाक सांगले जाका लागून थंय तांगेलो योग्य उपचार जातालो. जो पर्यंत मेगेलो प्रश्नो आसा, हांवु हांगाचि ऊरनुं रावण आनि अन्य राक्षसांक नाश करनुं सीतेक मुक्त करनुं किष्किंन्धेक येतालों.

सुषेणान तेन्नां सुग्रीवा जागरूक आसचाक सांगून म्हळें ती ताणें देव दानवां मदलें युद्ध पळयलां जे युद्धांतु दानवांनि आपण्यालि मायावी शक्तीन स्वत:क अदृश्य दवरनुं आनि कपट कारयस्थानाचो उपयोग

करनुं देवांक पराजित केलिलें आसा. राक्षस तर दानवांपेक्षां जास्त क्रूर आनि अधर्मी आशिल्यान तांगेले बरोबर युद्ध करताना जास्त काळजी घेवचें पडता. देव दानवांले युद्धांतु ज़ख्मी जालिल्यांक बृहस्पतीन स्वत: औषधोपचार केलिलो. देकून संपति, पनस आदिनीं तुरंत क्षीरसागराक वचून औषध सामग्री घेवनुं येवचाक जाय. ते वानरांक संजीवकरणि आनि अन्य दैवी औषधींचि जाणीव आसा. क्षीरसागरांतु पूर्व काळांतु अमृताचो उगम जालिलें. ते सागरांतु द्रोण आनि चन्द्र नांवाचे पर्वत आसाचि. थंय हीं औषधं मेळतालें. थंय हनुमंतान शीघ्र वचून तीं औषधं घेवनुं येवचाक जाय.०

०००००

## अध्याय 9

जेन्नां हे तरेन सुग्रीव श्रीराम लक्ष्मणाले प्रकृतीं विषय चिंतित आशिल्ले तेन्नां। अकस्मात् वातावरण वारो तीव्र व्हांवचाक लागलो, आकाशांतु अचानक मेघ एकत्रित जालिं, सागर प्रक्षुब्ध जालो, व्होड व्होड पाळं वयर आयलिं, धर्तरिवयले सर्प नाग भीवनुं सागरांतु निकले, भूकंप जालिल्यान ज़मीन भंग जालि, पर्वत फुटलो, पशु पक्षीनिं पलायन केलें. आनि पळय पळय म्हण पर्यंत आकाशांतु विनीता पुत्र तेज:पुंज गरूड़ द्रिश्टीक पडलो. गरूडान येवचे पोळोवनुं राम लक्ष्मणाक बन्धनांतु दवरिले सर्पास्त्राचे सर्प तांका सोडनुं अदृश्य जाले.

आकाशांतल्यान पृथिवीवयर गरूड़ उतरलो, श्रीराम लक्ष्मणाक नमस्कार केलो, तांगेलें मुखकमल स्पर्श केले, कुरवाळले. गरूडालो स्पर्शान श्रीरामलक्ष्मणाले धाय बरें जाले, तांगेलि स्मृति, तेज, वीर्य, बल, ओज, बुद्धि, स्मृति दोन पटीन परत आयलि. ते दोन शूर वीरांक उकळनुं आलिंगन दिलें. तेन्नां श्रीराम गरूडाक उद्देशून म्हणालो, तूंवे आयिल्ल्यान आमगेले वयर इन्द्रजितान निर्माण केलिलें घोर संकटाचें निवारण जालें आनि आमिं परत शक्ति, तेज प्राप्त जालें. तुगेले दर्शनान माका पिता दशरथ आनि प्रपिता अज हांगेले दर्शन जालिलो आनंद आनि सौभाग्य प्राप्त जालिलें आसा. रूपसंपन्न, दिव्यालंकारान विभूषित तूं आसा तरी कोण?

तेन्नां गरूडान काळीज सहर्ष, दोळे विस्तार करनुं, सांगलें, हांवु विनीतालो पुत्र, पक्षींतु सर्व श्रेष्ठ, महाप्रतापी, तुगेलो परम प्रिय आनि प्राणापेक्षा जास्त निकट मित्र तुगेले सहायार्थ आयिलों आसा. देव, दानव, मानव किंवा वानर ही क्रूर इन्द्रजितान बांदिल्लि सर्प गांठ सोडवूं शकचे नांचि. कारण जे सर्परूपान आशिल्ले हेयर्प कद्रूले संतान आसून तांगेलें वीष इन्द्रजितालो मायाशक्तीक लागून बाण जावनुं तुमगेले शरीर मूर्छेंतु घालिलें आसा. श्रीराम तूं आनि तुगेलो भावु लक्ष्मण निश्चित भाग्यवान् आसाचि कारण जे क्षण माका तुमगेले व्यथा समजलि, ते क्षण हांवु तुमगेले मदतीन धांवनुं आयिल्लों आसा. आतां तुमकां हे बंधनांतल्यान मुक्त करत आसा. हे मुखार तुमिं स्वत:चि काळजी घेवचाक जाय. राक्षस स्वभावत: युद्धांतु कपट आनि माया शक्ति वापरताचि, ते उलट तुमिं धर्मनिष्ठ आसून सरळ स्वभावाचो आसाचि. जें इन्द्रजितान केलें ते अधार्मिक आसा, आनि राक्षस युद्धांतु कपट कारयस्थानाचो चो उपयोग करत आसताचि. देकून तांगेले वयर केन्नांयी विश्वास दवरचो न्हंय. मेगेलि आनि तुगेलि मैत्री ही कशीं म्हणुं विचारचे हो समय न्हंय. तूं युद्धांतु यशस्वी जाले नंतर तुका स्वत: तें समजतालें. जेन्नां बाल, स्त्री वृद्धांक सोडनुं युद्धांतु तूं रावण आनी तागेले सहकारींलो वध करतालो तेन्नां सीतेक मुक्त करनुं घेतालो. हे तरेन

श्रीरामाक सांगून, नमस्कार करनुं, प्रदक्षिणा घासनुं, सहर्ष आलिंगन दीवनुं तो महात्मा गरूड़ थंयचान आकाशमार्गान परत आपण्यायले स्वस्थानक गेलो.

श्रीराम परत शुद्धीवयर येवनुं पयले तरेन सशक्त जालिलें पोळोवनुं सर्व वानर समुदायेंतु हर्षोल्लास पसरलो, ढोल मृदंग, वाद्यवुंदांचो अवाज, शंख तुतारींचो यिंहनाद चारी दिशेन दुमदुत पसरलो. हे तरेन नाचत गात ते वानर लंकेचे महाद्वाराक पावले. श्रीराम आनि लक्ष्मण परत शुद्धीक आयिलें पोळोवनुं समस्त वानरसेना अतीव आनंदान सहर्ष जल्लोष करचाक लागले. सुग्रीव, विभीषणाले उत्साहाचे शब्द उलयिल्यान तांगेलो रावणाक वध करनुं सीतेक मुक्त करचो निर्धार प्रबल जालो. आनि जास्त समय व्यर्थ जावन्हंय म्हण्णुं तक्षण लंकापुरीचे महाद्वारा दिशेन आक्रमण करचो निश्चय केलो. शंख तुतारी ढोल नगारा वाजयत ते चलत महाद्वारालागीं येवनुं पावले.

जेन्नां ते सर्वांलो अवाज रावणाले कानांतु पडलो तेन्नां ताणें कुतूहलान लागीं आशिल्ले राक्षसाक हे तरेन जल्लोष करचें कारण कितें म्हण्णुं म्हण्णुं पोळोवचाक सांगलें. समाचार घेवनुं राक्षस परतलो आनि सांगचाक लागले कीं इन्द्रजितान सर्पास्त्रान बांदिल्ले राम लक्ष्मण ते बंधनांतल्यान सुटून परत पयले तरेन सशक्त जालिले आसाचि आनि लंकापुरीचे महाद्वाराभायर जमिले आसून हो अवाज तांका लागून आसा. रावणाक ती शंका आशिलीचि, म्हणून सर्वांनि जागरूक आसचें अत्यंत आवश्यक आसा. जेकून ताणें समीप आशिल्ले राक्षस वीरांक सांगलें, सांगिल्लो समाचार आयकूनु महाबलवान् रावणाले दोळे लाललाल जाले आनि श्वासोच्छासाचि गति वाढलि. तागेलें मनांतु चिंता आनि उत्रांतु विषाद दिवचाक लागलो. सर्पस्त्राचे बंधनांतलंयान जर शत्रु मुक्त जाल शकता तर तो विषय तेन्नां माका आनि मेगेले सैनिकांक चिंता करचि अवश्यकता आसता. जे अस्त्रांनि आतां पर्यंत मेगेले शत्रूंक निष्फल केलिलें आनि वायुतरेन तेजा तरेन प्रभावित आशिल्लें अस्त्र आयज तेजान जाल्यां, हें आश्चर्य आसा.

रावणान दीर्घ विचार केलो आनि अखेरिक निकट आशिल्ले धूम्राक्ष नांवाचे राक्षसाक उद्देशून सांगलें, तूं सर्व राक्षसांतु अति बलिष्ठ आनि कठीण कर्म केलिलो आसा. देकून तूंचि सैनिकांक घेवनुं वच आनि राम लक्ष्मणालो वध करनुं यो. रावणालि आज्ञा जा सित्तं धूम्राक्ष तक्षण उठलो, सैनिकांक एकत्रित केलें आनि युद्ध करचाक पश्चिम द्वारादिशेन गेलो. पुण जेन्नां तो रथावयर चडलो तेन्नां तागेले ध्वजस्तंभवयर अकस्मात् एक गृधपक्षी येवनुं बसलि, आजूबाजून पक्षी कर्कश अवाजान किंकाळचाक लागले. हे सर्वअशुभ चिन्हे पोळोवनुं धूम्राक्षालें मनांतु चिंतेक अवसर मेळ्ळो.

पश्चिम द्वाराभायर ताका हनुमंत दिसलो. स्वत: एक व्होड सैन्य घेवनुं आसल्यारियी वानरालें अति उत्साहान समुद्राचो अवाजातरेन अवाज करचि ती वानरसेना पोळोवनुं तो किंचित दचकलो. धूम्राक्षान युद्ध करचाक आयिलें पोळोवनुं वानरसैन्यान ताका व्होड गर्जना केलि. तेन्नां थंय हातांतु मेळिलें अस्त्र, शस्त्र, रूक किंवा फात्तर वापरनुं एक घोर युद्धाक सुरवात जालि. राक्षसांलि बाजू एक क्षण वयर आसल्यार दुसरे क्षणाक वानर विजयी अशें दिसतालें. पुण युद्धांतु अखेरचो क्षण निश्चय करता. घोर संग्रामानंतर हनुमंत विजयी जालो आनि धूम्राक्ष धूळ चाटत अपयशी जालो. तागेलें मृत्यून राक्षस सैनिक ूरणतरेन हत्या जालें आनि जीव हातांतु धरनुं शीघ्र परतले. वानरसैनिकांनि विजय प्राप्त केलिल्यान हनुमंतालो जयजयकार केलो.

धूम्राक्षालो युद्धांतु वध जालिलो समाचार आयकूनु अस्वस्थ इतलोचि न्हंय तर अत्यंत क्रोध आयिल्ल्यान दोळे लाललाल आनि तोंड काळेंकुट्ट जालें. बांदिल्लि मुष्टी आनि सोडचो नि:श्वास तागेले

मनांतु चलचो असंतोष आनि जालिले कार्याचि असफलता दाखयतालो. देकून ताणें जास्त विलंब करत नासताना मुखावयलो लक्ष्य स्वीकारलें. वज्रदंष्ट्र राक्षसाले दिशेन पळयलें आनि तागेले द्रिश्टीन तोचि वानरांलो प्रतिस्पर्धी जावचाक योग्य आसा. राजालि इच्छा तीचि तागेलि आज्ञा म्हण्णुं माननुं वज्रदंतान राम, लक्ष्मण, सुग्रीवादि वानरांक करचे खातिर तो मायावी सिद्ध जालो. अंगद आशिल्ले दक्षिणदिशेचे द्वाराभायर तो आपण्यांलें सैन्य घेवनुं गेलो.

पुण वज्रदंतालें नशीब, ताणें धनुष्याक बाण लावचांतु पयलेंचि काळे मेघांतल्यान झगडचि एक उल्का पडलि. दूरचान कोल्ह्यान किंचाळचो कर्कश अवाज आयकुवचांतु आयलो. असले अपशकुन दिल्यारियी वज्रद्ष्ट्र अंगदाले वानर सैन्यावयर तुटून पडलो. पुण हे दोन सैन्यांतु अंतर आशिल्लो. वज्रदंष्ट्र रावणाले स्वार्थ साधचाक युद्ध करत आशिल्लो, अंगद रामाले धर्मनिष्ठ प्रवृत्तींतु आस्था आशिल्यान न्याय प्राप्त करचाक संघर्ष करताशिल्लो. सत्य आनि असत्यामदले संघर्षांतु अंतिम विजय सत्याचो आसल्यारियी सत्याक व्होड प्रमाणान त्याग करचें पडता.

देकून जितलो अधर्मी रावणाले राक्षसांलो नाश जाता तितलोचि नाश धर्मनिष्ठ श्रीरामाले वानरांलोसुद्धां जायत आसता. जे तरेन वनवासी वानर रूक आनि फात्तर घेवनुं राक्षसांलो संहार जायत आसतालो तेचि तरेन राक्षस आपण्याले भयंकर शस्त्र आनी माया कपट वापरनुं वानरांलि हत्या जायत आसतालि, पृथ्वी रक्तान पूर्ण भिजलि. जशें जशें आपण्यांलें नाश जायत गेलें आनि अंगदाले वाढत गेलें तशें तशें वज्रदंष्ट्र जास्त क्रूर जावनुं संतापान सर्वदीशेन वानरांलो नाश करचाक लागलो. पुण अंगदान ताका यथायोग्य प्रत्युत्तर दीवनुं तागेले अनेक राक्षसांक यमसदनाक धाडलें. जेन्नां वज्रद्रष्ट्रान पळयलेंकीं राक्षससैन्य नाश जावचाक सांगल्यां तेन्नां तो स्वत: रणांगणावयर उतरनुं युद्ध करचाक लागलो. तें पोळोवनुं अंगद सुद्धां संघर्ष करचाक उतरलो.

राक्षस आनि वानरांतु घोर युद्ध जायत आसताना वज्रद्रष्ट्र आनि अंगदालेमदें जो संघर्ष जालो, तो अद्भुत आनि अविस्मरणीय आशिल्लो. एक बाजून मानव कल्पनेन पुण कपट प्रवृत्तीन निर्माण केलिले राक्षसांलिं मायावी शस्त्रास्त्र आनि दुसरे बाजून निसर्गान रूक आनि फात्तर रूपान प्राप्त करनुं दिलिलीं वानरांलि अस्त्रं, मानव आनि दैवी शक्तीनचि प्रतीकं जालिं. अंत क्षण पर्यंत युद्ध केले नंतर जितलि हानि वज्रद्रष्ट्रान अंगदाक केलि ते समसमान अंगदान वज्रद्ष्ट्राक दीवनुं दोग्गंयी रणांगणावयर पडले, पुण तक्षण उठले. प्राप्त शस्त्रास्त्राचें युद्ध सोंपलेंकीं मुष्टी युद्धाक सुरवात जालि. मुष्टीयुद्ध करनुं थकलेकीं हातांतु मेळिलो फात्तर एकमेकांवयर घालनुं संघर्ष चलत उरलों आनि सौभाग्यान अखेरीक वज्रद्रष्ट्रालो जीव घेवनुं तो पूर्ण केलो. राक्षसवीर रणांगणावयर जीव सोडलोकीं राक्षसांले सैन्य दिशाभूल जालें आनि खंय तांका वाट मेळिळ ते दिशेन ताणिं पलायन केलें.

जेन्नां रावणाक वज्रद्रष्ट्राक युद्धयांतु अपयश प्राप्त जावनुं ताका अंगदान यमसदनाक धाडलें म्हण्णुं कळळें तेन्नां तो क्षणभर चिंतेंतु पडलो. तेन्नां तागेलो सेनापति अकंपना मुखार येवनुं नमस्कार करचें पोळोवनुं, राक्षसांले सैन्य घेवनुं आतां अकंपनान वच्चें आनि राम, लक्ष्मण आनि सुग्रीवालो नाश करचाक जाय म्हण्णुं आज्ञा केलि. निश्चित तो सोंपयलें कार्य यशस्वी जावनुं परत येतालो. रावणान आज्ञा केलिले तरेन अकंपन राक्षसांलो सेनापति अनेक बलिष्ठ सैनिकांक घेवनुं दिलिलें कार्य पूर्ण करचाक गेलो. तागेले मुखारि देव सुद्धां अपयशस्वी जालिले, कारण युद्धांतु तो शूर आसून तागेले तेज सूर्यातरेन झळकतालें. पुण जेन्नां तागेलो रथ तेजान चलतालो तेन्नां अकस्मात् तागेले घोड्यांचो वेग कमिं जालो. अकंपनालो दाव्वे दोळो फुरफुरचाक लागलो. जे दिवसाचि सुरवात बरें वातावरणान जालिलि, तो दिवस वातावरण बदलिल्यान

अपशकुनाचि चिन्हान बदललो. तरियी वाघा तरेन शक्ति आशिल्लो तो राक्षस शकुनांचो तिरस्कार करनुं रणभूमीवयर सागरांतु व्होड पाळं आयिले तरेन आपण्याले सैनिकांक घेवनुं गेलो. जेन्नां व्होड अवाज करत येवचें सैन्य वानरांनि पळयले तेन्नां तांगेले काळजांतु भीति निर्माण जालि.

सागरावयर वादळ येवनुं धर्तरिवयर एक महापूर आयिले तरेन अकंपन आपण्यालें सैन्य घेवनुं येत आयिल्लो. राक्षस सैन्यातले अतिरथी महारथींलें हनन केलिले वानरांक पोळोवनुं अकंपनालो क्रोध मस्तकाक गेलो. तदनंतर रावणाले सुखाखातीर आनि श्रीरामाले सुखाखातीर राक्षसांतु तुमिं वानरांतु एक भयंकर युद्धाक सुरवातजालि. सर्व जन पर्वता तरेन महान्, शूर वीर आशिल्ले. ते संघर्षांतु निर्माण जालिले धूळीचें पांघरूण दाही दिशा झांकताले. ते धूळीचे पांघरूणांतल्यान कांयियी दीसनाशिल्लें. ते महान् अंध:कारांतु राक्षस राक्षसांलो वानर वानरांलो वध करत आशिल्ले. रक्तान भिजलेले ते धर्तरिर ते पड़त आशिल्ले, उठत आशिल्ले. संघघर्शाचो गलगलाट दूर पर्यंतआयकुवचांतु येत आशिल्लो. अकंपन आपण्याले युद्धकौशल्यान वानरांलो नाश करचाक सुरवात केलि. वानरांक तागेले शक्तीक प्रतिकार करचें शक्य जालें ना आनि ते रणांगणा वयल्यान पलायनकरचाक लागले.  तांगेलि दारुण अवस्था पोळोवनुं वायुपुत्र हनुमंत युद्धभूमीवयर अवतरलो. हनुमंतान  आयिलें पोळोवनुं वानरांले काळजांतु परत धैर्य आयलें. जेन्नां हनुमंतान आयिलें पोळोवनुं अकंपन राशसान बाणांचो वर्षाव तागेले वयर केलो पुण हनुमंत विचलित जाय नासताना धैर्यान प्रत्युत्तर दीत आशिल्लो. ताणें मनांतु निर्धार केलिलो कीं अकंपनालो जीव घेतले शिवाय परत फिरचें ना. एक झेप घेवनुं तो सरळ अकंपनाले  रथावयर बसून तो रथ नश्ट करचाक लागलों. हनुमंत आपण्यालि पूर्ण शक्ति आनि प्रताप वापरनुं युद्ध करत आशिल्लोकीं तागेले वयर नियंत्रण घालचें अकंपनाक कठीण जायत आशिल्ले. देकून ताणें आपण्यालें वज्रायुधनमूचिवयर सोडलें. तें पोळोवनुं हनुमंत अकंपनादिशेन धांवलो आनि अकंपनातरेन तागेले स्वत: बाजून कसलेंयि शस्त्र नाशिल्यान थंय लागींचि आशिल्लो एक पर्वत ताणें उचललें आनि वर्तुळाकारान फिरोवनुं तो अकंपना वयर उडयलो.

हनुमंतान उडयलो पर्वत अकंपनान चूरचुर केलो, जें पोळोवनुं हनुमंताक कोप आयलो आनि पयले पेक्षा जास्त व्होड पर्वत सहज उचलनुं एक शस्त्र न्हण्णुं तो पर्वत वतुळारान फिरत परत अकंपनातरेन उडयलो. धैर्यान मुखार वचत हस्तींलिं हत्या करत, द्रिश्टीक आयिले रथ चूरचुर करत, साक्षात् मृत्युतरेन हनुमंत दिसतालो. तागेलें तेजान राक्षसांलें सैन्य दिशा दिसिल्ले दिशेन धांवताले लागले. आपण्यालें सैनिकांनि हताश जावनुं पलायन केलिलें पोळोवनुं अकंपन गडबडलो. क्रोधान अनियंत्रित जालिले मनान चौदा प्रभावी बाण हनुमंताले दिशेन सोडलें. जशें जशें हनुमंताले शरीरावयर घुसले तशें तशें तागेले आंगांतल्यान झाडाक नवे नवे फेंके फुटताचि ते तरेन हनुमंतालें शरीर नवे नवे वृक्षांनि परिपूर्ण एक महान् पर्वतातरेन दिसचाक लागलें. तेन्नां हनुमंता एक व्होड रूक उपटायलो आनि ते रूकान अकंपनाले माथ्यावयर मारलें. ते आघातान अकंपनालें शीराचे सहस्रान् सहस्र तुकडे जालें आनि अकंपनान तागेलो प्राण त्याग केलो. तांगेलो सेनापति रणांगणा वयर पडिल्लें पोळोवनुं अकंपनाले सैनिकांनि हाय, हाय म्हणत रणांगणावयल्यान पलायन केलें.  वानरसैन्यान हनुमंतालो जयजयकार केलो आनि हनुमंतान यशस्वी जालिल्यान तागेले प्रत्येक साथींलो यथा योग्य सन्मान दीवनुं आभार व्यक्त केलो.

ooooo

## अध्याय 10

अकंपनालो मृत्यु जालिलो आयकूनु रावणाक धक्को तर बसलो पुण ताका कोप येवनुं मस्तक सुन्नं जालें. मुखार कितें करचें हें कळनासताना ताणें आपण्याले मंत्रीमंडलाचे दिकान पळयलें. मंत्रींबरोबर विचार विनिमय करने नंतर आपण्याले सैन्याचें आनि नगर सुरक्षतेचें विमर्शन केलें. लंका नगरीचे चारी बाजून वानरांले सैन्य पोळोवनुं प्रहस्ताक सांगलें कीं आतां कुमभकर्णाक किंवा माका स्वत: वच्चें आवश्यक आसा अशें दिसता जर, इन्द्रजित किंवा निकुम्भ युद्ध करचाक तयार नांचि. तूंवे स्वत: फुडाकार घेवनुंरणांगणावयर वचून ते सर्व वानरांलो करचाक जाय म्हण्णुं मेगेलि इच्छा आसा. जर तूं गेलो तर अस्थिर मनाचे वानर तुगेलें नांव आयकुवचि रणांगण सोडनुं निश्चितधांवनु वताले. मागिर वानरांलि मदत नासता ना राम आनी लक्ष्मण इच्छा नासल्यारियी तुका शरण वताले. जर तुगेलि इच्छा रणांगणावयर वच्चे ना तर लंकेवयरवानर सहज अधिकार प्रस्थापित करताले, हें निश्चित आसा.

प्रहस्त वयान वृद्ध आनि ज्ञानान पूरण आशिल्लो. ताणें जग पळयल्यां, संसार अनुभवला. तागेलो आदर करताशिल्लो, उत्रांक मान दितालो. देकून तो म्हणालो, असले समय निश्चित असलें कर्म करचें हें अनिश्चित दुर्दैवपेक्षां जास्त श्रेयस्कर आसता. प्रिय किंवा अप्रिय आसा जें तूंवे सांगचें आसता, तें आमगेले हिताचेंचि आसतालें, "आपत् संशयिता श्रेयो न अत्र निहसंशयी कृता || प्रतिलोम अनुलोमम् वा यद् वा नो मन्यसे हितम् |". .

रावणाले शब्द आयकूनु जे तरेन उशना ऋषी बली राजाक आपण्यालो विचार व्यक्त करताशिल्लो ते तरेन प्रहस्त ताका म्हणालो, राजन्, पयलें अनेक संदर्भारी हांवे मेगेले विचार तुका हांवे व्यक्त केलिले आसाचि. मेगेले मतान सीतेक परत रामाले स्वाधीन करचांतूचि श्रेय आसा अन्यथा युद्ध तें निश्चित, जें आमिं आतां पळयताचि. तुगेले खातिर माका पायल चेरडूंव महत्वाचि न्हंय, मेगेलो प्राण तुगेले खातिर सदा समर्पित आसा. हे तरेन रावणाक सांगून प्रहस्तान आपण्याले राक्षससैनिकांक म्हणालो, चला आयज गिधाड्यांक मेज़वानी तयार करनुं दीवयां. प्रहस्तालि ललकार आयकून राक्षस सैन्य तक्षण रणांगणावयर वच्चाक तयार जालें. तागेले बरोबर नरंतक, कुंभहानु, महानाद, समुन्नाति तसले प्रतापी राक्षस शूरवीर आशिल्ले.

ते सर्व शूर राक्षसवीर पूर्व दिशेचें द्वारांतल्यान प्रहस्तालि मदत करचाक आशिल्ले. जेन्नां ते रणांगणावयर आयले तेन्नां विश्वविनाशाचे क्षण साक्षात् यम आयला अशें सर्वांक भास जायत आशिल्लो. शीघ्र लंकापुरी सैनिकांले शस्त्रांचे अवाजान दुमदुमलि. देकून श्रीरामान विभीषणाक तो कोण म्हण्णुं विचारलें. विभीषणान सांगलें किं तो रावणालो प्रधान सेनापति आसून एक महानं वीर, असामान्य शूर आसून ताका सर्व मायावी श्स्त्रास्त्रांचे नैपुण्य आसा. पुण जेन्नां तो रणांगणावयर आयलो तेन्नां काळे ढगांनि भरिलो आकाशा तरेन सर्व वातावरण अंध:कारान भरनुं गेलें. रक्तपिपासू हिंस्र पशुपक्षींनि कलकलाट करत विपरीत दिशेन उड्चे दिसताले. दूर आकाशांतु उल्का नदरेंतु पडिल्ले तरेन आनि रक्ताचो पावूंस पडिल्ले तरेन भास जायत आसतालो. जें तेज आनि प्रभाव प्रहस्तालो पयलें दिसतालो तो आतां तेज निस्तेज पडिल्लो, प्रभावाचो अभाव आशिल्लो. देकून निश्चिंत आनि यश प्राप्त करचे निश्चयाय ते प्रहस्ताले सैन्यान तुटून पडले. ते दोन सैन्यांतु जेन्नां युद्ध सुरु जालें तेन्नां एक बाजून बाणांचो पावूस पडता मल्लों आनि दुसरे बाजूचान फातरांचो धबधबो दिसतालो. ते युद्धांतु विशेष आनि उच्च स्तराचे शस्त्रांक प्रत्युत्तर प्रकृतिक वस्तु वापरनुं दिवचांतु येत आशिल्ले, जाका लागून दोन्निंयी बाजून वीर आनि तेचि तरेन

सामान्य सैनिक मृत्युमुखांतु पड़त आशिल्ले. वानर द्विविदान नरांतक राक्षसाक, दुर्मुख वानरान समुन्नातीक, जांबुवंतान महानादाक मरणाचे तोंडांतु धुंकळलें. तरियी प्रहस्ताले मुखार वानर सैन्य असमर्थ ठरलें.

जेन्नां वानर वीर नीलान पळयलें की प्रहस्ताले पराक्रमाचि लागून वानर जास्त नश्ट जायत आसाचि तेन्नां तो प्रहस्ताले दिशेन धांवलो. ताणें धांवनुं येवचें प्रहस्तान पोळोवनुं नीला वयरचि लक्ष्य केन्द्रित केलें. आनि पुण्याचें तीक्ष्ण बाण तागेले वयर सोडलें. नील ते बाणांचो आघातान पडलो खरो, पुण तक्षण उठून प्रहस्ताले वयर एक व्होड फातरान प्रहार केलो. पुण प्रहस्ताले ते असामान्य पराक्रमाक शांतचित्तान सहन करचे शिवाय नील वानराक गत्यंतर नाशिल्लें. जे तरेन अभिमानी बैल पावूस पड़ताना निर्भीड सहज शरीरावयर सहन करत आसता ते तरेन नील निश्चिंत आसून प्रहस्ता सोडिल्ले बाण सहन करत आशिल्लो. पुण सहन शक्तीक सीमा आसता. जेन्नां ती सीमा प्रहस्तान पार केलि तेन्नां नीलालो क्रोध मस्तकाक गेलो आनि ताणें प्रहस्ताले घोड़े नश्ट केलें, मागीर तांगेले हातांतल्यान धनुष्य सटकन् हिसकावनुं दोन तुकडे केले. प्रहस्त असामान्य आनि अप्रतिम योद्धा आशिल्यान ताणें तक्षण आपण्यालि गदा उचललि आनि द्वंद्व युद्ध करचाक सिद्ध जालो. दोग्गंयी वीर शूर द्वंद्व युद्धांतु कुशल, एकमेकांवयर प्रहार करत एकमेकांक दुखयत, एकमेकांले रक्त पाडयत, घोर युद्ध करत आशिल्ले.

प्रहस्तान नीलाले मस्तकावयर प्रहार केल्यार नीलान प्रहस्ताले छातीवयर प्रहार केलो. पुण जालिले प्चरहा राचि उपेक्षा करनुं प्रहस्तान परत हातांतु गदा घेवनुं ते बल्लान नीलाले दिशेन धांवलो. प्रहस्तान आपण्याले दिशेन येवचें पोळोवनुं नीलान सुद्धां एक विशाल पर्वतासमान फातर उचललो आनि तो प्रहस्ताले दिशेन उडोवनुं प्रहस्ताले मस्तकाटे असंख्य चूर चूर केले. प्रहस्ताले मुख विद्रूप जालें, शरीर स्वत:क सांभाळताले शक्लें ना, शक्ति नाशिल्लें शरीर कोसळनुं पडचें पोळोवनुं तागेलें सैन्य घाबरलेलो आनि स्वैरास्वैर धांवलें. प्रहस्ताक पूर्णतरेन अपयशी करनुं वध केलिल्यान श्रीरामान आनि लक्ष्मणान वानर वीर नीलालो सन्मान केलो.

जेन्नां रावणाक कळनुं आयले किं प्रहस्त रणांगणावयर मृत्युमुखांतु पडला तेन्नां तागेलो क्रोध आकाश पाताळापर्यंत पावलो. ताका अत्यंत मनस्ताप जावनुं तो राजदरबारांतले राक्षसांक म्हणालो, प्रहस्ताले तसले महान् योद्धाक म्रत्युमुखांतु पावयले ते प्रतिस्पर्धीलि उपेक्षा करनुं आतां चलचें ना. देकून हांवु स्वत: युद्धाक वचून ते शत्रूले नाश करतां. भयंकर अग्नीन महान अरण्य जळनुं गोबर जालिलेतरेन रणांगणावयर वचून राम लक्ष्मणांले वध करनुं वानरांलो सुद्धां भस्म करनुं सोडतां. हे तरेन सांगून राक्षसांले समस्त राजांतु श्रेष्ठ असलो राजा रावण आपण्याले रथांतु बसून श्रीरामाले बरोबर युद्ध करचाक गेलो, जेन्नां गेलो तेन्नां तो भूतगणांसचत नंदीवयर बसून येवचो रुद्र जशें दिसतालो. तागेले बरोबर असंख्य राक्षस सैन्य आशिल्लें. जेन्वां तो युद्धभूमीवयर पावलो तेन्नां ताका असंख्य वानर हातांतु फातर आनि रूक शस्त्र म्हण्णुं धरनुं उभे राबिल्ले दिसले.

रावणान स्वत: युद्ध करचाक आयिलें पोळोवनुं श्रीराम विभीषणाक विचारलें, कोण हो वीर, जो महेन्द्र पर्वतातरेन महान् आसून सर्व तरेचें मान सन्मानान श्रुंगारान शोभचें रथावयर बसून येत आसा ? विभीषणान श्रीरामाक सांगलें किं नाना तरेचे व्याघ्र, रेडो, हस्ति, घोड़े, असले विचित्र रूप, आकार, आशिल्ले राक्षसांसहीत येवचो, उत्तम चन्द्रातरेन शोभचें शुभ्रछत्रासकयल बशिल्लो, देवांक सुद्धां दमन करचो, भूतगणांमदले रुद्रातरेन प्रभावशाली जो दिसता तो राक्षसांलो राजा आसा. कोणें इन्द्राक आनि मृत्यूक

शरण येवचाकभाग पाडायलें, कोणांले शिखरावयर किरीट आनि कानांतु कुण्डल, विन्ध्याचलातरेन

कोणांलो आकार शोभता तो लंकाधिपति पति रावण आसा. तागेले आजूबाजून इन्द्रजित, अतिकाय, महोदर, त्रिशिरस्, पिशाच, कुंभ आन निकुंभ सर्व शूर वीर योद्धा आसाचि- "यश् च एष नाना विध विध घोर रूपैर् | व्याघ्र उष्ट्र नाग इन्द्र मृग इन्द्रवक्त्रैह् | भूतैर् वृतो भाति विवृत्त नेत्रैह् | सो असौ सुराणाम् अपि दर्प हन्ता || यत्र एतद् इन्दु प्रतिमम् विभातिच् | छत्रम् सितम् सूक्ष्म शलाकम् अग्र्यम् | अत्र एष रक्षोअधिपतिर् महात्मा | भूतैर् वृतो रुद्र: इव अवभाति || असौ किरीटी चल कुण्डल आस्यो | नाग इन्द्र विन्ध्य उपम भीम काय | महा इन्द्र वैवस्वत दर्प हन्ता | रक्षोअधिपह् सूर्य: इव अवभाति ||".

रावणाले वर्णन विभीषणान करचें आयकूनु श्रीराम म्हणालो, लंकाधिपतिलें रूप सूर्याले किरणांनि कवटाळीलें कीतलें द्वैदीप्त आनि तेजस्वी हें! देव दानव शूर वीरांसें रूप सुद्धां इतलें विलोभनीय आसचें ना जितेलें हे राक्षसाधिपतीलें आसा. तागेले सर्व सेनाधिपति पर्वतातरेन महान्, तांगेलि शस्त्र आयुध ओजस्वी आसाचि. तांगेले समूहांतु रावण साक्षातं यम तरेन भयंकर रूप घेवनुं आसा. नियतीचो अनुसार तो मेगेले द्रिश्टीक पडिल्लो आसून सीतेक अपहरण केलिल्याचो सूड आयज हांवु घेवचो आसां. हे तरेन घोषित करनुं श्रीरामान आपण्यालो धनुष्य उचललो आनि लक्ष्मण ताका अनुसरून चललो. जेन्नां श्रीराम धनुष्य घेवनुंतयार जायत आशिल्लो लंकाधिपति रावण आपण्याले सेनापतीक युद्धाक सिद्ध जावचाक सांगत आसतालो. नंतर तो म्हणालो कदाचित् आमकां सर्व पोळोवनुं वानर समजताले किं लंका असुरक्षित आसून आक्रमण करचाक सुलभ आसतालें. देकून आमगेलें लक्ष्य लंकेपासून चुकचें न्हंय.

हे तरेन सेनापतींक सूचना दीवनुं रावण स्वत: ते वानरसमूहांतु प्रवेश करचाक लागलो जे तरेन एक व्होड मासळी समुद्राचिं पाळं दूर करता. हे तरेन शस्त्रास्त्राचें सुसज्ज रावणान येवचें पोळोवनुं सुग्रीवान सर्व वानरांक फातर आनि रुकाते फांदे घेवनुं प्रतिपादन दिवचाक तयार आसचाक सांगलें. नंतर पर्वताचे एक व्होड तुकडे काडनुं तो रावणाले वयर उडयलो, पुण कसलेयी हानि जावचे पयलें आकाशांतु आसतानाचि तो पर्वताचे तुकडो आपण् ताले बाणान चूर चुर करनुं उडयलो. पर्वताचे तुकडो चूर चूर जायत आसताना रावणान एक तीक्ष्ण सर्पास्त्र वानरांलो राजा सुग्रीवावयर सोडलो. तो बाण सुग्रीवाले शरीराक लागलो आनि तो बेशुद्धावस्थेंतु धर्तरिर कोसळल. राक्षस आनंदान नांचचाक लागले.

सुग्रीवान घायाळ जावनुं पडिल्लें पोळोवनुं गवाक्ष, गवाय, सुषेण, ज्योतीमुख आनि नल रावणावयर धांवनुं गेले. पुण रावणाले तीक्ष्ण बाणांचे तुलनेन वानरवीरांलि सर्व प्रयत्न पूर्ण तरेन असफल जाले. , वानरांक असहाय यंत्रों अक्रोश करत परत फिरचें पडलें. तें पोळोवनुं श्रीराम स्वत: युद्ध करचाक उठलो. पुण ताका सक्ष्मणान आडोवनुं म्हळ्ळें, राम चिंता कित्याक करता? ते राक्षसालो वध हांवु सहज करूं शकता. देकून माका आज्ञा दी. तेन्नां श्रीराम म्हणालो, बरें तूंचि वच आनि यशस्वी जावनु यो. पुण घालत आसूं किं रावण नि:संशय युद्धांतु अति पराक्रमी आसता. तैलोकांतु तागेले क्रोधावयर कोणिंयी नियंत्रण घालू शकले नांचि. देकून तागेले दुर्बलतेचो लाभ करनुं घे आनि तुगेलि दुर्बलता ्ध्या नांतु आसूं. तुगेलें लक्ष्य तुगेले धनुष्य बाणाकडेन आसूं. श्रीरामालो आदेश शिरसावंद्य म्हण्णुं माननुं श्रीरामाले चरण स्पर्श करनुं लक्ष्मण युद्ध करचाक भायर सरलो.

ooooo

## अध्याय 11

श्रीरामालो आदेश स्वीकारनुं लक्ष्मण युद्धाक भायर सरलो आनि ताका लंकाधिपति राक्षस रावणालें प्रथमदर्शन जालें. हस्तीलि सोंडतरेन बलवान हात पळयलो जे हातान अनेक वानर वीर मृत्युमुखांतु पडिल्ले. हे तरेन पळयत आसताना रावणान घालिलें शरजाल उध्वस्थ करचे खातिर वायुपुत्र हनुमंतान रावणाले वयर झेप घेतलि. आवयन रावणाक म्हणालो, देव, दानव, गन्धर्व, यक्ष, राक्षसांपायून मृत्यु येव न्हंय म्हण्णुं वर्दी न तूंवे अवश्य प्राप्त केलिलें आसा. पुण वानर तुका घातक ठरतालें हें ध्यानांतु दवर. तुगेले शरीरांतु आशिल्लो जीव हो मेगेलो हातूचि हिसकावनुं घेतालो, हें निश्चित आसा.

रावणाक हे तरेन संबोधन करचें आयज पर्यंत। कोणिंयी जीवंत उरले नांचि. देकून तो अत्यंत क्रोध योवनुं म्हणालो, हे वानरा, कर मेगेले वयर वार कर, कारणतदनंतर हांवु तुका संपूर्ण नश्ट करचो आसा. रावणाले हे अहंकारान भरिल्ले शब्द आयकूनु हनुमंत म्हणालो, विसरनाका किं हांवे पयलें तुगेलो पुत्र अक्षाक वध केलिलोचिआसा. मर्म स्थानावयर जालिले घाय याद येवनुं हनुमंताले छातीवयर रावणान आपण्याले मुष्ठीन प्रहार केलो.जालिले प्रहारान हनुमंत एक क्षण स्तंभित जालो पुण स्वत:क सावरून घेवनुं तेंचि तरेन आपण्याले मुष्ठीन परत वार रावणाले वयर केलो. तेन्नां भूकंप जालिल्यान जेतरेन धर्तरी हालता तेंचि तरेन रावण एक क्षण अस्थिर जालो. तें पोळोवनुं न केवल वानर तर देव दानव, ऋषीगणांनिं अपुर्बायेचे शब्द व्यक्त केले. तेजस्वी रावणाक सुद्धां स्वत:क सावरनुं हनुमंतालें कौतुक वाह, वाह म्हण्णुं केले शिवाय उरचाक जालें ना. हनुमंतान प्रत्युत्तर रूपान म्हळें, धि:कार आसूं मेगेले शौर्याक, तूं अजून जीवंत आसा.

हनुमंतालि प्रतिक्रिया आयकूनु रावणाक आश्चर्य आनि क्रोध सुद्धां येवनुं तो म्हणालो, मूर्ख वानरा व्यर्थ गर्व कित्यक करता? हें घे, मुष्टि प्रहारान तुका यमसदनाक धाडतां म्हणत रावणान हनुमंताले वयर परत प्रहार केलो. ते प्रहारान हनुमंत वळवळत धर्तरिर पडलो. हनुमंतान धर्तरिर कोसळिलें पोळोवनुं रावणान आपण्यांलें लक्ष वानर वीर नीलाले दिशेन केंद्रित केलें. आनि आपण्याले तीक्ष्ण बाणा नीलाक नि:शस्त्र करनु घायाळ केलें. तरियी ताणें एक हातान व्होड फातर उचलनुं रावणाले दिशेन उडयलो. ते क्षणाक घायाळ जालिलो हनुमंत शुद्धीक येवनुं परत रावणालो प्रतिकार करचाक धांवलो. ते पयलें नीलान उडयिलो फातर रावणान बाण मारनुं सहज चूरचूर केलो. आपण्यान मागिल्लि फातर चूरचूर जालिलो पोळोवनुं नील हळहळलो. पुण धैर्य सोडत नासताना आपण्यालो आकार ल्हानांतु ल्हान करनुं तक्षण। रावणाले रथावयले ध्वजस्तंभावयर झेप घेवनुं बसलो, जें पोळोवनुं रावणाक क्रोध आयलो. तें पोळोवनुं श्रीराम, सुग्रीव, लक्ष्मण, हनुमंतादींक आश्चर्य जावनुं तागेलें कौतुक करचांतु आयलें.

पुण नीलान चपलतेन रावणाले ध्वजस्तंभावयर बशिल्ले पोळोवनुं जो सहर्ष आनंद व्यक्त करताले किं ते अवाजान रावणालि एकाग्रता भंग जालि आनि तो गडबडलो. ताका समजलें ना मुखार कितें करचें! रावण सुद्धां तागेलें चापल्य पोळोवनुं म्हणालो, वानर, तूं चपल इतलेंचि न्हंय तर मायावी सुद्धां निश्चित आसा. जेकून शक्य आसल्यार स्वत:चो जीव रक्षण कर, कारण तुका हांवु मृत्युमुखांतु धाडत आसा, म्हणत तागेले वयर एक आग्नेयास्त्र सोडलें. तें अस्त्र नीलाले छातीवयर पडलें आनी नीलालें शरीर भायलें आनि तो बेशुद्ध पडलो. पुण शीघ्र तागेले बापयले आनि साथीदारांले मदतीन तागेले जीव सुधारलो.

रावणान नीलान बेशुद्ध पडिल्ले पोळोवनुं लक्ष्मणाले दिशेन आपण्यालो रथ व्हेलो. थंय वचूनु लक्ष्मणाक आडयलें. तेन्नां आपण्यालो धनुष्य उभारनुं सिद्ध आशिल्ले रावणाक म्हळें, वानरांले मुखार

कसलें शौर्य दाखयता, यो मेगेले बरोबर युद्ध कर. धनुष्याचो झंकारतरेन लक्ष्मणालो आव्हान आयकूनु राक्षसराजा रावणान कोप येवनुं उत्तर दिलें, लक्ष्मण, मेगेले बरें आनि तुगेले विपरीत नशीबान तूं यमसदनाक वच्चाक सरळ आयला. राय लीले उत्रांनि आश्चर्य जायनासताना म्हणालो, वीर पुरुष स्वत:चि प्रशंसा केन्नांयी करना. चूँ तर अहंकारान भरिलो नीच राक्षस आसा. तुगेले कडचान कसलि अपेक्षा करचि? हांवु जाणता तुगेलें वीर्य, शौर्य, बल, प्रताप आनि पराक्रम. पळय, हांवु हांगा उभो आसा. व्यर्थ उलोव नाका, दाखय तुगेलें शौर्य!

हे तरेन लक्ष्मणान उपवासान उलयलेकीं रावणान सात प्रभावी बाण लक्ष्मणावयर सोडले. जेन्नां ते तीक्ष्ण बाण सहज सर्वांले मस्तक नश्ट केलिले तरेन नश्टकेलिलें पोळोवनुं रावणालो कोप मस्तकाक गेलो. पुन: अनेक प्रघाढ अस्त्रांचो उपयोग केलो. लक्ष्मणा न ते सर्व बाण आपण्याले क्षुद्र, अर्धचन्द्र, त्रणि आनि भल्लनांवांचे बाण वापरनुं रावणाले बाणांचो प्रभाव निष्फल केलो. आपण्यान सोडिल्ले सर्व बाण निष्फल जावचें पोळोवनुं रावणाक लक्ष्मणाले कौशल्याचें आश्चर्य जावनुं ताणें अजून प्रभावी अस्त्रं सोडचाक सुरवात केलि.

लक्ष्मण साधारण योद्धा न्हंय, देकून ताणें आपण्याले इन्द्राले वज्रायुधातरेन प्रभावी, विजेतरेन तेजस्वी, वायुतरेन वेगवान बाण रावणाले वयर सोडले. पुण तें रावणान निष्फल केलें इतलेंचि न्हंय तर ताणें लक्ष्मणाले मस्तकावयर ब्रह्मीन दिलिले विजेतरेन तेजस्वी अस्त्रांन प्रहार केलो, जाका लागून लक्ष्मण सहन करनुं स्वत:क सावरनुं तो निष्फल केलो. आनि परत वार करनुं रावणाले धनुष्याचे तुकडे केले. हे अनपेक्षित हल्यान रावण रक्तान डबडबलो, गडबडलो पुण तक्षण परत शुद्धीक आयलो. आनि ब्रह्मदेवान दिलिले एक अस्त्र लक्ष्मणावयर नेम घेवनुं उडयले, जें छातीवयर पाडिल्यान तो जास्त घायाळ जावनुं बेशुद्ध पडलो.

लक्ष्मण पडलोकीं रावणा थंय तक्षण गेलो आनि ताका ओडचाक लागलो. पुण हिमालय, मंदार आनि मेरी पर्वत आनि त्रीलोक हालयले तरियी लक्ष्मणाक उचलचाक ताका जालें ना. कारण ब्रह्मास्त्रान घायाळ जाल्यारियी आपूण विष्णूलो अंश आसा ही शुद्धी ताका पूर्ण आशिल्लि. देकून लक्ष्मणाक बळजबरीन उचलनुं व्हरचें रावणाक शक्य जालें ना. लक्ष्मणाक रावण बळजबरीन व्हरचाक पळयता, हें जेन्नां वायुपुत्र हनुमंताले लक्ष्यांतु आयलें तेन्नां तो धांवनुं वचून रावणाले छातीवयर मुष्टीप्रहार केलो. चे प्रहारान रावण कोसळनुं ज़मीनी वयर पडलो. चोंंडांतल्यान आनि नाकांतल्यान रक्त येवनुं थंयीचि तो क्षणभर मन सुन्नं जावनुं रथांतूचि बसलो.

ते प्रतापी रावणान सुन्नं मनान रथांतूचि बशिल्लें पोळोवनुं ऋषी, वानर, देव दानव सहर्षितj जो लक्ष्मण रावणाक उचलचाक कठीण जालिलो तो हनुमंताले खातिरहगूर जालो. तेन्नां ते तेजस्वी वायुपुत्रान लक्ष्मणाक सहज आपण्याले हातांतु उचलनुं धरलें आनि श्रीरामाले सक्षम हाडलें. जे ब्रह्मास्त्रान लक्ष्मण घायाळ केलिलें तें शस्त्र परत रावणाले लागीं गेलें. रावण सुद्धां शुद्धीवयर येवनुं आपण्यालो धनुष्य बाण उचललो. लक्ष्मणाक आपूण विष्णूलो अंश आसा हें स्मरण जावनुं रावणाले दिशेन धांवलो. तें पोळोवनुं हनुमंतान श्रीरामाक म्हळें, विष्णून गरूडावयर बशिल्ले तरेन तूंवे मेगेले खांद्यावयर आतां बसून रावणाक आव्हान करचाक जाय. हनुमंताले सूज्ञ वचन श्रीरामाक मान्य जालें आन तो युद्ध करचाक सिद्ध जालो.

ooooo

# अध्याय 12

जेन्नां वायुपुत्र हनुमंतालो सूज्ञ विचार श्रीरामाक पटलो तेन्नां समय व्यर्थ वच्चाक दीत नासताना हनुमंताले खांद्यावयर तो आनि तक्षण बसले आनि  रावणान आशिल्ले रथाचे दिशेन गेले. तो राक्षसांलो राजा द्रिश्टीक पडलो कीं जे तरेन विष्णू विरोचना वयर धांविल्लो ते तरेन श्रीराम रावणावयर धांवलो. धनुष्याचि दोरी जे तरेन झंकार करता ते तरेन गंभीर अवाजान रावणाक म्हणालो, राब, राब. माका मनस्ताप दीवनुं तूं आतां युद्ध करत नासताना खंय धांवता? ज़री तूं देवेन्द्र, वैवस्वत, सूर्य, ब्रह्मप्रजापती, शिवाले विजधामांतु शरण घेतल्यारियी तूं  मेगेले बाणापासून सुटचो ना. जो मेगेले अस्त्रांन क्षणभर बेशुद्ध पडिल्लो तो आयज पुत्र आनि कुळाचे अन्य जनांसयत मृत्यु मुखांतु पडचो आसा. कारण तुगेले मुखार तो आसा जो  कोणांले वीर्याक लागून दण्डकारण्यांतले सहस्रान् सहस्र राक्षस मृत्यूले मुखांतु पडिल्ले आसाचि.

श्रीरामाले वचन आयकूनु नसनसांतु क्रोधान भरिल्ले रावणान पयलेंचि शत्रुभावनेचे स्मरण जालिल्यान एक अत्यंत प्रभावी अस्त्र श्रीरामाक खांद्यावयर घेतिल्लें हनुमंतावयर सोडलो. ते अस्त्र कसलोयी प्रभाव हनुमंताले वयर जालो ना, ताज़े उलट तागेलि शक्ति आनि निराधार अजून वाढलो. रावणाले अस्त्रान हनुमंताक घाय जालिलो पोळोवनुं श्रीरामाक कोप आयलो आनि ताणें रावणाले लागीं वचून तागेलो रथ, घोड़े, सारथी सर्व नश्ट केले.  तदनंतर इन्द्रान मेरु पर्वतावयर अस्त्र सोडिल्ले तरेन श्रीरामान राक्षसांलो राजा रावणाले वयर एक तीक्षण अस्त्र सोडलें. जे राक्षसाधिपतीक मेघांचो गड़गड़ाट किंवा विजेचो चकचकाट गोंधळांचु घालू शकना तो श्रीरामाले तीक्षण बाणान गोंधळनुं तागेलो धनुष्य हातांतल्यान निसटलो.

तदनंतर ते महात्मा श्रीरामान एक बाण मारनुं रावणाले मस्तकावयलें किरीटाक नेम धरनुं तें सकयल पाडयलें. तेन्नां अस्तमेंतु वच्चे सूर्या तरेन किंवा वीष काडिल्ले काळसर्पा तरेन निस्तेज जालिले ते राक्षसाक श्रीरामान म्हळ्ळें, तुगेले महान् कर्तुत्वान तूवें निश्चित वानरसैन्याक गंभीर हानि दिलिली आसा. आतां तुगेलि शक्ति क्षीण आनि तुगेलें सामर्थ्य निस्तेज जालिलें आसा. असले समय तुका मृत्युमुखांतु धुंकुळचें योग्य दीसना. शिवाय तूं आतां युद्ध करनुं थकला, श्वास घेवनुं तुगेले रथांतु बसून तूं परत यो, जेन्नां तुका हांवु तुगेलो प्रतिस्पर्धी रूपान हांवु राबिल्लों दिसतालो.  श्रीरामाले हे श्ब्द आयकूनु रावणालो सर्व आनंद विरघळून गेलिलो, धनुष्य, रथ, घोड़े नश्ट जालिलो, रथ आनि किरीट तुटून पडिल्लो राक्षसांलो राजा लंकानगरींतु परत गेलो. ते निशाचरान लंकानगरींतु परत गेले कीं श्रीरामान लक्ष्मण आनि इतर वानरानि शरीरांतु आशिल्ले बाण काडनुं तांका योग्य उपचार करचें कार्य हातांतु घेतलें. ते दुश्ट राक्षसाक अपयश मेळिलें पोळोवनुं सहर्ष जालिले देव दानव, चार दिक्पालक, सागरांतले नाग, धर्तरेवयले मानव समाधान अनुभवचांतु लागले.

मदले काळांतु परत लंकापुरींतु आयले नंतर श्रीरामाले प्रभावी अस्त्रांचे स्मरण जावनुं तां गेलो अहंकाराक मार पाडिल्यान रावण मनान उदासीन जालो. हस्तीक सिंहान किंवा सर्वांक गरूडान धरिल्ले तरेन तो वळवळलो. सुवर्णान  सिंगारलेले सिंहासनावयर बसून तो तागेले प्रधान सैनिकांक म्हणालो, हांवे केलिलें सर्व तप व्यर्थ गेलें कारण देव दानवां बरोबर विजयी जावनुं सुद्धां एक मानवाले कडचान अपयशी जावचो क्षण आयिलो आसा. हांवे देव दानव, यक्ष गन्धर्वांपासून मरण येवन्हंय म्हण्णुं ब्रह्मप्रजापतीले लागीं

मागून घेतलें, पुण मेगेले अहंकाराक लागून मानवांले कडचान मरण येवन्हंय म्हण्णुं मागून घेतलें ना. हे मेगेलो घोर आनि अक्षम्य अपराध जालो.

कदाचित् दाशरथीपुत्र राम तोचि मानव आसू शकतालो जो मेगेलें कुळ नाश जावचाक कारण आसतालो म्हण्णुं भविष्य करचांतु आयिलें. तेचि तरेन हांवे वेदवतीक अपमानित केलिले तेन्नां ती कदाचित् सीतेले रूपान जन्माक आयिलि आसा. निश्चित पार्वती, नंदी, रंभा आनि अन्यांनि सांगिल्लें भविष्य स्त्य जायत आसा. ऋषी जनांनि व्यक्त केलिलें वचन केन्नांयि असत्य जायना, हेंचि सत्य आसा. देकून आतां एकचि उपाय आसा. शीघ्र चकिया पर्वतावय वता आनि थंय निद्रावस्थेंतु आशिल्ले कुंभकर्णाक जागें करा, म्हण्णुं रावणान आपण्याले सैनिकांक आज्ञा केलि.

जेन्नां रावणान पळयलें कीं प्रहस्ताले मृत्यु जालिलो आसा आनि तो स्वत: श्रीरामाक प्रत्युत्तर दिवचाक असमर्थ जालिलो आसा आनि तागेले दरबारांतु कोणिंयी दुसरे वीर सेनानी दिसले नांचि तेन्नां ताका तागेलो भावु कुंभकर्णालें स्मरण जालें. कुंभकर्ण अति बलवान् पुण ब्रह्मप्जापतीले शापाक लागून तो वर्साचे स म्हैने निद्रावस्थेंतु आसता. नीदेंतल्यान ताका जागें करचें हें कठीण आसता. निदिलो विषयांध कुंभकर्ण सदा निश्चिंत आसता. निद्रा ही ताका आवडचि क्रिया, केन्नांयी तो गिद्रेंतूचि आसता. थोडेचि दिवस पयलें रावणाले लागीं संवाद साधून तो निद्रारूपेण गेलिलो. देकून ताका तक्षण जागें करचाक जाय म्हण्णुं रावण प्रयत्न करता. ताका विश्वास आसा कीं जे क्षण कुंभकर्ण रणांगणांतु उतरत्तालो तेन्नां न केवल वानर तर राम लक्ष्मण सुद्धां मृत्युमुखांतु पड़तालें. पुण कुंभकर्ण अति शक्तिशाली आसून सुद्धां र्खातेरेन नित्य निदिलो आसता. जर तो जागो जावनुं युद्ध करतलो तर माका रामाले विषय चिंत करचि अवश्यकता आसचि ना. अन्यथा तो इन्द्राले तरेन शक्तिशाली आसून सुद्धां मेगेले मदतीक येना तर तागेलें प्रयोजन तें कसलें?

रावणान व्यक्त केलिले विचार आयकूनु ते सेवक तक्षण कुंभकर्णाक घेवनुं येवचाक गेले. कुंभकर्ण एक गुहेंतल्यान निदिलो. ते गुहेक महाद्वार आशिल्लें.भितर एक प्रशस्त दालन आसून चारी दिशेन सुंदर सुवास दरवळतालो. थंय कुंभकर्ण निदिलो दिसलो. निदेंतु घोरतालो, दीर्घ श्वास घेत आसतालो. कुंभकर्णाले श्वासोछ्वासाक लागून सैनिकांक तागेले लागीं उभे राबचें कठीण जायत आशिल्ले. एक व्होड पर्वतातेरेन पसरून पडिल्ले कुंभकर्णाक जागोवचो प्रतत्न सुरु जालो, पुण तो राक्षस किंचित् सुद्धां हाललो ना. अजगरातेरेन पसरलेले तो, सर्पातेरेन फुसफुसतालो, आंगाक माँस आनि रक्ताचो दुर्गन्ध येत आशिल्लो. ताका जागो करचाक ते राक्षसांनि हरिण आनि डुकाराचे मांसमिश्रित खाद्यान्न मुखार दवरलें. पिवचाक रक्ताचे कळसे दवरले. तागेले शरीरावयर आकर्षक फुलं, सुदंधित द्रव्य, धूप अगरबत्तीचे सुवास पसरायलो, घंटानाद केलो शंख वांचयलें, व्होड अवाज करनुं शरीर हालयलें, बलवान् राक्षस तागेले दोन्नीं बाजून बसून अनेक शंख, मृदंग, तुतारी वाजोवचाक लागले. लाखूड घेवनुं मारलें, फ़ातरान मारलें, कानांतु तापिल्ले उदाक वोतलें, सर्व लंकापुरी अवाजान दुमदुमलि तरियी कुंभकर्ण जागो जालोना.

अखेरीक कुंभकर्ण जांभयो दीत जागो जालो, राक्षसाले प्रयत्नान न्हंय तर ताका भूख लागलि म्हण्णुं तो जागो जालो. ताका ते राक्षसांनि तागेले मुखारि अनेक पशु पक्षी दवरले. ते सर्व ताणें खावनुं त्हान लागलि म्हण्णुं रक्त आनि मदिरेचें प्राशन केलें. कुंभकर्ण अन्न ग्रहण आनि मद्य प्राशन करनुं शांत जालेंकी रावणान धाडनुं दिसले ताका दिसून ताणें विचारलें कित्याक माका निदेंतल्यान तुमिं उठयलें, राजा युखरूप आसामूं, राज्यांतु सर्व शांतता आसामूं? संकट कसलेंयी आयले नामूं ? निश्चित भायल्यान कसलें

तरी संकट आयिलें उरत, अन्यथा निद्रेंतु आशिल्ले माका जागें केलिलें नाशिल्लें. क्षुद्र कारणांक लागून कोणिंयी माका जागे करचाक शकनाशिल्लें. सांग कसलि खबर सांगचें आसा ? हांवु येवनुं राजाले सर्व संकट दूर करता, ते खातीर ज़री माका महेन्द्राले बरोबर युद्ध करचें पडतालें किंवा अग्नी निवळचि पडतालि.

रावणालो अमात्य, यूपाक्षान सर्व समाचार विस्तारान सांगलें, राज्यांतु देव दानवांकडचान कसलेंयी संकट आयलें ना. पुण एक सामान्य मानव राजाक संकटरूपान त्रास दीत आसा. पर्वता समान महान वानर आनि मनुष्य जातीचो राम सीतेक राजान अपहरण केलिल्यान संकट जावनुं आयला. एक वानरान तर अग्नीन लंका जाळलि, राजकुमारालि हत्या केलि. रामान स्वत: राजाक युद्ध करचें आव्हान दिलिलें आसा. जें आयज पर्यंत देव दानवांक शक्य जालें ना तें रामान राजाक जीवन दान म्हण्णुं दिलिलें आसा. रावणाक रामाले कडचान जालिलो अपमान आयकूनु क्रोध आयिले कुंभकर्णान म्हळें, चल पयलें राम, लक्ष्मण आनि वानरांक नाश करनुं राजालि भेट हांवु घेतां. राक्षसांक वानरांले माँस खावचे खातिर दितालो आनि राम लक्ष्मणालें रक्त हांवु स्वत: पितां. क्रोध येवनुं कुंभकर्णान  हे तरेन अहंकारीचि भाशा उलोवचें पोळोवनुं रावणालो सेनापति महोदर कुंभकर्णाक म्हणालो, रावणालि भेट घेवनुं योग्य तो विचार विनिमय करनुं योग्य तो निर्णय घेवचो सदा श्रेयस्कर आसता. तदनंतर शत्रूले बरोबर युद्ध करचाक जाय.

कुंभकर्णान ते सेनापतींक घेवनुं रणांगणावयर गेलो आनि अन्य राक्षस रावणाक भेटचाक गेले. रावण तेन्नां राजदरबारांतु आपण्याले सिंहासनावयर बशिल्लो. हे लंकाधिपति, कुंभकर्ण जागो जालिलो आसा., तरी ताणें थंयचान युद्धकाण्ड वच्चे किं तूं ताका पयलें भेटचो आसा? रावणान ताका सांगलें ति तो कुंभकर्णाक पयले भेटचो आसा, देकून ताका हांगा आदर सत्कारान घेवनुं येवचाक जाय. रावणाले आज्ञानुसार ते कुंभकर्णाले लागीं गेले आनि निवेदन केलें, लंकाधिपतीन तुका भेटचि इच्छा व्यक्त केलिलि आसा. कुंभकर्णान राजालि आज्ञा शिरसावंद्य म्हण्णुं माननु रावणाक भेटचाक गेलो.

रावणान आज्ञा केलिले तरेन  कुंभकर्णाक जेवचाक भरपूर अन्न आनि पिवचाक मद्य दिवचांतु आयलें. कुंभकर्णान अपार अन्न खावनुं मद्य  पीवनुं, किंचित् हालत डुलत रावणाक भेटचाक भायर सरलो. आपण्याले सैनिकांक घेवनुं मार्गक्रमण करताना संहार करताना जे तरेन मृत्यु चलत आसतालो ते तरेन धर्तरे वयर पाय आपटायत तो चलतालो - "ततस्ते त्वरितास्तत्र राक्षसा रावणाज्ञया | मद्यम् भक्ष्यांश्च विविधान् क्षिप्रमेवोपहारयन् || पीत्वा घटसहस्रे द्वे गमनायोपचक्रमे | ईषत्समुत्कटो मत्तस्तेजोबलसमन्वितः || कुम्भकर्णो बबौ रुष्टःकालान्तकयमोपमः | भ्रूतुः स भवनम् गच्छन् रक्षोबलसमन्वितः || कुम्भकर्णः पद न्यासैरकम्पयत मेदिनीम् |".

रावणाक भेटचाक वचत आशिल्ले, पर्वता तरेन महान् शरीर आशिल्ले  कुंभकर्णाक पोळोवनुं वानर घाबरून स्वैरास्वैर धांवचाक लागले.  काळजीन  थोडे वानर श्रीरामाक शरण गेले, थोडे बेशुद्ध पडले, थोडे सर्व दिशेन धांवनु गेले, थोडे थंयीचि पड़नुं उरले. तेन्नां  श्रीरामान  विचारलें,  पर्वता तरेन जो लंकेंतु प्रवेश करता, तो वीर कोण, जे कोणाक पोळोवनुं वानरांनि पलायन केलें ? केतु ग्रहापासून उत्पन्न जालिले तरेन  जो  दिसता, कोणाक पळयिल्यान वानरांनि पलायन केलें ? कोण तो अजानुबाहु शरीराचो,  राक्षस किं पिशाच, कारण असलो जीव हांवे आयजपर्यंत पळयले ना - "कोऽसु पर्वतसम्काशःकिरीटी हरिलोचनः | लङ्कायाम्  दृश्येते वीरः सविद्युदिव   तोयदः | पृथिव्याम् केतुभूतोऽसौ महानेकोऽत्र दृश्यते | यम् दृष्ट्वा

वानराः सर्वे विद्रवन्ति यतस्ततः || आचक्ष्वसुमहान् कोऽसौ रक्षो वा यदि वासुरः | न मयैवम्विधम् भूतम् दृष्टपूर्वम् कदाचन ||

श्रीरामाले प्रश्न्याचें उत्तर दीत  विभीषणान सांगलें कीं तो विश्रवसालो पुत्र विभीषण, महाप्रतापी जे कोणें युद्धांतु यमाक आनि इन्द्राक पराजित केलिलें आसून तागेले तसलो दुसरो राक्षस दिसचांतु येना. ताणें सहस्रान् सहस्र देव-दानवांक, यक्ष-नागांक, गन्धर्व-विद्याधरांक, किन्नर-मानवांक युद्धांतु पराजित केलिलें  आसा.  देवांक तागेलो वध देवांक करचाक जालिलो ना. कुंभकर्णालें शौर्य प्रकृतिजन्य आसून अन्य राक्षसांक शौर्य दैवीप्रसाद रूपान प्राप्त जालिलें आसा. जन्माक आयिले तेन्नां भूक लागिल्यान ताणें सहस्र जीवांले भक्षण केलिलें आसा. प्राणांत खावचें पोळोवनुं घाबरलेले मानव इन्द्रजेवाक शरण वचून तागेलि मदत मागिल्ली.  वीनन्तीक मान्य दीवनुं कुंभकर्णाक आपण्याले वज्रायुधान देवेन्द्रान शिक्षा केलि. कुंभकर्णाक क्रोध येवनुं ताणें देवेन्द्रालो ऐरावतालो दाँत हुमटावनु काडलो आनि इन्द्राले छातीवयर प्रहार केलो. कुंभकर्णान केलिले प्रहारान त्रस्त जालिलो देवेन्द्र, अन्य  देव आनि ऋषीगण ब्रह्मप्रजापतीले वचूनु तो राक्षस तीन लोकांतु खंयचे तरेन उपद्रव दीत आसता म्हण्णुं विस्तारान निवेदन केले.

ब्रह्मदेवान सर्व राक्षसांक आपयलें. जेन्नां सर्वांबरोबर कुंभकर्ण आयलो तेन्नां तागेलें अकराळ विकराळ स्वरूप पोळोवनुं प्रजापति सुद्धां चिंतेंतु पडलो. देकून सर्वांले हित लक्ष्यांतु घेवनुं कुंभकर्णाक शाप दिलेकीं तो ते क्षणपासून जीवंत आसून मेलिले तरेन निद्रावस्थेंतु आसतालो. ब्रह्मदेवाले शाप आयकूनु कुंभकर्ण तेचि क्षण प्रजापतीले सन्मुख निद्रावस्थेंतु गेलौ. तें पोळोवनुं रावण म्हणालो, प्रजापते, वाढिल्लो सुवर्णवृक्ष हे तरेन कापून उडोवचें अन्याय आसा. हे तरेन तूवें स्वतःचे नातवाले मृत्यूक कारण जावचें योग्य न्हंय. तुगेले शब्द निःसंशय सत्यांतु परिवर्तन जाताले. देकून  तागेले निद्रावस्थेंतु आनि जागृतावस्थेंतु थोडो समय दिवचांतु जाय. तेन्नां प्रजापतीन उःशाप दिलो, तशें जावूं. तो प्रत्येक स म्हैन्यानंतर तो एक दिवस जागो आसतालो. ते एक दिवचांतु जागे जालिले अवस्थेंतु तो सर्व जगत् फिरनुं अग्नीन भस्म करचे तरेन जाय तें तो भक्षण करू शकतालो. देकून तुगेले पराक्रमाक रावणाक भय निर्माण जालिल्यान ताणें कुंभकर्णाक जागयल्यां.

तो कुंभकर्ण राक्षस जागे जावनुं मार्गावयले वानरांक खावनुं हांगा आमकां खावचाक येत आसा. जेन्नां ताका पोळोवनूचि वानर धांवनु वताचि, तागेले समक्ष उभे राहून ते युद्ध कशें करताले? कुंभकर्ण केवल एक यंत्र तरेन आसा, विभीषणाले शब्द आयकूनु वानरांक समाधान, निर्भय जावनुं ते युद्ध करचाक तयार जाले. तदनंतर श्रीराम वानरवीर नीलाक म्हणालो, अग्निपुत्र, तूं आता सर्व सैन्य एकत्रित करनुं लंकापुरीचे द्वारा लागीं युद्ध करचाक सिद्ध जावनुं राब. सर्व वानरांक आप-आपण्याले  अस्त्र शस्त्र घेवनुं आज्ञाचि प्रतीक्षा करचाक सांगलें .  श्रीरामान सांगिल्ले तरेन गलाक्ष, शरभ, हनुमान आनि अंगद आपआपण्याले स्थान ग्रहण करनुं वानरांक सूचना दिलि. आनि शीघ्र ते राक्षसांक पीड़ा दिवचाक  सुरवात केलि.

ooooo

## अध्याय 13

रावणाक भेटचाक कुंभकर्ण जेन्नां भायर सरलो, तेन्नां रावणान सांगिल्ले तरेन ताका सन्मानान आनि तागेले अहंकार लक्ष्यांतु घेवनुं ताणें व्यक्त केलिलि प्रत्येक इच्छा पूर्ण करचांतु येतालि, खावनुं पीवनुं

समाधानी आशिल्यान ताणें चलताना प्रत्येक पावलान धर्तरी हालतालि. जेन्नां ताणें रावणालें भवनांतु प्रवेश केलो तेन्नां रावण पुष्पक विमानांतु बशिल्लो. कुंभकर्णान आयिलें पोळोवनु ताका आनंद जालो आनि उठून ताका आलिंगन दीवनुं आपण्याले निकट बसोवनुं घेतलें. लंकाधिपतीक नमस्कार करनुं विचारलें, मेगेले खातीर कसलें केल्यार तूं दिवचो आसा?

रावणाले उत्तर आयकूनु कुंभकर्णाले दोळे लाललाल जावनुं म्हणालो, राजन् चिंता कसल्याक करता? सांग माका तुका भय कोणांले कडचान आसा आनि हांवे कोणांलो जीव घेवचाक जाय? रावणान सांगलें, कुंभकर्ण तूं दीर्घ रामय निद्रावस्थेंतु आशिल्लो, देकून रामान निर्माण केलिलें भीतीचें वातावरण तूं जाणना. दाशरथि राम सुग्रीवाक मेळनुं समुद्रोल्लंघन करनुं आमगेले राक्षस कुळाचो नाश करचाक आयिल्लो आसा. समुद्रावयर सेतु बांदून लंकेंतु वानरांलो समुदाय वाढला. वानरांनि आमगेले अनेक शूरवीरांक मृत्युमुखांतु धाडिल्लें आसा. ते वानरांबरोबर पयलें युद्ध केलिलें नाशिल्यान तांका नाश कशें करचें हे समजना. कुंभकर्ण, ही मेगेलि चिंता जावनुं आसा. ती तुका दूर करचि आसां देकून तुका निद्रेंतल्यान जागयल्यां. लंकेचें रक्षण कर, आता केवल चेरडूंव आनि वृद्धमात्र उरल्याचि. गुगेले भावाखातीर, कुळाखातीर तुकां हें कार्य करचेंचि आसा. हे तरेन हांवे पयलें कोणांले कडेनयी मागून घेतलें ना. तुगेले विषय माका आदर, मैत्रीचि भावना आनि विश्वास आसा. आनि तो विश्वास देव दानवांले युद्धांतु प्रत्यक्ष सिद्ध करनुं दाखयिलें आसा . देकून तुगेलें सर्व शौर्याचो वास्तव सर्वांक दाखोवनुं दी कारण तुगेले तसलो शूर वीर विश्वांतु अन्य कोणिंयी नांचि. देकून कर हें कार्य, जें उत्तम आनि मेगेले प्रितीचें आसा, तुगेले भावाले खातीर जे तरेन तुका प्रिय आसतालें तशें करनु मेगेले शत्रूंलें सर्वनाश कर.

कुंभकर्ण राक्षस कुळांतु जन्म घेतल्यारियी तो ज्ञानी तरेन रावणालि शोकगाथा आयकूनु रावणाक म्हणालो, जाणत्यांली दिलिलो अभिप्राय स्वीकार नासताना तूंवे अहंकारान केलिले कर्माचें फल तूं भोगत आसा. जे तरेन दुष्कर्म केलिल्यान तुका चिंता जावनुं आसा. ते तरेन अविचारान केलिल्यान प्राप्त जावचें फल तुका मेळिलें आसा. राजन् जें तूंवे केले तें तुगेले पासून अपेक्षित नाशिल्ले. केलिले कर्माचो परिणाम समजून तूंवे कार्य केलिलें ना, कारण अहंकारान जें श्रेय आसा जें श्रेय ना हे सर्वांलो विचार केलो ना. वेळ काळाचे विचार करत नासताना विपरीत केलिलें कर्म व्यर्थ जाता, जे तरेन वेळ काळ जाणून घेत नासताना यज्ञांतु दिलिली हवी आसता. जो राजा आपण्याले मन्त्र्याले आदेशानुसार कर्म करता ताका शांतता, विश्वास, आज्ञेचें पालन हे तीन आनि तेचि तरेन योजना, साधन, वेळ-काळ, जागरूकता आनि अपेक्षित यश हे पांच उपलब्धी प्राप्त जाता. जो राजा कर्म सुरु करचें पयलें न्यायानुसार चिंतन करता, स्वबुद्धीन आनि ज्ञानी जनांले आदेशानुसार निर्णय घेता आनि मित्रांले बरोबर संवाद साधता तोचि यशस्वी जाता. जो राजा धर्म, अर्थ आनि काम हे पुरुषार्थ वेग-वेगळें तरेन किंवा मेळनुं त्रिकाल उपयोजनेंतु हाडता, तोचि ज्ञानी आसता. जो राजा हें समजून ते तरेन व्यवाहार करना, तागेलें ज्ञान व्यर्थ आसता. जो राजा मन्त्र्यांले बरोबर संवाद साधता, तो शांति किंवा संघर्ष, स्वकर्म किंवा पराक्रम, धर्म, अर्थ, काम वेग-वेगळें किंवा मेळनुं काळसमयानुसार उपयोजनेंतु हाडता. प्रत्येक राजान हित अहित हांचो सारासर विचार तत्व जाणच जनांले बरोबर संवाद साधनुं कर्म करचाक जाय. जो शास्त्राचें यथार्थ ज्ञान नासताना, ज्ञानि जनांले बरोबर संवाद साधत नासताना, पशुबुद्धीन कर्म करता ताका यश प्राप्त जायना. जे जनांक शास्त्राचें ज्ञान ना, अर्थशास्त्रांचे ज्ञान नासताना वैभवाचो उपभोग घेवचि इच्छा मनांतु धरता चि, तांगेले शब्दांवयर विश्वास दवरन्हंय. जे जन अहित हित दिता म्हण्णुं सांगताचि तांका दूर दवरका, अन्यथा कार्य दूषित जाता. थोडे मन्त्रि शत्रुबुद्धीचे जनांले मदतीन राजाक विपरीत कर्म करचाक भाग पाडताचि. देकून कार्य सुरु करचें पयले राजान परत विचार करचाक जाय. जो शत्रूली कार्यपद्धत समजून घेना तो स्वत:क सुरक्षित

दवरूशकना.  जो सल्लो विभीषणान दिलिलो तो आमगेले हिताचो आशिल्लो. देकून जें तुका योग्य दिसता तें तू कर.

कुंभकर्णान जें सांगलें तें रावणाक आवडलें ना. लांब भाषणान कोप येवनुं तो कुंभकर्णाक म्हणालो, गुरु किंवा आचार्यान सांगिल्ले तरेन उपदेश करनुं कसलो उपयोग आसा, आतां कितें करचें तें सांग. आतां पर्यंत जें बुद्धि भ्रंश जालिल्यान किंवा स्वत:चि शक्ति वयर अवलंबूनतिंवा चुकाने जें जालिं ते परत परत सांगून प्रयोजन कसलें? हे क्षण जें उचित आनि योग्य आसा तो विचार करचाक जाय, जें जालें गेलें ते विशय न्हंय. जर मेगेले विशय तुका मोग आसा, जर तुगेले शक्तीचि जाणीव आसा, जर मेगेलें कार्य तुका करचें आसा, तुगेलि शक्ति वापरनुं मेगेलें दुष्टबुद्द्धीन केलिलें दु:ख दूर कर. जो कोण दु:खी आत्म्याक समाधान दिता, संपत्ति नाश जालिल्यांक आश्रय दिता, तोचि खरो बांधव आसता, जो धर्मापासून दूर गेला ताका मार्ग दाखयता तोचि आप्त आसता.

रावणान हे तरेन काळजांतु पीळ दिवचे शब्द उलोवचें आनि किंचित असहाय जालिलें पोळोवनुं कुंभकर्ण सावकाश ताका समजायत, सांत्वन करत म्हणालो,  राजन्, हांवे सांगचें तें लक्ष्य दीवनुं आयक, कोप सोडनुं,  औदासीन्य त्याग करनु पयले तरेन स्वाभाविक स्थितींतु परत यो. जो पर्यंत हांवु जीवंत आसा तो पर्यंत हांवुतुगेले शत्रूलो नाश केलिले शिवाय स्वस्थ बसचो ना. कोणांले खातिर तूं चिंता करत आसा? जे परिस्थींतल्यान तूं वचत आया तें पोळोवनुं तुका दोन शब्द तुगेले  वयले मोगान सांगले शिवाय तुगेले  शत्रूंक नाश करचें बंधुप्रेमाक लागून करचें  हें मेगेले   कर्तव्यचि   आसा. शीघ्र तूं पळयतालो वानरांनि नाश जालिलें आनी रामान मृत्युमुखांतु पडिल्लें आनि सीतेन दु:ख करचें. लंकेचे जे जनांनि आप्तबांधवांक रणभूमीवयर मरणोन्मुख पळयल्यां ते सर्व आयज रामाले शिरोच्छेद जालिलें  पळयताले. राजन् चिंता कसल्याक करता? राम तुगेलो वध करचाक तेन्नांचि येतालो जेन्नां मेगेलो मृत्यु पयलें जातालो. माका आज्ञा दी, अन्य जनांनि युद्धाक येवचि  अवश्यकता ना.

उलयत उलयत मद्यपान करचे कुंभकर्णान रावणाले  मनांतु विश्वास निर्माण करचे खातीर स्वत:चि शक्ति आनि सामर्थ्याचि यशोगाथा सुरु केलि. हांवु तुगेले अतिबलवान् शत्रूंक सहज नाश करतां, तो इन्द्र आसूं यम आसूं किंवा हनुमंत आसूं. जर राम मेगेले मुष्टिप्रहारान जीवंत आसता तर तो मेगेले बाणान मरतालो. चिंता कित्याक करता, जेन्नां हांवु हांगा आसा. रामाले विशय आशिल्लि भीति मनांतल्यान काडनुं उडय, हांवु ताका, लक्ष्मणाक, सुग्रीवाक आनि लंका जळयिले ते हनुमंताक सुद्धां मृत्युमुखांतु घालता. इन्द्र किंवा ब्रह्म आसल्यारियी सूर्यप्रकाशान अंध:कार दूर केलिले तरेन सर्वांक दूर करता. हांवु सूर्य, चन्द्र, ऩक्षत्रांक सुद्धां भस्म करूं शकता. हांवु समुद्र  पीवनुं पर्वत चूर करूं शकता. धर्तरी  दोन तुकडे करनुं सोडता.   दीर्घकाळ निदून नंतर कुंभकरंण कितें करू शकता हें सर्वांक समजतालें. राम जीवंत आसचो ना, लक्ष्मण मेलिलो आसतालो, समस्त वानरां हांवु खावनुं  घालतालोंl. सीता तुका शरण आसतालि. चिंता दूर  कर,   सुख लागीं कर,  कारण हांवु आयज रामालो वध करचाक, लक्ष्मणाक मृत्यूक समर्पित करचाक, सीतेक तुका वश करचाक वचत आसां.

कुंभकर्णान उलयताना थंय आशिल्ले महोदराक तें मानवालें ना. तो म्हणालो, तुगेले वक्तव्य अहंकारान  भरिल्ले आसां. तूंवे ऊंच  कुळांतु जन्म घेतल्यारियी तुका श्रेय आनि प्रेय हांतूतलो भेद समजना. राजाक बरें वायटांलो भेद समज ना म्हण्णुं न्हंय. राजाक वेळ काळानुसार आपण्यांलें सामर्थ्य आनि दुसर्यांलें दोष समजता. खंयचो बुदवंत मनुष्य बलवान् आसून आपण्याले आप्तबांधवालि मदत करचो ना? तूं उलयता जशें कांय धर्म, अर्थ, काम वेगळें विभाग करनुं  प्रत्यक्षांतु हाडचाक जायना. कर्म केलिल्यानचि

फलाचि प्राप्ति आसता, पापकर्म करनुं युद्धां उत्तम फल प्राप्त जावू शकता. पुण धर्म अर्थ आनि अन्य कर्म करनुं सुद्धां अधम फल प्राप्त जावू शकता. अधर्म आनि अनर्थान प्राप्त जावचें फल करचें कर्म केलिले नाशिल्यान आसता. पुण्य कर्म करचे जीवाक निश्चित श्रेय इहलोकांतु आनि परलोकांतु श्रेय प्राप्त करता, जो केवल कर्म करचांतूचि आस्था दवरता ताका इहलोकांतले सुख मात्र प्राप्त जाता. राजा इहलोकांतले सुखाखातीर कर्म कर्म करत आयला आनि आमकां मान्य आसा. देकून शत्रूले विरुद्ध शौर्य दाखोवचांतु चूक कसलि? तूंवे एकल्यानचि युद्धाक वच्चें विषय जें अयोग्य आनि जें योग्य तें तुका हांवु सांगता. जे रामान दण्डकारण्यांतु असंख्य राक्षसांक मृत्यु मुखांतु सर्वनाश करू शकलो. तूं एकलोचि कशें झुंजतालो? क्रोधान सिंह तरेन आशिल्ले ते रामाले बरोबर संघर्ष करचें निदिले सर्पाक जागोवचें तशें आसा. तेजान तापिल्ले, नित्य कोपिष्ट, यमाले तरेन भयंकर ते रामाक कोण प्रतिकार करू शकतालो? देकून एकल्यानचि संघर्ष करचाक वच्चें माका योग्य दीसना. कारण रामाले तसलो दुसरो मानव दिसचो ना, जो युद्धांतु इन्द्र आनि सूर्याले समान आसा.

महोदरान उलयिलें आयकूनु कुंभकर्णालो क्रोध नियंत्रणेंतु नासताना, रावणाले समक्ष ताका म्हणालो, तूं जर इतलो बुदवंत आसा तर सीता अजून कित्याक वश जालिलि ना? तेन्नां महोदरान ताका सांगलें, सीतेक वश करचो एक उपाय माका सूचला, पळय तुमका तो पटता किं कितें? द्विजिव्ह, तदनंतर कुंभकर्ण, संम्राधि, वितर्दन आनि हांवु - हे पांच जन रामाले बरोबर युद्ध करचाक वताले म्हण्णुं जाहीर करचें. थंय वचूनु संघर्ष करचें. युद्धांतु आमिं जिंकले तर कांयी करचे पडचें ना. जर आमिं अपयशी जाले तर रक्तान डबडबलें एक शरीराक रामालें नांव दीवनुं सांगचें कीं आमिं रामाक भक्षण केलिलें आसा, देकून रावणान आमकां क्षमा करचाक जाय.

तदनंतर राम लक्ष्मण युद्धांतु मरण पावले आनि वानरसेनेन पलायन केलें म्हण्णुं लंकापुरींतु घोषित करचें. कार्य मनातरेन पूर्ण जालें म्हण्णुं राजान आमगेले सत्कार करचो. हो समाचार सीतेक कळ्ळेंकीं पति मृत्युमुखांतु पड़िल्यान असहाय जावनुं आशिल्ले आनि स्त्रीजातीक लागून अस्थिर मन आशिल्ले सीतेक आभरण आनि अ न्य श्रृंगार दीवनुं रावणान वश करचें. तेन्नां जन्मत: सुखी परिवारांतु वाढिल्ले सीतेक तुगेलेवयर अवलंबून आशिल्ले शिवाय गत्यंतर नाशिल्यान ती तुका राजन् सहज येतालि. जर राजन् तुका हें पटलें ना आनि तूं स्वत: युद्धाक गेलो तर कदाचित् तुका रामाले कडचान अपाय आसतालो. जर तूं लंकापुरींतु उरलो तर तुगेले सर्व इच्छा पूर्ण करू शकतालो. जो राजा युद्ध करत नासताना, आपण्यांलें सैन्याक हानि जाय नासताना, कसलेंयि संकट ओढनुं घेत नासताना आपण्यालो उद्देश पूर्ण करता तोचि नित्य निरंतर वैभव भोगता.

महोदरालि योजना कुंभकर्णाक तिळमात्रसुद्धां आवडचि ना. तो उपहासान रावणाक म्हणालो, ते दुरात्मा रामाक हांवु पूर्ण तरेन नष्ट करतां, भीव नाका. आनंदान ऊर. शूर वीर व्यर्थ आव्हान दीनांची, तूं मेगेले विजयाचो घोषणा शीघ्र आयकतालो. जो शूर आसता तो कर्म केले शिवाय व्यर्थ बड़बड़ करना, कठीण कर्म करनुं दाखयता. महोदर तुगेलिं उत्रं ते राजाक आवडतालिं जो मूर्ख आसून स्वत:क ज्ञानी समजता. तुमिं सर्व युद्ध करचांतु भित्रे, राजाक जें आवडतालें तें सांगून सर्व कार्यांतु अपयश हाडताचि. राजाले नाममात्र मैत्रि करनु, राजाक शत्रुबुद्धीन सल्लो दिलिल्यान राजालें भाण्डार जीर्ण जाल्या, सैनिकांलें शौर्य लुप्त जाल्यां. हांवु आयज शत्रूंक युद्धांतु नाश करनुं तुमगेले अविवेक यथार्थ रूपांतु बदल करतां.

कुंभकर्णाले हे शब्द आयकूनु रावण आनंदान म्हणालो, महोदर निसंशय युद्धान घाबरलेलो आसा. देकून ताका संघर्ष नाका म्हणालो. कुंभकर्ण समान मित्र किंवा वीर ना, चल युद्ध कर, शत्रूंक नाश करनुं विजय प्राप्त कर. निद्रावस्थेंतु आशिल्ले तुका हेंचि कार्य करचाक उठयिल्लें. आयज राक्षसांले खातिर सुकाळ आयिलो आसा. देकून मृत्युदेवते तरेन शूल आनि पाश हातांतु घेवनुं चल. वानरांक भक्षण कर, ते तेजस्वी राजपुत्रांलो संहार कर. तुगेलें स्वरूप पोळोवनुं वानर धांवनु वताले, राम लक्ष्मणाले हृदय विदीर्ण जातालें. हे तरेन कुंभकर्णाक सांगून रावणाक  पुनर्जन्म मेळिलो आनंद जालो. कुंभकर्ण रावणालो विश्वास प्राप्त करनुं एकलोचि युद्ध करचाक भायर सरलो.

ooooo

## अध्याय 14

जेन्नां कुंभकर्ण हे तरेन विचार करत आशिल्लो तेन्नां अकस्मात् राक्षस सैन्यांतु कर्कश अवाज करत सैन्यिकांनि धांवचें ताका दिसलें. आकाशांतु विपरीत संकेत, अशुभ लक्षणं नदरेन पड़त आसाचि म्हणत ते चिंतेंतु आसचें दिसलें. मेघांनि एकत्रित येवचें दिसलें, वीज चमकत आशिल्लि.  ज़मीन हालतालि, समुद्र खवळलो, दूर उल्का पडत आशिल्लि. कोल्हे ओरडताशिल्ले, कावळे कर्कश अवाजान कावकाव करताशिल्ले. सूर्य मंद दिसतालो, वार्यान व्हांवचे बंद केलिलें. आंगावयर शहारे हाडचे चिन्हांचि उपेक्षा करनुं नियतीन नियंत्रण केलिलें तरेन कुंभकर्ण वचत आशिल्लो. असामान्य रूप आनि आकार आशिल्लें कुंभकर्ण आपण्याले मायाशक्तीक लागून मेघांन गड़गड़ाट केलिले तरेन अवाज करनुं येत आशिल्लो.

कुंभकर्णान युद्धाक भायर सरिलें पोळोवनुं रावणान एक लांब श्वास सोडलो. तागेले बरोबर राक्षसांलें सुसज्ज सैन्य गेलिल्यान तो रामान मृत्युमुखांतु पडचें आनि सीतेनताका शरण येवचें स्वप्न पळयत बसलो. जेन्नां  कुंभकर्ण रणांगणांतु लागीं आयलो तेन्नां ताणें एक भयंकर, अकराळ विकराळ रूप धारण केलें।, जें रूप पोळोवनु राक्षस सुद्धां घाबरले. कुंभकर्णान मनांतु विचार केलो वानरांक मारनुं कितें प्रयोजन आसतालें? जर राम लक्ष्मणाक यमसदनाक धाडलें तर वानर कांयी केले शिवाय मेलिले शरीरातरेन व्यर्थ जाताले. देकून ते दोन राजपुत्रांक समूळ नश्ट करचेंचि योग्य आसतालें.

. जेन्नां  कुंभकर्ण रणांगणांतु आयलो तेन्नां  पर्वतासारखे आशिल्ले कुंभकर्णाले वयर व्होड व्होड फात्तर वानर उड़यताले.  पुण ते फातरांचो प्रभाव तागेले वयर कांयी जायनासताना ते व्होड फात्तर चूर चूर जावनुं पडले. ताज़े वितरित कुंभकर्णाले पराक्रमाक लागून वानर रक्तान डबडबनुं झाडावयल्यान पडिल्ले लाल फूल्लांतरेन पडत आशिल्ले. वानर महासागरातरेन पसरिले आसल्यारियी ते भीवनुं चारी दिशेन ते धांवचाक लागले.  जेन्नां अंगदान पळयलें की वानर युद्धांतल्यान धांवत आसाचि किंवा युद्धांतु मरत आसाचि  तेन्नां नल, नील, गवाक्ष, कुमुद इत्यादि वानरवीरांक म्हणालो, तुमि उच्च वानर कुळांतु जन्म घेतिले. आसा, हे  विसरचें न्हंय. व्होड व्होड उत्रं उलोवनुं युद्ध करचाक तुमि आयिले, आतां खंय  गोलों तें धैर्य, पराक्रम? परत वचून तुमिं समाजाक कितें सांगताले? स्वत:चें, कुळाचे आनि समाजाचि मर्यादा विसरनुं सामान्य वानरां तरेन खंय धांवत आसाचि. दिव्या मुखार पतंग आयले कीं जे तरेन तें भस्म जाता ते तरेन रामाले मुखार कुंभकर्ण आनि राक्षस आयले कीं  भस्म जातालें. युद्ध जिंकून जीवंत आसल्यारि जीवन सार्थक जातालें, युद्धांतु मरण आयल्यार स्वर्ग प्राप्त हें निश्चित आसतालें. हे तरेन वानर सैन्यांतु विश्वास आनि धैर्य जागें केलें आनि धीर दीवनुं धैर्यान संघर्ष करचाक उत्साहित करनुं वानरांक परत रणभूमीवयर हाडलें.

युद्ध तर मुखारसरलें पुण कुंभकर्णाले असामान्य शक्ति आनि परक्रमाचे मुखार वानरांलो पराक्रम आनि शक्ति उणें पडत आसा अशें दिसचाक लागलें. हनुमंतान आकाशांतल्यान कुंभकर्णाले शरीरावयर घालिले डोंगरा इतले व्होड फात्तर सुद्धां चूर चूर जावनुं पडत आशिल्ले. अखेरीक हनुमंतान लार्गीचि आशिल्लो एक पर्वत हुमटावनुं काडलो आनि. तो कुंभकर्णाले छातीवयर पड़िल्यान तो स्तंभित जालो. तागेलो रथ आनि मोड़नुं चूर जालो आनि घोड़्यांनि जाग्यावयर जीव सोडलो. थोडे काळ कुंभकर्णाक कांयी सूचनाशें जालें. पुण तक्षण स्वत:क सावरनुं हनुमंताले छातीवयर मुष्टीप्रहार केलो, हनुमंतालें तोंड रक्तबंबाळ जालें. ते पोळोवनुं राक्षस आनंदान नांचचाक लागलो आनि वानरांले सैन्यांतु दु:खाचि सावळींतू पसरलि. शीघ्र नीलान मुखार येवनुं कुंभकर्णाले बरोबर युद्ध करचाक सुरवात केलि. तागेले मागशीं मागशीं ऋषभ, नील, गवाक्ष, शरभ आनि गन्धमादन वानरवीर येवनुं सर्व बाजून कुंभकर्णाले वयर प्रहार करचाक लागले. कुंभकर्ण भीलिलो ना, ताणें ऋषभाक घट्ट पकडलें आनि सरळ खावचाक लागलो.

हे तरेन वानरसैन्य विध्वंस जायत आशिल्लें. अंगद युद्ध करचाक आयलो. पुण ताका सुद्धां कुंभकर्णाले प्रहारापासून सुरक्षित आसचाक जालें ना आनि ते राक्षसाले मुष्टीचे प्रहारान तो बेशुद्ध पडलो. अंगदान बेशुद्ध पडिल्लें पोळोवनुं कुंभकर्ण सुग्रीवाले दिशेन धांवलो. कुंभकर्णान आपण्याले दिशेन येवचें पोळोवनुं सुग्रीवान एक व्होड फात्तर उचलनुं ते राक्षसाले वयर उडयलो. आनि ताका सांगलें तूंवे सामान्य वानरांक मारनुं खावनुं व्होड , पराक्रम केलिलो आसा, म्हण्णुं माननाका. धैर्य आसल्यार मेगेले बरोबर युद्ध कर. तेन्नां कुंभकर्ण ताका म्हणालो, हांवु जाणतां कीं तूं प्रजापती ब्रह्मालो प्रपुत्र आसा आन हें सुद्धां समजून घे कीं हांवु सुद्धां प्रजापतीले पासून जन्माक आयला. पुण सुग्रीवान आनि कांय उलयत नासताना तागेले। छाती वयर पर्वतसमान व्होड फात्तर घातलें. पुण परत तो चूरचूर जालिलो पोळोवनुं राक्षस सोन्यांतु आनंदाचो फवारो फुल्ले, आनि वानरालें सैन्य असंतोषाचे अंध:कारांतु बुडले. तेन्नां संतापान ते राक्षसांन सुग्रीवाले वयर वीजतरेन तीक्ष्ण त्रिशूल उडयलें पुण तें त्रिशूल सुग्रीवाले वयर पडचें पयलें हनुमंतान तें आडोवनुं दोन तुकडे केले.

हनुमंतालि शक्ति आनि पराक्रम पोळोवनुं कुंभकर्णाक आश्चर्य जालें. ताका संताप आयलो आनि ताणें सुग्रीवाले वयर भयंकर प्रहार केलो जाका लागून सुग्रीव धर्तरिवयर बेशुद्ध जावनुं पडलो. पडिल्ले सुग्रीवाक उचलनुं एक वादळाले व्होड व्होड वृक्ष उपटून व्हेलिले तरेन घेवनुं कुंभकर्ण कोणांकयि दीसनाशी जालो. घेवनुं वत्ताना तो राक्षसवीर विचार करचाक लागलो, जर सुग्रीवाक पूर्णतरेन नश्ट केलें तर वानर रणभूंय त्याग करताले. रामाले रक्षण करचे दुसरे कोणिंयी आसचें नांचि. जेन्नां राक्षस आनंदान नाचत आशिल्ले, वानर भीवनुं धांवत आशिल्ले, तेन्नां आकाशांतु जमिले देव-दानव, यक्ष-ऋषीगण नियतीचो खेळ विस्मित जावनुं पळयत आशिल्ले. हनुमंतान विचार केलो, सुग्रीवाक हे तरेन राक्षसांन घेवनुं वच्चाक दिवचें योग्य न्हंय. आतां माकाचि करचाक जाय तें माकाचि करचें पड़तालें. हे तरेन मनांतु निश्चय करनुं हनमंतान स्वत:चो आकार आकाशा इतलो व्होड केलो कारण। ताका विश्वास आशिल्लो किं ताणें कुंभकर्णालो वध करनुं सुग्रीवाक सुखरूप परत हाडिल्लें पोळोवनुं वानर सहर्ष सुख अनुभवताले.

पुण ज्ञानांतु सर्वांपेक्षा वरिष्ठ आशिल्ले ते वायुपुत्रान विचार केलो, जर सुग्रीवालि सुटका हे तरेन जालि तर तागेले स्वत:चे पराक्रमा विशय व्यर्थ चर्चा जातालि, जें योग्य आसचें ना. किंबहुना सुग्रीव असामान्य पराक्रमी आनि साहसी आशिष्लान आपण्यालि सुटका आपूण स्वत: करनुं घेवू शकता. कदाचित् कुंभकर्णान छातीवयर आघात केलिल्यान सुग्रीव अजून शुद्धींतु आयिलो नासतालो. शुद्धींतु आयलोकिं तो

स्वत:चो सुटकारो करनुं घेतालो. हे तरेन मनांतु विचार करनुं हनुमंतान थोडो समय प्रतीक्षा करचो निर्णय घेवनुं वानरांक धैर्य दीवनुं युद्ध करचाक लागलो.

ते अंतराळांतु बेशुद्धावस्थेंतु आशिल्ले सुग्रीवाक घेवनुं लंकापुरीचे नागरिकांले कडचान जयजयकार, मंगल वाद्यांचो सूर आंगावयर फुलांचो वर्षाव आनि सुगंधित जल प्रोक्षण कौतुक करनुं घेत कुंभकर्ण आशिल्लो. हे तरेन कौतुक जायत आसताना बेशुद्धींतु  आशिल्ले सुग्रीवाले शरीरावयर सुद्धां वर्षाव केलिले फुलांचो, प्रोक्षण केलिलें सुगंधित जलांचे  स्पर्शान आनि वाजोवचांतु येवचे मंगल वाद्यांचो सूर, जयजयकाराचे  अवाज आयकूनु सुग्रीव सावकाश सावकाश शुद्धीक आयलो. शुद्धींतु येवनुं ताणें सटकन्  एक झेप घेवनुं कुंभकर्णाले कान नांगटान फ़ाडले, नाक चावनुं विद्रूप केलें, ताका सकल धूंकळून पायान तुडयलें. अनपेक्षित आनि अकस्मात् जालिले हल्ल्यान कुंभकर्ण गडबडलो, रक्तान डबडबलो, क्रोध येवनुं काळोनीळो जालो आनि सुग्रीवाक सकयल घालनुं मुष्ठीन प्रहार करचाक लागलो. पुण सुग्रीव तर जातीन वानर, चपल आसचांतु ताका कोणिंयी हात धरूं शकनाशिल्लें. देकून राक्षसांनि पळय पळयत आसतानां ताणें आकाशांतु झेप धेतलि आनि दोळ्याचे पापण्यो उघड झांक जावचे पयलें श्रीरामाले सन्मुख येवनुं उभो राबलो.

आपण्याले हातांतल्यान सुटून सुग्रीव गेलिलें पोळोवनुं कुंभकर्णाक अत्यंत मनस्ताप जालो, गडबडलो, क्रोध नियंत्रणेंतु नासताना, मनावयलें नियंत्रण तुटलें, आपूण खंय वचत आसा, कितें करत आसा ही शुद्धी नासताना मेळिलें तें शस्त्र घेवनुं' मेळिले ते दिशेन वचून मेळिले ते वानरांक धरनुं, मारनुं, खावनुं, तांगेले रक्त पीवनुं तो दिसचाक भयंकर दिसतालो.  वानरसैन्य तें रूप पोळोवनुं घाबरनुं जुसरें कांयियी सूचनासताना सरळ श्रीरामाले लागीं वचून ताका शरण गेले. भयान व्याकूळ जालिले वानरांक पोळोवनुं सुमित्रा पुत्र लक्ष्मण तक्षण उठलो आनि कुंभकर्णाले वयर आक्रमण करचाक सिद्ध जालो. श्रीरामाले चरण स्पर्श करनुं, अनुमति घेवनुं रणांगणावयर उतरलो. पयले प्रथम कुंभकर्णाले शरीरावयर  सात तीक्ष्ण बाण सोडले. कुंभकर्णाले वयर कांयियीI प्रभाव पडिल्लो दिसलो ना. तेन्नां एकापेक्षाएक तीक्ष्ण बाणांचो वर्षाव करनुं वायुदेवान आकाशांतले काळे मेघ पसरायिले तरेन कुंभकर्णाले आशिल्ले नाशिल्ली शक्ती विरघळून काडलि.

आषाढ़ म्हैन्यांतु मेघ गड़गड़ाट करता ते तरेन रणतर्कश गर्जना करत ओरडत कुंभकर्ण  लक्ष्मणाक म्हणालो, मृत्यूक युद्धांतु अपयशी केलिले शत्रूक तूंवे आव्हान केलिलें आसा. मेगेले मुखार युद्ध भूमिवयर उभो राबचो प्रत्येक सैनिक शूर वीर म्हणयेत. तूं तर युद्धभूमीवयर येवनुं मेगेले वयर शस्त्रांचो उपयोग करता ! ऐरावताले वयर बसचो इन्द्रसुद्धां मेगेले बरोबर युद्ध करचाक भीति अनुभवता.  तूं तर सामान्य मनुष्य आसा. तुगेले शक्ति प्रदर्शनान हांवु प्रभावित जालिलो आसा, तुगेलें कौतुक केलिलें तितलें उणें आसा. तरियी तुका बाजून करनुं रामाले बरोबर युद्ध करचें माका आवडतालें. जेन्नां मेगेले हातांतल्यान राम मृत्युमुखांतु पड़तालों तेन्नां माका अन्य सैनिकांले बरोबर युद्ध करचें  आवश्यक आसचेंचि ना. तें कार्य वेगळें राक्षस करतालेचि.

कुंभकर्णाले शब्दआयकूनु लक्ष्मण म्हणालो, इन्द्रादि देवाक तूंवे युद्धांतु अपयशस्वी केलें हें सत्य आसा, पुर आतां तुगेलो पराक्रम हांवे पळयलां, थंय श्रीरामान आशिल्ले दिशेन द्रिश्टी कर. थंय तुका श्रीराम पर्वतातरेन उभो राबिल्लों दिसतालो. लक्ष्मणाले शब्द आयकूनु कुंभकर्णान लक्ष्मणाक बाजून केलें आनि तो सरळ रामाले दिशेन धर्तरिर भूकंप आयिले तरेन  पाय आपटायत आनि झंझावात वार्यातरेन धांवलो. श्रीरामान ताणें येवचें पोळोवनुं तागेले वयर अत्यंत प्रभावी रौद्रास्त्र सोडलें. कुंभकर्णाले शरीरांतल्यान

अग्नीचे फुवारो उड़चो दिसलो. बाणान त्रस्त जालिले ते राक्षसांन घायाचि उपेक्षा करनुं आकाश पाताळ हालोवनुं सोडचे अवाजान गर्जना करत रामाले दिशेन धांवलो. पुण श्रीरामाले लागिं सुद्धां तो पावलो ना, काळजावयर घाय जालिल्यान तो थंयीचि कोसळनुं पडलो. तरियी तो पराक्रमी राक्षस परत उठलो, आनि शस्त्र नासल्यारियी हातान मुष्ठीन प्रहार करत युद्ध करचाक लागलो. रक्तान शरीर सर्व भिजिल्यान दोळे बरबटल्यान कांयी दीसनाशिल्लें, कानान कांयी आयकनाशिल्लें, हातान लागिल्ले वानरांक खायत, मेळिले वाट चलत चलत तो रणांगणावयर फिरत आशिल्लो. अखेरीक हातांतु मेळिलो एक व्होड पर्वत उचलनुं श्रीरामान आशिल्ले दिशेन उडयलो. पुण श्रीरामान तो पर्वत आकाशांतु आसतानाचि बाण मारनुं देन तुकडे केले. तदनंतर लक्ष्मण श्रीरामाक म्हणालो किं कुंभकर्ण पूर्णतरेन संतापान मतिभ्रष्ट जालिल्यान आपूण कोणांक मारता, कोणांक खातां हेंचि समजनाशीं जालिलो आसा. तो राक्षसांक सुद्धां मारनुं खात आसा. देकून तागेले शरीरावयर शूर वानरांनि चडनुं तागेलो जीव घेवचो प्रयत्न करचें योग्य दिसता. तशें केलिल्यान वानरांले वजनान तो सरळ उभो राबू शकचो ना. तो पूर्णतरेन वाकतालो आनि तेन्नां तागेलो जीव घेवचें सुलभ जातालें.

लक्ष्मणाले वचन आयकूनु वानर खुश जाले आनि वेळ वायट करत नासतानां कुंभकर्णाले शरीरा वयर चडचाक लागले. शरीरावयर वानरांनि चडिल्लें पोळोवनुं कुंभकर्णान आपण्यांलें शरीर हालयलें आनी चडिल्लें वानर झाड़ हालयले किं सुकिल्लिं पान्नं पडिल्ले तरे पडचाक लागले. वानरांनि पडिल्लें पोळोवनुं रामान तक्षण आपण्याले धनुष्या वयर बाण चडयलो. श्रीरामान बाण सोडचाक सिद्ध जालिलें पोळोवनुं कुंभकर्ण संतप्त जालिले तरेन श्रीरामाले दिशेन सर्व शक्ति लावनुं धांवलो. तें पोळोवनुं श्रीरामान ताका सांगलें, हे कुंभकर्णा, यो चिंता करनाका, मेगेले बाणान परलोकांतु वच्चाक सिद्ध जावनु ऊर.

कुंभकर्ण सामान्य राक्षस नाशिल्लो तर प्रजापतीलो पुत्र आशिल्लो. देकून श्रीरामालो ललकार आयकूनु तो उपहासान म्हणालो, राघवा समज कीं हांवु विरोध, कबन्द, मरचि किंवा वाली न्हंय. हांवु कुंभकर्ण आसा. पळय मेगेलि गदा, जे अस्त्रान हांवे देव दानवांक युद्ध करनुं तांगेले वयर विजय प्राप्त केलिलो आसा. मेगेले कान नाक विद्रूप जाल्लिले आसाचि म्हण्णुं मेगेले उपेक्षा करनाका. तुका नाश करनुं खावचे आसा, हें निश्चित आसा. कुंभकर्णाले अहंकाराचे शब्द आयकून चवथाळलेले श्रीरामान मेघगर्जने तरेन प्रचंड अस्त्र तागेले वयर सोडलो. ताका लागून तो मायावी राक्षस हाललो पुण पडलो ना इतलेंचि न्हंय तर कांयी जालिले ना ते तरेन तो आक्रमक जालो. जो अस्त्रान वानरवीर वाली सुद्धां प्रभावित जालिलो ते अस्त्र कुंभकर्णाक कांयी करू शकलें ना. शरीरावयले बाण ताणें सहज धूळीचे कण जशें फाफुडले. देव दानव सुद्धां जे शस्त्रान घाबरताले तें लोखंडाचें गदा घेवनुं येवचे वानरांक कोयर बाजून केलिले तरेन बाजून करनुं तो सरळ श्रीरामाले दिशेन धांवचाक लागलो.

श्रीरामाक हो खेळ जास्त काळ खेळचें नाशिल्लो. देकून क्षण भर विचार करनुं ताणें प्रचंड शक्तीचें वायव्यात्र वापरनुं लोखंडाचें गदा धरिल्लो तागेलो हात कापून काडलो. तेन्नां कुंभकर्ण काळ सर्पान फूत्कार करचे तरेन माजलेलो बैल हुंकार करत चित्र विचित्र अवाज करत किंचाळचाक लागलो. कापिल्लो हात धर्तीर पड़ताना ताज्जे सकयल अनेक वानरांलो जीव गेलो, असंख्य वानर हात पाय तुटिल्यान तडपडताशिल्ले. पुण मेलिल्यांक दु:ख नाशिल्लें, घायाळ जालिल्यानि दूख सहन करत श्रीरामान कुंभकर्णाले जीवाचे हाल करचें पोळोवनुं आश्चर्य व्यक्त करत आशिल्ले. कुंभकर्णालो एक हात तुकडो जाल्यार कितें जालें, दुसरे हातान ताणें एक विशाल पिंपळाचें झाडचि हुमटावनु काडचें आनि रावणाले वयर उडयलें. प्रत्युत्तर म्हण्णुं श्रीरामान कुंभकर्णालो दुसरो हात सुद्धां शरीरापासून वेगळो केलो. तदनंतर ते

राक्षसाले दोन्नीं पाय कापले. कुंभकर्ण रणांगणावयर कर्कश अवाजान ओरडत रामाले दिशेन येत आसताना श्री रामान असंख्य बाणांचो वर्षाव तें उघड आशिल्ले तोंडांतु केलो, जाका लागून तागेलो अवाजचि बंद जालो. राक्षसांले काळीज बावलें, वानरालें काळीज फूललें. राक्षस हताश जाले, वानर परत युद्ध करचाक उत्साहित जाले. ताज़े नंतर श्रीरामान ब्रह्मास्त्र उचललें, कुंभकर्णाले शिराचो नेम धरनुं तें अस्त्र सोडलें. आनि कुंभकर्ण समुद्रांतु पडनुं मृत्युमुखांतु पडलो.

हो समाचार सर्वदिशेन तीन लोकांतु पसरलो, देव दानव, यक्ष गन्धर्व ऋषी समुदाय आकाशांतु एकत्रित जावनुं समाधान व्यक्त करत आशिल्ले. जेन्नां समाचार वन आनि गावांतु पसरत पसरत अखेरीक लंकापुरीक पावलो, तेन्नां रावणाले दु:ख़ाक आनि संतापान सीमा उरलिं ना.

ooooo

## अध्याय 15

कुंभकर्ण श्रीरामालें हातांतल्यान मरण पावलो म्हण्णुं जेन्नां रावणाक समजलें तेन्नां तो दु:खान मतिभ्रष्ट जालो. आपण्यालो उजवो हात तरेन आशिल्लो मेगेलो भावु, मित्र, कोणाले वयर हांवु अवलंबून आसतालों, तो माका सोडनुं गेलो. देव दानवांक सुद्धां युद्धांतु जो वीर पराजित करतालो, तो एक य:कश्चित् मनुष्याले हातांतल्यान मरण पावलो. आतां हांवु राज्य घेवनुं कितें करूं? सीतेक प्राप्त करनुं कसलें सुख भोगूं? कुंभकर्णाले शिवाय जीवन जिवचें निरर्थक आसा. हाँ वन सुद्धां मरण स्वीकारनुं कुंभकर्णान गेलिले यमसदनाक वतां. पयलें अपमानित जालिले देव दानव निश्चित मेगेले वयर हासत आसताले. विभीषणान जें पयलें सांगिल्ले तेंचि सत्य आशिल्लें. जें जालें तें पोळोवनुं माका पीड़ा जायत आसा. विभीषणाक देशत्याग करचाक लावनुं हांवे घोर अपराध केलिलो आसा.

शूर, वीर, पराक्रमी म्हण्णुं तीन लोकांतु प्रसिद्ध आशिल्ले रावणान हे तरेन दु:ख करचें पोळोवनुं तागेले पुत्र देवान्तक, नरान्तक, त्रिशिरस् आनि रुरुद्र तागेले लागीं येवनुं सांत्वन करचाक लागले. आमिं आसताना निरंतर दु:ख करचें अनावश्यक आसून जें कार्य कुंभकर्णाक पूर्ण करताले म्हण्णुं ताणीं रावणाक आश्वासन दीवनुं ते रणांगणावयर गेले. पुत्रांनि दिलिले आश्वासनाक समाधान जावनुं रावणान तांका मदत म्हण्णुं महोदर, महापार्श्व हे दोन योद्धांक धाडलें. पुण तांका अपेक्षित यश जें आशिल्लें तें मेळ्ळें ना. अंगदान नरांतकालो, हनुमंतान त्रिशिरालो, लक्ष्मणान अतिक्यालो वध केलो. तदनंतर धूम्राक्ष, अकंपन, प्रहस्त हांका सुद्धां श्रीरामान यमसदनाक धाडनुं दिलें. तेन्नां रावणाक मदत करचाक तागेले ज्येष्ठ पुत्र इन्द्रजित-मेधनाद सोडल्यार दुसरे कोणिंयी उरले नांचि.

जेन्नां इन्द्रजिताक कळनुं आयलें कीं रावण पुत्रांले मरणान दु:खी जावनुं श्रीरामाले बरोबर युद्ध कोण करताले म्हण्णुं चिंतेंतु आसा तेन्नां पश्चात्तापाचे अग्नींतु जळजळत आसचे ते प्रतापी रावणाले लागीं तो तक्षण गोलो. तूं कित्याक करता, जेन्ना तुगेलो पुत्र तुगेलि इच्छा पूर्ण करचाक सर्वतरेन सक्षम आसा ? देकून तूं निश्चिंत ऊर. तुका राम लक्ष्मणालें छिन्नविछिन्न जालिलें मृत शरीर शीघ्र पोळोवचाक मेळतालें. मेगेले धृढ निश्चित विश्वास तुका आश्वासन दिता किं मेगेले शस्त्रास्त्रांचो नेम चुकचें ना, राम लक्ष्मण जीवंत आसचे नांचि. शीघ्र इन्द्र, यम, विष्णु, रुद्र, अग्नि, सूर्य, चन्द्रादि देव मेगेलो पराक्रम पळयताले. हे तरेन रावणाक आश्वासन स्वत: येवनुं दिवचे पुताले कौतुक करत रावण म्हणालो, तुगेले समान शूर महा रथी विश्वांतु दुसरो कोणिंयी दुसरे नांचि. देवांलो देव इन्द्राकतूंवे पराजित केलिलें आसा, राम लक्ष्मण तर

सामान्य मानव आसाचि, ते तुगेले शस्त्रास्त्रांचो प्रहार कशिं सहन करताले? चल, युद्धभूमीवयर वचूनु यशस्वी जावनुं यो.

आपण्यालो पिता आनि लंकाधिपति रावणाक नमस्कार करनुं, तागेलो आशीर्वाद स्वीकारनुं, इन्द्रजित सूर्याले तरेन तेजस्वी आपण्याले रथांतु बसून वायुवेगानरणांगणावयर गेलो. थंय पावलेकिं ताणें पयले प्रथम ब्रह्मास्त्र आनि अन्य शस्त्रं आपण्याले धनुष्य, बाण, रथांतु प्रस्थापित केलिं. ब्रह्मप्रजापतीक प्रार्थना, विधिनियमानुसार यज्ञ आनि हवि यज्ञकुण्डांतु समर्पित करनुं ब्रह्मास्त्र आनि अन्य शस्त्रं आपण्याले धनुष्य, बाण, रथांतु प्रस्थापित केलिं.जेन्नां ते यज्ञकुण्डांतल्यान ब्रह्मास्त्र आनि अन्य शस्त्रं इन्द्रजिताले धनुष्य, बाण , रथांतु प्रस्थापित जायत आशिल्लिं, तेन्नां वातावरणांतु वादळ उठलें, सागर खवळलो, आकाशांतले सूर्यचन्द्र, ग्रहनक्षत्रं भयांकृत जालिं. इन्द्रजित अग्निले तरेन तेजस्वी जालो, इन्द्राले तरेन शक्तिशाली आनि पराक्रमी आसून तक्षण सर्व जगांतल्यान जशें कांय अदृश्य जालो.

राक्षसांले सैन्यान वानरांलि हत्या करनुं रणांगणांतु हाहाकार पसरायलो. इन्द्रजिता अदृश्य अवस्थेंतल्यान सर्व वानरांक नश्ट करचाक राक्षसांक प्रोत्साहित करत स्वत:युद्धांतु वानरसैन्याचि दारुण अवस्था करत आसतालो. पुण श्रीरामाले खातिर वानर कांयियी करचाक सिद्ध आशिल्ले. वानरांलो धृढ निश्चय पोळोवनुं इन्द्रजितान तांगेले सेनापतींक वेंचून वेंचून नेम धरलो. गन्धमादन, नील, मैन्द, जांबुवंत, सुग्रीव, ऋषभ, अंगद, द्विविद आनि अन्य वानरांक असंख्य बाणांचो वर्षाव करनुं हैरान करचाक लागलो. तो अदृश्य ऊरनुं युद्ध करत आशिल्यान तोकोणांकयी दीसनाशिल्लो, पुण सर्वांक तो पोळोंव शकतालो.

इन्द्रजिताले शस्त्रास्त्रांचे प्रहारान वानरांले मुख्य सेनानी सर्व घायाळ जावनुं रक्तबंबाळ जालिल्यान धर्तरेवयर पडत आशिल्ले. जेन्नां इन्द्रजितान ब्रह्मास्त्र स्मरण करनुं सर्व वानरसैन्याले वयर नेम धरचें दशरथपुत्र श्रीरामान पळयलें तेन्नां ताणें लक्ष्मणाक म्हळें, इन्द्रजित अदृश्य रूपान। युद्ध करचें अशक्य जालिलें आसां. आनि आतां ताका ब्रह्म प्रजापतीले पासून प्राप्त जालिलें ब्रह्मास्त्राचो उपयोग करत आसा. ते परम पवित्र आनि परमश्रेष्ठ आशिल्यान ते ब्रह्मास्त्राचो अनादर आमकां करचाक जावचें ना. देकून माका एकचि पर्याय सुचता. ते शिरसावंद्य ब्रह्मास्त्राचो कसलोयी प्रतिकार किंवा कसलियी हालचाल करत नासताना, सुख दु:खाचे भावना नासताना, अनासक्त मनान, बेशुद्ध अवस्थेंतु आसून तें ब्रह्मास्त्र आदरान स्विकार करचाक जाय, "स्वयम्भुवा दत्तवरो महात्मा। खमास्थितोऽन्तर्हितभीमकायः || कथंनु शक्यो युधि नष्टदेहो निहन्तुमद्येन्द्रजिदुद्यतास्त्रः || मन्ये स्वयम्भूर्भगवानचिन्त्यो | यस्यैतदस्त्रं प्रभवश् च योऽस्य| बाणावपातांस्त्वमिहाद्य धीमन् मया सहाव्यग्रमनाः सहस्व ||".

श्रीरामाले वचन लक्ष्मणाक मान्य जाता. तांका हे तरेन कसलोयी प्रतिकार किंवा कसलियी हालचाल करत नासताना, बेशुद्ध अवस्थेतु आसून तें ब्रहमास्त्र स्वीकारचें पोळोवनुं इन्द्रजित अनुमान करता **कीं** राम लक्ष्मणालो मृत्यु जाला. आनंदाचो समाचार रावणाक दिवचाक तो तुरंत लंकापुरीक प्रस्थान करता जेन्नां श्रीराम आनि लक्ष्मण बेशुद्धावस्थेंतु रणांगणावयर पडिल्ले पळयलें तेन्नां वानरसेना एक अनिश्चित वातावरणांतु वावुरत आशिल्लि. कितें जालें, कितें जावचे आसा, हे विशय विचार करचाक जायनासताना सुग्रीवादि मुख्य वानर श्रीराम लक्ष्मणाले बाजून एकमेकांले तोंडाकडेन पळयत बसले. तेन्नां ज्ञानी जनांतु श्रेष्ठ म्हण्णुं मानचांतु आयिले विभीषणान तांका सांत्वन करत म्हळें, भिवचें किंवा काळजी करचें कांयि कारण ना. इन्द्रजीतान सोडिले ब्रह्मास्त्राचो मान दवरनुं श्रीराम आनि लक्ष्मण किंचित काळ

बेशुद्धावस्थेंतु आसून शीघ्र ते परत शुद्धीक येताले. विभीषणाले उत्रानि वानरांलो जीव जीवांतु आयलो. सर्व चिंता विसरनुं श्रीराम लक्ष्मणांनि परत शुद्धीक येवचे क्षणांतु वाट पळयत बसले. तेन्नां बुद्धिवान् नामांकित आशिल्लो हनुमंतान ब्रह्मास्त्राक नमस्कार करनुं विभीषणाक म्हणालो, तुंवे दिलिले समाचारान आमकां सर्वांक समाधान जालिलो आसा. देकून निरुहात्त्साहित आनि निस्तेज जालिले वानरांतु परत स्फूर्ति प्रस्थापित करचें अत्यंत आवश्यक आसा. तदनंतर विभीषण आनि हनुमंतान रणांगणावयर ब्रह्मास्त्रान घायळ जालिले सुग्रीव, अंगद, नील, नल इत्यादि वानरवीर आनि ज़ख़्मी जावनुं पडिल्ले वानरांक सांत्वन करत, आशेचें किरण दाखोवनुं परत संघर्ष करचे खातीर उत्साहित करचाक सुरवात केलि.

नंतर वेव्हारांतु अनुभवी, ज्ञानान मेधावी आनि वयान वृद्ध, जांबुवंताक शोधत फिरले. अखेरीक तांका स्वाभाविक प्राकृतिक नियमांक लागून निस्त्राण जालिलो जांबुवंत विभीषणालो अवाज ओळोखून म्हणालो, दोळ्यान तुका पोळोव शकना, पुण अवाजान तुका ओळखलां. अंजनीपुत्र हनुमंत जीवंत आसून तुगेले लागीं आसावे? विभीषणाक जांबुवंतालो प्रश्नो आयकूनु आश्चर्य जालें. देकून ताणें विचारलें, श्रीराम, लक्ष्मण, सुग्रीव, अंगद सोडनुं हनुमंताले विशय तूं कित्याक विचारत आसा ? विभीषण ज्ञानी आसल्यारियी जांबुवंत वृद्ध, ज्ञानी आनि अनुभवी आशिल्लो. देकून तो म्हणालो आमिं सर्व युद्धांतु मरण पावल्यारियी जर हनुमंत जीवंत उरलो तर श्रीरामालें कार्य पूर्ण जातालें आनि जर हनुमंत मरण पावलो आनि आमिं सर्व जीवंत आस्ल्यारियी श्रीरामालें कार्य पूर्ण जावचाक जीवंत आसून कसलेंयी प्रयोजन आसचें ना. जर हनुमंत जीवंत आसतालो तर आमिं जीवंत आसचि संभावना आसतालि. जांबुवंतालें वचन आयकूनु हनुमंतान विनम्रतायेन जांबुवंतालें पाय धरनुं नमस्कार केलो. हनुमंतालो अवाज आयकूनु जांबुवंतान जीवांतु जीव आयिले तरेन लांब सुस्कारो सोडलो.

ताणें हनुमंताक सांगले, वायुपुत्र केवल तूं वानरांक जीवदान दिवूं शकता, हें तुगेले ध्यानांतु सदाकाळ आसूं. केवल तूं एकमात्र वानरांक सुरक्षित दवरू शकता, अन्य कोणिंयी न्हंय. तुगेलि असामान्य शक्तीचो उपयोग कर. वानरांलो उत्साह तूंवे वाढोवचाक जाय, श्रीराम लक्ष्मणांले स्वास्थ्य जपचाक जाय. समुद्रोल्लंघन करनुं उत्तरेक हिमालयाक प्रवास कर. थंय तुका सुवर्णतरेन झगझगचो कैलास पर्वत दिसतालो. ते पर्वताचे निकट वन वनस्पति, जड़ी बुटी वग़ैरे औषध सामग्रीन समृद्ध स्थळ दिसतालें. थंय तुका चार प्रभावी वनस्पती दिसतालिं. एक आसतालि मृत संजीवनी, जी मरण पाविल्याक परत जीवंत करता, दूसरी आसतालि विशल्यकरणी जी शस्त्रांनि केलिले घाय गुण करता, तिसरी आसतालि सौवर्णकरणी जी विद्रूप जालिले शरीर सुरूप करता आनि चवथी आसतालि संधानी जी तुटिले आनि सुटिले हाड जोड़ता. ते सर्व महान् आनि गुणकरचिं औषधं आसाचि. तीं घेवनुं येवचाक केवल तूंचि समर्थ आसा. देकून तूं तीं हाडनुं श्रीराम, लक्ष्मण आनि वानरांले स्वास्थ्य सुधार कर.

जांबुवंतालें शब्द आयकून महासागरांतु वारो येवनुं वादळ आयिले तरेन हनुमंतालो उत्साह वाढलो. ताका एकचि विशय परत परत सांगचें पड़ना. तो तक्षण पर्वताचे शिखरावयर गेलो आनि पर्वतावयल्यान आकाशांतु एक व्होड झेप धेतलि. ती झेप घेताना हनुमंतान इतली शक्ति वापरलि कि न केवल तो पर्वत तर लंकापुरी सुद्धां हालचाक लागलि. श्रीरामाले आनि वानरांले खातीर हनुमंत कसलेंयी कठीणांतु कठीण कार्य करचाक सदा सिद्ध आसता.

हनुमंत उत्तर दिशेन इतले वेगान उड़त आशिल्लोकिं तो थोडे काळांतरान ताका दूरचान हिमालयाचि पर्वतश्रेणि दिसलि आनि थंय धव्वे वस्त्रान पांघुरलेले हिमालयावयर ताका अनेकानेक पर्वत, नदी, सरोवर,

वन वनस्पती, पशु पक्षी, जीव जंतून वास्तव्य केलिलें दिसलें. जशें जशें तो हिमालयाचि लागिं आयलो तशें तशें ताका हिमान पांघुरलेलो आनि शिव पार्वतीले वास्तव्य केलिलो आनि गंगानदीचे सहस्रनदीचे प्रवाहान पवित्र जालिलो कैलास आनि सुगंध औषधीयुक्त आनि दिव्य, सुवर्णमंडित वनस्पतीन समृद्ध ऋषभ पर्वत दिसलो. पर्वत पोळोवनुं हनुमंतान पर्वतावयर पायान स्पर्श करचें पयले शिव, पार्वती, थंय निवास करनुं आशिल्ले देव देवता, गन्धर्व, यक्ष, ऋषी, साधु संताक नमस्कार केलो.

तदनंतर उतरनुं जांबुवंतान सांगिल्ले औषधीय वन वनस्पति, पाळं-मुळं शोदचाक लागलो. कोणितरी तीं घेवनुं वच्चाक आयल्याचि हे भीतीन किं कांय, जें जाय तें हनुमंताले द्रिश्टीक पडनाशिल्ले. हनुमंताक जेन्नां आपण्याले प्रयत्न असफल जायत आसा अशें दिसलें तेन्नां कोप येवनुं ते पर्वताक म्हणालो, श्रीरामाले स्वाल्थ्याविशय तुका थोड़ी सुद्धां चिंता आसा, अशें दीसना. चर स्वखुशीन जे औषधीय पाळंमुळं जाय ते तूं दिवचो ना तर तुका सरळ उचलनुं खंय श्रीराम बेशुद्धावस्थेंतु थंय घेवनुं वतां - स तस्य शृङ्गं सनगं सनागं | सकाञ्चनं धातुसहस्रजुष्टम् | विकीर्णकूटं चलिताग्रसानुं | प्रगृह्य वेगात्सहसोन्ममाथ ||".
हे तरेन सांगून हनुमंतान तो ऋषभ पर्वत, वन वनस्पती, जन जनांवर, पशु पक्षी समेत हुमटावनुं सरळ तळहाता वयर उचललो आनी आकाशांतु झेप घेवनुं गरूड़ पक्षीतरेन उडलो आनि सूर्यातरेन प्रभावान झळकचाक लागलो. तागेले हातांतलो तो पर्वत विष्णूले चक्र तरेन दिसतालो. तें पोळोवनुं आकाशांतले एकत्रित जालिले देव, गन्धर्व, यक्ष, ऋषीगण आनंदान जयजयकार करचाक लागले.

श्रीरा,म लक्ष्मण परत शुद्धीक येवनुं युद्ध करचाक पूर्णतरेन तत्पर जालिलें पोळोवनुं सुग्रीव हनुमंताक म्हणालो, कुंभकर्ण आनि स्वत:चे चार पुत्र मरण पाविल्यान रावण आतां प्रतिकार करचे स्थितींतु आसचो ना. देकून आतां जें करचाक जाय तो विचार करचाक जाय. जे वानर शूर आनि धाड़सी आसाचि ताणिं मुखार वचून लंका जाळनुं भस्म करचाक जाय. ते आज्ञेनुसार थोडे वानर गेले आनि लंकापुरीक अग्नि दीवनुं जळनुं उडोवचाक सुरवात कोलि. लंका जळवें पोळोवनुं राक्षस धांवनुं वच्चाक लागले. ते उज्ज्यांतु अनेक घर जळळीं आनि राक्षस मरचाक लागले. तेन्नां श्रीराम आनि लक्ष्मण पूर्ण तरेन स्वास्थ्य प्राप्त जालिल्यान रावणाक यमसदनाक धाडनुं सीतेक मुक्त करचेखातीर सन्नद्ध जाले. क्रोधान संतप्त जालिलो धनुर्धारी श्रीराम विश्व समाप्ती समयचे शिवाले तरेन शोभतालो. घनुष्याचो झंकार आयकलें किं राक्षसांले काळीज भयान थरथरलें, वानरांले काळीज उत्साहान फुरफुरलें.

श्रीरामालो पयले प्रथम बाणान लंकापुरीचें महाद्वार तुटून पडलें. तागेले नंतरचे बाणाक लागून शहरांतले सातमजली भवनं हालचाक लागलीं. युद्ध करचाक सिद्ध जायत आशिल्ले राक्षसांक अंतकाळ लागींचि आयिले तरेन भास जावचाक लागलो. सुग्रीवान वानरांक आज्ञा दिली, युद्ध करत शत्रूले कडचान मरण पावले तर स्वर्गसुख निश्चित आसा. युद्ध करत नासताना रणांगण त्याग करनुं जीव घेवनुं परत फिरचे आसल्यारि मृत्युदंड तो निश्चित आसा. युद्ध करचाक सिद्ध जावनुं आक्रमण करचाक आतुरतायेन वाट पळयत उभे राबिल्ले वायनरांक पोळोवनुं रावण संतापान काळ नीळो जालो. ताणें कुंभकर्णाले पुत्र कुंभ आनि निकुंभाक तक्षण आपयलें. राजाज्ञेक मान दीवनुं ते तांगेले भाव यूपाक्ष, शोणिताक्ष, प्रजंघ, कंपनासहित आयले. तांका तुरंत वानरांवयर आक्रमण करचाक आयले. तांका तुरंत वानरांवयर आक्रमण करचाक सांगलें. युद्धांतु अनेक वानरांलो मृत्यु जालो आनि राक्षसांलि हानि कांय कमिं नाशिल्लि. अंगद कंपनालो जीव आनि शोनिताक्षाक घायाळ करता, जो अखेरीक दिविडाले हातांतल्यान मरता. अंगद प्रजंघाले मृत्यूचो कारण जाता. कुंभकर्णालो पुत्र कुंभ अंगदाक घायाळ करता, पुण अखेरीक युग्रीवालें हातान मरण पावता. अंगदाले हातांतल्यान कंपन मरण पावता. तेचि तरेन एका मागशीं एक

रावणाले योद्धा मरण पावताचि. आनि अखेरीक कुंभ निकुंभ यम सदनाक वताचि, तो समाचार आयकूनु रावण पूर्ण तरेन हताश जाता आनि मकराक्षकाक राम लक्ष्मणांक वध करचाक धाडता. मकराक्षकाक स्वत:चे शक्तीचो गर्व आसता, देकून रावणालि आज्ञा आयकून ख़ुशीन रणांगणावयर वता. वत्ताना तागेले रथाचे घोड़े निस्तेज जालिले तरेन दिसले, रथवांकडो वचत आशिल्लो, हातांतल्यान चाबुक सरकुन पडलो. अकस्मात् काळोख पसरलो, चारी दिशेन वादळ खवळलें. सर्व लक्षणं विपरीत आसल्यारियी अत्यतं गर्वान अंध जालिले ते राक्षसान तें सर्वांचि उपेक्षा करनुं मुखार वचत उरलो.

मकराक्षकान येवचें पोळोवनुं वानर सैन्य प्रतिकार करचाक सिद्ध जावनुं उरले. आनि शीघ्र देव दानवांले युद्ध जालिले तरेन घोर संघर्ष जावचाक लागलो. मकराक्षकाले बाणान घायाळ जावनुं वानर मरत आशिल्ले. ते पोळवनुं श्रीरामान राक्षसांवयर बाणांचो वर्षाव करचाक सुरवात केलि. श्रीरामान वानरांक मदत करचाक आयिलें पोळवनु मकराक्षकान श्रीरामाक उद्देशून म्हळें, राब राम, तुगेले बरोबर युद्ध करनुं तुका हेंचि क्षण मृत्युमुखांतु ढखलतां. दण्डकारण्यांतु मेगेले बापय ख़र राक्षसांलि हत्या करनुं तूं मेगेले पासून जीवंत परत वच्चो ना. ते दिवस पासून मेगेले द्रिश्टीक पडिल्ले नाशिल्यान तूं अजून जीवंत उरलो. जे चरेन सिंह आपण्यांलें अन्न शोधत आसता ते तरेन हांवु तुका शोधत आशिल्लों. तुगेलें नशीब वायट आसा, देकून तूं मेगेले द्रिश्टीक पडिल्लो आसा. जास्त कित्याक उलोवच? युद्ध करचाक सिद्ध जावनुं उभ राब. मकराक्षकान उलयिलें आयकूनु श्रीराम हासत म्हणालो, व्यर्थ कसल्याक वटवट करत आसा, युद्धांतु अहंकाराचे उत्रांनि न्हंय तर सोडिल्ले बाणान जिंकचें आयता. हांवे तुगेलो पिता ख़र मात्र न्हंय तर त्रिशिर, दूषण असले सहस्रान् सहस्र राक्षसांक यमसदनाक धाडिल्लें आसा. देकून लक्ष्य दी युद्ध करचांतु, कारण शीघ्र हांगा पक्षी जमचे आसाचि तुगेलें माँस खावचे खातिर!

श्रीरामाले वचन आयकून संतापान खवळिले मकराक्षकान कसलेंयी उलयनासताना असंख्य बाणांचो वर्षाव करचाक सुरवात केलि. मकराक्षकाले प्रत्येक बाणांक प्रत्युत्तर म्हण्णुं तितलेंचि बाण सोडले. मकराक्षक साधारण योद्धा न्हंय संघर्ष भयंकर, घोर जायत गेलो म्हणचेंचि योग्य आसतालें. सर्व दिशा बाणान भरनुं गेलिले आनि धर्तरी सुद्धा सुद्धां दिसनाशिल्लि. तेन्नां श्रीरामान जास्त समय वायट करत नासतानां मकराक्षकालो धनुष्याचे आनि रथाचे तुकडे केले. रथ पूर्ण तरेन तुकडे जालिल्यान अजानुबाहु मकराक्षक रामाले मुखार एकलोचि पडलो. पुण भय नासताना ताणें शिवान दिलिलें भयंकर शूल उडयलें, जें श्रीरामान बाण मारनुं चूरचूर केलें. जे तरेन आकाशांतु उल्का पडिल्ले दिसताचि ते तरेन शूल चूरचूर जालिले दिसताले. श्रीरामाले ते असामान्य कर्तुत्व पोळोवनुं आकाशांतले देव साधु साधु म्हण्णुं कौतुक करचाक लागले.

आपण्याक शिवान दिलिलें दिव्य शूल श्रीरामान सहज चूर चूर केलिलें पोळोवनुं संतप्त जालिलो मकराक्षक श्रीरामाले दिशेन प्रहार करचाक धांवनु आयलो. पुण श्रीराम भीत नासताना हासत हासत ते राक्षसाले छातीवयर नेम धरनुं अत्यंत प्रभावी अग्न्यास्त्र सोडलें. मकराक्षकले छाती फाडनुं काळीज छिन्नं छिन्नं जालें आनि तो राक्षस आशिल्ले थंयीचि प्राण त्याग करनुं कोसळलो. मकराक्षक रणभूमीवयर जीव त्याग करनुं मरण पाविलें पोळोवनुं तागेलें सैन्य घाबरनुं सरळ लंकापुरीक वचून समाचार रावणाक दिलो. ते अंतराळांतु आकाशांतल्यान देव धर्तेरवयर सर्वांनि श्रीरामालो जयजयकार करचाक लागले.

जेन्नां हनुमंतान आकाशांतल्यान येवचें पोळोवनुं, जे तरेन रात्रीचो अंधकार वचून सूर्य उदयाक आयलोकीं जे तरेन पशु अवाज काडताचि आनि पक्षी कलकलाट करताचि ते तरेन आकाशांतु उड़त येवचे हनुमंताक पळयलें कीं वानरांनि व्होड अवाजान कलकलाट करचाक लागले. हनुमंत धर्तेरर उतरलो, पर्वत

बाज़ून दवरलो आनि विभीषणाक नमस्कार करनुं उभो रावलो.  विभीषणान तांतूतले वनस्पति, पाळं मूळं वेंचून श्रीराम आनि लक्ष्मणाक हुंगताना दिलिं आनि थोडेचो समय सरलो कीं ते दोग्गंयी राजपुत्र शुद्धीक येवनुं उठून बसले. तदनंतर मरण पाविलें, मरणोन्मुख आशिल्ले, घायाळ जालिले अनेक वानर औषध हुंगिल्यान निदेंतल्यान जागे जालिले तरेन परत जीवंत जाले. आपण्यालो प्रयत्न यशस्वीतरेन पार पाडिल्लो समाधान अनुभवत हनुमंतान तदनंतर तो ऋषभ पर्वत परत हिमालयाचि जागी परत स्थपित केलो.

ooooo

## अध्याय 16

मकराक्षक रणभूमीवयर मरण पावलो म्हण्णुं समजलेंकिं  युद्धांतु सदाकाळ यशस्वी जायत आसतालो तो रावण आयज एक सामान्य मानवाले तरेन तागेले शूर वीर म्हण्णुं नावांजलेले सेनापती मृत्युतु पड़िल्यान ताका अपयश पत्करचें पडता, म्हण्णुं दांत ओंठ चावत विचार करचाक लागलो. कांयी सूचत नासताना ताणें आपण्याले ज्येष्ठपुत्र इन्द्रजिताक म्हळें कीं राम लक्ष्मणालो काँटों काडचें खातिर इन्द्रजितान स्वत: गेले शिवाय गत्यंतर नां. तूं निश्चित  शूर वीर आशिल्यान तें तुका सहज शक्य जातालें.

प्रजापतीले पासून ब्रह्मास्त्र प्राप्त जालिलो रावणाले संतानांतु इन्द्रजित श्रेष्ठ शूर आनि सर्वांतु वीर म्हण्णुं तीन लोकांतु नामांकित आसून सामान्यांपासून तो अपयशी जावचें सहसा साध्य नाशिल्लें. सर्वांले द्रिश्टीन अदृश्य जावचे कलेंतु तो निपुण आशिल्लो. आपण्यालो पिता आनि लंकाधिपति रावणालि आज्ञा शिरसावंद्य म्हण्णुं माननुं ती आज्ञा पालन करचाक निश्चित राम लक्ष्मणाले शिर कापून हाढतां म्हण्णुं शपथ घेवनुं तो तुरंत रणभूमीवयर गेलो. थंय ताका ते वानरांले मदें तीन शिर आशिल्ले नागशे दिसले. आकाशांतु अदृश्यरूपान आशिल्यान तो किंवा तागेलो रथ, घोड़े दिसले नाशिल्ले, इतलेंचि न्हंय तर तान्निं केलिलो अवाज सुद्धां आयकनाशिल्लो. ते कारणान श्रीराम आनि लक्ष्मणान सोडिल्ले शस्त्रांचो  परिणाम जालो किं असंख्य ना, हें समज नाशिल्लें. तरियी जे थोडे बाण मारिल्ले परत धर्तरिर रक्तान ओले जालिले दिसले तेन्नां समजताले किं थोडे बाणांचो नेम चुकलो ना. इन्द्रजितान मारिल्ले बाणान असंख्य वानर मरत आशिल्ले.

हें सर्व पोळोवनुं लक्ष्मण संतापान तो श्रीरामाक म्हणालो किं तो सुद्धां ब्रह्म प्रजापतीन दिलिलो प्रभावी शस्त्रांचो वापर करनुं सर्व राक्षसांक नाश करचो विचार करत आसा. तें आयकूनु परम ज्ञानि परम दयाळू श्रीराम म्हणालो, एक राक्षसाले खातिर धर्तरिवयले सर्व राक्षसांक नाश करचो विचार अनुचित आसा. जो युद्ध करचो सैनिक न्हंय, जो भीवनुं निपिल्लो आसा, जो शरण आयिल्लो आसा, जो युद्ध करत नासताना पलायन करत आसा, जो मद्य पीवनुं शुद्धींतु आसा, तांका जीवंत मृत्युमुखांतु धाडचें योग्य न्हंय, "नैकस्य हेतो रक्षांसि पृथिव्यां हन्तुमर्हसि || अयुध्यमानं प्रच्छन्नं प्राञ्जलिं शरणागतम् | पलायन्तं प्रमत्तं वा न त्वं हन्तुमिहार्हसि ||".

देकून सामान्य राक्षसांलि चिंता वानरांक करचाक सोडचेंचि उचित आसतालें. आमगेले लागीं आशिल्ले सर्व दैवी शस्त्र-अस्त्रं वापरनुं केवल मायावी आनि शक्तिशाली इन्द्रजिताले वध करचो प्रयत्न करयां. मेगेले दैवी अस्त्रान तो धर्तरिर मानव लोकांतु आसूं , आकाशांतु देवलोकांतु किंवा पाताळांतु आसुं. शोधून ताका मृत्यु दिवचो  हो मेगेलो धृढ निश्चय आसा - "यद्येष भूमिं विशते दिवं वा | रसातलं वापि

नभस्तलं वा | एवं निगूढोऽपि ममास्त्रदग्धः | पतिष्यते भूमितले गतासुः ||". श्रीरामाले मनांतल्यान करचे विचार समजून आनि श्रीरामान पयलें कुंभकर्ण आनि मकराक्षक तसले महान वीर राक्षसांलो जीव घेतिल्लें लक्ष्यांतु येवनुं परत लंकापुरीक वच्चें इन्द्रजीतान ठरयलें. आनि तो शीघ्रमनांति निश्चय करनुं आयलो किं जर राम लक्ष्मणांक युद्धांतु शौर्यान अपयशी करचें साध्य जावचें नासल्यारआ पण्यालि माया शक्ती वापरनुं तांका भ्रमांतु घालचें आनि नंतर तांगेलो हत्या करचि म्हण्णुं येवजून तो परत रणांगणांतु उतरलो. आपक्ष्याले बरोबर मायने निर्माणकेलिलि सीतेलि प्रतिरूप आशिल्लि मायावी स्त्रीक आपण्याले रथांतु बसोवनुं घेवनुं आयलो. नंतर ते मायावी सीतेलि हत्या वानरांले मुखार करनुं तांका भ्रमांतु घालचें,हेंचि विचारान तो परत आयलो.

इन्द्रजीत जेन्नां रणांगणावयर आयलो तेन्नां वानर सैन्य चवथाळनुं तागेलेवयर व्होड व्होड फातर उडोवचाक लागले. ते सर्वांले मुखार स्वत: हनुमंत आशिल्लो. ताणें भरणं, सुंदर वस्त्रं विना दु:खान तोंड बाविल्लि सीता इन्द्रजीताले रथांतु बशिल्लि पळयलि. पयलें आपण्यान पळयिलि सीता तीचि इन्द्रजीताले रथांतु आपून पळयत आसा म्हण्णुं तो पूर्णतरेन अस्वस्थ जालो. तिका इन्द्रजीताले रथांतल्यान मुक्त करचें विचारान तो सर्व वानर सैन्य घेवनुं ते राक्षसाले वयर आक्रमक जालो. वानरांलि आक्रमक विचार पोळोवनुं इन्द्रजीतान ते मायावी सीतेले केस धरनुं आपण्यालि तलवार उचललि. सीतेलि हत्या करचाक सिद्ध जालिले ते राक्षसाक पोळोवनुं सर्व वानर भ्रमांतु पडले. हाय, हाय म्हणत थोडे बेशुद्ध पडले. थोडे संतापान इन्द्रजीताले वयर चवथाळनुं पडले. भ्रमांतु पड़िल्यान कितें करचाक जाय हें हनुमंत आनि अन्य वानरांक समजत नासताना आशिल्ले थंय स्तब्ध उभे राबले.

क्रोध नियंत्रणेंतु दवरचाकजाय नासताना हनुमंतान इन्द्रजीताक म्हळें, ब्रह्मणाले कुळांतु जन्म घेवनुं राक्षस वृत्तीन आचरण करचें दुष्ट तूं सीतेले केसाक हात लावचें धैर्य केलें, तुका योग्य ती शिक्षा निश्चित मेळतालि. स्वत: शूर, वीर, पराक्रमी समजचें नीच आनि क्षुद्र पापी विचारान प्रवृत्त जाव चें तुका क्षमा ना. तुगेलो धि:कारआसूं, सीता स्वत:चे घर, देश आनि पतीले संरक्षणा पासून दूर आसा, तीणें तुगेलें कितें वायट केल्यां, जाका लागून तूं तिगेलि हत्या करचाक उठला ? स्त्रीहत्या करनुं मृत्यु नंतर तुका नरक यातना भोगचि पडतालि. कांयी आसल्यारियी सीतेलि हत्या करनुं तूं तरी खंय वतालो ?

हे तरेन उलोवनुं हनुमंत आनि वानर आक्रमक जावनुं इन्द्रजितावयर धांवनुं गेले. हनुमंत आनि वानरांवयर अनेक बाण सोडत इन्द्रजित म्हणालो, तुमिं सर्व हांगा व्यर्थ आयिले आसाचि? हांवु तर सीतेलो जीव तुमगेले समक्ष घेवचो आसा. तिगेलो जीव घेतले नंतर हांवु राम, लक्ष्मण, सुग्रीव, विभीषणा आनि तुमगेलो जीव घेवचोचि आसा. स्त्रीहत्ये विषय जें तूं सांगता तें सत्य आसा, पुण शत्रूक जास्तन् जास्त पीड़ा दिवचो हो युद्धाचो नियम निश्चित आसा. देकून जें करचें आसा तें हांवु निश्चित करचोचि आसा. ते तरेन म्हण्णुं इन्द्रजितान ते मायावी सीतेलो शिरच्छेद करनुं हनुमंताक म्हणालो, पळय हांवे सीतेक जीवंत मारनुं उडयल्यां आतां युद्ध मुखारसरनुं कसलो उपयोग ? हे तरेन हनुमंताक सांगून हासत हासत इन्द्रजित लंकापुरीचे दिशेन गेलो.

इन्द्रजितान सीतेलि हत्या केलिलि पोळोवनुं हनुमंत आनि वानर कितें जालें, आतां कितें करचें हे समजत नासताना मात्तें आपटायत दु:खी आनि उद्विग्न जावनुं ते सरळ श्रीरामाले लागीं गेले आनि समाचार जे तरेन घडलो ते तरेन सर्व सविस्तारान सांगलो. तो समाचार इतलो गंभीर आनि धक्कादायक आशिल्लो किं थोडे क्षण मूळापासून हुमटावनुं काडिल्लें झाडातरेन श्रीराम स्वत:चि शुद्धी विसरनुं

कोसळ्ळो. ताणें हे तरेन बेशुद्धावस्थेंतु पडिल्लें पोळवनुं वानर वर्तुळाकारान करनुं जमले. उदाक हाडनुं  तागेले वयर प्रोक्षण करनुं दोळ्याक लायलें.

 लक्ष्मण ताका लागीं घेवनुं समाधान दीत समजावचाक लागलो. तूं धर्मनिष्ठ आशिल्यान तूं धर्म पालन करचेंचि योग्य आसतालें. जीव जंतु जे तरेन द्रिश्टीक पडताचि ते तरेन धर्मनियमान वागचे जनांले शील द्रिश्टीक पड़ना. मेगेले मतान धर्म नियमान निश्चित जावचि वागणूक हे जगांतूचि ना. अन्यथा तुगेले तसले धर्म नियमान वागचे सुशील मनुष्याक असलें दु:ख पोळोवचें पडनाशिल्लें. अधर्माचरणेन कार्य करचे रावणाक नरक यातना निश्चित मेळताशिल्लि आनि धर्माचरणेन कार्य करचे चुका हे तरेन दु:ख भोगचें पडनाशिल्ले.  पाप करनुं रावणाक दु:ख ना आनि पुण्य करनुं तुका सुख ना. हें पोळवनुं मेगेलें मन निर्णय करता किं धर्म, पाप पुण्य हे सर्व कल्पना व्यर्थ आसाचि. कारण पुण्य कर्म केलिल्यान सुख मेळता हें द्रश्टीक पड़ना, पाप कर्म केलिल्यांक दु:ख मेळता हें द्रश्टीक पड़ना. धर्मान जीवन करनुं सुख खंय मेळता? अधर्मान जीवन करनुं दु:ख खंय मेळता? देकून धर्म अधर्म, पाप पुण्य सर्व व्यर्थ आसा. पुण्यकर्म करनुं कोणांकयि सुख, संपत्ति, वैभव प्राप्त जालिलें आसा, हें खंयियी दिसून येना. पुण पाप कर्म करनुं सुद्धां सुख, संपत्ति, वैभव प्राप्त जालिलें दिसून येता. श्रीरामा धर्मनिष्ठ आसून पुण्यकर्म करनुं तुका सुख, संपत्ति, वैभव खंय प्राप्त जालिले आसा? तुका दु:ख तरी मेळचें नाशिल्लें! किंबहुना, मेगेले मतान जो धर्म सशक्त ना, जो धर्म स्वत:चें रक्षण स्वत: करू शकना, तो धर्म आसून ओ तरेन समजका. देकून आतां जे तरेन तूं स्वत:चे धर्मावयर अवलंबून कर्म करत आसा, ते तरेन स्वत:चे बला वयर अवलंबून कर्म कर. धर्माचें रक्षण तेन्नांचि शक्य जाता जेन्नां धर्मकर्माक सामर्थ्य आधार दिता. देकून ऊठ राघवा, नरसिम्हा ऊठ. तूं कित्याक स्वत:चि विसरलेलि ओळख परत करनुं घेना?

 लक्ष्मण दु:खान आनि संतापान आपण्याले मनांतले खळबळ  हे तरेन व्यक्त करत आसताना थंय विभीषण येवनुं पावलो. मूर्छावस्थेंतु आशिल्ले श्री रामालेवयर तागेलि नदर गेलि. तेन्नां लक्ष्मणान सुग्रीवाले दिशेन पळयत विभीषणाक सांगलें, हनुमंताले समक्ष सीतेलि हत्या इन्द्रजितान केलि म्हण्णुं जेन्नां श्रीरामाक सांगलें तेन्नां दु:खान तो बेशुद्ध पडलो.  विभीषणान लक्ष्मणाक जास्त उलोवचाक दीत नासताना श्रीरामान परत शुद्धीक येवचि वाट पळयलि. वानरांनि रामालेंवयर जल प्रोक्षण केलिल्यान तेन्नां श्रीरामालें मन शांत जालें आनि स्वास्थ्य परत सुधारलें. नंतर विभीषणान समाधान दीत सांगलें कीं इन्द्रजितान सीतेलि हत्या करचें महासागरांतले उदाक सुखोवचें जितलें असंभव आसा. हांवु जाणतां रावणालि हुशारकि, तो केन्नांयी सीतेलि हत्या करचाक दिवचो ना. अनेक काळ हांवे परत परत सांगल्लारियी तो सीतेक परत दिवचाक तयार नाशिल्लो. किंबहुना समजावनुं, भिडसावनुं, भेट दीवनुं सीतेक वश करचाक जालें ना, तेन्नां युद्ध करनुं कशें शक्य जातालें? इन्द्रजितान माया निर्माण करनुं निश्चित वानर भ्रमांतु  पडिल्लें आसतालें.  जी कोण मरण पावलि ती नि:संशय मायान निर्माण केलिलि सीतेलें प्रतिरूप आसा. पुण हें सर्वांनि ध्यानांतु दवरचाक जायकीं इन्द्रजित पराक्रमी योद्धा आसून जेन्नां तो यज्ञ करनुं तयार जातालो तेन्नां तागेले वयर यश प्राप्त करचें देवांक सुद्धां कठीण आसतालें. कारण श्री रामाले दु:खान प्रभावित जालिलें वानर निरुत्साहित जालिले आसाचि. देकून  श्रीरामान थोडे काळ विश्राम करनुं इन्द्रजितान यज्ञ करनुं तयार जावचें पयलें लक्ष्मणान शीघ्र युद्ध करचाक वच्चें योग्य आसतालें.

 विभीषणान उलयिलें शब्द ज्ञानान परिपूर्ण आनि उचित आसल्यारियी शुद्धीवयर आयिले श्रीरामाक ते समजलें नांचि. देकून ताणें म्हळ्ळें, जें तू म्हणता तें योग्यचि आसा, तरियी पूर्ण तयारि जालिले शिवाय कसलेंयि कार्य करचें योग्य दीसना. श्रीरामाले वचन आयकूनु विभीषण ताका समाधान दीत म्हणालो,

सर्वजन योग्य ती दक्षता आमिं अवश्य घेत आसताले. जर तूं काळजी करत आसतालो तर सर्वांलें मनोबल सढळ जातालें आनि शत्रूंलें धाडस घट्ट जातालें. युद्ध करनुं राक्षसाधिपति रावणाक वध करनुं सीतेक मुक्त करचें आसल्यार अनावश्यक शोक त्याग करनुं उत्साहित आनि धृढनिश्चित जावनुं आमकां युद्ध करचांतु प्रवृत्त कर.

मुखारसरनुं विभीषण म्हणालो, जितलें सामर्थ्य, साहस आनि शक्ति इन्द्रजिताक आसा तितलेंचि सामर्थ्य, साहस आनि शक्ति निकुंभाक मृत्युमुखांतु धाडिल्लें लक्ष्मणाक प्राप्त आसा, जितलें सत्य इन्द्रजिताक ब्रह्मप्रजापतीन दिलिलें ब्रह्मास्त्र आसा तितलेंचि सत्य आसा, अस्त्र शस्त्र प्राप्त जालिलो लक्ष्मण असामान्य शक्तिशाली आसा, , पुण इन्द्रजित जर यज्ञ पूर्ण करनुं असामान्य शक्तिशाली जालो तर समज कीं आमिं सर्व यमसदनाक शीघ्र पावताले. देकून इन्द्रजितालो यज्ञ पूर्ण जावचें पयलें ताका लक्ष्मणान यमसदनाक धाडलें तर समज यश सुनिश्चित आसा. इन्द्रजितालें मरणान अन्य राक्षस इतलेंचि न्हंय तर लंकाधिपति रावणालें मरण युद्धां सहज संभवतालें.

विभीषणान उलयिलें आयकून श्रीरामान ताका सांगलें, हांवु जाणता इन्द्रजितालि मायावी शक्ति आनि सामर्थ्य, तोगेलो पराक्रम. मायाशक्तीन झांकिल्लो इन्द्रजित आकाशांतु भ्रमण करताना कोणांकयि, देवांक सुद्धां दीसना. तदनंतर श्रीरामान लक्ष्मणाक उद्देशून म्हळें, हनुमंत, जांबुवंताले आनि सुग्रीवाले समस्त सैन्य समेत पूर्ण तयारि करनुं ते मायावी इन्द्रजिताक युद्धांतु वध करनुं यशस्वी जावनुं या. श्रीरामाले आज्ञानुसार सर्वांनि रणांगणावयर वच्चें पयलें लक्ष्मणान प्रदक्षिणा करनुं नमस्कार घालनुं म्हळें , हांवु निश्चित इन्द्रजिताक यमसदनाक धाडनूचि परत येता म्हण्णुं सांगून तक्षण हनुमंत, जांबुवंत, विभीषणांसहित सैन्य घेवनुं रणांगणावयर गेलो.

थोडे समय नंतर लक्ष्मणाक इन्द्रजितालें सैन्य नदरेक पडलें. तें सैन्य पोळोवनुं विभीषण म्हणालो, काळे मेघातरेन येवचे ते राक्षस सैन्यबरोबर वानरांक युद्ध करचें आसा. इन्द्रजितान यज्ञ पूर्ण करनुं सामर्थ्य, साहस आनि शक्ति प्राप्त करचें पयलें एक क्षण सुद्धां वायट करतनासतानां युद्ध सुरु करचाक जाय. राक्षसांले सैन्य नश्ट जावचें पोळोवनुं इन्द्रजित यज्ञकार्य सोडनुं युद्ध करचाक येतालो. विभीषणान दिलिलो योग्य सल्लो मान्य करनुं लक्ष्मणान ते राक्षससैन्यावयर असंख्य बाणांचो वर्षाव, तरतरेचे अस्त्र शस्त्रांन, आषाढ म्हैन्यांतले पावसा तरेन करनअसंख्य राक्षसांक मृत्युमुखांतु धाडलें. तदनंतर इन्द्रजितालें दिशेन प्रभावी बाण सोडले. सर्व आकाश तरतरेचे अस्त्र, फात्तर आनि रूकांनि भरनुं गेलो. जेन्नां घोर संघर्षांतु लागून राक्षसैन्य नश्ट जावचें पोळोवनुं इन्द्रजितान आपण्यालें यज्ञकार्य अर्थवट सोडनुं सैन्याचे रक्षण आनि वानरांक नाश करचाक रणभूमीवयर आयलो. यज्ञ अर्थवट सोडनुं येवचें पडलें म्हण्णुं संतप्त जालिलो इन्द्रजित तोंड काळें कुट्ट जालिलें. साक्षात् मृत्यु मुखार आयलोकिं कितें अशें सर्वांक भास जायत आशिल्लो.

इन्द्रजितान रणांगणांतु उतरिलें पोळवनुं युद्ध करचें सोडनुं धांवचें राक्षसांले सैन्य परत फिरनुं युद्ध करचाक उत्साहित जालें. रणभूमीवयल्यान पलायन केलिलें राक्षससैन्य परत येवचें पोळवनुं चवथाळिले हनुमंतान दिसिल्लो तो व्होड पर्वत किंवा झाड़ उपटून काडलें आनि ते राक्षसांवयर उडोवनुं तांका यमसदनाक धाडलें. पर्वतातरेन ते महान् पवनपुत्र हनुमंताक ते राक्षस सर्व दिशेन आपण्याले शस्त्र अस्त्रांनि प्रहार करचो प्रयत्न करताले. तेन्नां संतप्त जालिले हनुमंतान कोण मारता, कोण मरता हें सर्व विचर करतनासताना हातात जें लागता, जें मेळता तेंचि अस्त्र म्हण्णुं लेखून राक्षसांलो संहार करचाक लागलो.

हनुमंताले हातांतल्यान राक्षस सैन्य हे तरेन नश्ट जावचें पोळोवनुं इन्द्रजितान आपण्याले सारथीक हनुमंतान आशिल्ले थंय रथ व्हरचाक सांगलें. हनुमंताले लागीं आयले कीं ताणें ते वानर वीरावयर अनेक अस्त्रान प्रहार केलो. ते प्रहार सहन करत हनुमंतान ताका वीर आसल्यार शौर्य दाखयत युद्ध कर म्हणालो, जर शौर्य दाखोवचें आसा, तर रथांतल्यान सकयल उतर आनि अस्त्रं शस्त्र घेत नासताना द्वंद्वयुद्धं कर. हो संवाद आयकूनु विभीषण लक्ष्मणाक म्हणालो, पळय दोग्गांतलो अंतर, हनुमंत द्वंद्व युद्ध करयां म्हणता, इन्द्रजित रथावयर बसून बाण मारता.

देकून लक्ष्मण विचार करनाका, तक्षण तुगेले दैवि अस्त्रान इन्द्रजितालो जीव घे. जेन्नां इन्द्रजितान विभीषणान लक्ष्मणाक दिलिलो सल्लो आयकलो तेन्नां ताका क्रोध येवनुं तो तक्षण आक्रमक जालो. आनि जेन्नां ताणें हनुमंताले खांद्यावयर बशिल्ले लक्ष्मणाक पळयलें तेन्नां तागेलो रोष द्विगुणित जावनुं व्होड अवाजान म्हणालो आयज सर्व जग मेगेलो पराक्रम पळयतालो. कोण तो शूरवीर मेगेले शस्त्रांचो प्रभाव सहन करतालो? हे लक्ष्मण, तूं विसरलोवे जेन्नां पयलें तू सुग्रीवाले सहित युद्ध करचाक आयिलो तेन्नां हांवे सर्पास्त्र वापरनुं तुका आनि रामाक बांदून दवरिल्ले.

रावणालो ज्येष्ठ पुत्रान स्वत:चि प्रशंसा करचें पोळोवनुं लक्ष्मणान उपहासान म्हळ्ळें, तूं सांगत आसा जें तूवें केलें, तुगेले असफल कार्य सुद्धां सफल जालिले तरेन तूं उलयत आसा. तोचि कर्तुत्ववान् आसता जो हातांतु घेतिलें कार्य पूर्ण करता. तूं दुश्ट इतलोचि न्हंय तर मूर्ख सुद्धां आसा. पुण तूं विसरता जें तूं पूर्ण करूं शकलो ना. तूंवे स्वीकारिले मार्गावयर चोर चलताचि, सुशील शूर जन न्हंय. आतां हांवु तुगेले मुखार उभो आसा, दाखय तुगेलो पराक्रम.

लक्ष्मणाले शब्द ताका छातींतु खंजीर घालिले तरेन तोपले. कांयी उलयत नासताना लक्ष्मणाले वयर ताणें बाण सोडले, पुण ते निर्जीव सर्पाले तरेन धर्तरेर पडले. बाण लागिल्यान रक्ताचे जे थोडे थेंबे लक्ष्मणाले शरीरावयर दिसले ते शोभताले. तरियी इन्द्रजित स्वत:चे पराक्रमाचें धुंदीतु आसून घमेडीन म्हणालो, लक्ष्मण, तूं आता लांब समय जीवंत उरचो ना, हिंस्र पशूंक भरपूर भोजन शीघ्र मेळचें आसा. ते दुश्ट रामाक सुद्धा भेगीं कळनुं येतालें किं तागेलो मोगाचो भावु नांवान मात्र एक सामान्य योद्धा आनि क्षत्रीय आसा. लक्ष्मणाक इन्द्रजितालि बड़बड जास्त वेळ सहन करचाक जालि ना. तो म्हणालो, व्यर्थ उत्रं कित्याक उलयता, कृतीन करनुं दाखय. जो पर्यंत मेगेलो प्रश्नो आसा, हांवु कमिं उलयता, जास्त कर्म करतां. आनि हांवु तुगेलो जीव निश्चित घेवचो आसा. हे तरेन सूचित करनुं लक्ष्मणान आपण्याले प्रभावी आनि तीक्ष्ण बाण इन्द्रजितालें वयर सोडले.

ते दोग्गंयी पराक्रमी योद्धा आशिल्यान दोग्गंयी परत परत घायाळ जायत, परत परत उठून परत परत युद्ध करचाक उत्साहित जायत आशिल्ले. थोडे समय नंतर जेन्नां विभीषणान पळयलें कि इन्द्रजीत थकला, तेन्नां ताणें तक्षण लक्ष्मणाले वयर बाण सोडचाक सांगले. जेन्नां लक्ष्मणान ते प्रखर बाण सोडलो तेन्नां इन्द्रजित घायाळ जावनुं थोडे क्षण शुद्धि विसरलो. पुण तुरंत शुद्धीक येवनुं लक्ष्मणाक म्हणालो, तुका सर्पास्त्रान बंधन केलिलें तूं विसरलोवे कीं मृत्यु स्वीकारचाक आयलो ? हे तरेन संतापान उलोवनुं इन्द्रजीतान न केवल लक्ष्मणावयर तर हनुमंत आनि विभीषणाले वयर आपण्याले तीक्ष्ण बाणांन घायाळ केलें. पुण लक्ष्मणान उपहास करत सांगलें, मूर्ख, जर तूं समजता कीं आमिं असले निर्जीव बाणान भीवनुं वताले ?. किंबहुना, युद्धाक आयिलो वीर तुगेले तरेन निष्फल बड़बड करनां, प्रभावी अस्त्रांचो

उपयोग करता, हे तरेन ललकारत इन्द्रजीतालें वयर बाण सोडनुं तागेलें कवच चूरचूर केलें. तें दोग्गंयी

शूर, वीर, पराक्रमी आसून एकापेक्षां एक महान् योद्धां आशिल्ले. देकूनु कोणिंयी थकले नांचि, कोणिंयी निरुत्साहित जाले नांचि, युद्ध चलत उरलें, घायाळ जायत उरलें.

ooooo

## अध्याय 17

विभीषणान पळयलें कीं लक्ष्मण आनि इन्द्रजितान एकमेकां बरोबर करचें युद्ध कोणिंयी अपयशस्व जायनांचि. जर इन्द्रजितालो मृत्यु संभवलो तर रावणाक मदत करचें कोणिंयी अन्य उरचें नांचि. श्रीरामाले खातीर जर माका मेगेले पुतण्यालि हत्या करचि पडलि तर हांवु तें सुद्धां करतालों. देकूनु स्वत: उतरनुं राक्षसांवयर बाणांचो वर्षाव करचाक लागलो. पुण लक्ष्मण तें कार्य शीघ्र पूर्ण करतालो म्हण्णुं विभीषणालो विश्वास वानर सैन्यांतु उत्साह निर्माण जालो आनि राक्षसांले लागीं उत्तम शस्त्रं आसल्यारियी ते दुरप्पट धैर्यान संघर्ष करचाक लागले.

हनुमंत सुद्धां आवेशान गर्जना केलि. लक्ष्मण तांगेले खांद्यावयल्यान उतरलो आनि इन्द्रजितालें दिशेन धांवत वचून तागेले वयर अनेकानेक तीक्ष्ण बाण सोडचाक लागलो. लक्ष्मणान इन्द्रजिताले घोडे मारनुं उडयले, रथ चूरचूर केलो, सारथीले शिरच्छेद केलो. रथ आनि सारथी शिवाय इन्द्रजित धर्तरी वयर उतरलो. कोण जिंकतालो कोण हरतालो, कोणाक यश कोणाक अपयश मेळतालें हे समज नाशिल्यान आकाशांतु जमिले देव, गन्धर्व, यक्ष ऋषीगण विचारांतु पडिल्ले. जेन्नां लक्ष्मणान ताका समक्ष पळयलें तैन्नां ताका मनस्ताप वयलें नियंत्रण सढल जालें, आनि तक्षण एक अत्यंत प्रभावी अस्त्र धनुष्याक लावनुं दोरी ओढली आनि श्रीरामाक मनांतु नमस्कार करनुं, जर श्रीराम धर्मनिष्ठ आनि दिलिलें वचन पूर्ण करचाक प्रतिबद्ध आसा तर हे अस्त्र नेम चुकचें ना म्हण्णुं तें अस्त्र इन्द्रजितावयर सोडलें. लक्ष्मणालो नेम चुकलो ना, इन्द्रजितालें शिर धडापासून वेगळें जालें आनि धर्तरिवयर भांगरा तरेन लखलखत पडलें. युद्ध इतलें व्यापक आशिल्लें कीं बाणांनि आकाश, फात्तर-वृक्ष, मृत शरीरान धर्तरी भरनुं, रक्तान भिजून गेलि. जेन्नां विभीषण आनि वानरांनि तें पळयलें तेन्नां आनंदान ते लक्ष्मणालो जयजयकार करचाक लागले. तांगेले जयजयकाराचे अवाज धर्तरिवयले चारी दिशा, आकाश अवकाश, स्वर्गलोक पसरनुं दुमदुमचाक लागलो. देव, गन्धर्व, यक्ष, ऋषी आकाशांतु ज़मून लक्ष्मणाले वयर फुलांचो वर्षाव केलो. गन्धरवांनि गीतगायन, अप्सरांनिं नर्तन करचाक सुरवात केलि. इन्द्रजिताले वयर यश प्राप्त जालिल्यान लक्ष्मणाले एक व्होड वज़न उतरिलें तरेन ताकाजाणवलें. विभीषण, जांबुवंत, हनुमंत आनि अन्य वानर वीरांक नमस्कार आनि अभिनंदन करनुंलक्ष्मण श्रीराम आनि सुग्रीवान आशिल्ले थंय वचून श्रीरामाक नमस्कार करनुं बाजून उभो राबलो.नंतर थकलेले अवाजान इन्द्रजितालो म्रुत्यूचे समाचार दिलो. विभीषणान लक्ष्मणाले पराक्रमाचेंवर्णन करनुं खंयचे तरेन लक्ष्मणान इन्द्रजितालें शिरच्छेद केलिले समाचार दिलो.

इन्द्रजितालो मृत्युन राक्षसांले मनोबल तुटून कितें अपेक्षित केलिलें, कितें जालें, कितें करचें हेंचि समजत नासताना सूर्य अस्तंगत जावनुं विनाशाचि सुरवात जालिले पोळोवनुं राक्षसांलें सैन्य भीवनुं हातांतले शस्त्रं थंयीचि सोडनुं पूर्णतरेन हताश जालें, प्रदीर्घ युद्ध करनुं पूर्णतरेन अशक्त जालिले लक्ष्मणाले विजय प्राप्तीन सूर्योदय जालें नंतर रात्रीचो अंध:कार दूर जालिले तरेन लक्ष्मणान केलिलो पराक्रम आयकूनु श्रीरामान आनंद आनि समाधान व्यक्त केलो. प्रदीर्घ युद्ध करनुं पूर्णतरेन अशक्त जालिले लक्ष्मणाक लागीं घेवनुं कुरवाळत श्रीरामान म्हळ्ळें, एक कठीण कार्य बरें तरेन तूंवे पूर्ण केलें, हांवु समाधानी आसा. आतां चिंता करनाका. तुगेले असामान्य पराक्रमाक लागून तो राक्षसाधिपति पुत्र

विरहान हतबल जालिलो आसून तो मेलिलो तशें आसा. विभीषण, जांबुवंत, हनुमंतादि वानर वीरांनि सुद्धां योगदान दिलिलो आसा. क्रोधान तापिल्ले रावणाक योग्य ती शिक्षा दिवचाक क्षण आयिलो आसा. हांवु रावणाक ती शिक्षा दिलिले नंतर सीता आनि समस्त तीन लोक  भयमुक्त जाताले हांतूत तिळमात्र सुद्धां  संदेह आसचो ना. हांवु आतां नि:शत्रु जालिलो आनंद अनुभवत आसून तुमगेले सर्वांलो आभारी आसा. हे तरेन आपण्यालो परमानंद व्यक्त करनुं श्रीरामान वैद्य सुषेणाक आपोवनुं लक्ष्मण, विभीषण आनि अन्य वानरवीरांलें स्वास्थ्य पूर्ववत् सुधार हाडचें दायित्व दिलें.

लक्ष्मणाले हातांतल्यान आनि विभीषणाले मदतीन इन्द्रजित रणांगणावयर मृत्यु मुखांतु पडलो म्हण्णुं जेन्नां रावणाक समाचार प्राप्त जालो तेन्नां इन्द्राले वयर विजय प्राप्त केलिलो तागेलो शूर वीर पराक्रमी पुत्र एक य:कश्चित् मनुष्याले हातांतल्यान मरण पावताले, हें कल्पनेचे भायलो समाचार आयकूनु तो लंकाधिपति विचारांतु पडलो,    हाय! लक्ष्मणाले हातांतल्यान तुका कशें मरण येवूं शकता? इन्द्रातरेन यश प्राप्त केलिलें तुगेले तसले वीर पराक्रमी योद्धाक लक्ष्मणाले हातांतल्यान मरण कशें आयलें? साक्षात यमावयर विजय मेळोंव शकचो तूं  लक्ष्मणान तुका अपयशी केलें, हे असह्य आसा! काळांतु लागून जे यमान तुका पदरांतु घेतल्यां ते सूर्यपुत्राक हांवु मानता. हो मार्ग सर्व देवांनि सुद्धां स्वीकारिलो आसा, राजा खातीर मरण पत्करचो दर एक जीव निश्चित् स्वर्ग प्राप्त करता. हांवु जाणता किं इन्द्रजित मरणोन्मुख जालिलें पोळोवनुं देव आनि दिक्पालक ख़ुशीन आसताले. पुण माका केवल इन्द्रजित जीवंत नाशिल्यान जीवन अरण्यांतले जीवन तरेन सुन्नं जालिलें आसा. आतां अंत:पुरांतल्यान राण्यांनि रडचो अवाज कानावयर पडचें अपेक्षित आसा. इन्द्रजित, तूं युवराज जावचो आशिल्लो, तें सोडनुं तू कित्याक गेलो? मेगेलें प्रेतकार्य तुका करचें आशिल्लें तें सोडनुं तुगेलें प्रेयकर्म माका करचाक मननं तूं खंय गेलो ? जेन्नां राम, लक्ष्मण, सुग्रीव मेगेले शत्रू अजून जीवंत आसताना माका सोडनुं तू खंय गेलो ?

उन्हाळ्यांतलो सूर्यातरेन स्वभावत: कोपिष्ट रावण हे तरेन शोक करत, हळहळत आसून शोकान अजून संतापलो, स्वाभाविक लाल आशिल्ले तागेले दोळे जळचें इंगाळ्यातरेन अजून प्रज्वलित जाले. दिवलींतल्यान पडचे हून तेलाचे थेंबेशे तागेले दोळ्यांतल्यान अश्रू व्हांवताले. अंतकाळचें रुद्राले रौद्ररूप ते राक्षसान धारण केलिलें, महासागरातरेन तो खवळलो,  असहाय जावनुं संतापान ताणें ओरडचो, दांतांचो कर्कश अवाज आयकूनु राक्षस निपून बसले, हितचिंतक सुद्धां घाबरनुं तोंड बंद करनुं बसले. तो  इतलो संतप्त जालिलो कीं सीतेलि हत्या करनुं स्त्रीलि हत्या करनुं मेळचें पाप सुद्धां स्वीकारचें तागेले मनांतु आयलें.

थोडे समय नंतर रावणान राक्षसांक उद्देशून म्हळें, हांवे सहस्र वर्सं तप करनुं ब्रह्म प्रजापतीले कडचान वर प्राप्त केलिलो, देकूनु माका देव दानवां पासून भय नाशिल्लें, आयज पर्यंत विजय प्राप्त करूं शकलों आनि तागेल्यांतु माका प्रतिस्पर्धी कोणिंयी उरले नांचि. ब्रह्मप्रजापतीन दिलिलें तें ब्रह्मास्त्रान हांवु राम आनि लक्ष्मणालो जीव समूळ हुमटावनुं काडचो आसां. इन्द्रजितान माया निर्माण करनुं सीतेलें शिर कापिल्लें. सीतेलि हत्या करनुं मेळचें पाप सुद्धां हांवु स्वीकारचाक सिद्ध आसा. संतापान रावणाले दोळे लालबुंद जालिले पोळोवनुं थंय आशिल्ले सर्व राक्षस दु:ख जालिले आसल्यारियी घाबरनुं उलय नासताना सीतेलो जीव घेवचाक तो अशोक वनाचे दिशेन वच्चें पोळोवनुं गप्प आशिल्ले.

हातांतु खड्ग घेवनुं येवचे रावणाक सीतेन दूरचान पळयलें. हांवु पतिव्रता आसल्यारियी विषयासक्त जालिले ते नीच जालिले राक्षसान आपण्यालि स्त्री जावचाक प्रयत्न केलिलो आसा. तीणें मनांतले मनांतु म्हळ्ळें, मानिले नाशिल्यान तागेले वागणूकी वयल्यान कदाचित् तिगेलो जीव घेवचाक तो

येत आसा.  किंवा ताणें माका प्राप्त करचे खातीर श्रीराम आनि लक्ष्मणालि हत्या केलिली आसा म्हण्णुं सांगचाक तो येत आसा. किंवा श्रीराम आनि लक्ष्मणालि हत्या करचें साध्य जालिले नाशिल्यान तो मेगेलि हत्या करचे खातिर आयला. जेन्नां हनुमंतान माका उचलनुं घेवनुं श्रीरामाले लागीं सुरळीत व्हरता म्हण्णुं सांगिल्लें आनि तो सल्लो हांवें मान्य केलो ना. हांवु सुद्धां कितलि नासमज, जर हांवे मान्य के लिए तर आयज हांवु श्रीरामाले लागीं आसतालें. जेन्नां तिगेलो एकमात्र पुत्र मरण पावलो म्हण्णुं तिका समजतालें, तेन्नां  हाय, कौसल्येलें काळीज चूरचूर जातालें. ती रडताना श्रीरामालि बाल्यावस्था तारुण्य धर्मांतु आशिल्लि निष्ठा इत्यादि परत परत उडगास क़ाडत हळहळतालि. निश्चित ती दु:खान पूर्ण  निराश जावनुं चिंतेचे अग्नींतु  जळत आसतालि. ते दुश्ट मन्थरेलो धि:कार आसूं , तिगेले कारणान हें सर्व भोगचें पडता .

सीतेन दु:ख करचें पोळवनुं राक्षस जातींतलो सुपरश्व नांवाचो एक ज्ञानी राक्षस रावणाक उद्देशून म्हणालो, राजन्, तूं साक्षात् कुबेरालो धाकलो भावु, संतापाक  लागून अज्ञानि तरेन सर्वधर्म नियमांचो त्याग करनुं अनुचित कर्म करचाक प्रवृत्त कित्याक जालिलो आसा ? ब्रह्मचर्यव्रत पालन करनुं आनि स्वत:चे कर्तुत्वा विशय अभिमानी तूं! असलें हीन कर्म कित्याक करता? निष्पाप सीतेले विशय विचार सोड, क्रोध त्याग करनुं रामाक युद्धांतु अपयशस्वी करचे विशय लक्ष्य केन्द्रित कर. कृष्ण पक्ष चतुर्दशी, अमावस्याचे दिवसी तुगेलि विजय यात्रेक हेचि क्षण सुरवात कर. युद्धांतु तीन लोकांतु कीर्ति प्राप्त केलिलो तुगेलो तसलो महारथीचि दशरथालो पुत्र रामाक युद्धांतु मृत्युमुखांतु धाडनूंचि सीतेक तूं प्राप्त करूं शकतालो. मित्रतुल्य सहकारींलो दिलिलो सल्लो योग्य म्हण्णुं माननुं रावण अशोकवनांतल्यान परत फिरलो.

ooooo

## अध्याय    18

जेन्नां लंकाधिपति रावण अशोकवनांतल्यान परतलो, तेन्नां अजून संतप्त आशिल्लो. सलाहकारालो सल्लो  मान्य केलो, पुण स्वेच्छेन नाशिल्लो. दांतओंठ चावत, मांडी असहायतेन  थापटत,  संताप  कोणांले वयर काडूं म्हण्णुं ज़ोरजोर श्वास सोडत विचार करत उरलो.  थोडे क्षण नंतर ताणें हात जोड़नुं उभ राबिल्ले सेनापतीक म्हळ्ळें, एक व्होड सैन्य घेवनुं रामालो वध करनुं किंवा जीवंत  घेवनुं या. जर तुमकां तें यशस्वी करचे उचित ना अशें दिसता आसल्यारि तशें सांगा, हांवु स्वत: वचूनु ताका मृत्युमुखांतु घालतां.  रावण जे तरेन उलयलो तें पोळोवनुं कोणांकयि प्रतिक्रिया व्यक्त करचें धैर्य जालें. कांयियी उलय नासताना रावणाले क्रोधाक बलि पडचे पेक्षा युद्ध करनुं रणांगणावयर मरण स्वीकारचें उचित म्हण्णुं माननुं जीवांचि पर्वा करत नासताना नुं रावणाले द्रिश्टी पासून दूर गेले.
देकून जीवांचि पर्वा करतनासताना वानरांले वयर तुटून पडले आनि वानरांले रक्तान रणभूमिं चिंब ओलि केलि. वानरांलें सैन्य हे तरेन राक्षसांले हातांतल्यान मरचें पोळोवनुं श्रीराम रणांगणावयर स्वत: उतरलो.
श्रीरामान   आयले किं वानरांले काळीज उत्साहान भरलें  आनि  ते नवे उमेदीन युद्ध करचाक लागले.
श्रीरामान अनेक  दिव्यास्त्र सोडलें. ते बाणांन आकाश भरनुं राक्षसांक  राघव दिसनाशिल्लो.  घाबरनुं तांका श्रीराम तांगेले लागीं, दूर, जशें कांय पळयलें थंय सर्वत्र आसा अशें भास जावचाक लागलो. राक्षस सैनिक म्हणत आसताले, पळय राम हांगा आसा, मार ताका बाण. थंय न्हंय, तो हांगा आसा. पळय मार ताका बाण,  श्रीरामाले आज्ञानुसार बाण  आकाशांतल्यान पडतआशिल्ले. कांयियी कळत  नासचाना

खंय नेम धरचो, खंय बाणसोडचो हेंचि समजत नासचाना राक्षस सैनिक एकमेकांकांलि हत्या करत आसताले. देकून राक्षसांनि मरचि संख्या वाढत गेलि.

जेन्नां साधु-संत, ऋषी, मुनि युद्धाचो अद्भुत प्रसंग कुतूहलान नियाळतालें तेन्नां तांका रामाले हातांतु चक्र दिसतालें जशें कांय समक्ष काळ काळग्नीन सर्व राक्षस सैन्य, तागेले घोड़े, हत्ती, रथ आनि वाहनं सर्व विश्वाचो संहार करचाक प्रवृत्त जावनुं उभो आसा. कालसर्पातरेन बाण सुटताले, सर्व राक्षस सैन्य अग्नींतु भस्म जायत आसताले. केवल हातांतले शस्त्रं घेवनुं युद्ध करताले. आनि जे राक्षस पूर्णतरेन शस्तविहीन जालिले ते जीव हातांतु धरनुं लंकापुरीक धावनुं गेले. समस्त रणभूंय यमधर्मरायांले क्रीडांगण जालिलें आसा अशें भास जायत आसतालो. जेन्नां श्रीरामान रुद्र आनि तागेलेलागीं मात्र आशिल्ले अत्यंत प्रभावी अस्त्र हातांतु घेतले तेन्नां देव गन्धर्व ऋषीगण आकाशांतल्यान साधु साधु म्हणत प्रशंसा आनि पुष्पवृष्टी करत आशिल्ले. सुग्रीव, विभीषण, जांबुवंत, हनुमंत इत्यादि वानरांक ते अलौकिक अस्त्र तागेले लागीं पोळोवनुं पूर्ण तरेन अत्यंत समाधन जालो.

रणांगणावयर श्रीरामालो असामान्य पराक्रम पोळोवनुं राक्षस आतां थकले. सर्वांलो संसार पूर्ण तरेन संकटांतु आशिल्लो किंवा विघटित जालिलो. ते आप-आपसांतु म्हणचाक लागले, कुरूप शूर्पणखान कामदेवाले तरेन सुंदर रामचन्द्रावयर द्रिश्टी घालिले पासून राक्षस जातीवयर दु:खाचे दीस सुरु जालिले आसाचि. कशीं ती कुरूप असंस्कृतिक शुभगुणहीन राक्षसी विषयवासनेन प्रवृत्त जावनुं ते अत्यंत मनमोहनक, सर्वांलो हितचिंतक, पत्नीले वयर प्रेम करचो, सुंदर, सुसंस्कृत, शुभगुणांनि परिपूर्ण पत्नीले वयर प्रेम करचो पुरुष तिगेले वयर आकर्षित जावनुं तिका स्वीकारतालो ? राक्षसांले असुसंकृत संस्कारांक आनि दुश्ट कर्मांक लागून, शूर्पणखेले मनांतु विपरीत विचार आयिले आसताले, ते विचारांक लागून ती रामाले बरोबर असभ्यतेचि वागणूक आशिल्लि, तिगेले कारण दूषण, ख़र, राक्षसवीरांक मृत्यू, तिगेले खातिर रावणान रामाले बरोबर वैरभाव स्वीकारलो आनि पतिव्रता सीतेलें अपहरण केलें. सीता केन्नांयी रावणाक स्वीकारची ना; रावण श्रीरामाले हातांततल्यान सुटचो ना, त्रिशिर, कबन्ध आनि सहस्रन् सहस्र राक्षसांले संहार रामान केलिलो आसा. ताणें वालीलो वध केलो, कुंभकर्ण, इन्द्रजित, सगे सोयरे निधन पावले. ताजेवयल्यान तरी रावणन समजचाक जाय आशिल्लें. जेन्नां राम एक हातान रावणाले दशमुख शरीरापासून सुटचे निश्चित हेंचि सत्य आसा. तेन्नांचि रामालो अलौकिक पराक्रम ताका समजतालो,

विभीषण इत्यादिनीं दिलिलो हिताचो आनि धर्मानुकूल सल्लो रावणान स्वीकारलो ना. जर विभीषणालो सल्लो स्वीकारिलो तर आयज सुख, समृद्ध, सुवर्णसंपन्न लंकानगरी आसतालि; स्माशना तरेन दु:खी, दरिद्री, विरान आसनाशिल्लि. निश्चित रुद्र, विष्णु, इन्द्र किंवा यम रामाले रूप घेवनुं आयिलो आसा. आमगेले सर्व सगे सोयरे मेलिल्यान आमिं अनाथ जालिले आसून, शरण वच्चाक कोणिंयी नाशिल्ल्यान आमगेले दु:ख़ाक अंत ना. युद्धांतु अपयशस्वी करचें देव, दानव आनि यक्ष-राक्षसांक केन्नांयी शक्य जालें नासल्यारियी आनि रावणाक ब्रह्मास्त्र प्राप्त जालिलें आसल्यारियी रामाले प्रतापाचो अनुभव ताका अजून ना, हेंचि सत्य जावनुं आसा. कारण विपरीत शकुन रावणाले मार्गावयर दिसून येत आसाचि, जे तागेले जीवाक घातक आसाचि.

प्रजापती ब्रह्मदेवाले अनुग्रहान रावणाक देव-दानव, यक्ष-राक्षसांपासून भय ना, हेंचि सत्य जावनुं आसल्यारियी मनुष्यालें कडच्यान भय आसूं शकता, हेंचि तो विसरला, तें भय तागेलें मुखार सतत आसा. वर्तमानकाळांतु राक्षस जाति रामाले हातांतल्यान नाश पावतालें म्हण्णुं सर्व चिंतित आसाचि. रुद्र आनि देवांनि पयलें महादेवीले मदतीन पयलें त्रिपुराधिपति असुरालो नाश जालिलो. तेचि तरेन सीतेक माध्यम

करनुं देव रावणाले आनि राक्षसांलो नाश रामाले हातांतल्यान नाश जातालें कीं कांय म्हण्णुं विचार आनि भय तांकाआसा/ भविष्य काल राक्षसांले खातिर निर्णायक किंवा निश्चित ना. राक्षसांक शरण वच्चाक कोणिंयी ना, पुण विभीषण ज्ञानी आसा, ताणें योग्य तो मार्ग स्वीकारलो. साधारण राक्षसांक भविष्य काळ कठीण आसा कारण राम राक्षसांले अवनती निश्चित हाडतालो. हे तरेन दु:ख करत लंकेचि जनता हळहळताले, हेंचि सत्य आसा.

जेंन्नां रावणाक हें सर्व विचार आयकुवचांतु आयलें तेन्नां तागेले तोंडावयर अंतकाळाचें संहारकालें संतापाचें चिन्ह दिसचाक लागींलि. आयकूनु तागेले तोंडांतल्यान शब्द फुटले नांचि. अति संताप जालिल्यान रावणालो अवाज अस्पष्ट जालो. तेन्नां तागेले मुखारयेवचाक कोणांकयि धैर्य जालें नासताना ते तागेले आज्ञेचि प्रतीक्षा करत उरले. आनि तो लागींचि आशिल्ले महोदर आनि महापर्श्वाक पुटपुटलो, सैन्य सिद्ध दवरा, युद्धाक वच्चें आसा. रावणाले शब्द आयकूनु सेनापतींले काळीज अनिश्चित भीतीन कलकललें. युद्ध करचाक एक विशाल सैन्य सिद्ध जालें. रावणान तांका आपुण ख़र, प्रहस्त, कुंभकर्ण, इन्द्रजिताले मरणांचो सूड घेवचो आसा. बाणांचे जाल इतलें विस्तारान पसरायतालों कि आकाश, अंतरिक्ष, मनुष्य किंवा दिशा, नदी किंवा सागर दिसचे नांचि. वानर वीरांक एक एक करनुं यमसदनाक धाडतां. रथा वयर बसून वायुवेगान वचून हांवु वानर सैन्य समुद्रांतु ढकळतां. ते सर्वांलो नाश करनुं पति पुत्र, परिवारापासून वेगळे जालिले राक्षसांले सगे-सोयर्यांले दोळ्यांतल्यान अश्रु पूर्ण तरेन पुसतां. मेगेलो धनुष्य, शस्त्र अस्त्रांचे भाण्डार, मेगेलो रथ आनि उत्तम घोड़े, विशाल सैन्य युद्ध करचाक घेवनुं यो. निश्चित राम लक्ष्मणालो वध करनुंचि परत येवचो आसा.

.तक्षण आज्ञा दिवचांतु आयलि आनि जें परब्रह्माले मनांतु आसा तशें जाताले हे विश्वासान सैन्य युद्ध करचाक सिद्ध जालें. जे तरेन आज्ञा जालि ते तरेन जायत गेलें. रावणाक नमस्कार करनुं राजालि आज्ञा घेवनुं ते सेनापती रणांगणांतु दिशेन चमकुवचाक लागले. रावण मुखार, तागालें मागशीं मागशीं राक्षसांले सैन्य चलत आशिल्लें. तेन्नां विश्वविनाश करचे खातीर सर्व विश्वविनाश करचे खातीर

सर्व यमदूतांक घेवनुं येवचे शंकराले तरेन क्षसांलो राजा, लंकाधिपति भयंकर दिसतालो.

०००००

## अध्याय 19

जेन्नां महानं सैन्य एकत्रित जालें आनि भयंकर संतप्त जालिलो रावण रणांगणांतु उतरलो तेन्नां ताणें आयिले पोळोवनुं राक्षसांले सैनिकांतु उत्साह आयलो. पुण रावणान आयिलें पोळोवनुं वानरांतु भीति निर्माण जालि ना कारण आतां तांगेले बाजून स्वत: श्रीराम आशिल्लो. ते जाणतालें, देकून रावणाक पोळोवनुं ते म्हणतालें, पळय ते रावणाक, जो राक्षसांलो राजा, देवांलो शत्रू, ऋषी, साधू जन, ब्राह्मणांलो कांटो, सीतेक अपहरण केलिलो दुश्ट राक्षस, जो श्रीरामाले विरुद्ध युद्ध करचाक उभो आसा, म्हण्णुं तागेलि निर्भत्सना करत आशिल्ले.

सूर्योदय जावचे थोडे क्षण पयलें अंध:कार जास्त दाट आसता. आनि संघर्ष दोन तत्वांचो, दोन गुणाचो, दोन स्वभावांचो, दोन वागणूकींतु, दोन संस्कृतींचो जावनुं आसा, संघर्ष असत्यापासून सत्याचें दिशेन, अंध:कारापासून उजवाडाचेंदिशेन, मृत्युपासून अमरत्वाचेंदिशेन आसता. जेन्नां जेन्नां परमात्मान प्रस्थापित केलिले सनातन धर्माचें ज्ञानावयर काळाक लागून लागून क्रम क्रमान अज्ञानाचो अंध:कार

आवरण घालता तेन्नां तेन्नां परमात्मालि दैवी शक्ती पांघुरलेलें आवरण दूर करचाक संघर्ष आवश्यक आसता. जेन्नां संघर्ष सत्याचें, उजवाडाचें, अमरत्वाचें दिशेन आसता तेन्नां जनांले कलुषित मन, मनुष्याले विपरीत विचार, समाजांतलि भौतिक, अधिदेविक अध्यात्मिक पथदर्शन, प्रगती, परिवर्तन कठीण आनि खडतर आसता, सरळ सहज साध्य जायना. काळाक लागून क्रम क्रमान समस्त सृष्टी हालोवनुं उलट सुलट करनुं संभवता.

राम रावणां मदलो संघर्ष म्हळयार सर्व सामान्य युद्ध न्हंय तर महत्वा, विश्व हालोवनुं काड तसलो आसता. रावण रणांगणावयर उतरलो कीं प्रकाश अस्त जालो आनि वातावरणा वयर दाट अंध:कार पसरलो. वादळ सुटलो, आकाशांतु मेघ जमले, वीज़ चमकतालि, रक्ताचो पास पडचाक लागलो, धर्तरी हालचाक लागलि, पशु पक्षी भितीन आप-आपण्यालो सुरक्षित स्थानांतरित आश्रय घेवचाक लागले. विपरीत संकेत द्रिश्टीक पडत आसल्यारियी नियतीन धुंकळिले तरेन रावण श्रीरामाले बरोबर युद्ध करचाक आयलो. राक्षसांले बरोबर स्पर्धा करचाक वानर साहस दाखयताले. राक्षस आनि वानराले मदें घोर युद्ध चलतालें. वानरसैन्य रावणाले पराक्रमी युद्ध करचाक शकनाशिल्लें आना कित्येक वानरांलि हत्या केलि. रावण वायुवेगान युद्धांतु शत्रूंक यमसदनाक धाडत आशिल्लो. शीघ्र तो श्रीरामान आशिल्ले थंय पावलो.

रावणान थंय आयिलें पोळोवनुं सुग्रीवान एक व्होड झाड़ उकळनुं रावणाले सहकारींवयर वयर उडयलो. विरूपाक्ष राक्षसान सुग्रीवाले वयर हल्लों चडयलो. सुग्रीवाले शरीरावयर विरूपाक्षान सोडिले बाणान तो थोडे क्षण बेशुद्ध जालो. पुण ताणें धैर्य सोडले ना, तुरंत उठून ते राक्षसाले वयर परत ताणें मुष्टि प्रहार केलो. सुग्रीवान केलिलो प्रहार इतलो भयंकर आशिल्लो कीं ताका लागून तो राक्षस रक्त ओंकत थंयीचि तडफडत ताणें जीव सोडलो. विरूपाक्ष मरण जालिलो समाचार आयकूनु रावण शेपूटावयर पाय पडिल्ले सर्पातरेन फुसफुसचाक लागलो. तागेलें मन अस्थिर आनि गेलें शरीर अस्वस्थ जालें. यशाचि पायरी सतत चडनुं सवय जालिले रावणाक अपयशाचे संदर्भ परत परत येवचे पोळोवनु तागेले मन त्रस्त जालें, विचारशून्य मनान तो नियतीचो खेळ पळयत उरलो. असहाय जावनुं लागीं आशिल्ले महोदराक तो म्हणालो, आतां माका मदत करताले तुगेले शिवाय अन्य कोणिंयी उरले नांचि. तूं वचून मेगेले शत्रूलो पूर्णतरेन नाश करनुं राजालें ऋण पूर्ण कर.

राजाज्ञा शिरसावंद्य म्हण्णुं मान्य करनुं महोदर लंकाधिपतीक प्रणाम करनुं पतंगाचे परिवारांतु कालाग्नीन गेलिले तरेन वानरांले सैन्यांतु घुसलो. वानरांनि राक्षसांले वयर अनेक फात्तर, झाड़ उडोवनुं तांका मारलें. आनि महोदर राक्षसान आपण्यांलें वयर रावणान दवरिले विश्वासान उत्साहित जावनुं पराक्रमान असंख्य वानरांक मृत्यु मुखांतु ढकललें. राक्षस आनि वानरांले संघर्षांतु वानरांलि हानि जायत आशिल्लि पोळोवनुं वानर सुग्रीवाक शरण गेले. सुग्रीव तक्षण पर्वतातरेन एक व्होड शिला घेवनुं महोदराले दिशेन धांवलो. पर्वतातरेन व्होड ती शिला पोळोवनुं महोदरान बाण मारनुं चूरचूर केलि. तेन्नां सुग्रीवान लागींचि पडिल्लि लोखंडाचें सळी घेवनुं महोदराले रथाचे घोड़े मारले जाका लागून महोदराक रथांतल्यान उतरनुं दोन हस्तींनी संधर्ष केलिले तरेन गदायुद्ध करचाक लागलो. दोग्गंयी शूर पराक्रमी आशिल्यान क्रमक्रमान एक वा दुसरो विजयी जायत आसा अशें दिसतालें. अखेरीक महोदरालें शिर सुग्रीवान देहाचान वेगळें केलें आनि महोदर मरण पावलो. महोदरान रणांगणावयर मारनुं पडिल्लें पोळोवनुं राक्षससैन्य वाट मेळिले दिशेन धांवनुं गेलें.

महोदराले मृत्यून संघर्षांतु यशस्वी जालिले सुग्रीवाले मुख सूर्याले तरेन झगझगतालें. श्रीराम, लक्ष्मण, विभीषण, हनुमंतादींक अत्यंत आनंद जालो, आनि रावणाक संतापान हळहळले शिवाय कांयी करचें उरलें

ना. सर्व राक्षस मनांतु दीन, काळजांतु भय अनुभवत दिशाभूल जालिले. महोदर सुग्रीवाले हातांतल्यान मरण पाविलें पोळोवनुं महापार्श्वाले दोळे संतापान लाललाल जाले. ताणें तुरंत अंगदावयर तुटून युद्ध करचाक सुरवात केलि. राक्षस आक्रमक जायत गेले. वादळ आयिले तरेन महापार्श्वाले सैनिक वानरांले सैन्यांतु घुसून सर्वत्र भयंकर भीतीचें वातावरण निर्माण केलें. महापार्श्वाले आक्रमणान वानर सैन्य हतबल आनि निस्तेज जाले. वानरांलि हत्या जायत गेलि.

आपण्यालें वानर निस्तेज जालिलें आसा, निर्वीर्य जावचें न्हंय म्हण्णुं लोखंडाचें त्रिशूल घेवनुं अंगद स्वत: मुखार येवनुं महापार्श्वाक युद्ध करचाक इशारो दिवचाक ते तागेले दिशेन उडयले. ते त्रिशूलाचे आघातान महापार्श्व आनि तागेलो सारथी दोग्गंयी बेशुद्ध पडले. थोडे क्षण नंतर परत शुद्धीक येवनुं महापार्श्वान अंगदाले वयर अनेक बाण सोडचाक सुरवात केलि. नंतर जांबुवंतान बाण मारनुं दुखयलें, अंगद लोखंडाचें एक आयुध घेवनुं महापार्श्वाक मारचाक धांवलो, जाका लागून महापार्श्वालो धनुष्य तुटलो. नंतर अंगदान आपण्याले बलिष्ठ हाताचे मुष्ठीन महापार्श्वालें छातीवयर मारलें. तो मार इतलो शक्तिशाली आशिल्लो कीं महापार्श्वालें काळीज फुटलें आनि ते राक्षसाक तत्काल आनि थंयीचि मरण आयलें. देवांक, ऋषींक आनि वानरांक आनंद, समाधान, जल्लोष लंकापुरीक पावनुं जन सामान्यांले भितर भितीचे वातावरण सर्वत्र निर्माण जालिलें दिसलें.

जेन्नां महापार्श्वालो मृत्यु जालो म्हण्णुं रावणाक कळ्ळें तेन्नां अहंकारान भरिलो तागेलो क्रोध आकाशाक पावलो, तागेलो अवाज संतापान कांपतालो, शब्द अस्पष्ट आशिल्लो. सर्वसाधारण मानचांतु येता की जेन्नां मनुष्यालो विनाश जावचो क्षण येता तेन्नां प्रप्रथम तो मतिभ्रष्ट जाता - विनाशकाले विपरीत बुद्धि. अहंकारीचि धुंदी दोळ्यातरेन अजून आशिल्यान रावणाक जें श्रेय आसा ताका दिसलें ना. अज्ञानाचे अंध:काराचे पांघरूण मनावयर आसता. ताणें सारथीक सांगलें, मेगेले पुत्र, आप्तबांधवांले मृत्यूक मूळ कारण जावनुं आशिल्ले ते दोन राजपुत्रांलि हत्या हांवु आयज निश्चित करचो आसा. वृक्षाचे शाखासमान आशिल्ले रामाले सहायक सुग्रीव, अंगद, हनुमंत, जांबुवंतादि वानरांक मृत्युमुखांतु ढकलनुं मूळ अस्तित्व समूळ हुमटावनुं काडनुं हांवु सीतेले रूपान प्राप्त जावचे फुलाचो उपभोग घेवचो आसा - "रामवृक्षन् रणे हन्मि सीतापुष्पफलप्रदम् | प्रशाखा यस्य सुग्रीवो जाम्बवान्कुमुदो नलः || ".

हे तरेन जेन्नां रावणान सारथीक सांगलें तेन्नां दाही दिशा, समस्त वातावरण, धरती, पर्वत, वन वनस्पति, पशु पक्षी त्रस्त जाले, नदीक पूर आयलें, सागर खवळलो, श्रीराम आनि रावणालो संघर्ष क्षणिक न्हंय तर प्रकृतीक आनि गुण स्वभावाक लागून नित्य निरंतर, लांब समय पर्यंत चलत आसता. कारण संसार नित्य निरंतर चलत आसचो प्रवाह आसता. हे संघर्षाक सुरवात ना, अंत ना. जो पर्यंत संसार आसता, तो पर्यंत संघर्ष आसता. दर दिवस मनुष्याले मुखार जें श्रेय आनि प्रेय मुखार येत आसताचि. जें श्रेय आसा, जें प्रेय आसता, हें विवेक बुद्धी वापरनुं जीवन जीवचें स्वातंत्र्य मनुष्याक आसता. जो मनुष्य विवेक बुद्धी वापरनुं शास्त्राचे आधारावयर ज्ञान आनि विज्ञान संपादन करता तो जें श्रेय आसता तेंचि स्वीकारता. जें श्रेय आसा, जें प्रेय आसता हांतूतलो भेद विवेक बुद्धी वापरनासताना जो मनुष्य शास्त्राचे आधारावयर ज्ञान आनि विज्ञान संपादन करत नासताना अज्ञानान आपण्याले इन्द्रियान प्रभावित आनि प्रवृत्त जावनुं जें प्रेय आसता तेंचि स्वीकारता. देकून संघर्ष नित्य निरंतर चलत आसता.

म्हणचांतु येता कीं अंध:कारान प्रजापतीले लागीं आरोप केलो कीं ताका प्रकाश हो कशें आसता हें अजून समजलें ना. प्रकाशान तेन्नां प्रजापतीक सांगलें की जेन्नां जेन्नां प्रकाश येता तेन्नां तेन्नां

अंध:कार धांवनुं वता. देकून प्रकाश कशें आसता हें केन्नांयी समजचें ना. रात्रीचि गति जितलि निश्चित आसता, तितलीचि दिवस उजवाडचें निश्चित आसल्यारियी रात्रीचो अंध:कार केन्नां सोंपता, दिवसाचो प्रकाश केन्नां उजाड़ता हें समजना. तरियी रात्र सोंपलिकीं दिवस निश्चित उजाड़ता. थोडे समय सूर्य दिसतालो, थोडे समय काळोख आसतालो. थोडे समय ज्ञान-विज्ञानाचे प्रकाशाक लागून सर्व स्पश्ट आसतालें, थोडे समय अज्ञानाचे मायाशक्तीक लागून सर्व अस्पश्ट आसतालें. अज्ञानाचो वावर तो पर्यंत आसता, जो पर्यंत ज्ञानाचो प्रभाव ध्यानांतु येना. ज्ञानाचो प्रभाव ध्यानांतु आयलो कीं अज्ञानाचो वावर स्थंभित जाता, स्थगित जाता, नश्ट जाता. तो पर्यंत श्रीराम आनि रावणालो संघर्ष चलत आसतालो.

जेन्नां रावण रणांगणावयर उतरलो तेन्नां प्रप्रथम ताणें तमस नांवाचे प्रखर आनि प्रभावी अस्त्र उचललें आनि वानरांले वयर सोडलें. ते अस्त्राकलागून विशाल वातावरण धूळीन भरलें. वानरांक शत्रू कोण मित्र कोण हेंचि कळनाशीं ते दिशाभूल जाले. रावणाले अस्त्रान वानर दिशाभूल जावनुं पसरले नंतर जे तरेन कमलदलातरेन नेत्र, रुंद भुज आनि अजानुबाहु, एक महान् धनुष्य हातांतु घेवनुं उभो आशिल्लो विष्णु देवेन्द्राले लागिं आयलो, ते तरेन राम लक्ष्मणाले बरोबर वानरांक मदत करक आयलो - "ततोराक्षसशार्दूलो विद्राव्य हरिवाहिनीम् | स ददर्श ततो रामन् तिष्ठन्तमपराजितम् || लक्ष्मणेन सह भ्रात्रा विष्णुना वासवन् यथा | आलिखन्तमिव आकाशमवष्टभ्य महद्धनुः || पद्मपत्रविशालाक्षन् दीर्घबाहुमरिन्दमम् |".

रावणान सट सट मुखार येत राहुकेतून सूर्यचन्द्राक सतयिले तरेन रावणान राक्षसी शस्त्रांन वानरानि पट पट मरचें पोळोवनुं श्रीराम लक्ष्मणानि आप-आपण्याले धनुष्य उचलनुं, दोरी ओड़नुं, दिव्य अस्त्रं सोडनुं पयले प्रथम तांगेले शौर्याची ख़ूण पावूसातरेन बाण रावणाले वयर सोडनुं सिद्ध केलें. पुण रावणान आपण्यालें कौशल्य वापरनुं अग्नीचो तो पावूस एक प्रबल अस्त्रान निष्फल केलें. तदनंतर लक्ष्मणाले दिशेन लक्ष्य दीत नासताना रावणान अचल हिमाचल पर्वताचे तरेन आशिल्ले श्रीरामाक समक्ष पोळोवनुं तागेले भगभगचे लाल दोळ्यांतल्यान अग्नीचे कीट उसळले. आनि ताणें प्रबल शक्ति आशिल्ले बाण श्रीरामाले वयर सोडले. श्रीरामान तक्षण लोखंडाचें भाल उचलनुं रावणाले वयर उडयलें, जाका लागून रावणाले बाणांचो प्रभाव पडलो ना.

अनेक चित्र विचित्र अस्त्रं शस्त्रं वापरल्यारियी ते दोन प्रख्यात धनुर्धारी हरले नांचि तर अस्त्रं शस्त्रं वापरचांतु आप-आपण्याले नैपुण्य आनि कौशल्य परत परत सिद्ध करतालें. विश्वसंहार करचाक प्रवृत्त जालिले काळसमान ते दोग्गंयी शोभताले. जे तरेन आषाढ़ म्हैन्यांतु आकाश मेघान तुडुंब भरिल्लो दिसता ते तरेन दोग्गांनयी सोडिल्ले बाणांनि आकाश भरनुं गेलिलो. जेन्नां सूर्य अस्तमेंतु वता आनि रात्रीचो अंध:कार सर्वत्र पसरता, तेन्नां अंध:कार सूर्य अस्तमेंतु गेलिल्यान पसरता कीं आकाशांतु पसरिले बाणांक लागून अंध:कार आसता, हेंचि जाणवत नाशिल्ले. श्रीराम आनि रावणालो संघर्ष चलत उरलो. रावणान अनेक मायावी शस्त्रं-अस्त्रं वापरलें तर श्रीरामान अनेक दैवी शस्त्रं-अस्त्रं वापरलिं. रावणान मायावी शस्त्रं-अस्त्रं वापरनुं आकाशांतु जो अंध:कार निर्माण केलो तो श्रीरामाले दैवी शस्त्रं-अस्त्रं वापरनुं तो आकाश चन्द्र नक्षत्रांचे समूहान सजयलो. रावणान श्रीरामाक बाण सोडनुं घायाळ केलें, श्रीरामान तो घाय सहन करनुं दुरप्पट उत्साहान शस्त्रं-अस्त्रं वापरनुं प्रत्युत्तर दिलें. लक्ष्मण आनि विभीषण सुद्धां संघर्षांतु सहभाग जालो. रावणालो सारथीलो जीव विभीषणान घेतलो, तर रथ, रथाचे घोडे, रथाचो ध्वज सर्वांलो नाश लक्ष्मणान केलो. रावणान विभीषणाले वयर लोखंडाचें शूल उडयलें, जें लक्ष्मणान चूरचूर करनुं उडयलें. लक्ष्मणान

विभीषणाक सुरक्षित केलिलें पोळोवनुं रावणाक संताप आयलो आनि ताणें एक प्रभावि अस्त्र लक्ष्मणाले वयर सोडलें. श्रीरामान तें अस्त्र निष्फल केलें तरियी लक्ष्मण ते आघातान बेशुद्ध पडलो.

लक्ष्मणान बेशुद्ध पडिल्लें पोळोवनुं श्रीरामालें मन बंधुप्रेमान कळवळलें पुण स्वत:क तुरंत सावरनुं विश्व संहार जावचे समय जे तरेन काळाग्नि भगभगत आसता ते तरेन तागेले दोळ्यांतल्यान संतापान भगभगचि अग्नि दिसतालि. सर्वांनि लक्ष्मणाक घातक जालिले लोखंडाचें शूल काडचाक प्रयत्न केलो, पुण साध्य जालें ना. अखेरीक लक्ष्मणाले शरीरांतल्यान ते श्रीरामानचि सहज आनि सरळ काडले आनि बाजून आशिल्ले सुग्रीवाक लक्ष्मणालि काळजी घे म्हण्णुं सांगलें. जे कारणांक लागून माका वालीक मारचें पडलें, सुग्रीवाक राज्य दिवचें पडलें, वानरसैन्यांतु मदत घेवचि पडलि, सागरोल्लंघन करचें पडलें, हांवे युवराजपदाचो नकार पदरांतु घातलो, वनवास स्वीकारलो, पत्नि वियोग सहन केलो, आतां पर्यंत अनेक कष्ट भोगले, ते आतां रावणाले मृत्यूचि मेगेलें मन पूर्ण शांत जातालें. राक्षसाले अंतिम क्षण शीघ्र येवचे आसाचि. रावण आतां नदरेंतु आयला तो आतां जीवंत परत वच्चो ना, जे तरेन गरूडान पळयलो सर्प परत जीवंत वचना. जे तरेन ग्रीष्म ऋतूंतु चातक पक्षी पावसाचि प्रतीक्षा करत आसता ते तरेन केवल मृत्यु तागेलि प्रतीक्ष करत आसतालो. आतां राक्षसाक क्षमा ना, शरण ना. रावण आतां नदरेंतु आयला तो आतां जीवंत परत वच्चो ना, जे तरेन गरूडान पळयलो सर्प परत जीवंत वचना. तुमगेले सर्वांले समक्ष हांवु प्रतिज्ञा करतांकीं रावणाले मृत्यूचो समाचार विश्व शीघ्र आयकताले. देव, दानव, यक्ष, ऋषीगण, सर्व विश्व पळयताले जे तरेन लंकाधिपति राक्षस रावण मेगेले हातांतल्यान मेगेले पराक्रमान युद्धांतु मरण पावतालो. जो पर्यंत हे धर्तरि वयर चेतन आनि अचेतन जीव आसताले तो पर्यंत राम रावणालो संघर्ष, संघर्षांतु रावणालो मृत्यु आनि मेगेले विजयाचो समाचार आयकताले, वाचताले.

श्रीराम आनि रावण दोग्गंयी युद्धांतु निपुण, अस्त्रविद्येंतु प्रवीण, शस्त्रं वापरचांतु विशारद आशिल्ले, देकून तांगेले मदलें युद्ध चलत उरलें, श्रीरामान परत परत बाण मारनुं रावणाक ताका दुखयलें, श्रीरामान सोडिल्ले बाणांचि शक्ति रावणाक प्रभावित करताशिल्ले. देरावण परत परत सुरक्षित उठून युद्ध करचाक सिद्ध आसतालो. श्रीराम रावणालें युद्ध घोर तेचि तरेन अलौकिक आशिल्लें. तांगेले धनुष्याचे झंकाराचे अवाजान जे तरेन पशुपक्षी भीतीन दिशा समजत नासताना हांगा थंय धांवत आसताले, सर्व जन संभ्रमांतु पडिल्ले. कोण जिंकतालो कोण हरतालो, हेंचि समजनाशि ल्ले. देवांक, ऋषींक रावणान अयश्स्वी जावचि प्रबल इच्छा आशिल्लि, राक्षसांक रावणान यश प्राप्त करका ही अपेक्षा आशिल्लि, देव, दानव, यक्ष, ऋषीगण, सर्व विश्व आश्चर्यान पळयत आशिल्ले. श्रीरामान सोडिल्ले बाणांक लागून जे तरेन आकाश भरलोकीं तें पोळोवनुं रावणसुद्धां आश्चर्य जावनुं संभ्रमांतु पडलो.

श्रीराम आनि रावणालो संघर्ष तो पर्यंत चलत उरतालो जो पर्यंत रावणाक श्रीरामालो पराक्रम ध्यानांतु येवचो ना. म्हणचांतु येता कीं अंध:कारान प्रजापतीले लागीं आरोप केलो कीं ताका प्रकाश हो कशें आसता हें अजून समजलें ना. प्रकाशान तेन्नां प्रजापतीक सांगलें की जेन्नां जेन्नां प्रकाश येता तेन्नां तेन्नां अंध:कार धांवनुं वता. देकून प्रकाश कशें आसता हें केन्नांयी समजचें ना. रावणाक श्रीरामालो पराक्रम ध्यानांतु आयलो किं ताका थोडे काळ रणभूमीवयल्यान लंकापुरींतु सुरक्षित आसचे श्रेयस्कर म्हण्णुंरणभूमी सोडनुं परत लंकापुरींतु गेलो - "विकीर्यमाणः शरजालवृष्टिभिर महात्मना दीप्त धनुष्मतार्दितः | भयात्प्रदुद्राव समेत्य रावणो | यथानिलेनाभिहतो बलाहकः ॥".

ooooo

# अध्याय 20

जेन्नां श्रीराम युद्धभूमीवयर परत आयलो तेन्नां ताका थंय मदत करचे कोणिंयी सहायक नासताना मतिभ्रष्ट जावनुं बशिल्लो रावण दिसलो. रावणान युद्ध करचाक प्रवृत्त जावचे खातिर श्रीरामान रावणाले दिशेन बाण सोडलें. हे तरेन अनपेक्षित बाण सोडनुं चारी दिशेंतल्यान घेराव घातलेले पोळोवनुं रावणाक संताप आयलो आनि राहून सूर्याले दिशेन झेप घालिले तरेन दुखावलेलो रावण वाघतरेन उसळनुं उठलो आनि श्रीरामाले वयर झेप घातलि.

श्रीराम रावणान युद्ध करचे खातिर परत सुरवात केलि. बाणांचो पावूस पडचाक सुरवात जालि. रावणान रथांतु बसूनु बाण सोडतालो, श्रीराम धर्तरि वयल्यान अग्नितरेन भगभगचे बाण सोडनुं रावणाले प्रयत्न निष्क्रिय करतालो, श्रीराम रावणाले मदलें युद्ध अलौकिक आसल्यारियी श्रीरामान धर्तरेरि आसून आनि रावणान रथांतु बसूनु युद्ध करचें देव दानव गन्धर्वांक योग्य दिसलें ना. देकून देवादिदेव इन्द्राक प्रार्थना केलि. तांगेले प्रार्थनेक मान दीवनुं देवादिदेव इन्द्रान आपण्याले सारथी मातालीक सांगले, मेगेलो रथ घेवनुं शीघ्र वच. धर्तरेर उभो राहून युद्ध करचे श्रीरामाक भेंट आनि सांगाकीं देवांलि इच्छा आनि कल्याण करचे खातिर ताणें रथांतु बसून युद्ध करचाक सांगले, देवेन्द्राले आज्ञेनुसार मातालीन भूतलावयर येवनुं देवेन्द्रालो आदेश श्रीरामाक निरूपण केलो. देवेन्द्रालि मदत मान्य करनुं, श्रीरामान नतमस्तक जावनुं, रथाचे प्रदक्षिणा करनुं रथांतु बसून युद्ध करचाक सुरवात केलि. ते क्षण पासून श्रीराम रावणालें मदलें युद्ध रोमांचकारी जालें. देव गन्धर्वांनि दिलिले शस्त्र अस्त्रांचो उपयोग श्रीरामान केलो, ते पोळोवनुं रावण संतापलो आनि ताका ज्ञात आशिल्लिं सर्व घोर अस्त्रं सोडचाक लागलो. तीं अस्त्रं सर्प तरेन सळसळत श्रीरामाक सतोवचाक लागलिं. ती अस्त्रं सर्व आकाश, अवकाश, सर्व दिशांवयर आवरण घालनुं अंध:कार पसरायलो. श्रीरामान प्रभावी गरुडास्त्र सोडनुं सर्परूप धारण केलिलि अस्त्रं चूरचूर करनुं

अंध:कार नाश केलो आनि सर्वत्र प्राकाश पसरलो.

आपण्यान सोडिल्ले सर्व अस्त्रं निष्फळ जालिलें पोळोवनु रावणाक संताप आयलो आनि आतांपर्यंत कोणिंयी पळयनाशिल्लिं अति तीक्ष्ण अस्त्रं वेंचून वेंचून काडनु श्रीरामाले वयर सोडलीं. पुण ते अस्त्रांचो परिणाम श्रीरामाले वयर कांयियी जालो ना हें ध्यानांतु येवनुं रावणान सारथी मातली आनी रथाचे घोड्यांवयर बाण सोडले. राहुरूपी रावणालें हें कृत्य चन्द्र समान श्रीरामाले वयर केलिलो अत्याचार तरेन देव, दानव, गन्धर्व, यक्ष ऋषीगणांक दिसलो. तेन्नां धाही हातांतु धनुष्य धरिल्लो दशानन रावण मैनाक पर्वतातरेन दिसतालो.

संतापान भृकुटि एकत्र आनि लाल दोळ्यान संतापान भृकुटि एकत्र आनि लाल दोळ्यान श्रीरामाक सर्व राक्षसांलो संहार करचाक सिद्ध जालिलो, तरियी रावणाले दडपणासकयल धनुष्याक बाण लावनुं नेम घेवचें कठीण जालें. श्रीरामालें संतापान लाल जालिलें मुख पोळवनुं सूर्यकिरण उल्कांतु समावेश जावनुं सूर्य पुसट दिसचाक लागलो. आकाशांतु काळे मेघ जमले, वादळ व्हांवचाक लागलो, वीज चमकचाक लागलीं, पावूस पडचाक लागलो. वन वनस्पति, सरिता आनि सागर अस्वस्थ जाले. समुद्राचे पाळं आकाशांतले सूर्याले दिशेन उडचाक लागलिं, सर्व जन जनांवर, पशुपक्षी भितीन धांवताले आनि धर्तरी कांपतालि. हे तरेन सर्व जगत् भीवनुं कांपतालें ते पोळवनुं रावणालें मन सुद्धां अनपेक्षित घटनेंक लागून संभ्रमांतु पडलो. देव, दानव, गन्धर्व, यक्ष ऋषीगण आप- आपण्याले विमानांतु बसून हे दोन श्रेष्ठ वीरांनिं आपआपण्याले शस्त्र अस्त्रांनि सुसज्ज जालिलें पोळोवनुं जगाचो अंत समय आयलोकीं कांय म्हणणुं भीवनुं आशिल्ले. जेन्नां देव,

गन्धर्व, यक्ष ऋषीगण श्रीरामाले विजयाचीचि प्रार्थना करत आशिल्ले तेन्नां दानव आपण्याले गुण स्वभावाक लागून रावणालोचि विजय जातालो म्हण्णुं अपेक्षा करताले.

हे अंतराळांतु रावणान अति संतापान श्रीरामाले वयर प्रहार करचे हेतुन पर्वतशिखरातरेन तीक्ष्ण, वज्रसमान कठीण, दिसचाक भयंकर, साक्षात् मृत्यूले आयुध जशें एक प्रभावी अस्त्र हातांतु घेतलें आनि श्रीरामाक म्हणालो, हे शूलान तुगेलो आनि तुगेलो भावु लक्ष्मणालो जीव घेवचो आसा. जे तरेन तूंवे राक्षस वीरांक यमसदनाक धाडलें तेचि तरेन तुमकां धाडतां. तें तरेन सांगून रावणान उडयिल्ले तें शूलाचो प्रभाव वज्रसमान कठीण आशिल्लें कीं श्रीरामान सोडिल्ले सर्व बाण जळनुं ख़ाक जाले. ते निष्फळ जालिले पोळोवनुं श्रीराम भडकलो आनि देवेन्द्रान दिलिलो आनि मातालीन हाडिल्लें दैवी शक्तिन ज्वलंत जालिले शूल घेतलें आनि  रावणाले वयर उडयलें. रावणान उडयिल्ले शूलाचो प्रभाव निस्तेज जावनुं जाले, तदनंतर तीक्ष्ण बाणांचो उपयोग करनुं श्रीरामान रावणाले रथाचे घोडे नाश केले, नेम धरनुं एक बाण छातीवयर आणि दुसरो कपाळाक मारलो. मारिल्ले बाणान रावणाले सर्वांग रक्तबंबाळ जाले. रावण संतापान ओरडत श्रीरामाले वयर अस्त्रांचो वर्षाव करत उरलो. बाण लागिल्यान शरीर रक्तान भरिल्लें तरियी श्रीराम थकलो ना, सूर्याले तरेन तेजस्वी दिसतालो.

श्रीराम रावणाक म्हणालो, दण्डकारण्यांतल्यान मेगेले अनुपस्थतींतु  दीन, असहाय आशिल्ले सीतेले तूंवे जबरदस्तीन अपहरण केलें, जर मेगेले  उपस्थितींतु सीतेले वयर तूंवे हें नीच कृत्य  करचें धाडस  केलिलें तर थंय आनि तक्षण  तुगेलें मरण संपुष्टांतु येत आशिल्लें. सर्वगुणान संपन्न कुबेरालो भावु आसून युद्धां तूंवे घमेडीन हे नीच कर्म केलिलें आसा, सीतेलें अपहरण करता ना  तुका आपूण नीच कर्म करत आसा, हें तुका समजलें सुद्धां ना.  चरित्रहीन, निलज्ज रावणा, परस्त्रीलें अपहरण करनुं तूंवे स्वत: शौर्य दाखयल्यां म्हण्णुं व्यर्थ समजनाका. तुका शूर वीर म्हणचें उचित न्हंय. कारण तुगेलें स्वत:चें मरण समय आयला. नीच कर्माचें फल आतां तुका भोगचें पड़तालें. आतां तूं मेगेले द्रिश्टीक पड़िल्लो  आसा, देकून आतां तुगेलो मृत्यु  निश्चित आसा.   हे तरेन सूचित करनुं श्रीरामान रावणाले वयर असंख्य बाण सोडले. आतां श्रीरामालें वीर्य, बल आनि युद्ध करचाका उत्साह द्विगुणित जालिले. जशें जशें शुभ लक्षणं दिसचाक लागलिं तशें तशें ताका ज्ञात आशिल्ले सर्व दिव्य आनि प्रभावी शस्त्रास्त्रं सहज फलद्रूप जावचाक लागलीं, उत्साह वाढत गेलो आनि पराक्रम प्रत्यक्षांतु प्रगट जावचाक लागलो.

रावणाक  दुर्गतीचो काळ अतिवेगान आयलो, संभ्रमांतु पड़िल्यान ताका शस्त्र धरचें सामर्थ्य किंवा धनुष्याक बाणान नेम घेवचि शक्ति उरलिं ना. वानरांलो उपद्रव सहन करचें पडलें. जशें जशें मृत्यूचे संकेत दिसचाक लागले तशें तशें रावणान वापरिलें शस्त्रास्त्रं नेम चुकूँगी निष्फळ जायत गेलिं. जेन्नां रावणालि ही अतिदारुण स्थिति ध्यानांतु आयलि, तेन्नां रावण थकला म्हण्णुं येवजून रावणाक   स्थळांतर करचो निर्णय सारथीन क्षणमात्र विचार करनुं रणभूमी वयल्यान ताका सुरक्षित प्रदेशांतु व्हेलें. **पुण** तें महागर्वी लंकाधिपतीक आवडलें ना. सारथीवयर संतापान उसळनुं तो म्हणालो, हे मूर्ख, हांवु य:कश्चितं मानवा तरेन वीर्य, शक्ति, भीवनुं, पुरुषार्थ, सत्व, तेजविहीन जा**लिलो आसा,** मेगेलि मायाशक्ती लुप्त जाल्या म्हण्णुं तूंवे रणभूमी सोडनुं सुरक्षित प्रदेश शोधचो निर्णय स्वत: घेतलो? युद्ध अजून चलत आसताना  शत्रूंले मुखार मेगेलो अपमान जायत तशें मेगेले अनुमति शिवाय कित्याक रथ रणांगणांतल्यान दूर व्हेलो ? जेन्नां मेगेलो शत्रू आपण्यांलें शौर्य दाखयत आशिल्लो तेन्नां माका अपयश प्राप्त जालिलो तशें रणांगणांतल्यान दूर व्हेलें? मेगेलि  पराक्रमाचि कीर्ती जी हांवे जीवनांतु कमयिलें ती मूर्खा, तूंवे एक क्षणांतु नाश केलिलि आसा. जें तूवें केलें तें शत्रूकचि शोभता, हितचिंतक म्हण्णुं घेवचे मित्रांक न्हंय. जर तूं योग्य उत्तर दीना तर

हांवु समजतालों कीं तूं मेगेलो शत्रू आनि मेगेले शत्रूलो गुप्तहेर आसा.  जर तूं मेगेलो सारथी जावनुं अनेक वर्स लंकेंतु आसून  मेगेले पराक्रमाचि जाणीव जर तुकांत आसा तर हेचि क्षण रथ परत रणांगणावयर व्हर.

रावणालें हे शब्द आयकून सारथी हितचिंतक जावनुं आशिल्यान घाबरलो ना, पुण युद्ध करनुं रावण थकला हे निश्चित आशिल्ले. सारथी मूर्ख, लोभी, शत्रु, पिसो, अप्रामाणिक किंवा घाबरलो ना. रावणान केलिलो उपकार विसरलो ना. जें केलें ते राजालें हित चिंतून केलें. राजन्, तुगेले शौर्य किंवा पराक्रमावयर माका कसलोयी संदेह ना, तुगेले विशय मोग हिताचो विचार करनुं, तुगेलि कीर्ति सुरक्षित दवरचाक अति श्रमान थकलेले तुका विश्राम दिवचे हेतुन हांवे जें केलें तें तुका आवडलें ना तरियी मैत्रि आनि प्रसन्न मनान तें केलिलें आसा. हांवे कसलेंयी स्वेच्छेन किंवा अविचारान केलिलें ना, रथाचे घोडे थकलेले, रथ तुटचाक आयिलो, विपरीत आनि विकृत लक्षणं दिसतालिं. वेळकाळ, देश प्रदेश, शुभ अशुभ लक्षणं, शत्रूली शक्ति आनि अशक्ति, सुख दु:ख, केन्नां आक्रमण करचें केन्नां मागीर घेवचें, सतत ध्यान दीवनुं सावधान आसचें सारथीक अत्यंत आवश्यक आसता. देकून सामान्य आनि अविचारी मनुष्याले तरेन सतत तुगेलें हितचि चिंतन करचे माका तूवें दोषी समज न्हंय. मेगेलि चूक जर जालिलि आसा तर हांवु क्षमेचि याचना करत आसा.मुखार जें तूं सांगतालो तेंचि करचांतु येतालें.

सारथीन दिलिलें स्पश्टीकरण आयकूनु रावणाक समाधान आनि तागेले सेवाभावनेन संतोष जावनुं युद्ध करचाक आतुर जालिलो रावण म्हणालो, सारथी, रामान आशिल्ले थंय रथ घेवनुं वच, रावण रणांगणावयल्यान केन्नांयि परत फीरना. तत्पश्चात् रावणान ते सारथीक आपण्यालो समाधान व्यक्त करनुं एक सुवर्णचें आभरण दिलें. आनि सारथीन रथ श्रीरामाले समक्ष व्हरनुं उभो केलो. जेन्नां रावण युद्ध करचाक सिद्ध जावनु आयलो तेन्नां देवांले सयत आयिले ऋषी श्रीरामाक युद्धांतु निश्चित विजय प्राप्त जावचे खातिर काळजींतु आयिले. तेन्नां ऋषी अगत्स्यानि श्रीरामाक युद्धांतु निश्चित विजय प्राप्त जावचे खातिर सर्वशत्रुविनाशक, विजय प्राप्त करनुं दिवचो एक सनातन गूढ अक्षय, परम पुण्यदायक, सर्वमंगल करचो, सर्वपाप नाश करचो, सर्व चिंता शोक निवारण करचो, आयुष्यवर्धन करचो, सतत चित् एकाग्र करनुं जप कर चो, आदित्यहृदय पुण्य स्तोत्र आयकवलें. ते स्तोत्र पठण केलिल्यान श्रीरामाक युद्धांतु निश्चित विजय प्राप्त जातालो. रावणालो वध निश्चित जातालो. हे तरेन सांगून ऋषी अगत्स्य जे तरेन आयिलो ते तरेन परतलो. ऋषीलें पवित्र वचन आयकलें नंतर ऋषीलें आदेशानुसार श्रीरामान भगवान सूर्य देवतेवयर चित् एकाग्र, शुभ संकल्प, त्रिवार आचमन करनु पवित्र आदित्यहृदय स्तोत्राचें स्मरण आनि सभक्तीन पठण केलें. तदनंतर, रावणाले दिशेन नदर घालनुं श्रीराम तेजोमय आन प्रतिभावान जावनुं युद्ध करचाक सिद्ध जालो.

श्रीरामान उत्साहान येवचें पोळोवनुं रावण किंचित् नरमलो. ते उलट देवेन्द्रान दिलिले धनुष्याक बाण लावनुं श्रीरामान चारियी दिशा भरनुं काडले.  सारथीलें स्पश्टीकरणान प्रेरित जालिले रावणान परत युद्ध करचाक सुरवात केलि आनि श्रीरामाले वयर असंख्य बाण सोडले.ताज़े नंतर श्रीराम आनि रावण दोन सिंहातरेन संघर्ष करचाक लागले.  श्रीराम आनि रावण दोन्निंयी योद्धा शौर्यान आनि  पराक्रमान समसमान आशिल्ले, देकून दोन सिंहातरेन संघर्ष करत आशिल्ले.  तेन्नां आकाशांतु  देव दानव, यक्ष गन्धर्व, ऋषीमुनींलो समुदाय श्रीराम आनि रावण, दोन महारथीं मदलें  युद्ध पोळोवचाक जमले.

तेन्नां अकस्मात् काळीज थरथरावनुं सोडचिं लक्षणं दिसलिं. आषाढ़ म्हैन्यांतु काळे मेघ जमचें तरेन असंख्य बाणांन आकाश पूर्णतरेन भरनुं  अंध:कार पसरलो. चक्रवाक वादळ सुटलो. आकाश धूळीन भरलो, ज़मीन हालति, खंय थंय अग्नीचे फुवारे दिसचाक लागले. वीज चमकलि, उल्का पडलि, सूर्याले किरणांचे

रंग बदललो, रक्ताचो पावूस पडचाक लागलो. आकाशांतु हिंस्र पक्षी गोलाकारान भ्रमण करचाक लागले. कोल्हे विकृत अवाज करत किंचाळताले, लंकेचे राक्षस रहवासींले काळजांतु भीति भरली.

हें सर्व पोळोवनुं श्रीरामालो उत्साह द्विगुणित जावनुं लो. माताली सारथीक म्हणालो, माताली जे तरेन वेगान रावण येत आसा तें पळय माताली. स्वत:क पूर्णतरेन विनाशाचे दिशेन व्हरचें रावणान मनांतु निर्धार केलिले तरेन दिसता. देकून जागरूक ऊरनुं, धीर धरनुं, गड़बड़ता नासताना, काळजीन रथ चलय,कारण रावणालो वध हांवु आयज करचो आसा. देवेन्द्राले सारथीक शिखोवचें तें अनावश्यक आसा, तें हांवु जाणतां तरियी लक्ष्यांतु आसूं म्हण्णुं स्मरण करनुं दीत आसा. देवेन्द्राले सारथीक श्रीरामाले हे सुसंस्कृत शब्द आयकून आनंद जालो.

रावण आनि श्रीराम हांगेले संघर्षाचे निर्णयांतु देव दानव, यक्ष गन्धर्व, ऋषीमुनी सर्व कुतूहलान रस घेत आशिल्ले. देकून आश्चर्यान दिग्मूढ जावनुं शुद्ध विसरनुं चित्रांतले पात्र जशें समरस जालिले. कारण संघर्ष अंध:कार आनी प्रकाश, तामसिक आनी सात्विक शक्ती, अज्ञान आनी ज्ञान, अपवित्र आनी पवित्र, मदलो आसता. देकून संघर्ष सनातन भूतकाळापासून चलत आयला, वर्तमानकाळांतु चलत आसता आनि भविष्यकाळांतु चलत आसतालो पुण रावण आनि श्रीराम मात्र कोणांलोयी विचार किंवा चिंता करत नासताना पयले पासून ठरयले तरेन आपूण जिंकचो आसा हे धृढ विश्वासान आप-आपण्यांलें कौशल्य आनि कर्तुत्व दाखयत युद्ध करत आशिल्ले. एक बाजून रावण आपण्याले मायावी शस्त्रं, अस्त्रं श्रीरामाले दिशेन सोडत आशिल्लो, दुसरे बाजून श्रीराम दिव्यास्त्रं वापरनुं ते मायावी शस्त्रं, अस्त्रं तुकडे करत आशिल्लो. दोग्गांलेयी पराक्रम पोळोवनुं कौतुक जायत आसताले. पुण गुण स्वभाव प्रकृति जन्य आनि अधर्म, अशुभसंकल्प, कपट वृत्ती मायेन निर्माण केलिले अस्त्रं वापरनुं कर्तुत्व विकृत आशिल्यान रावणालो संघर्ष सर्वतरेन धर्म नियमानुसार श्रीरामाले वयर विजयी जावचें रावणाक स्वत:चो अहंकार आनि हट्टान साध्य ना,

हें ध्यानांतु येवनुं श्रीराम अस्त्रशस्त्रांचो पावूस पाडयत उरलो. रावण निराश जालिले मनान श्रीरामालो रथ, सारथी, घोडे नश्ट करचो प्रयत्न केलो पुण देवेन्द्रालो सारथी माताली रथ आनि घोडे सुरक्षित दवरत आशिल्लो, संघर्ष चलत आशिल्लो, अस्त्रशस्त्रांचो पावूल पडत आशिल्लो, दोग्गंयी एकमेकांवयर हल्ले करत आशिल्ले, एकमेकांवयर जालिले हल्ले एकमेकांले शरीर ज़ख्मी करत आशिल्ले, दोग्गंयी थकताले, दोग्गंयी युद्ध उत्साहान करत आशिल्ले. रावण श्रीरामालें मदलो घोर, असाधारण, असामान्य, अलौकिक, आकाशातरेन विशाल, सागरा तरेन सखोल आनि रोमांचकारी संघर्ष पोळोवनुं आकाशांतले देव, दानव, यक्ष, गन्धर्व, चन्द्र सूर्य, ग्रह नक्षत्रं, ऋषीमुनी, पाताळांतले सहस्रान् सहस्र दानव आनि नाग. भूतलावयले पर्वत, वन वनस्पति, जन जनांवर युद्धाचे निर्णया विशय विचार करनुं चिंतित जावनुं आप-आपसांतु म्हणत आशिल्लें कीं असलो घोर संग्राम भूतकाळांतु पयलें पळयिलें स्मरणांतु ना, भविष्यकाळांतु पोळोवचें निश्चित ना. सर्व विश्व संलग्न जावनुं शुभसंकल्प करनुं, ज्ञान आनि ज्ञानी जनांले कल्याण जांवू, समस्त विश्वांतु शाश्वत शांति चिरकाल प्रस्थापित जावूं, संघर्षांतु रावणाले वयर श्रीराम विजयी जावूं आनि म्हणत परमात्माक प्रार्थना करत आशिल्ले -- "स्वस्ति गोब्राह्मणेभ्योऽस्तु लोकास्तिष्ठन्तु शाश्वताः| जयतां राघवः संख्ये रावणं राक्षसेश्वरम्||".

म्हणताचि कीं दिवो पूर्ण विझून वच्चें पयलें प्रकाश जास्त तआसता आनि तेंचि जायत आशिल्लें. श्रीरामाक देव, दानव, यक्ष, गन्धर्व, ऋषीमुनी, सामान्य जनांक सतत जावचे तापत्रयांतल्यान मुक्त करचें आशिल्लें. पुण रावण आपण्यांलें कौशल्य, कर्तुत्व आनि पराक्रमान युद्ध करत आशिल्लो. श्रीरामाक युद्ध

जास्त समय चलत दवरचें नाशिल्ले. देकून श्रीरामान संतापान एक प्रभावी आनि सर्पातरेम तीक्ष्ण दिव्यास्त्र रावणाले मस्तकाक नेम धरनुं शिरच्छेद केलिले सर्व विश्वान पळयले - "ततः क्रोधान्महाबाहू रघूणां कीर्तिवर्धनः | संधाय धनुषा रामःशरमाशीविषोपमम् || रावणस्य शोरोऽच्छिन्दच्छ्रीमज्ज्वलितकुण्डल म् | तच्छिरः पतितं भूमौ दृष्टं लोकैस्त्रिभिस्तदा ||". पुण आश्चर्याचें आश्चर्य, महद्राश्चर्य ! एक शिर पडलें ते जाग्यार समसमान दिसचें दुसरे शिर आयलें, जे श्रीरामान श्रीरामान तक्षण शिरच्छेद केलें. परत एक समसमान दिसचें तिसरे शिर, तेचि तरेन परत परत शंबर शिर आयलिं, जीं सर्व श्रीरामान ते नंतर एक करनुं सर्व शिरच्छेद करचांतु आयले -"तस्यैव सदृशंचान्यद्रावणस्योत्थितं शिरः | तत् क्षिप्तं क्षिप्रहस्तेन रामेण क्षिप्रकारिणा || द्वितीयं रावण शिरश्चिन्नं संयति सायकैः | चिन्नमात्रं च तच्छीर्षं पुनरेव प्रद्श्यते || तदप्यशनिसंकाशैश्छिन्नं रामस्य सायकैः | एवमेव शतं चिन्नं शिरसां तुल्यवर्चसाम् ||".

देकून श्रीरामान रावणाले वयर परत परत बाण मारले. पुण नीदेंतल्यान जागे जालिले तरेन रावण सटकन् उठून बसतालो. परत युद्ध करचाक येत आसतालो. सात दिवस रात्र विश्राम घेतनासाना सतत चलिलो संघर्ष पोळोवनुं मातली श्रीरामाक उद्देशून म्हणालो, हें त्तरेन हताश जावनुं रावणाले मरणाचि अपेक्षा करत तूं समय कित्याक व्यय करत आसा ? देवदेवांनि निश्चित केलिले क्षण आयिलो आसा, जें पयलें देवेन्द्राले खातिर निर्माण केलिलें, जें अस्त्रांतु मेरुपर्वताचें सामर्थ्य, अग्निदेवालि ज्वाला, वायुदेवालो वेग आनि सूर्यदेवालें तेज, संहारकाळाचि विनाशशक्ति, विषातरेन तीक्ष्ण, सर्व लक्षणांनि परिपूर्ण आसा, जें आतां तुका प्राप्त जालिलें आसा, तें ब्रह्मास्त्र स्मरण कर. मातलीन सांगिल्ले तरेन श्रीरामान तें ब्रह्मास्त्र स्मरण करनुं, धनुष्याक जोडनुं रावणाले छाती वयर सोडलें. ब्रह्मास्त्र रावणालि छाती वयर पड़लें आनि छाती फाडनुं रथांतल्यान धर्तरि वयर रावणाले रक्तबंबाळ शरीर पडलें, शरीरांतल्यान प्राण अवकाशांतु मेळनुं, मिसळनुं गेलो.

ब्रह्मास्त्र अपेक्षित कार्य पूर्ण करनुं श्रीरामाले हातांतु परत यलें. देवेन्द्रान दिलिले कवच काडनुं, धनुष्य बाण, शास्त्रास्त्रं बाजून दवरनुं श्रीराम अतिमेहक दिसतालो. रावणाले मृत्यून लक्ष्मण, सुग्रीव, अंगद, हनुमंतादि श्री रामाले सहकारी श्रीरामाले अभिनंदन करत समाधान व्यक्त केलो. श्रीरामालि पूजा, सत्कार केलो. रावणालो मृत्यु जालिलो पोळोवनुं श्रीरामालो विजय आपण्यालोचि विजय तरेन रावणाले विशय आशिल्लो द्वेष राक्षसांलि हत्या करनुं शांत करनुं वानर हासत, नाचत वाद्य वाजंत्रि वाजयत हर्षानंद व्यक्त करचाक लागले. श्रीरामालि पूजा, सत्कार केलो. जेन्नां अन्य जन हर्षोल्लासान जल्लोष करत आशिल्ले तेन्नां रावणालो नाश जालिल्यान श्रीराम समाधानी नाशिल्लो कारण तागेले लागीं ताका विभीषण दिसलो ना.

सत्याचो विजय आसत्याचो पराजय, सात्विक वृत्तीचें सर्जन आनि तामसिक वृत्तीचें विसर्जन, ज्ञान प्रकाश अवतरलो, अज्ञान अंधःकार नाश जालो. संसारांतु सुख, शांति, विश्वास श्रद्धेचो उदय आनि दुःख, अशांति, दुस्वासाचो अस्त जालो. सर्वत्र सुखद आनंदाचो वारो व्हांवचाक लागलो, सर्व दिशा उजळले, सूर्यसुद्धां कोमल किरणांचो प्रकाश पसरचांतु लागलो. सर्व सृष्टींतु वैभवशाली जावनुं स्वर्गांतु देवेन्द्राले तरेन धर्तरी वयर श्रीराम शोभतालो. देव, दानव, यक्ष, गन्धर्व, ऋषीमुनींनीं साधु, साधु म्हणत असामान्य, अलौकिक कार्य सफलतेन पार पाडिल्यान आकाशांतल्यान पुष्पवृष्टी आनि आशीर्वादाचे शुभ संकल्प दिवनुं कौतुक करत आशिल्ले.

# अध्याय 21

रावण मृत्यु मुखांतु पड़िल्यान राक्षस सैनिक रणांगणांतल्यान लंकानगरीक परत गेले. परंतु जेन्नां सत्याचो यश आनि असत्याचो अपयश सर्व जन आनंद व्यक्त करत आशिल्ले तेन्नां केवल एक व्यक्ति शोक करत आशिल्लो. जेन्नां श्रीरामालें यश आनंद व्यक्त करचें निश्चेत नियतीचो नियम आसता तेन्नां विभीषण आपण्यालो भावु रावणाक नियतीचे नियमान अपयश आनि मरण प्राप्त जालें म्हण्णुं शोक व्यक्त करत आशिल्लो. हे राजन्, मोंव हांतळावयर निदून सवय आशिल्लो तूं, हे खडतर धर्तरिवयर कित्याक निदला? शूर, वीर, पराक्रमाचे हे भुजदण्ड कित्याक निश्चेत जावनुं आसाचि? वज्रजडित किरीटान शोभचें हें शिर घूळींतु कित्याक लोळत आसा? जो शूर वीर आशिल्लो तो धर्तरिर पडिल्लो आसा. तुका जें जें हांवे सांगिल्ले, तें तें तूंवे विषयासक्त आशिल्यान आयकलें ना, सर्व शास्त्र विशारद, सर्व शस्त्र प्रवीण आयज अस्त जालिलो आसा. जेन्नां राक्षस श्रेष्ठ रावण घूळींतु पडला, तेन्नां तपाचें बल, पराक्रमाचे स्थिर वृक्ष रामरूपी वादळाक लागून उध्वस्थ जालिलें आसा.

विभीषणान ह तरेन शोक करचें पोळोवनुं श्रीरामान ताका अर्थपूर्ण शब्दांतु सांत्वन करत सांगलें, युद्ध करत आसताना शौर्य, पराक्रम दाखयनासताना रावण मृत्यु मुखांतु पडिल्लो ना. संघर्ष करताना असामान्य उत्साह, साहस, कौशल्य आनि नैपुण्य, आनि आत्मविश्वास अखेरचो क्षण पर्यंत, पदोपदी प्रत्यक्ष दाखयिलो आसा. भूतकाळांतु हे त्रिलोकांतु सतत विजय कोणिंयी प्राप्त केलिलो ना, रणांगणांतु वीर योद्धा शत्रूक मृत्यु मुखांतु धाडता वा शत्रूक लागून मृत्यु मुखांतु पडता. हीचि आसता नियती, जी पूर्वजांनि पूर्वकाळापासून सांगचांतु आयल्या. आपण्याले राक्षस समाजाचि अभिवृद्धी खातिर क्षत्रियाले तरेन युद्धांतु मृत्यु आयिल्ल्यान ताका वीरगति विश्चितं प्राप्त जालिलि आसा. शास्त्रांतु ते तरेन सांगिल्यान शोक करचें अनुचित आसतालें. देकून जें भूतकाळांतु जे घडलें तें सारासर विचार करनुं समजून भविष्यकाळांतु आपण्यालें कर्म जें करचें आसता तें विचार करनुं समजून तेंचि करचें नियतीचो नियम आसता. देकून जें करचें आसता ते विषय मन उद्विग्न जायनासताना निश्चित संकल्प करनुं तांतूत आस्था दाखय.

श्रीरामान हे तरेन अर्थपूर्ण वचन सांगिल्ले नंतर विभीषणाक समाधान जावनुं म्हणालो, देवेन्द्राले नेतृत्वान सुद्धा देवांक जे राक्षसाले वयर विजय प्राप्त करचें शक्य जालिलें ना, ते राक्षसाले वयर आयज विजय प्राप्त जालिलो आसा. वीर रावणान भोग भोगिल्ले आसाचि, वेदपठन निरंतर केलिलें आसा, यज्ञ कुण्डांतलि अग्नि ताणें सतत ज्वलंत दवरल्यां, नित्य तपसाधना केलिलें आसा, शास्त्र नियम, रीति रिवाज, शास्त्र नियमाचे ज्ञान आसा. दान दिलिलें आसा, सेवकांक समाधान दिलिलो आसा, मित्रांक ऐश्वर्य प्रदान केलिलें आसा, देन श्रीराम, जर तुगेलि अनुमति आसा तर रावणाले प्रति जें कर्तव्य करचें आसता, तें माका आतां करचें आसा. मरणोत्तर सर्व वैर निवृत्त जायत आशिल्यान विभीषणन मनापासून मरणोत्तर संस्कार करचें कर्तव्य आसता म्हण्णुं श्रीरामान अनुमति दिलि.

पुण श्रीरामान दिलिलि विभीषणाक सहज मान्य जालें ना. तो म्हणालो, ना, रघोत्तमा, धर्म आनि शास्त्राचि अवहेलना करनुं परस्त्रीलें अपहरण तें क्रूर राक्षसा न केलिलें आसा. सर्वांले विशय वैरवृत्तीन वागणूक आशिल्यान संस्कार करचाक ताक योग्यता ना. संस्कार हांवें केलें जन माका असंस्कृत म्हणताले, तागेले गुण जे जाणताचि ते जन जें हांवें केलें ते अयोग्य केलें म्हणताले. विभीषणाले वचन श्रीरामाक उचित दिसले नां. देकून तो म्हणालो, हे राक्षसश्रेष्ठ, तुगेले मदतीन हांवे विजय प्राप्त केलिलो आसा. आमगेलें कार्य सफल जालिलें आसा. मरणोत्तर सर्व वैर सोंपता. आता तांगेल्यांतु आनि मेगेल्यांतु

कसलोयी भेद ना. जें हांवु तुका सांगचो आसा, ते विषय माका क्षमा कर. आमिं विसरचें न्हंय, लंकाधिपति रावण अधर्मी, असत्यवचनी आसतालो, पुण तो युद्धांतु तेजस्वी, शूर, वीर आशिल्लो. तीन लोकांक तो कष्ट दीत आसताना इन्द्रदेवाक सुद्धां ताका नियंत्रणेंतु दवरचाक जालें ना. देकून प्रेत आनि श्राद्ध संस्कार पूर्ण करचें विसर चें उचित न्हंय, परंपरानुसार रावणाले प्रेताक संस्काराचो अधिकार आसा. देकून विभीषणन मरणोत्तर संस्कार करचें कर्तव्य मनापासून करचाक जाय. जेन्नां विभीषणान श्रीरामालें धर्मानुकूल, विवेक युक्त आनि परंपरानुसार विचार आयकलें तेन्नां ताका श्रीरामालें महान संस्कारा वयर आश्चर्य जाले आनि तागेले वयरचि श्रद्धा वालि. आनि श्राद्ध संस्कार पार पाडचें स्वीकारलें.

जेन्नां रावण रणांगणावयर मरण पावलो म्हण्णुं समाचार लंकापुरीक पावलो तेन्नां रावणाले आप्त बांधव, राक्षस समाज शोकान संत्रस्त जावनुं जमलें. अंत:पुरांतले सर्व स्त्री रावणाले काजळा तरेन काळे जालिलें मृत शरीर पोळोवनुं समूळ उपटून काडिल्ले वनलता तरेन तागेले शरीरावयर अक्रोश करत पडले, जे कोणांक देव दानव सर्पांले कडचान भय नाशिल्लें ताका एक य:कश्चित् मानवाले कडचान भय निर्माण जालें. जो देव दानव सर्पांलेपासून अवध्य आशिल्लो एक य:कश्चित् मानवाले कडचान तागेलो वध जालिलो आसा परत परत दोळ्यांतल्यान अश्रु गळयत, रडत म्हणताले - "येन वित्रासितः शक्रो येन वित्रासितो यमः | येन वैश्रवणो राजा पुष्पकेण वियोजितः || गन्धर्वाणाम् ऋषीणांच सुराणां च महात् भयं येन रणे दत्तं सोऽयं शेते रणे हतः || असुरेभ्यः सुरेभ्यो वा पन्नगेभ्योऽपि वा तथा | भयं यो न विजानाति तस्ये दं मानुषाद् भयम् || यो न शक्यःसुरैर्हन्तुं न यक्षैर्नासुरैस्तथा | सोऽयं कश्चिदिवासत्त्वो मृत्युं मर्येन लम्भितः | अवध्यो देवतानां यस्तथा दानवरक्षसाम् | हतः सोऽयं रणे शेते मानुषेण पदातिना || ".

स्त्रीजन हळहळत म्हणताले, हितचिंतकांनि सांगिल्लें आयकनासताना सीतेलें अपहरण तूंवे केले, विभीषणान योग्य सल्लो दिलिलो तूंवे स्वीकारनासताना, मनाक आयिल्ले अशुभकर्म करनुं तूं स्वत:क नाश करनुं घेतलो आनि अनेकानेक राक्षस मरण पावले. जर तूंवे सीतेक रामाले कडेन धाडिल्लें तर आमकां समूळ नाश जावचें संकट येनाशिल्लें - "अशृण्वता तु सुहृदां सततं हित वादिनाम् | मरणायाहृता सीता राक्षसाश्च निपातिताः || एताः सममिदानीं ते वयमात्मा च पातितः | ब्रुवाणोऽपि हितंवाक्यमिष्टो भ्राता विभीषणः || धृष्टं परुषितो मोहात् त्वया आत्मवधकाङ्क्षिणा | यदि निर्यातिता ते स्वात्सीता रामाय रामाय मैथिली || न नः स्याद्व्यसनं घोरमिदं मूलहरं महत् |"

जेन्नां अंत:पुरांतले स्त्रीजन हळहळताले, तेन्नां रावणालि पट्टराणी मंडोदरी पतीलें मतदेह पोळोवनुं शोक आवरचाक जायनासताना म्हणालि, जेन्नां तुका क्रोध येतालो तेन्नां देवेन्द्र सुद्धां तुगेले मुखार उभो राबचें धैर्य करनाशिल्लो. दानव आनि गन्धर्व, यक्ष आनि ऋषीजन दूर धांवनुं वताले. हे राक्षसाधिपति, तुका लाज कशीं दिसली ना, जेन्नां एक य:कश्चित् मानवाले कडचान तुका मरण आयलें? सर्व साधारण सुरक्षित जावनुं आशिल्ले राक्षसराजाक सामान्न्य वनवासी मानवाले कडचान मरण येवचें सहज साध्य ना. माका विश्वास बसनातीं सर्वशस्त्र पारंगत लंकाधिपती रावणाक मानव जातीचो राम केवल धनुष्य बाणान मृत्युमुखांतु धाडू शकता. हांवे तुका निक्षून सांगिल्लें, रामाले बरोबर वैर कर नाका.तूवें आयकल्लें ना "ननु नाम महाबाहो तव वैश्रवणानुज | क्रुद्धस्य प्रमुखे स्थातुन्त्रस्यत्यपि पुरन्दरः || ऋषयश्च महीदेवा गन्धर्वाश्च यशस्विनः | ननु नाम तवोद्वेगाच्चारणाश्च दिशो गताः || स त्वं मानुषमात्रेण रामेण युधि निर्जितः | न व्यपत्रपसेराजन् किमिदं राक्षसर्षभ || कथन् त्रैलोक्यमाक्रम्य श्रिया वीर्येण चान्वितम् | अविषह्यन् जघान त्वं मानुषो वनगोचरः || मानुषाणामविषये चरतः कामरूपिणः |विनाशस्तव रामेण सन्युगे नोपपद्यते || स त्वं मानुषमात्रेण रामेण युधि निर्जितः | न व्यपत्रपसे राजन् किमिदं राक्षसर्षभ || कथन् त्रैलोक्यमाक्रम्य श्रिया वीर्येण

चान्वितम् | अविषह्यन् जघान त्वं मानुषो वनगोचरः || मानुषाणामविषये चरतः कामरूपिणः | विनाशस्तव रामेण सन्युगे नोपपद्यते || न चैतत्कर्म रामस्य श्रद्दधामिचमूमुखे | सर्वतः समुपेतस्य तव तेनाभिमर्शनम् || न चैतत्कर्म रामस्य श्रद्दधामि चमूमुखे | सर्वतः समुपेतस्य तव तेनाभिमर्शनम् ||".

मंडोदरी परत परत दोळ्यांतल्यान अश्रु गळयत, म्हणताली. सीतेलि कामना करनुं तूवें स्वत:क आनि स्वजनांलो नाश करनुं घेतिल्लो आसा. अरुन्धति, रोहिणीपेक्षा जास्त पवित्र आशिल्ले सीतेले प्रति तूंवे दुश्ट कृत्य केलिलें आसा. सीता धर्तरेक्षा जास्त सहनशील, ऐश्वर्याचि स्वामिनी, सर्वांगि सुंदर, सुशोभित पतिव्रता अरण्यांतु ती एकलोचि दैन्यावस्थेंतु आशिल्ले तिक तूंवे काम वासनेन सन्यासीलो वेश धारण करनुं अपहरण केलें. पयलें इन्द्रियांवयर नियंत्रण दवरनुं त्रिभुवनकरि चिंकलें, पुण आतां जशें कांय इन्द्रनियांनि वैर साधून तुकाअपयश पदरांतुघातल्यां - "अकस्माच्चाभिकामो असि सीतान् राक्षसपुङ्गव | ऐश्वर्यस्य विनाशाय देहस्य स्वजनस्य च || अरुन्धत्या विशिष्टान् तान् रोहिण्याश्चापि दुर्मते | सीतान्धर्षयता मान्यां त्वया ह्यसदृशं कृतम् || वसुधाया हि वसुधां श्रियः श्रीं भर्तृवत्सलाम् || सीतां सर्वानवद्याङ्गीमरण्ये विज ने शुभाम् || आनयित्वा तु तां दीनांचद्मनात्मस्वदूषण | अप्राप्य तं चैव कामं मैथिलीसंगमे कृतम् || पतिव्रताया स्तपसा नूनं दग्धोऽसि मे प्रभो | इन्द्रियाणि पुरा जित्वा जितन् त्रिभुवणं त्वया || स्मरद्भिरिवतद्वैरं इन्द्रियैरेव निर्जितः ||".

समय योग्यआसल्यार प्राप्त जावचें फल योग्य आसता, शुभकर्म करतल्याक शूभफल प्राप्त जाता, पापकर्म करतल्याकपापफल प्राप्त जाता. विभीषणान पुण्यकर्म केलें, ताका सुख प्राप्त जालें. तूंवे पापकर्म केलें, तुका मरण प्राप्त जालें. सीतेले पेक्षा जास्त सुंदर स्त्री तुगेले अंत:पुरांतु आसाचि, पुण कामासक्त जालिले तुका ते दीसनांचि - अवश्यमेव लभते फलं पापस्य कर्मणः | घोरं पर्यागते काले कर्ता नास्त्यत्र संशयः || शुभकृच्छुभमाप्नोति पापकृत्पापमश्नुते | विभीषणः सुखं प्राप्तस्त्वं प्राप्तःपापमीदृशम् || सन्त्यन्याः प्रमदास्तुभ्यं रूपेणाभ्यधिकास्ततः | अनङ्गवशमापन् नस्त्वं तु मोहान्न बुध्यसे ||".

मेगेले समान कुलीन, रूपान किंवा स्वभावान सीता ना, कामसक्त जालिले तुका ते दीसलें ना. सर्व जनांक मरण दिसता, मरणाचे कारणं दिसून येना. तुका सीता कारण जालि. सीतेले रूपान प्राप्त जालिलें मरण दुश्टतेन अपहरण कार्य करनुं तूंवे स्वत: आमंत्रित करनुं घेतलें, निश्चिंत जावनुं रामाले सहवासांतु सीता जीवन जगतालि. कमिं पुण्य प्राप्त जालिले माका मात्र दु:खाचो सागर प्राप्त जालिलें आसा -"न कुलेन "न कुलेन न रूपेण न दाक्षिण्येन मैथिली | मयाधिका वा तुल्या वा त्वन् तु मोहान्न बुध्यसे || सर्वथा सर्व भूतानांनास्ति मृत्युरलक्षणः | तव तावदयं मृत्युर्मैथिली कृतलक्षणः || सीतानिमित्तजो मृत्युस्त्वया दूरादुपाहृतः | मैथिली सह रामेण विशोका विहरिष्यति ||”.

पुष्पक विमानांतु बसूनु कैलास, मंदार, मेरु पर्वतावयर, चित्ररथ, देवालें उपवन, उद्यानांतु, फुलांचो श्रुंगार, विविध रंगाचे वस्त्रं न्हेसून, तुगेले बरोबर वेग-वेगळे प्रदेशांतु वचूनु, वेग-वेगळे देश पोळोवनुं, सर्व तरेचें सुख अनुभवनुं, आतां तुगेले मृत्यूक लागून ते सर्व सुखापासून हांवु वंचित जालिले आसा. हांवु तीचि आसल्यारियी पूर्ण बदलेलें तरेन आसा. हाय! राजालें कितलें क्षणिक सुख हें! - "अल्पपुण्या त्वहन् घोरे पतिता शोकसागरे | कैलासे मन्दरे मेरौ तथा चैत्ररथे वने || देवोद्यानेषु सर्वेषु विहृत्यसहिता त्वया | विमानेनानुरूपेण या याम्यतुलया श्रिया || पश्यन्ती विविधान्देशान्स्तान्स्तांश्चित्रस्रगम्बरा | भ्रंशिता कामभोगेभ्यः सास्मि भ्रंशिता कामभोगेभ्यः सास्मि वीरवधात्तव || धिक् चंचला श्रीयाः राज्ञाम् |".

हाय! हांवु कसलि मूर्खस्त्री ! आयुष्य सोंपताना माका वैधव्य प्राप्त जातालें म्हण्णुं कल्पना सुद्धां केलि ना. पिता दानवांलो राजा, पति राक्षसालो अधिपति, पुत्र देवेन्द्रावयर जय प्राप्त केलिलो म्हण्णुं गर्व करतालिं हांवु! मेगेलें केलिलो म्हण्णुं गर्व करतालिं हांवु ! मेगेलें संरक्षण शूर वीर जन करताले म्हण्णुं हांवु समजतालि. कसलेयी भय माका खंयचें दिशेंनयी आसचें ना. तेन्नां भय एक यःकश्चित् मनुष्याले कडचान कशीं आयलें? - "हा पश्चिमा मे संप्राप्त दशा वैधव्यदायिनी || या मयासीन्न संबुद्धा कदाचिदपि मन्दया | पिता दानवराजो मे भर्ता मे राक्षसेश्वरः || पुत्रोमे शक्रनि र्जेता इत्यहं गर्विता भृशम् | दृप्तारिमर्दनाः शूराः प्रख्यातबलपौरुषाः || अकुतश्चिद्भया नाथा ममेत्यासीन्मतिर्दृढा | तेषामेवंप्रभावाणां युष्माकं राक्षसर्ष भाः || कथंभयमसंबुद्धं मानुषादिदमागतम् |".

हांवु स्वप्नांतु तर ना, रामाले हातान तूं मरण पावलो? जो मृत्यूक मरण प्राप्त करनुं दिता, तो कशिं स्वतः मृत्युपासून मरण पावताला? मेगेले पतीन तीन लोकांतले भोग भोगले, तीन लोकांक निराश केलें, लोकपालकांक जिंकले, शंकराक कैलासांतल्यान हालयलें. मेगेलो पति लंकेचो संरक्षक आसा, कठीण कार्य सफल करता, सर्व कामना सर्व वासना पूर्ण करता, महारथी आशिल्लो. जेन्नां लक्ष्मणान पुत्र इन्द्रजितालो वध केलो, तेन्नां हांवु निराश जालिलें, आतां सगे सोयरे नांचि, पतिसुद्धां ना, आतां सर्व कामना विषय वासना त्याग करनुं ऊर्ध्व जीवन हांवु जगतालें - "हा स्वप्नः सत्यमेवेदं त्वं रामेण कथं हतः || त्वं मृत्योरपि मृत्युः स्याः कथं मृत्युवशं गतः |त्रैलोक्यवसुभोक्तारं त्रैलोक्योद्वेगदं महत् || जेतारं लोकपालानां क्षेप्तारं शंकरस्य च |लङ्काद्वीपस्य गोप्तारं कर्तारं भीमकर्मणाम् || अस्माकं कामभोगानां दातारं रथिनां वरम् | यदा ते तनयः शस्तो लक्ष्मणेनेन्द्रजिद्युधि || तदा त्वभिहता तीव्रमद्य त्वस्मि निपातिता | साहं बन्धुजनैर्हीना हीना नाथेनच त्वया || विहीना कामभोगैश्च शोचिष्ये शाश्वतीः समाः |".

उच्च कुळांतलि, गुरूले सेवेंतु आसक्त, धर्मनिष्ठ, पतिव्रता स्त्री तुगेले कर्मांक लागून विधवा जालिल्यान दुःखी आसाचि, तांगेलो शाप तुगेले वयर निश्चित आशिल्यान. ताणें दिलिलो शापान तुका दुर्गति प्राप्त जालि. म्हणचांतु येता कीं पतिव्रतेले अश्रु तुगेले जीवन असफल करू शकता. आनि ते आता सत्य ठरल्यां. तीन लोकांतु प्रभुत्व गाजोवनुं सीतेले अपहरण असले हीन कर्म तूंवे कशीं करू शकलो ? - "यास्त्वया विधवा राजन् क्रीतानैकाः कुलस्त्रियः || पतिव्रता धर्मरता गुरुशुश्रूषणे रताः | ताभिः शोकाभितप्ताभिः शप्तः परवशं गतः || त्वया विप्रकृताभिर्यत्तदा शप्तं तदागतम् | प्रवादः सत्य एवायं त्वां प्रति प्रायशो नृप || पतिव्रता नांनाकस्मात्पतन्त्यश्रूनि भूतले | कथं च नाम ते राजन् लोकानाक्रम्य तेजसा || नारीचौर्यमिदं क्षुद्रं कृतं शौण्डीर्यमानिना |".

तुगेले हितचिंतकांले किंवा बांधवांले मत तूंवे स्वीकारलें ना. केलिले पाप पुण्य तर तूं घेवनुं गेलो. लंकानगरीवयर सूर्य अजून प्रकाश पसरायत आसा, मेगेलो धिःकार आसूं, तुगेलो जीव पंचतत्वांतु मिसळिलो म्हण्णुं कळनुं युद्धां मेगेलें दुःखी काळीज अजून फूटलेना. केलिले पाप पुण्य तर तूं घेवनुं गेलो पुण माका मात्र शोक करत जीवंत दवरनुं गेलो - " सुकृतन् दुष्कृतं च त्वं गृहीत्वा स्वां गतिं गतः | आत्मानमनुशोचामि त्वद्वियोगेन दुःखिताम् || . . . अद्य वै निर्भया लङ्कां प्रविष्टाः सूर्यरश्मयः | अद्य वै निर्भया लङ्कां प्रविष्टाः सूर्यरश्मयः | धिगस्तु हृदयन् यस्या ममेदं न सहस्रधा || त्वयि पञ्चत्वमापन्ने फलतेशोकपीडितम् |".

किंबहुना जेन्नां खर राक्षसालो दण्डकारण्यांतु रामान वध केलिलो तेन्नांचि राम हों साधारण मनुष्य न्हंय म्हण्णुं माका दिसतालें. जेन्नां हनुमंतालें तसलें साधारण वानरान आमकां लंकेंतु त्रास दिलिलो, सर्वसाधारण वानरांले मदतीन रामान सागरावयर सेतु बांदलो, तेन्नांचि माका समजिलें कीं राम साधारण

मानव न्हंय. इन्द्रान केलिलें हें न्हंय, कारण तुगेले समक्ष उभे राबचें धैर्य ताका ना. कदाचित् यमानचि रामालें रूप धारण करनुं हें कार्य केलिलें आसतालें. राम निश्चित् एक महायोगी, साक्षात् सनातन परमात्मा, भूत-भव्य-भविष्याचें धाम, श्रेष्ठांतु परमश्रेष्ठ, अंध:काराचे पेलतडेचो, शंखचक्रगधाधारी, वक्षस्थळावयर श्रीलक्ष्मीक स्थान दिलिलो, सर्वधारणकर्ता, मानुषरूप घेतिल्लो शाश्वत, अटल, सत्यपराक्मी विष्णु, सर्वलोकांचे हित कामना करनुं सर्व राक्षस परीवार नाश करचाक आयला - "व्यक्तमेष महायोगी परमात्मा सनातनः | अनादिमध्यनिधनो महतः परमो महान् | तमसः परमो धाता शङ्खचक्रगदाधरः | श्रीवत्सवक्षा नित्यश्रीरजय्यः शाश्वतो ध्रुवः || मानुषं रूपमास्थाय विष्णुः सत्यपराक्रमः| सर्वैः परिवृतो देवैर्वानरत्वमुपागतैः || सर्वलोकेश्वरः श्रीमान् लोकानां हितकाम्यया | सराक्षस परीवारम् हतवांस्त्वां महाद्युतिः ||".

मण्डोदरीन आपण्याले पतीले मृत्यु विषय शोक करत आशिल्ले तेन्नां विभीषणाक ते सर्वांक सांत्वन करचाक श्रीरामान सांगलें. लंकानगरींतु प्रवेश करनुं विभीषणान प्रेत आनि श्राद्ध संस्कारांक आप्त बांधव, राक्षस नागरिकांले सहित सुरवात केलि. शास्त्र आनि परंपरानुसार चिता निर्माण करनुंरावणाले प्रेताक पुष्प, तूप इत्यादि सुवासित द्रव्य शिंपुडनुं वेदमंत्रांचे पठ न करनुं अग्नि दिलि. हे तरेन विभीषणान रावणाले प्रेत आनि श्राद्ध संस्कार शास्त्राचे यमनियम, रीत रीवाजाप्रमाणं पूर्ण केले. मागीर विभीषण श्रीरामाले लागीं नम्रतायेन उभो राबलो.

ooooo

## अध्याय 22

रावणाले मृत्युनंतर देव, दानव, गन्धर्व, यक्ष, ऋषीगणांक हर्षानंद आनि समाधान जालो. देवेन्द्रालो सारथी परत स्वर्गलोकाक गेलो. श्रीरामालो परक्रम, सीतेलें प्रेम आनि पावित्र्य, लक्ष्मणालें शौर्य, सुग्रीवाले सल्ले, हनुमंतालो पराक्रम, वानरांनि केलिलें युद्ध, समस्त जनमानसांतु आख्यायिकेचो विषय जालो.

तदनंतर श्रीरामान लक्ष्मणाक आपोवनुं युद्धांतु सर्वतोपरि सहाय्यक आशिल्ले विभीषणाक लंकाधिपति म्हण्णुं अभिषिक्त केल्यार आपण्याक अत्यानंद जातालो म्हण्णुं सांगलें. ते योग्य आनि यथार्थ आसा म्हण्णुं लक्ष्मणान अभिषेकों चि तयारि केलि. एक सुवर्णकलशायंतु समुद्रजल हाडयलें. मागिर विभीषणाक सिंहासनावयर राक्षसांले समक्ष बसोवनुं शास्त्रमंत्राच्छार करनुं ते समुद्राचें जल विभीषणाले मस्तकावयर शिंपडलें. विभीषणाक लंकाधिपति म्हण्णुं घोषित जाल्लें नंतर तागेले सतत आसचे सहकारींवयर तागेलें अभिनंदन केलें. श्रीराम, लक्ष्मणांक जे तरेन आनंद आनि समाधानजालिलो, तेचि तरेन विभीषण आनि लंकेचे राक्षस जनसामान्यांक जालो. श्रीरामालें विशाल मनाचो आनि धर्मानुकूल विचारांचे कौतुक करत लंकेचे राक्षस नागरिक, श्रीरामाले आभार व्यक्त करचाक लागले. तदनंतर श्रीरामान लागीं हात जोडनुं नम्रतायेन उभो आशिल्ले हनुमंताक सांगलें, चल, वचून सीतेक सांग, राम युद्धांतु विजयी जालिलो आसा, रावण पूर्ण तरेन अपयशी जावनुं मृत्युमुखांतु पडला. आमिं सर्व कुशल आसून लक्ष्मण, सुग्रीव तेचि तरेन विभीषण आनि वानरांनि लंकानगरींतु प्रवेश केलिलो आसा, हे तरेन हनुमंता संदेश तिका दीवनुं तिगेलो संदेश घेवनुं यो.

जेन्नां हनुमंतान लंकानगरींतु प्रवेश केलों तेन्नां ताका राक्षसांनि आदरान स्वागत केलें. हनुमंत पयले पासून लंकानगरी ओखळतालो, देकून तो सरळ अशोकवनांतु गेलो आनि थंय एक वृक्षासकयल

मुखकमल खिन्न आशिल्ले सीतेक  हनुमंतान  पळयलें. तिगेले लागीं वचूनु हात जोडनुं शिरसावंदन करनुं मौन उभो राबलो. हनुमंताक पोळोवनुं क्षणमात्र ती उलयलि नां. मागिर तिगेले तोंडावयर ओळख मेळिले चिन्ह दिशिल्यान हनुमंताक स्थैर्यं  आयलें. तिगेले मुखावयर आनंद पोळोवनुं हनुमंतान हात जोडनुं  श्रीरामालो संदेश तिका दीत म्हळ्ळें,  श्रीरामान सेतु बांदलो, रावणालो वध केलो, श्रीराम युद्धांतु विजयी जालिलो आसा, रावण मृत्युखांतु  पडला. लंकापुरी वश केलि, प्रतिज्ञ पूर्ण केलि. अशांति निर्मूलन जावनुं शांति परत प्रस्थापित जालि. समज तूं स्वत:चे महलांतु आसा. भिवचें आवश्यक ना, कारण तुगेलि भेट जालिलि नाशिल्यान आतां लंकाधिपति विभीषण स्वत: तुका भेटचाक येवचो आसा.

सीता  थोडे क्षण अत्यानंद जालिल्यान कांयी उलयलि   ना,  किंबहुना कांयी उलोवूं शकलि ना. ती म्हणालि,  श्रीरामाले विजयाचो समाचार आयकूनु मेगेले दोळ्यांतल्यान आनंदश्रु येत आशिल्यान हांवु उलोवशकलें ना. तिगेलें मुखकमल फुललें. हनुमंत, तूवें आतनंदाचो समाचार दिलो. पुण तुका दिवचाक मेगेले लागीं कांयी ना. हनुमंतलें कौतुक करत सीतेन म्हळ्ळें, तूंवे जे शुभ, लक्षण संपन्नं,  माधुर्य गुणांनि उरलेले, सर्वतरेन योग्य असले विचार मांडल्याचि, ते तुका अवश्य शोभताचि. कारण तूं सुप्रसिद्ध वायुपुत्र आसून परम धर्मनिष्ठ, वलवान्, शूर, शास्त्र ज्ञानी, शक्तिमान्, पराक्रमी, उत्तम कर्तुत्ववान्, तेजस्वी, क्षमाशील, धृढनिश्चयी, स्थैर्य आनि विनयशील आसा, हांतूत कसलोयी संदेह ना - "श्लाघनीयो अनिलस्य त्वं सुतः परमधार्मिकः || बलं शौर्यं श्रुतं सत्त्वंविक्रमो दाक्ष्यमुत्तमम् | तेजः क्षमा धृतिः स्थैर्यं विनीतत्वं न संश यः ||".

सीतेक राक्षसींनिं दिलिले अनेक तरेचे त्रास स्मरणांतु येवनुं, जर तिगेलो  आदेश आसा, तर तिका अपशब्द  वापरनुं सतोवचें क्रूर, कुरूप, भयंकर  राक्षसींलि हत्या करचि आसा म्हण्णुं परत हात जोडनुं हनुमंतान  सीतेक सांगलें. परंतु कारुण्यमूर्ति सीतेन ताका सांत्वन करत म्हळें, केवल आपण्याले राजालि आज्ञा म्हण्णुं आपण्यालें कर्म जो करता  ते सेवकाले वयर कोप कोण करू शकता? सेवकावयर क्रोध तो कसलो? जीवन जगचाक जो जन राजान सांगिल्ले कर्म करताचि तांगेले वयर कोप कोण करू शकता?

जें माका भोगचें पडलें ते मेगेले पूर्व कर्मांक लागून आशिल्लें. जें माका भोगचें आसा, तें माका  भोगचें पडत  आसा तें कर्माचें फल  माका  निश्चित  भोगचेंचि  आसता.  ताका अपवाद ना. ज़रि मेगेले ज्ञान हे विषयांतु निश्चित साधारण आसा तरियी हांवे राक्षसींक क्षमा करचें योग्यचि आसतालें. कारण रावणाले आज्ञेनुसार राक्षसी त्रास दीत  आसताले,  सेवकान आज्ञेनानुसार नीच कर्म केलें तर ते सेवकाक पाप लागचें ना. शुभ कर्म जर केलें तर  ताका निश्चित पुण्य प्राप्त जावनुं भूषण आसतालें. पापी मनुष्याले प्रति पाप कर्म केन्नांयी कर न्हंय.  श्रेष्ठ मनुष्यान पाप आनि पुण्य करचे, आनी तेचि  तरेन मृत्युदंड प्राप्त जालिले मनुष्याले प्रति सुद्धां   करुणा  दाखोवका. कोणिंयी पाप कर न्हंय, पापी आनि पाप परत परत करचाक रस घेवचे मनुष्याले प्रति सुद्धां न्हंय.  जेन्नां आज्ञा दिलिलो  रावण जीवंत ना तेन्नां जीवंत आशिल्ले आज्ञेनानुसार कर्म करचें राक्षसी सेवकाक मृत्युदंड दिवचें योग्य आसचें ना. देकून आतां ते माका त्रास दिवचे नां -   "न परः  पापमादत्ते परेषां पापकर्मणाम् || समयोरक्षितव्यस्तु सन्तश्चारित्रभूषणाः | पापानां वा शुभानां वा वधार्हाणां  प्लवङ्गम || कार्यं कारुण्यमार्येण न कश्चिन्नापराध्यति  | लोकहिंसाविहाराणां रक्षसां कामरूपिणम् ||कुर्वतामपि  पापानि नैव कार्यमशोभनम् |".

सीतेन हे तरेन उलयले पोळोवनुं कौतुक करत हनुमंत  म्हणालो, तूं श्रीरामालि पत्नि म्हण्णुं तूं शोभता. हांवु पयलें  श्रीरामालो दूत म्हण्णुं  अभीमानान संदेश घेवनुं सीतेले  कडेन आयिलों, आतां सीतेलो दूत म्हण्णुं अभीमानान सीतेलो संदेश घेवनुं  श्रीरामाले कडेन वता. सीता कांयि  उलयलि ना, केवल

"द्रष्टुमिच्छामि भर्तारं वानरोत्तम |" - हांवु मेगेले पतीलें दर्शन घेवचाक इच्छा करता म्हण्णुं प्रगट केलि, हे तरेन सीतेन सांगिल्ले नंतर हनुमंतान तिका सांगलें, अवश्य, श्रीरामचन्द्रालें, लक्ष्मणाले सुग्रीव, विभीषणाले दर्शन शीघ्र जातालें. तदनंतर रामालो संदेश सीतेक दीवनुं सीतेलो संदेश परत घेवनुं हनुमंत श्रीरामाले समक्ष येवनुं उभो राबलो.

सीतेलो संदेश श्रीरामाक दिवचें पयलें हनुमंतान म्हळें, सीतेक मुक्त करचाक तूंवे जें युद्ध केलें, ते पराक्रमाचे फल तुका प्राप्त जालिलें आसा. आयज पर्यंत दु:खांतु आशिल्ली सीता तुका यश प्राप्त जालिल्यान आयज अभीमानाचे सुखाचे अश्रुपूर्ण दोळ्यान तुगेलें दर्शन घेवचे इच्छा करत आसा. ते शब्द आयकूनु श्रीरामाले दोळ्यांतु अश्रु दिसले. संभ्रमांतु पडिल्ले तरेन दिसलो, तें विभीषणाक जाणवलें पुण उलयलो ना. श्रीरामान दीर्घ श्वासोच्छ्वास, अस्पश्ट शब्द आनि अस्वस्थ जावनुं सीतेक सर्व दिव्य आभूषण, श्रुंगार करनुं घेवनुं येवचाक विभीषणाक सांगलें. आज्ञेनुसार विभीषण सर्व दिव्यआभूषण, श्रुंगार घेवनुं आपण्यालि पत्नि आनि दासींले सहित सीतेन आशिल्ले थंय गेलो. श्रीरामाले दर्शन घेवचाक सीता इतलि आतुर जालिले कीं तीणें अभ्यंगस्नान नासताना आनि दिव्य आभूषण, श्रुंगार घालत। नासताना सुद्धां श्रीरामालें दर्शन घेवचाक तयार आशिल्लि. पुण अभ्यंग स्नान करनुं दिव्य आभूषण, श्रुंगार घालनुं श्रीरामाक भेटचें श्रेयस्कर आसतालें म्हण्णुं विभीषणान सीतेक शिरसावंद्य करनुं नम्रतायेन सुचित केलें. श्रीरामाक प्रत्यक्ष देवताम्हण्णुं मानचें सीतेन विभीषणाले सूचना मान्य केलि.

जेन्नां विभीषण सीतेक पालखींचु बसोवनुं घेवनुं आयलो तेन्नां सीतेले दर्शन घेवचाक जनसामान्य आतुर जालिले पोळोवनुं विभीषणाले सेवक तांका दूर करचाक लागले. जनसामान्यांक सीतेले पासून दूर करचें पोळोवनुं श्रीराम अस्वस्थ जावनुं म्हणालो, तांका कसल्याक दूर करताचि, जेन्नां ते आमगेलेचि जावनुं आसाचि? स्त्रीयांलें संरक्षण म्हळयार स्त्रीयांक बंधनांतु दवरचें न्हंय. स्त्रीक घर, वस्त्र किंवा भींत रक्षण करना, स्त्रीक तिगेलें चारित्र्य संरक्षण दिता. देकून सीता पालखींतु न्हंय तर सर्वांले समक्ष स्वत: चलत येवूं. जेन्नां सीता चलत येवचाक लागलि तेन्नां चलत येवचे सीतेलि उपस्थिती श्रीरामाक जाणवलि. तरियी दीर्घकाळ राक्षसाले वाड्यांतु निवास करनुं परत आयिले सीतेक पोळोवनुं श्रीरामाले मुखावयर आनंद वा समाधान दिसलो नां. कसलेतरी विचारांतु मग्न आशिल्ले तरेन अस्वस्थ दिसतालो.

सीतेन स्वत: चलत येवचें,श्रीरामाले मुखावयर अस्वस्थ भाव आनि सीतेले प्रति उदासीनता पोळोवनुं लक्ष्मण, सुग्रीव, हनुमंतादि वानर संभ्रमांतु पडले. श्रीरामाले मनांतु कसलें चलत आसता म्हण्णुं तर्क करचाक लागले. जो पर्यंत सीतेलो प्रश्नो आशिल्लो, ती मर्यादेन लाजत श्रीरामाले सन्मुख उभी राबलि. पतीक परमेश्वर म्हण्णुंमानचें सीतेन आश्चर्यान, आनंदान आनि मैत्रीन श्रीरामाले मुखमंडल पळयलें. पोळोवनुं तिगेले तनमनांतले सर्व त्राण पूर्णतरेन नश्ट जालें. ०००००

## अध्याय 23

लक्ष्मण, सुग्रीव, हनुमंतादि वानरांक सीतेलि परत भेट जालिले कारण आनंद जालिलो आसताना श्रीरामान अस्वस्थ जावनुं ताणें संभ्रमांतु आसचें आनि मर्यादेन शीर सकयल घालनुं उभी आशिल्लि सीता तांगेले तीक्षण नदरेक जाणवलें, कोणिंयी उलयले नांचि पुण अकस्मात् मुसळधार पावूस पडिल्ले तरेन, अनपेक्षित वीज पडिल्ले तरेन संभ्रमांतु घालचें तशें आशिल्ले तांका श्रीरामालि वागणूक सतयतालि.

जेन्नां श्रीरामान युद्ध केलिले, शत्रूक नाश केलिले, तिका मुक्त करनुं संताप, क्रोध आनि अपमान शांत केलिले, स्वतःचे यश आनि पुरुषार्थ सिद्ध केलिले विषय स्पश्ट शब्दांतु वक्तव्य करचे आयकले तेंन्नां ताणें संभ्रमांतु आसचें कारण समजले, मर्यादिन शीर सकयल घालनुं उभी राबिल्ले सीतेक श्रीराम स्पश्ट शब्दांतु सांगत आशिल्लो की युद्ध करनुं शत्रूक जिंकून तिका मुक्त केलिलें आसून, जो पुरुषार्थ ताका सिद्ध करचो आशिल्लो तो ताणें पूर्ण केलो आनि शत्रूक नाश करनुं संताप, क्रोध आनि अपमान शांत केलिलो आसा. आयज समस्त विश्व तागेलो पुरुषार्थ पळयलो आसा. तागेलि प्रतिज्ञा पूर्ण आनि आत्मगौरव सिद्ध जालिलो आसा -"एषासि निर्जिता भद्रे शत्रुं जित्वा रणाजिांतु रे | पौरुषाद्यद् अनुष्ठेयं मयैतदुपपादितम् || गतोऽस्म्यन्तममर्षस्य धर्षणा संप्रमार्जिता |अवमानश्च शत्रश्च युगपन्निहतौ मया || अद्य मे पौरुषं दृष्टमद्य मे सफलः श्रमः | अद्य तीर्ण प्रतिज्ञोऽहं प्रभवाम्यद्यचात्मनः ||".

नीच राक्षसान अपहरण केलिल्यान जें दुःख सीतेक भोगचें पडलें तें नियतीक अनुसरून आशिल्लें, तें ताणे मनुष्यरूपान कमिं केलिलें आसा. कारण शूर आसून कसलो प्रयोजन आसतालो जर प्राप्त जालिलो अपमान स्वतःचे शौर्यान मनुष्य धूंवनुं काढना? हनुमंतान जो समुद्रोल्लंघन करनुं लंकेचो विनाश केलिलो, तो आयज सफल जा**लिलो** आसा. युद्धांतु सुग्रीवान आनि वानर सैनिकांनि केलिलो पराक्रम आयज सफल जालिलो आसा. स्वतःचे दुश्ट बंधु बांधवांलो त्याग करनुं विभीषणान केलिलें परिश्रम आयज सफल जालिलो आसा, “या त्वं विरहिता नीता चलचित्तेन रक्षसा |दैवसंपादितो दोषो मानुषेण मया जितः || संप्राप्तमवमानं यस्तेजसा न प्रमार्जति | कस्तस्य पौरुषेणार्थो महताप्यल्पचेतसः || लङ्घुनं समुद्रस्य लङ्का याश्चापि मर्दनम् |सफलं तस्य च श्लाघ्यमद्य कर्म हनूमतः || युद्धे विक्रमतश्चैव हितं मन्त्रयतस्तथा | सुग्रीवस्य ससैन्यस्य सफलोऽद्य रिश्रमः || विभीषणस्य च तथा सफलोऽद्यपरिश्रमः | विगुणं भ्रातरं त्वक्त्वा यो मां स्वय मुपस्थितः ||".

श्रीरामालें हे अनपेक्षित वक्तव्य आयकूनु जे तरेन ढग गड़गड़ाट करत नासताना, वीज सट्करनुं चमकत चमकत नासताना अकस्मात् मुसळधार पावूस पडता, ते तरेन जनसामान्यांले पासून अपमानित जावचे भयान तिगेले दोळ्यांतल्यान अनियंत्रित अश्रूचि धारा व्हांवचाक लागलि. आश्चर्य कोणांक दिसचेँ ना जेन्नां मर्यादा पुरुषोत्तम श्रीरामालि प्रतिक्रिया तागेले ज्ञात स्वभावाचे विपरीत दिसता? किंबहूना सीतेलो किंवा अन्य जनांले वयर जावचो परिणाम ध्यानांतु घेत नासताना श्रीराम मनांतले विचार व्यक्त कर त म्हणतालो, स्वतःचो सन्मान सुरक्षित दवरचाकजें कार्य करचें आसता, तें ताणें धर्मानुसार केलिलें आसा. जे तरेन अगत्स्यमुनीन कठीण तपस् करनुं दक्षिणापथ प्राप्त केलिलें, ते तरेन कष्ट करनुं सीतेक परत प्राप्त केलिलें आसा. सीतेन समजून घेवका कीं जें यश युद्ध करनुं मेळयलें तें तागेले सहकारींले मदतीन केलिलें आसा, सीतेक प्राप्त करचे खातिर न्हंय "यत्कर्तव्यं मनुष्येणधर्षणां प्रतिमार्जता | तत्कृतं रावणं हत्वा मयेदं मानकांक्षिणणा || निर्जिता जीवलोकस्य तपसा भावितात्मना | अगस्त्येन दुराधर्षा मुनिना दक्षिणेव दिक् || विदितश्चास्तुभद्रं ते योऽयं रणपरिश्रमः | सुतीर्णः सुहृदां वीर्यान्न त्वदर्थं मया कृतः ||".

जें हांवे केलें तें मेगेलो सन्मान सुरक्षित आनि मेगेले कुळाचें कीर्ति शाश्वत दवरचाक केलिलें आसा. जें तरेन दोळ्यातलि द्रिष्टी कमिं आशिल्यांक दिवो प्रतिकूल आसता, ते तरेन मेगेले मुखार तूं संदेहास्पद चारित्र्यान उभी आसा. आतां मेगेले प्रति तुगेलें कसलेंयी कार्य आसचें ना. देकून तुका जाय थंय वच्चें स्वातंत्र्य हांवु दीत आसून धाही दिशा उघड आसाचि. कारण उच्च कुळांतु जन्माक आयिलो खंयचो मनुष्य परपुरुषाले घरांतु आशिल्ले स्त्रीक स्वस्थ मनान परत घेतालो - "प्राप्तचारित्रसंदेह मम प्रतिमुखे स्थिता |

दीपो नेत्रातुरस्येव प्रतिकूलासि मे दृढम् || तद्गच्छ त्वानुजानेऽद्य यथेष्टं जनकात्मजे | एता दश दिशो भद्रे कार्यमस्ति न मेत्वया || कः पुमांस्तु कुले जातह् स्त्रियं परगृहोषिताम् | तेजस्वी पुनरादद्यात् सुहृल्लेख्ये न चेतसा |".

अपहरण करताना ते दुश्ट राक्षसान दुश्ट द्रिश्टीन पोळोवचांतु आयिले स्त्रीक खंयचो कुलीन कुळांतलो मनुष्य स्वीकार करू शकता? मेगेले मान सुरक्षित दवरचें खातिर तुका हांवे जिंकून हाडलें शिवाय तुगेले पासून आकर्षित जालिलो आसा म्हण्णुं न्हंय. लक्ष्मण, भरत, शत्रुघ्न, सुग्रीव किंवा विभीषण पासून तूं आकर्षित करनुं घे - "रावणांकपरिक्लिष्टां दृष्टां दुष्टेन चक्षुषा | कथं त्वां पुनरादद्यां कुलं व्यपदिशन् महत् || तदर्थंनिर्जिता मे त्वं यशः प्रत्याहृतं मया | नास्थ् मे त्वय्यभिष्वङ्गो यथेष्टं गम्यतामितः || तदद्य व्या हृतं भद्रे मयैतत् कृतबुद्धिना | लक्ष्मणे वाथ भरते कुरु बुद्धिं यथासुखम् || शत्रुघ्ने वाथ सुग्रीवे राक्षसे वा विभीषणे | निवेशय मनः सीते यथा वा सुखमात्मनः |”.

जे जनकात्मजा सीतेक पयलें पासून साधारणत:प्रेम आनि आपुलकीचे, शुभ समाचार आयकुवचि सवय आशिल्लि, जे सीतेक आपलें पतीलें कडचान करुणेचे, समजूतीचें शब्द मृदु स्वरांतु आयकुवचि अपेक्षा आशिल्लि, ते सीतेक श्रीरामालें कडचान कठोर आनि विपरीत वक्तव्य आयकून, मदमस्त हस्तीन एक कोमल वनलता पायान तुडयलें तरेन सीता छिन्नविछिन्न जावनु कोलमडलि "ततः प्रियार्हश्रवणा तदप्रियं | प्रियादुपश्रुत्य चिरस्य मैथिली | मुमोच बाष्पं सुभृशं प्रवेपिता | गजेन्द्रहस्ताभिहतेव वल्लरी ||".

सीता साधारण नाशिल्ली तर साक्षात् शक्ति स्वरूपिणी आशिल्ली. जर श्रीराम रघुकुलदीपक आशिल्लो तर धर्तरींतल्यान विदेह राजाक प्राप्त जालिल्यान सीता जनकात्मजा जावनुं आशिल्लि. जर श्रीराम सूर्यवंशांतु जन्म घेवनुं त्रीलोकांतु आपण्यालें तेज पसरायतालो तर सीता धर्तरेंतल्यान जन्म घेवनुं समस्त संसाराक मदत करत सर्व कष्ट सहन करतालि. जर राम समस्त संसार संहार करू शकतालो तर सीता आधार दिलिली धर्तरी दुभंग करू शकतालि. देकून श्रीरामान सर्वांले उपस्थितींतु उलयिले कठोर शब्द आयकून सीता लाजलि, शाब्दिक कांटे तोपिल्यान सर्वांग रोमांचित जालें, मन स्तंभित जालें, दोळ्यांतल्यान अश्रु आयले, धर्तरी दुभंग जावनुं सुप्त आशिल्लि ज्वालामुखी जागृत जालिले तरेन स्त्रीलो प्राकृतिक मनाक संताप आयलो, मन संतप्त वाणि कठोर जालि.

सीतेन म्हळ्ळें, तूं एक वीरपुरुष आसा, एक असंस्कृत मनुष्याले तरेन मेगेले प्रति असले क्रूर, विकृत शब्द वापरत आसा, जे आयकुवचाक सुद्धां असह्य आसाचि? जे तरेन तूं समजता, ते तरेन हांवु ना, विश्वास दवर, मेगेले चारित्र्य पणाक लावनुं सत्य उलयतां. असंस्कृत स्त्रीले वागणूकींतु आधारावयर तूं सर्व स्त्रीयांलें चारित्र्याचो संशय घेत आसा. हो संशय निराधार आसा, परीक्षण तर करनुं घे - "किं मामसदृशं वाक्यमीदृशं श्रोत्रदारुणम् | रूक्षं श्रावयसे वीर प्राकृतः प्राकृताम् इव || न तथास्मि महाबाहो यथात्वमवगच्छसि | प्रत्ययं गच्छ मे स्वेन चारित्रेणैव ते शपे || पृथक्स्त्रीणां प्रचारेण जातिं त्वं परिशङ्कसे | परित्यजेमां शङ्कां तु यदि तेऽहं परीक्षिता ||".

रावणालो जो संसर्ग जालो, तो केवल असहायतेन आशिल्लो, स्वेच्छेन न्हंय तर विपरीत नशीबाक लागून आधीन जालिल्यान आशिल्लो. मेगेले आधीन आशिल्लें काळीज तुगेले दिशेन नित्य निरंतर आकर्षित आसतालें. हे प्रभु, हांवु कित्याक परपुरुषाले प्रति आस्था दाखोवूं? जर दीर्घ काळ संसर्गान आनि

काळांतरान वाचचें प्रेमान तूं माका समजून घेवचो ना, तर मेगेलो शाश्वत विनाश जालिलो आसा म्हण्णुं हांवु समजतां - "यद्यहं गात्रसंस्पर्शं गतास्मि विवशा प्रभो | कामकारो न मे तत्र दैवं तत्रापराध्यति|| मदधीनं तु यत्तन्मे हृदयं त्वयि वर्तते | पराधीनेषु गात्रेषु किं करिष्याम्यनीश्वरा || सहसंवृद्धभावाच्च संसर्गेण च मानद | यद्यहं ते न विज्ञाता हता तेनास्मि शाश्वतम्||".

तूवें हनुमंताक दूत म्हण्णुं लंकेक धाडिल्लें, जर तुका मेगेले विषय संदेह आशिल्लो तर तेन्नांचि मेगेलो त्याग कित्याक केलिलो ना ? ते वानरांले मुखांतु संदेशमेळ्ळोकिं पतीन त्याग केलिली स्त्री म्हण्णुं मान्य करनुं हांवु तागेले समक्ष प्राण त्याग करताशिल्लें.समुद्रोल्लंघन करचें कष्ट, रावणाले बरोबर युद्ध करचो व्यर्थ प्रयास तुका आनि तुगेले मित्रांक निष्फल जावचो नाशिल्लो. तेन्नां निश्चित तूंवे पुरुषार्थ विसरनुं स्त्रीदाक्षिण्य सिवीकारिलें आसतालें. गोणत्वान हांवु जनकपुत्रि, स्वाभाविक धरती हीचि मेगेलि माता. मेगेले पवित्र जन्माचो आदर तूंवे केलो ना. बाल्यावस्थेंतु मेगेलें पाणिग्रहण केलिले तूंवे मान्य केलें ना. मेगेलि भक्ति, शील ताज़े विपरीत तूंवेनिराकार केलिलो आसा. "प्रेषितस्ते यदा वीरो हनूमानवलोकक: | लङ्कास्थाहं त्वया वीर किं तदा न विसर्जिता || प्रत्यक्षं वानरेन्द्रस्य त्वद्वाक्यसमनन्तरम् | त्वयासन्त्यक्तया वीर त्यक्तं स्याज्जीवितं मया || न वृथा ते श्रमोऽयं स्यात्संशये न्यस्य जीवितम् | सुहृज्जनपरिक्लेशो न चायं निष्फलस्तव || त्वया तु नरशार्दूलक्रोधमेवानुवर्तता | लघुनेव मनुष्येण स्त्रीत्वमेव पुरस्कृतम् || अपदेशेन जनकान्उत्पत्तिर्वसुधातलात् | मम वृत्तं च वृत्तज्ञ बहु ते न पुरस्कृतम् | न प्रमाणीकृत:पाणिर्बाल्ये बालेन पीडित: | मम भक्तिश्च शीलं च सर्वं ते पृष्ठत: कृतम् ||".

जेन्नां सीतेन हे तरेन दु:खान आनि दोळ्यांतल्यान अश्रु गळयत, गद्गद स्वरांतु सीतेन स्वत:चे विचारांतु आशिल्ले लक्ष्मणाक म्हळें, प्रेम नाशिल्ले पतीन मेगेलो त्याग केलिलो आसा. मिथ्यारोप स्वीकारनुं माका जीवन जीवचे ना. अग्निप्रवेश करचो जो एकचि मार्ग तोचि हांवु स्वीकारत आसा. तूं तक्षण भगभगचे अग्निचि चिता तयार कर, मिथ्यारोप स्वीकारनुं माका जीवन जीवचे ना - "इति ब्रुवन्ती रुदतीबाष्पगद्गदभाषिणी | उवाच लक्ष्मणं सीता दीनं ध्यानपरायणम् || चितां मे कुरु सौमित्रे व्यसनस्यास्य भेषजम् | मिथ्यापवादोपहता नाहं जीवितुमुत्सहे | अप्रीतेनगुणैर्भर्त्रा त्यक्ता या जनसंसदि | या क्षमा मे गतिर्गन्तुं प्रवेक्ष्ये हव्यवाहनम् ||". कितें करूं, कितें उलोवूं हेंचि समजत नासताना लक्ष्मणान श्रीरामाले दिशेन पळयलें. श्रीरामाले मनांतले धारणा ध्यानांतु घेवनुं आनी ताणें सांगिल्ले तरेन लक्ष्मणान चिता निर्माण केलि. कोणिंयी तेन्नां मध्यस्ती करू, उलोंवू किंवा श्रीरामाले दिशेन पोळोवू शकले ना.

तेन्नां दोळ्यांतु दोळे घालत नासताना उभे आशिल्ले श्रीरामाक सीतेन प्रदक्षिणा घालनुं ते भगभगचे चितेचे चलचाक सुरवात केलि. तदनंतर सर्व देवांक, ब्राह्मणांक नमस्कार केलो. अग्निक नमस्कार करनुं तीणें म्हळें, पवित्र चारित्र्य आशिल्ले माका राघवान अपवित्र मानलें, जर मेगेले काळजातु राघवाले नित्य स्मरण आसतालें तर अग्निदेव जो सर्वलोकाचो साक्षि जावनुं माका सर्व बाजून रक्षण करूं. कर्मान, मनान वा आचारणेन हांवे अविचार केलिलो नां. धर्मजाणचे राघवाक आनि माका अग्नि, आदित्य, वायु, दिशा, चन्द्र, दिवस, संध्या, रात्र, पृथिवी, सर्व बाजून रक्षण करूं - "यथा मे हृदयं नित्यं नापसर्पति राघवात् | तथा लोकस्य साक्षी मां सर्वत: पातु पावक: || यथा मां शुद्धचरितां दुष्टां जानाति राघव: | तथा लोकस्य साक्षी मां सर्वत: पातु पावक: || कर्मणा मनसा वाचा यथानातिचराम्यहम् || राघवं सर्वधर्मज्ञं तथा मां पातु पावक: || आदित्योभवान् वायुर्दिशश्चन्द्रस्तथैव च अहश्चापि तथा सन्ध्ये रात्रिश्च पृथिवी तथा || यथान्येऽपि विजानन्ति तथा चारित्रसंयुताम् |".

हे तरेन उलोवनुं, सर्व देवांक नमस्कार करनुं भगभगचें अग्नींतु सर्व देव दानव, यक्ष राक्षस ऋषी आनि जन समुदायाचे समक्ष सीतेन प्रवेश केलो. जेन्नां देव, गन्धर्व, यक्ष, ऋषींनीं सीतेन भगभगचे अग्नींतु प्रवेश करचें पळयलें तेन्नां ते अस्वस्थ जाले कारण राम सीतेलो जन्म केवल प्राकृतिक प्रसंग न्हंय, तर आध्यात्मिक देवताकार्याचो घटक जावनुं आशिल्लो श्रीरामरूपी शक्तींचो सुसर्जन करनुं पूर्ण जायना तर रावणरूपी अधर्मी शक्तींचे विसर्जन करनुं सोंपता.देवताकार्य पूर्ण जावचाक पुरुषशक्तीक स्त्रीशक्ती पूरक आसता. श्रीराम तेन्नाचि मर्यादापुरुषोत्तम जाता जेन्नां तागेले पुरुषार्थाक सीतेलि सृजनशक्ती साथ दिता. देकून जेन्नां ताणिं सीतेन भगभगचे अग्नींतु प्रवेश करचें पळयलें तेन्नां ते सत्वर ते स्थानाक येवनुं पावले - "ततो वैश्रवणो राजा यमश्च पृभिः सह |सहस्राक्षश्च देवेशो वरुणश्च जलेश्वरः || षड्र्धनयनः श्रीमान् महादेवो वृषध्वजः | कर्ता सर्वस्य लोकस्य ब्रह्मा ब्रह्मविदां वरः || एते सर्वे समागम्य विमानैः सूर्यसंनिभैः |आगम्य नगरीं लङ्कामभिजग्मुश्च राघवम् ||".

0000000

## अध्याय 26

उपनिषद सांगता कीं दैवी नामतत्व सूक्ष्म, गूढ, अज्ञात आनि बुद्धी आनि कल्पनेचे पेलतडेन आसता. नामतत्व तेन्नांचि अकलन, ज्ञात जाता, जेन्नां नामतत्व प्राकृत, स्थूल रूपांतु अभिव्यक्त जाता. देवताकार्यान निर्मित जालिलि सृष्टिवयर मायेचो प्रभाव आसून सामान्य जनांक अगम्यआसता. देवांनि मनुष्य रूपांतु अवतार घेतिल्लें नंतर सुद्धा दैवी नामतत्व सहज अभिव्यक्त जायना. कारण मनुष्यालि द्रिश्टी बहिर्मुख आसा, अंतर्मुख न्हंय. मनुष्यालि द्रिश्टी अंतर्मुख जावचाक देवांक सुद्धा देवांलो प्रसाद, ऋषीमुनींलो आशीर्वाद, माता, पिता, गुरूले कडचान ज्ञानाचें वितरण जावचाक जाय. वाल्या कोळीक तो ऋषी आसा, वाल्मीकी आसा म्हण्णुं ओळख करनुं दिवचें नारद मुनींक आवश्यक आशिल्लें, जे तरेन ऋषी वाल्मीकींक ते रामकथा निरूपण करचे आसाचि म्हण्णुं ब्रह्मप्रजापतीक आवश्यक आशिल्लें,

देकन जेन्नां देव, गन्धर्व, यक्ष, ऋषींनि पळयलेंकि श्रीराम सामान्य मानवातरेन भावनावश आनि अस्वस्थ जावनुं दोळ्यांतल्यान अश्रु गळयत आसा - दुर्मना रामःश्रुत्वैवम् वदतां गिरः | दध्यौ मुहूर्तं धर्मात्मा बाष्पव्याकुललोचनः ||" तेन्नां अज्ञानाचें निरसन करचे खातिर देवांलें वीनंतीक मान दीवनुं साक्षात् ब्रह्मप्रजापतीक स्वतः ते गूढ स्पश्टीकरण दीवचे खातिर आयलो. ब्रह्मप्रजापतीन श्रीरामाक विचारलें, सीता अग्नि प्रवेश करत आसता, हें तूं कशीं उपेक्षा करत आसा? - "उपेक्षसे कथं सीतां पतन्तीं हव्यवाहने || कथं देवगणश्रेष्ठं आत्मानं नावबुद्ध्यसे |". श्रीराम स्वतःक ईक्श्वाकू वंशांतु जन्माक आयिलो सामान्य मानव, दशरथालो पुत्र म्हण्णुं समजता. सांगा माका, हांवु कोण आसा? - "आत्मानं मानुषं मन्ये रामं दशरथात्मजम् || सोऽहं यस्य यतश्चाहं भगवंस्तद्ब्रवीतु मे |"

तेन्नां ब्रह्मप्रजापती श्रीराम ईक्श्वाकू वंशांतु दशरथालो पुत्र म्हण्णुं जन्माक आयिलो मानव न्हंय तरसनातन, अव्यक्त, सर्व सृष्टीचो कर्ता, ज्ञानी जनांतुश्रेष्ठ, आसा म्हण्णुं ब्रह्मप्रजापती ओळख करनुं दित सांगलें, तूं स्थायिक आशिल्ले वसूंतु सत्यस्वरूप वसु प्रजापति, तीन लोकांचो मूळ कर्ता, स्वयं प्रभु, रुद्रांतु आठवो रुद्र, साध्यांतु वीर्यवान्, अश्वन तुगेले कान, सूर्य आनि चन्द्र तुगेले दोळे, तूं सृष्टीचे सुरवातीक आनि सृष्टीचे अंतसमय तूंचि आसता. तेन्नां तू सामान्य मानवाले तरेन सीतेलि उपेक्षा कशीं करू शकता - "ऋतधामा वसुः पूर्वं वसूनां च प्रजापतिः || त्रयाणामपि लोकानामादिकर्ता स्वयं प्रभुः | रुद्राणामष्टमो रुद्रः सा

ध्यानामपिपञ्चमः ||अश्विनौ चापि कर्णौ ते सूर्याचन्द्रामसौ दृशौ ||अन्ते चादौ च लोकानां दृश्यसे च परंतप || उ पेक्षसे च वैदेहीं मानुषः प्राकृतो यथा |".

तूं साक्षात् चक्रधारी नारायण, एकश्रुंगी वराहरूपांतु भूत आनि भविष्य काळावयर विजय प्राप्त केलिलो.तूं अक्षर, अभिव्यक्त जालिलें अस्तित्व, त्रैलोकांतु परम धर्म, विश्वव्यापी चतुर्भुज, शारंगनांवाचो धनुर्धारी, इन्द्रियांवयर नियंत्रण आशिल्लो, सर्वांतर पुरुषोत्तम, सर्वव्यापी, अजित, खड्गधारी विष्णु, रंग काळो महा बलशाली, सेनेचो अग्रगण्य सेनापति, मनांतले बुद्धि, सत्व, क्षमा, दमन शील, उपेन्द्र, मधुसूदन, देवेन्द्रालो सहाय्यक, कमळातरेन कोणांले नारी, युद्धांतु सर्वांलो संहारक, शरणागतांलो शरण आसा -
"भवान्नारायणो देवः श्रीमांश्चक्रायुधः प्रभुः || एकशृङ्गो वराहस्त्वं भूतभव्यसपत्नजित्अक्षरं ब्रह्म सत्यं च म ध्ये चान्ते च राघव ||लोकानां त्वं परो धर्मो विष्वक्सेनश्चतुर्भजः | शांर्गधन्वा हृषीकेशः पुरुषः पुरुषोत्तमः || स र्वव्यापी अजितः खड्गधृग्विष्णुः कृष्णश्चैव महाबलः | सेनानीर्ग्रामणीश्च त्वं त्वं बुद्धि स्त्वं क्षमा दमः || प्रभवश्चाप्ययश्च त्वमुपेन्द्रो मधुसूदनः | इन्द्रकर्मा महेन्द्रस्त्वं पद्मनाभो रणान्तकृत् || शरण्यं शरणम् च त्वाम हुर्दिव्या महर्षयः |".

तूं वेदज्ञानांतु सहस्रवृषभसम, विज्ञानांतु सहस्रऋषीसम, त्रैलोकाचो प्रथम कर्ता, स्वयं प्रभु तूंचि, सिद्धालो शरणागति, साधकांलो आश्रय**स्था**न, तूंचि यज्ञकार्य, वषट्, ॐकार, श्रेष्ठापेक्षा श्रेष्ठ, कोणिंयी जाणनांचि प्रभाव किंवा निधान, किंवा तूं कोण - "सहस्रशृङ्गो वेदात्मा शतशीर्षो महर्षभः || त्वं त्रयाणां हि लोकानां आदिकर्ता स्वयंप्रभुः |सिद्धानामपि साध्यानां आश्रयश्चासि पूर्वजः || यज्ञस्त्वं वषट्कारस्तं ॐकारः परात्परः || प्रभवं निधनं वा ते नो विदुः को भवानिति |".

दिसता तूं सर्वभूतगणांतु, प्राण्यांतु, ब्राह्मणांतु, सर्व दिशांतु, आकाशांतु, पर्वतांतु नदींतु, सहस्र गतीचो तूं, स**ह**स्र मनन शक्तीचो, सहस्रदृश्टीचो, तूं, स**ह**स्र मनन शक्तीचो, सहस्रदृश्टीचो, तूं धारण करता

समस्त भूतगण, पृथिवी, पर्वत, महाशेष, अंतसमय धारण करनुं क्षीरसागरांतु देव, गन्धर्व, राक्षसांक

केवल तूंचि आसता नित्य निरंतर -
"दृश्यसे सर्वभूतेषु गोषु च ब्राह्मणेषु च|| दिक्षु सर्वासु गगने पर्वतेषु नदीषु च |
सहस्रचरणः श्रीमान् शतशीर्षः सहस्रदृक् || त्वं धारयसि भूतानि पृथिवीं च सपर्वताम् | अन्ते पृथिव्याः
सलिले दृश्यसे त्वं महोरगः|| त्रीन् लोकान् धारयन् राम देवगन्धर्वदानवान् |".

हांवु प्रजापति ब्रह्म तुगेलें काळजातु, सरस्वती तुगेले जीभेवयर, देव सर्व आंगावयले रोम रूपांतु, ऋषीगण नसनसांतु आसाचि. दोळे झांकचें ती रात्र, दोळे उघड़चें तो दिवस, योग्य शब्दोच्चार तेचि वेदस्तवन, तांचे व्यतिरिक्त जगत् सर्व असत् समान. सर्व जगत् तुगेले शरीर समान, धर्तरी धारक समान, अग्नि क्रोध समान, चन्द्र तो समाधान, श्रीवत्स लक्षण समान आसा - "अहं ते हृदयं राम जिह्वा देवी सरस्वती || देवा रोमाणि गात्रेषु ब्रह्मणा निर्मिताः प्रभो |निमेषस्ते स्मृता रात्रिरुन्मेषोदिवसस्तथा || संस्कारास्त्वभवन्वेदा नैतदस्ति त्वया विना | जगत्सर्वं शरीरं ते स्थैर्यं ते वसुधातलम् || अग्निः कोपः प्रसाद स्ते सोमः श्रीवत्स लक्षणः |".

पुराण काळांतु त्रिलोक तीन पादांकित करनुं राजा बलिक दारुण पाताळांतु धाडनुं तूंवें इन्द्राक देवादिदेव केलिलें. सीता ती साक्षात् लक्ष्मी, तूं साक्षात् काळो विष्णु, तूं प्रजापालन कर्ता, रावणालो वध करचाक तुगेलो जन्म मनुष्य शरीरांतु जालिलो आसा. देवकार्य पूर्ण जाल्या. रावणालो वध जालिल्यान

आतां सुखाचे दिवस अनुभवनुं तदनंतर देवलोकांतु परत यो. अप्रतिम तुगेलें वीर्य, परक्रम तुगेलो कदापि असफल जावचो ना. अवर्णनीय तुगेलें दर्शन, असाधारण तुगेले स्तुति पारायण - "त्वया लोकास्त्रयः क्रान्ताः पुरास्वैर्विक्रमैस्त्रिभिः || महेन्द्रश्च कृतो राजा बलिं बद्ध्वा सुदारुणम् | सीता लक्ष्मीर्भवान् विष्णुर्देवः कृष्णः प्रजापतिः || वधार्थं रावणस्येह प्रविष्टो मानुषीं तनुम् | तदिदंनस्त्वया कार्यं कृतं धर्मभृतां वर || निहतो रावणो राम प्रहृष्टो दिवमाक्रम | अमोघं देव वीर्यं ते न ते मोघाः पराक्रमाः || अमोघं दर्शनं राम अमोघस्तव सं स्तवः |". हे तरेन उलोवनुं प्रजापति ब्रह्मदेव श्रीरामक सांत्वन करचाक लागलो.

अग्निदेवान मनुष्यरूप घेवनुं येवनुं निष्पाप, कोमल सीतेक कसलोयी अपाय जावचाक दीत नासताना ते भगभगचे अग्निंतल्यान सहज उचलनुं भायर हाडलें. तेन्नां सीतेले मुखकमल आनि दिव्याभरणान श्रृंगार केलिलें शरीर उदयोन्मुख सूर्याले तरेन झळकतालें. तिगेले शरीरावयले फुलांचे माला सुद्धां अग्नींतु भाजले नांचि. तदनंतर अग्निदेवान समस्त जनसमुदायेचे समक्ष श्रीरामाक सांगलें की सीतेले उत्रांतु, मनांतु, बुद्धींतु कसलोयी दोष किंवा पाप ना. तीगेले आचरण आनि चारित्र्य शुद्ध आनि पवित्र आसा. तुगेले पासून विलग जालिले हे विरही, दीन, निष्पाप स्त्रीक अहंकारी रावणान आश्रमांतु एकलोचि आशिल्लें पोळोवनुं अपहरण केले. तुगेले वयर समग्र चित्त एकत्रित करनुं आशिल्ले सीतेक रावणान राक्षसींले देखरेखी सकयल अंत:पुरांतले अशोकवनांतु दवरिलें. तुगेले वयर विश्वास आनि श्रद्धा आशिल्यान तीणें रावणाले सर्व प्रलोभन झिडकारले. विशुद्ध चारित्र्याचि आनि निष्पाप सीतेक निश्चिंत जावनुं स्वीकार कर.

ooooo

## अध्याय 27

अग्निदेवाले वचन आयकूनु श्रीरामाक आनंद आनि समाधान जालिल्यान एकत्रित जालिले देवगणांक शिरसावंदन करनुं, अश्रून भरिल्ले दोळ्यान सीतेलो स्वीकार केलो. श्रीराम म्हणालो, हें सत्य आसा कीं रावणाले अंत:पुरांतले वाटिकेंतु दीर्घकाळ आसून सुद्धां सीता निश्चित पवित्र उरलिं. दाशरथी रामचन्द्रान विचार करत नासताना मूर्खाले तरेन कामातुर जावनुं सीतेक स्वीकारलें म्हणुं कदाचित् जन सामान्य समजताले. पुण ताणिं समजचाक जाय कीं सीता स्वत:चे तेजान सुरक्षित आशिल्लि कारण रावण समुद्रातरेन खवळलो तरियी रेखा दांटवुचाक शकलो ना. हांवे सत्याचो आश्रय घेवनुं आनि विश्वास दवरनुं सीतेक अग्नींतु प्रवेश करताना राबयलें ना. अग्नितरेन ज्वलंत निष्पाप सीतेले वयर राक्षस रावण आपण्यालेँ दुश्ट मनान युद्धां स्पर्श करू शकलो ना. रावणाले अशोक वाटिकेंतु सुद्धां सीता आपण्यालें शील सोडलें ना जे तरेन सूर्य आपण्याले प्रकाशा शिवाय आसू शकना. जनकपुत्रि त्रैलोकांतु शुद्ध पवित्र आसा, देकून जे तरेन ज्ञानी मनुष्य आपण्यालि कीर्ती त्याग करना, ते तरेन हांवे सीतेक त्याग करचो प्रसंग येना. निश्चित चुमीं सर्वांनि सांगिल्ले तरेन हांवे वागचें योग्यचि आसा, किंबहुना खंयचो ज्ञानी मनुष्य हितोपदेश मान्य करचो ना? हे तरेन सांगून ते यशस्वी, महाबलशाली, रघुकुळांतु जन्माक आयिले राघवालें आपण्याले मेगाळ सीतेसे सहित सुख समाधानाचें मिलन जालें

श्रीरामान आपण्याले शुभ विचार व्यक्त केलिले आयकूनु ते कमलारेन दोळे, विशाल वक्षस्थळ आनि शस्त्रधारी राघवाक शिव महेश्वरान **म्ह**ळ्ळें, तूंवे तुगेलें कर्तव्य सफलतेन पार केलिलें आसा. सुदैवान रावणालो वध करनुं सर्वलोकाक तूंवे एक कठीण संकटांतल्यान मुक्त केलिलें आसा. आतां भरताक दिलिलें आश्वासन पूर्ण करनुं, माता कौसल्येक। सांत्वन करनुं, कैकेयीक क्षमा तरनुं, लक्ष्मणालि माता सुमित्रेलि भेट घेवनुं, अयोध्येचें राज्यग्रहण करनुं, प्रजाजनांले सुख दीवनुं ईक्ष्वाकू कुळ पुनर्सृजन करनुं, अश्वमेध यज्ञ

करनुं, उत्तम यश प्राप्त करनुं, ब्राह्मणांक दान दीवनुं स्वर्गलोकांतु प्रवेश करचाक तूं अधिकार प्राप्त केलिले आसा - "आश्वास्य भरतंदीनं कौसल्यां च यशस्विनीम् |कैकेयीं च सुमित्रां च दृष्ट्वा लक्ष्मणमातरम् || प्राप्य राज्यमयोध्यायां नन्दयित्वा सुहृज्जनम् | इक्ष्वाकूणां कुले वंशं स्थापयित्वा महाबल ||इष्ट्वा तुरगमेधेन प्राप्य चानुत्तमं यशः | ब्राह्मणेभ्य धनं दत्त्वा त्रिदिवं गन्तुमर्हसि ||".

मनुष्य लोकांतु महान् यश प्राप्त करनुं इन्द्रलोक प्राप्त केलिलो तुगेलो पिता दशरथ हांगा उपस्थित आसा. बंधु बांधवांले सहित तुमि अभिवादन करचें उचित आसतालें. महादेवालें वचन आयकुनुं श्रीरामान आपण्याले भावाले सहित नमस्कार केलो. श्रीराम लक्ष्मणांक पोळोवनुं राजा दशरथाक अत्यानंद जालो, श्रीरामाक लागीं घेवनुं कुरवाळत म्हळें, राम हांवु सत्य उलयतां, तुगेले विना माका स्वर्गसुख किंवा देवांलो सहवास महत्वाचें न्हंय. आयज अत्यंत सुखाचो दिवस, स्वतः तुका, शत्रूंवयर तुगेलो विजय, तुगेलो वनवास सोंपिल्लें पोळोवनुं मेगेलें मन पूर्ण समाधान अनुभवता. कैकेयीन जे शब्द वापरनुं तुका वनवासांतु धाडिल्लें ते अजून मेगेले काळजांतु तोपत आसाचि. लक्ष्मणाले सहित तुका सुखांतु पोळोवनुं मेगेले दुःखांतल्यान हांवु मुक्त जालिलो आसा, जे तरेन धुकांततल्यान सूर्य मुक्त जाता. आतां माका समजून आयल्यां कीं तू देवांनि रावणालो वध करचाक धाडनुं दिलिलो साक्षात् पुरुषोत्तम जावनुं आसा. तूं वनवासांतल्यान परत आयिलें पोळोवचि कौसल्या नशीबवान आसा. तूं परत अयोध्येक येवनुं राज्याभिषिक्त जावनुं राज्यारोहण अधिपति जालिलें पोळोवचें नगरवासी नशीबवान आसाचि. तूंवे महान् कार्य केलिलें आसा, यश प्राप्त करनुं कीर्ति मेळयल्या. बांधवांले बरोबर दीर्घकाळ राज्य कर - "न मे स्वर्गो बहुमतः संमानश्च सुरर्षिभिः | त्वया राम विहीनस्य सत्यं प्रतिशृणोमि ते || अद्य त्वां निहतामित्रं दृष्ट्वा संपूर्ण मानसम् | निस्तीर्णवनवासं च प्रीतिरासीत्परा मम || कैकेय्यायानि चोक्तानि वाक्यानि वदतां वर | तव प्रव्राजनार्थानि स्थितानि हृदये मम || त्वां तु दृष्ट्वा कुशलिनं परिष्वज्य सलक्ष्मणम् | अद्य दुःखाद्विमुक्तो अस्मि नीहारादिवभास्करः || इदानीं च विजानामि यथा सौम्य सुरेश्वरैः |वधार्थं रावणस्येह विहितं पुरुषोत्तमम् || सिद्धार्था खलु कौसल्या या त्वां राम गृहं गतम् || वनान्निवृत्तं संहृष्टा द्रक्ष्यते शत्रुसूदन || सिद्धार्थाः खलु ते राम नरा ये त्वां पुरींगतम् | राज्ये चैवाभिषिक्तं च द्रक्ष्यन्ति वसुधाधिपम् || निवृत्तवनवासोअसि प्रतिज्ञा सफला कृता | रावणं च रणे हत्वा देवास्ते परितोषिताः || कृतं कर्म यशः श्लाघ्यंप्राप्तं ते शत्रुसूदन | भ्रातृभिः सह राज्यस्थो दीर्घमायुरवाप्नुहि ||".

पिता दशरथान उलयिले शब्द आयकूनु किंचित् अस्वस्थ जालिले श्रीरामान हात जोडनुं म्हळें, धर्मज्ञानी राजन्, जें तूंवे सांगलें ते सर्व मान्य आसा. तरियी तूंवे पयलें कैकेयीक म्हळीलें कीं तूं तिका आनि तिगेले पुत्र भरताक त्याग करतां, तो शाप तूं परत घे. कैकेयी आनि भरताक प्रसादरूपान क्षमा कर, ही मेगेलि कळकळीचि प्रार्थना जावनुं आसा. तेचि तरेन जावूं म्हण्णुं श्रीरामाक सांगून राजा दशरथान लक्ष्मणाक आलिंगन दीत म्हळें, सीतेसहित रामालें भक्तिन शुश्रुषा करनुं तूंवे माका आनंद जावनुं आनि स्वतः खातीर महापुण्य प्राप्त करनुं घेतिल्लें आसा. रामालि सेवा सतत करत ऊर, लक्ष्मण कारण तो सर्व लोकांचो स्वामी जावनुं आसा. इन्द्र, त्रिलोकांतले सिद्धपुरुष आनि ऋषीगण ताका महात्मा पुरुषोत्तम म्हण्णुं मानताचि. राम अव्यक्त, अक्षर परब्रह्म, सर्वांले हृदयांतु गूढ स्वरूपांतु नित्य निरंतर निवासित आसता. तागेलि आनि सीतेलि सेवा करनुं तुका विपुल यश प्राप्त जातालि हांतु तिळ मात्र संदेह ना. तदनंतर दशरथ राजान लागींचि उभी आशिल्ले सीतेक मोगान पुत्रि म्हण्णुं संबोधन करनुं म्हळें, रामाले प्रति अविश्वास दवरनाका, जें ताणें केलें ते तुगेले चारित्र्य जपून शुद्ध पवित्र दवरचें खातीर आशिल्ले. अग्नींतु प्रवेश करनुं चारित्र्य सुरक्षित दवरचाक तूंवे महान् कार्य केलिलें आसा. तुगेले कर्तव्यचि जाण तुका करनुं

दिवचें कार्य पुरुषोत्तम जावनुं आशिल्ले रामाक आवश्यक जालिलें. हे तरेन आपण्याले पुत्रांक आनि सेनेक सांगून राजा दशरथ स्वर्गलोकाक परतलो.

राजा दशरथान गेले नंतर नमस्कार तरनुं उभो आशिल्ले श्रीरामाक देवादिदेव इन्द्र म्हणालो, तुगेलें अपरूप दर्शन जालें हें मेगेलें अहोभाग्य जावनुं आसा, देकून परत वच्चे पयलें सर्वांलें शुभचिंतन करनुं प्रितीन विचारतां, तुगेलि कसलियी इच्छा आसल्यार सांग, ती हांवु पूर्ण करतां. श्रीरामाक सर्व प्राप्त जालिलें, देकून इन्द्रांले कडचान ताणें मागून घेतलें, मेगेले खातीर जे वानरांनि युद्धांतु जीव ओवाळून घातलो, ते सर्व वानरांक परत जीवंत जावनुं, सर्व घाय बरें जावनुं, सर्व दु:खांतल्यान मुक्त जावनुं, सशक्त जालि'लें माका पोळोवचें आया. मेगेले खातीर जे वानरांनि युद्धांतु जीव दिलो तांका परत पत्नि, पुत्र, बंधु बांधवांक पोळोवचि संधि प्राप्त जावूं. मेगेले खातीर जे वानरांनि युद्धांतु जीव दिलो तांका पत्नि, पुत्र, बंधु बांधवांले सहित मेळचि संधि परत प्राप्त जावूं. हीचि मेगेलि इच्छा आसा, होचि वर माका प्रसादरूपान प्राप्त करनुं दी. दुष्काळांतु सुद्धां शुद्ध पवित्र नदीचें जल निरंतर व्हांवत आसूं, फुल्लं, फळं, मूळं, पाळं नित्य प्राप्त जावूं - "मम हेतोः पराक्रान्ता येगता यमसादनम् | ते सर्वे जीवितं प्राप्य समुत्तिष्ठन्तु वानराः || मत्कृते विप्रयुक्ता ये पुत्रैर्दारैश्च वानराः | तान् प्रीतमनसः सर्वान् द्रष्टुमिच्छामि मानद || त्प्रियेष्वभिरक्ताश्च न मृत्युं गणयन्ति ये |त्वत्प्रसादात्समेयुस्ते वरमेतमहं वृणे || नीरुजो निर्व्रणांश्चैव संपन्नबलपौरुषान् | गोलाङ्गूलांथर्क्षांश्च द्रष्टुमिच्छामि मानद || अकाले चापि पुष्पाणि मूलानि च फलानि च | नद्यश्च विमलास्तत्र तिष्ठेयुर्यत्र वानराः ||".

श्रीरामाले उत्रान महेन्द्राक अत्यानंद जावनुं म्हळें, तुगेलि ही इच्छा, रामा, प्रत्यक्षांतु हाडचाक कठीण आसा, कारण तें मेगेले पयले सर्व निर्णयांचे विपरीत आसतालें तरियी हांवु विशेष प्रमाणान मान्य करत आसा. रावणाक नाश करचे संघर्षांतु जे वानर मृत्युमुखांतु पडले, ते सर्व जशें कांय निदेंतल्यान परत जागे जाले ते तरेन परत जीवंत आनि सृजनशील जावनुं आप-आपण्याले जाति समुदायेंतु सहभाग जावनुं सुख अनुभवचाक लागताले. जेन्नां देवांक दिसून आयलें कीं जो निर्णय घेतला तो सर्वांलें हिताचो आनि जन सुखाचो आसा, तेन्नां ताणिं श्रीराम लक्ष्मणांलें कौतुक आनि प्रशंसा केलि. श्रीराम, लक्ष्मण, सीता आनि व्रताचें आचरण करचे भरत आनि शत्रुघ्नांलें सहित अयोध्येक वचूनु राज्य सांभाळचाक आनि ईक्ष्वाकू कुळाचे अभिवृद्धींतु कार्यरत जावचाक महेन्द्रान अनुमति दिलि.

तदनंतर श्रीरामान सुग्रीवादि वानरांक तांगेले जवाबदारींतल्यान मुक्त केलें. विभीषणान श्रीराम, सीता आनि लक्ष्मणांक स्नान करनुं अलंकारादि आभूषणान सजोवनुं घेवचाक वीनंति केलि. पुण श्रीरामान ती वीनंति मान्य करत नासताना ताका सांगलें, जेन्नां सुख आनि सोयीचे वातावरणांतु वाढिल्लो सुकुमार, सत्यनिष्ठ, धर्मासक्त आनि तेचि तरेन महाबलवान् कैकेयी पुत्र भरत, मेगेलो मोगाचो भावु मेगेले खातीर विना स्नान, आभूषण इत्यादि अलंकार कष्ट सहन करत आसा. देकून स्नान करनुं अलंकारादि आभूषणान सजोवनुं घेवचे माका रुचचे नां. आतां आमकां अयोध्येक कशें शीघ्र प्रवास जातालो हो विचार करचाक जाय, कारण ती नगरी दूर आसून मार्ग खडतर आनि चलचाक कठीणआसा.

तेन्नां विभीषण म्हणालो, राजन्! हांवु तुका अयोध्या नगरीक शीघ्र पावोंवूं शकतां. रावणान कुबेराले कडचान युद्धांतु बल वापरनुं घेतिल्लें, दिव्य सूर्यातरेन झगमगचें आनि इच्छेनुसार चलचें उत्तम पुष्पक विमान तुगेले खातीर उपलब्ध आसा - "पुष्पकं नाम भद्रं ते विमानं सूर्यसन्निभम् | मम भ्रातुः कुबेरस्य रावणेनबलीयसा || हृतं निर्जित्य सम्ग्रामे कामगं दिव्यमुत्तमम् | त्वदर्थं पालितं चेदं तिष्ठत्यतुलविक्रम ||",

तें विमान वापरनुं तूं शीघ्र अयोध्यानगरीक पावतालो. परंतु तत्पूर्व जर तूं **तुगेले** प्रति आशिल्लि मेगेलि मैत्री मान्य करता, मेगेले गुणांचो आदर करता, मेगेले वयर  तुगेलो अनुग्रह आसा, तर तूं थोडे दिवस

आमकां  तुगेलो, सीताआनि लक्ष्मण सहित सहवासाचो लाभ  घेवचाक दीवनु नंतर तूं  अयोध्या नगरीक प्रवास कर.  हांवु तुका आज्ञा करना, केवल मित्र आनि दास्य भावनेन  वीनन्ती करत आसा. श्रीरामाक विभीषणाले मनांतले आशय जाणून अति आनंद जावनु तो म्हणालो,  विभीषण, हांवु सत्यरूपान  तुगेले मैत्रीन आनि भक्तीन सन्मानित  जालिलों आसा. तुगेलो भावनेंचो आदर करना म्हण्णुं न्हंय तर हांवु चित्रकूट पर्वता वयर मेगेलि प्रतीक्षा करत आशिल्ले मेगेले भाव भरताक भेटचाक जास्त आतुर जालिलो आसा. ताणें नम्रतायेन माता कौसल्या, सुमित्रा आनि कैकेयी तेचि तरेन गुह राजाले सहित चित्रकूटाक येवनु माका वनवासांतल्यान परत येवचो आग्रह धरिल्लो. मित्र विभीषण हांवु तुगेले मैत्रीन सन्मानित जालिलों आसा. मैत्रींतु नि:संदेह सुख आनि समाधान अनुभवतां.  हांवु  तुगेलो आभारी आसतालों. असमाधान करनुं  घेवनाका, माका  प्रवास करचाक  अनुमति दी. हांगा करचें सर्व कार्य पूर्ण जालिलें आसा, देकून पुष्पक विमान तुरंत तयार करचाक सांग.

श्रीरामाले वचन आयकूनु विभीषणान विश्वकर्मान  निर्मिति केलिलें, मेरु पर्वताचे शिखरा तरेन शोभचें, वायु तरेन तेज, सर्व रत्न, वज्र, वैढूर्य, आभरणं, अलंकार,  श्रुंगारान, फूल्लांनि,  रंग रंगान, ध्वज, पताक्यांन सजयिलें पुष्पक विमान प्रवास करचाक सिद्ध करचाक  सांगलें. श्रीरामाक ते अत्यदुभुत पुष्पक विमान पोळोवनुं आश्चर्य जालें. पुष्पक विमान प्रवास करचाक सिद्ध जालिलें पोळोवनुं विभीणान श्रीरामाक दोन्नीं हात  जोडनुं नम्र भावनेन नमस्कार केलो आनि आलिंगन दि लें. श्रीराम सीता, लक्ष्मणालें सहित पुष्पक विमानांतु  बसलो.

तदनंतर सर्वांलो नमस्कार आनि शुभचिंतन स्वीकारनुंसुग्रीव, विभीषणालो विशेषरूपान केलिली सेवेखातीर  अभिवादन करनुं आपूण आपण्याले स्वदेश वचत आसा  तेचि तरेन प्रत्येकांनि तांग- तांगेले स्वदेशाक परत  वचका  म्हण्णुं सांगलें. पुण सुग्रीवाक किंवा विभीषणाक  श्रीरामाक सोडनुं वच्चो विरह सहन जालो ना. श्रीरामाक सोडनुं वच्चो विरह सहन जालो ना. देकून  श्रीरामालें वचन पूर्ण मान्य करत नासताना ते म्हणाले,  आमकां सुद्धां अयोध्येकयेवचें आसा, आमकां सर्वांक  तुगेले सहित घेवनुं वच. तुगेलो राज्याभिषेक पोळोवनुं, माता कौसल्येक अभिवादन करनुं, आमिं सर्व स्वगृहाक निश्चित परत येताले. मेगेले सहित जर मेगेलो मित्र  परिवार येतालो तर माका आनंदातु परमानंद जातालो.  "तुमिं सर्व शीघ्र विमानांतु बसा"-  श्रीरामालें तोंडांतल्यान   शब्द  पडचे पयलें सुग्रीव वानराले सहित आनि विभीषण आपण्याले अमात्यां सहित पुष्पक विमानांतु चडनुं बसले. कुबेरांलें तें अत्यद्धूतपुष्पक विमान आकाशांतु उडलें.

oooo

## अध्याय 28

पुष्पक विमान आकाशांतु उडचाक लागलें की सर्वांक  प्रकृतीचें विहंगावलोकन करचि संधि प्राप्त जालि. जें तांका दिसलें, तें सर्व पोळोवनुं तांगेले मन मोहान आनंदातु जालें. श्रीराम सीतेक प्रत्येक स्थळाचें विस्तृत वर्णन करनुं सांगत आशिल्लो : ही पळय त्रिकूट पर्वतावयलि सुंदर विश्वकर्मान निर्माण केलिलि लंका नगरी, जी कैलासा तरेन शोभता. पळय वानर आनि राक्षसांले रक्तान भिजिल्लें हें विस्तीर्ण रणांगण. मेगेले

हातांतल्यान तुका अपहरण केलिलो रावण मृत्युमुखांतु हांगा पडिल्लो, पळय. हांगा कुंभकर्ण, प्रहस्त मरण पावले, हनुमंतान धूम्राक्षाक वध केलिलो, हांगा लक्ष्मणान रावणाले पूत इन्द्रजिताक यमसदनाक धाडिल्लें, रावणाले मृत्युनंतर हांगा रावणालि पत्नि मंडोदरी अंत:पुरांतले अन्य स्त्रीयांबरोबर विलाप करत आशिल्ले.
जेन्नां विमान समुद्रावयर आयलें तेन्नां श्रीरामान सीतेक सागर दाख़यलें. जे उल्लंघन करनुं पयलें हनुमंतान तिगेलि भेट घेतिल्लि आनी जे सागरावयर सेतु बांदून वानर सैन्यान लंकेंतु प्रवेश केलिलो. समुद्राचे पेलतडेन पळय, महादेवान माका प्रसाद दिलिलें स्थळ दिसतालें. हे तरेन उत्तर दिशेन वचत आसताना सुग्रीवालि किष्किंधा दाख़यलि, जेन्नां ऋष्यमूक पर्वताचे लागीं आयलें तेन्नां श्रीरामान सुग्रीव भेटिल्लो आनी वालीलो वध जालिलो स्थळ म्हण्णुं सांगलो. तेन्नां सीतेन लाजत श्रीरामाक म्हणालि, सुग्रीवालि पत्नि तारा आनि अन्य वानरश्रेष्ठांले पत्नीं सहित अयोध्येक वच्चि तिका इच्छा आसा. सीतेलि इच्छा पूर्ण करचाक श्रीरामान सुग्रीवाक समाचार दिलो जो ताणे पूर्ण केलो आनिं वानरांले स्त्रीयां सीतेले सहित अयोध्येचो प्रवासांतु सहभाग जाले. सीतेले अपहरण जाल्लें नंतर विलाप करत, तिका शोधत फिरिल्लो प्रदेश, शबरीन दिलिलीं बोरं आनिं तिगेलें आश्रम, रावणान जटायूलि हत्या केलिलो जागो, खर, दूषण, त्रिशिर इत्यादि श्रीरामान राक्षसांलो नाश केलिलो प्रदेश, अगत्स्य, सुतीक्ष्ण, शरभंग ऋषींलें आश्रम दाख़यलें. अत्रि ऋषीलें आश्रम दाखोवनुं सति अनयूयेक भेट जालिलें स्मरण करनुं दिलें. जेन्नां कैकेयी पुत्र भरत श्रीरामान परत येवचि प्रतीक्षा करत आशिल्लें चित्रकूट पर्वताचे लागीं आयलें तेन्नां यमुना नदी आनि भारद्वाज ऋषीलें आश्रम दूरचान दिसलें.

हे तरेन सीतेक अनेक देश प्रदेश दाखयत, भूत काळ, गत प्रसंगांचि स्मरण करनुं दी पुष्पक विमान यमुना नदीचें तीरावयरचें भारद्वाज मुनिंलें आश्रम, फूल, फल, पशु पक्षींनि, वन उपवनांन शोभचें पवित्र, पुण्यश्लोक गंगानदीचें परिसर, गुहराजालें श्रृंगवेरपुर, दाखयत श्रीरामाले पूर्वजांनि प्रस्थापित केलिली अयोध्यानगरी दिसली, ती पोळोवनुं श्रीरामान सीतेक सांगलें, सीते, परत येवनुं अयोध्येचें दर्शन पुन: जालिल्यान तिका नमस्कार कर.

अयोध्या नगरीक पावचे पयले वनवासांतल्यान श्रीराम परत येत आसा हे तरेन माता कौसल्या, सुमित्रा, कैकेयी आनी अत्यानंद जालिले भरत श्रेष्ठ आनि सामान्य जन समुदाय सहित शुद्धि, बुद्धि सर्व विसरनुं केवल श्रीरामाले दर्शन घेवचाक एकचि आस्था, एकचि उत्साह, एकचि प्रतीक्षा करत नंदीग्राम उपस्थित जाले. दीर्घ उपवासान शरीर कृश जालिले भरतान श्रीरामाले पादुका शिरावयर, शत्रुघ्नान शुभ्र छत्र, अमात्यांनिं चामर धरिल्ले, शंख, दुंधुभि, वाद्यवृंद, हस्तिनादान धर्तरी हालतालि, तेन्नां दूर, वातावरण धूळीन भ्ररनुं गेलिलें द्रिश्टीक पड़ लें, वानरांले संगतींतु श्रीरामान आसचो तो संकेत आशिल्लो.

भरताक विश्वास आशिल्लो, श्रीराम गोमतिनदी पार करत आसा. तेन्नां सावकाश चन्द्रातरेन दिव्य, शुभ्र, ब्रह्मप्रजापतीन निर्माण केलिलें, कुबेरान प्रसादरूपान प्राप्त जालिलें, कुबेराले कडचान रावणान बळजबरीन घेतिल्लें, रावणाले वयर विजय मेळोवनुं विभीषणाक प्राप्त जालिलें सूर्यकिरणांतरेन शोभचें पुष्पक विमान दूर दिसलें – "तदेतदृश्यते दूराद्विमलं चन्द्रसंनिभम् | विमानं पुष्पकं दिव्यं मनसा ब्रह्मनिर्मितम् || रावणं बान्धवैः सार्धं हत्वा लब्धं महात्मना | तरुणादित्यसंकाशं विमानं रामवाहनम् || तरुणादित्यसंकाशं विमानं रामवाहनम् || धनदस्य प्रसादेन दिव्यमेतन्मनोजवम् |". ते विमानांतु श्रीरामान, सीता, लक्ष्मण, सुग्रीव, विभीषण सहित येवचें पोळोवनुं थंय जमिले समस्त जनसामान्यांलो, "श्रीराम आयलो, श्रीराम आयलो" म्हण्णुं केलिलो अवाज उठलो. आनि पुष्पक विमानांतु पूर्ण चन्द्रातरेन शोभचें श्रीरामचन्द्रालें दर्शन घडलें.

दर्शनान परमानंदित जालिलें भरतान सूर्यातरेन तेजस्वी आनि इन्द्रातरेन सशक्त शूर वीर आशिल्ले श्रीरामालें स्वागत आनि साष्टांग नमस्कार करनुं तागेलि विधिवत् पूजा केलि. श्रीरामान भरताक लागीं घेवनुं प्रेमान आलिंगन दिलें. तदनंतर भरतान सीता लक्ष्मणांक नमस्कार करनुं करनुं नंतर सुग्रीव,

विभीषण, अंगदादि वानरांले सहर्ष स्वागत केलें. ते वानरांनि मनुष्य रूप धारण करनुं भरताले कुशलाचि विचारपूर्ण केलि. भरतान सुग्रीवाक उद्देशून म्हळ्ळें, तूं आतां चार भावांतलो पांचवो भावु, तिंबहूना प्रेमानचि मेळता भावु, अपकारान प्राप्त जाता केवल शत्रू = "त्वमस्माकं चतुर्णां वैभ्राता सुग्रीव पञ्चमः || सौहार्दाज्जायते मित्रमपकारोऽरिलक्षणम् |". विभीषणाक भरतान म्हळ्ळें, देवाले कृपेन कठीण कार्य तुमि सगळ्यांनि सरळ आनि सहज केलें. शत्रुघ्नान श्रीरामाक आनि सीतेक नमस्कार केले नंतर श्रीरामान आपण्यालि आवय कौलसल्येले पायधरनुं साष्टांग नमस्कार केलो जेन्नां शोकाकुल जालिले तिगेले आंगावयर आनंदान रोमांच उठले. तदनंतर श्रीरामान सुमित्रा, कैकेयी आनि ब्राह्मणांक नमस्कार केलो. तेन्नां अयोध्येचे सर्व नागरिकांनिं - "स्वागतं तेमहाबाहो कौसल्यानन्दवर्धन ||" म्हण्णुं श्रीरामालें स्वागत केलें. सर्व नागरिकांनिं व्यक्त केलिले शुभ संकल्पान श्रीराम भावोन्मुख जालो.

भरतान श्रीरामालें पादुका हाडनुं तागाले चरणकमल स्पर्श करनुं तागेले मुखार दवरत सांगलें, मेगेले आवय, कैकेयीक क्षमा करनुं जें राज्य तूंवे माका सांभाळचाक दिलिलें आनि जें हांवे भक्तीन आनि काळजीन सांभाळलें तुगेलें ते साम्राज्य आयज परत करत आसा. तें आतां जास्त समय सांभाळ माका शक्य ना.. राज्याचे कोशागरांतले धन दुप्पट जालिलें आसा, सर्वकांय धापटीन वाढल्या. आयज स्वत: कृतार्थ मानतां, कित्याक तर आयज मेगेलें मनोरथ परे. जाल्यां, श्रीराम परत अयोध्येक आयला - "अब्रवीच्च तदा रामं भरतः स कृताञ्जलिः || एतत्तेरक्षितं राजन्राज्यं निर्यातितं मया | अद्य जन्म कृतार्थं मे संवृत्तश्च मनोरथः || यस्त्वां पश्यामि राजानमयोध्यां पुनरागतम् | यस्त्वां पश्यामि राजानमयोध्यां पुनरागतम् | अवेक्षतां भवान्कोशं कोष्ठागारं पुरं बलम् || भवतस्तेजसा सर्वं कृतं दशगुणं मया |".

तेन्नां कैकेयीनंदन भरतान श्रीरामाक शिर वाकून नमस्कार करनुं सांगलें, तुगेलो पट्टाभिषेक जाले नंतर सर्व विश्व समजतालें कीं आतां मध्याह्न समय जालिलो आसून तेजस्वी सूर्य आकाशांतु पूर्णतरेन झगझगत आसा. संसारांतले सर्व संकटं, जनांले मनांतले सर्व क्लेश, सर्व चिंता निर्मूलन जावनुं दर दिवसचि सकाळ मधुर संगीतान सुरवात जातालि. जो पर्यंत सूर्य चन्द्र आकाशांतु भ्रमण करत आसताले, वातावरणांतु वायु आनि धर्तरेवयर अग्नि सर्जनशील आसतालि, तो पर्यंत तू राज्य करत आसतालो, तुगेलि कीर्ती तीन लोकांतु दुमदुमतालि.

भरतान प्रेमान, श्रद्धेन आनि भक्तीन केलिलि वीनंति जेन्ना श्रीरामान मानलें तेन्नां ताका जीवन सार्थक जालिलो आनंद आनि समाधान जालो. श्रीरामाले प्रति तागेले भावांले आनि तागेले भावांले प्रति श्रीरामाले प्रेम पोळोवनुं विभीषणाले आनि वानरांले दोळ्यांतु अश्रु आयले. भरतान व्यक्त केलिलें प्रेम, श्रद्धा आनि भक्ती तेचि तरेन श्रीरामान तथास्तु म्हण्णुं मान्य केलिलें पोळोवनुं स्वर्गांतले देव, गन्धर्व, यक्ष, किन्नर धर्तरेवयले ऋषीमुनीं, साधुसंत, जन-जनांवर, पशु पक्षी, वन वनस्पती, सर्व विश्व आनंदान श्रीरामालो जयजयकार केलो. तदनंतर श्रीरामान ऋषी वशिष्ठाले चरण कमल आपण्याले हातांतु घेवनुं, जे तरेन देवेन्द्रान ऋषी बृहस्तीले दाबिल्ले ते तरान गुरूले पाय दाबून सेवा केलि. कुबेराले कडचान रावणान बळजबरीन घेतिल्लें ते पुष्पक विमान श्रीरामान कुबेराले स्वाधीन केलें.

समय जालिलो आसा। देकून सर्व जन भरताले आश्रमाचे दिशेन चलचाक लागले. तदनंतर शत्रुघ्ननान  न्हावीक आपोवनुं केशकर्म पूर्ण करनुं सुवासिनींले  मदतीन श्रीरामाक सुगंधित द्रव्यान सुवासित उदकान  अभ्यंग स्नान दीवनुं, सुशोभित वस्त्रान आनिरत्नित आभूषणान, सुवर्णाचे आभरणांन अलंकृत केलें तेन्नां श्रीराम फुलांचो हारान साक्षात् श्रीमन्नारायणाले तरेन ऐश्वर्यान ओजस्वी आनि तेजस्वी दिसलो. मागीर भरत, लक्ष्मण, शत्रुघ्न,  सीता,मागीर भरत, लक्ष्मण, शत्रुघ्न, सीता, कौसल्या, सुमित्रा, कैकेयी, भरत, लक्ष्मण, शत्रुघ्नांले पत्नींनिं, तेचि तरेन लंकाधिपति विभीषण, सुग्रीव, अंगद, हनुमंतादि वानरांनि अभ्यंग स्नान करनुं, वस्त्रान आनि  आभरणांन अलंकृत जाले. कौसल्येन मातृवात्सल्येन आनि उत्साहान विभीषण, सुग्रीव, अंगदादि वानरांले  पत्नींक अभ्यंग स्नान दीवनुं वस्त्रान आनि आभरणांन  अलंकृत केलें. सर्वजन सिद्ध जालिलें पोळोवनुं शत्रुघ्नान सुमंत्र नांवाचे सारथीक सर्वालंकरान सुशोभित केलिलो रथ घेवनुं येवचाक सांगलें. सूर्यातरेन तेजस्वी, वायुतरेन वेगवान्, सर्वालंकरान शोभचें रथांतुरामान बसले. तो रथ  अयोध्येचे दिशेन व्हरचांतु  आयलो आनि ते रथाचे मागशीं अन्य  महानुभाव आपआपण्याले रथांतु बसूनअयोध्यानगरीचें दर्शन  जावचाक उत्साहान गेले.

श्रीरामान अयोध्यानगरींतु येवचि आनि श्रीरामाले श्रीमुखाचे दर्शन जावचि प्रतीक्षा करत श्रेष्ठ आनि सामान्यजन,आतुरतेन वाट पळयत आशिल्ले.  श्रीरामाले पट्टाभिषेकाचि सुरवात अयोध्यानगरी सुशोभित करत सुरवात जालि. वांकडे मार्ग सरळ जाले, मार्गाचे फुल्लांनि तोरणांनि सजयलें,  फुल्लांचे परमळान वातावरण सुगंधित जालें. राजपुरोहितांनिं सांगिल्ले तरेन राजदरबारांतले अमात्य, राज्याचे मन्त्र्यांनि, पट्टाभिषेकाचे साहित्य एकत्र केलें, हस्ति, घोडे, रथ आनि सैन्य, सैनिक सिद्ध जाले. सर्व तरेन योग्यव्यवस्था जावनुं अयोध्यानगरी सुशोभित आनि मंगलमय   सर्वत्र सूर्यप्रभा तरेन उदयोन्मुख जावनुं इन्द्रपुरीतरेन शोभत आशिल्ली. देवळांतु पूजा पाठ करचांतु आयले, प्रजाजनांतु मिठायी वांटलि, संगीत, नर्तन, वाद्यवुंदांचे स्वर गगनांतु पसरले,

श्रीरामान अयोध्यानगरींतु येवचे तांका वाट जास्त काळ पोळोवचि पडलें ना. सूर्यनारायणान सात अश्वांचे रथांतल्यान सृश्टींतले अंध:कार दूर प्रकाश पसरायत आयिले तरेन श्रीराम अयोध्यानगरी वयर दु:खाचि सावळींतू दूर करनुं सुख समृद्धीचे दिवस हाडचे खातीर रथांतल्यान प्रवेश केलो. रथाचो सारथी भरत आशिल्लो, शत्रुघ्नान छत्र, लक्ष्मणान चामर धरिल्ले. विभीषण लागीं उभो आशिल्लो. रथाचे मुखार सुमंगल स्त्री पंचारती घेवनुं चलत आशिल्ले, वाद्यवृंदवादक अनेक तरेचे वाद्य वाजयत आशिल्ले, धर्तरिवयर साधु, संत, ब्राह्मण वेदमन्त्रांचे वेदमन्त्रांचे स्तवन करताले, जनसामान्य हळद कुंकुम मिश्र अक्षता श्रीरामाले वयर घालचें दिसतालें. आकाशांतल्यान देव, गन्धर्व, यक्ष, किन्नर  पुष्पवृष्टी करताले,

जेन्नां श्रीराम हे तरेन अयोध्यानगरींतु प्रवेश करत आसताना तागेले वनवासाचे चौदा वर्सांचे प्रसंग स्मरणांतु /*परत परत येत आशिल्ले, ते मनांतले दवरतनासताना ताणें आपण्याले मन्त्र्यांक सांगून मनावयलें ओझे कमिं करचें ठरयलें. तागेलि आनि सुग्रीवालि मैत्रि, हनुमंतालि असामान्य शक्ति, वानरांलो पराक्रम, राक्षसांलें अमानुष बल, विभीषणालि भेट आनि मदत असले प्रसंग सांगताना तागेले उत्रांतु विनम्रता आनि कृतज्ञता, तेचि तरेन मदत केलिले जनांले प्रति आदर आनि प्रेम स्पश्ट दिसून येतालो. मन्त्र्यांक श्रीरामाले विशय आदर आनि इतरांनि आपण्याले राजाले प्रति अभिमान व्यक्त केलो.

000000

# अध्याय   29

श्रीरामाले पट्टाभिषेकाचि सुरवात तेचि क्षणपासून सुरवात जालि. अयोध्यानगरी सुशोभित जावचाक लागलि, वांकडे मार्ग सरळ जाले, मार्गांचे फुल्लांनि तोरणांनि सजयलें, फुल्लांचे परमळान वातावरण सुगंधित जालें. राजदरबारांतले अमात्य, पट्टाभिषेकाचे साहित्य एकत्र करत आशिल्ले, हस्ति, घोडे, रथ आनि सैन्य, सैनिक सिद्ध जाले. एकचि आस्था, एकचि उत्साह, जेन्नां विभीषण तागेले सहचारी सहित सर्व शूर, वीर वानर, अयोध्यानगरी पावले तेन्नां तांका शुभ्र महलांनी, विस्तीर्ण राजमार्ग, घोडे हस्तीले रंगदारी लक्षणान, जन नागरिकांनी भरिल्ली, इन्द्रालि अमरावतीतरेन सुशोभित दिसलि.

थोडे समय नंतर अयोध्यानगरींतु प्रवेश करनु श्रीरामालो रथ तागेले ईक्ष्वाकू वंशाचे परंपरागत धराक येवनुं पावलो. पितृ गृहांतु येवनुं प्रप्रथम श्रीरामान माता कौसल्या, सुमित्रा आनि कैकेयीक साष्टांग नमस्कार केलो; भरत शत्रुघ्नांक लागीं घेवनु कुरवाळलें. नंतर ताणें भरताक सांगलें, जो पर्यंत सुग्रीव अयोध्येंतु आसतालो तो पर्यन्त तो मेगेले राजवाड्यांतूचि उरतालो.

तदनंतर भरतान श्रीरामाले पट्टाभिषेकाचि तयारी करचाक अमात्यांक सांगलें. सुग्रीवान हनुमंत, जांबुवंत, वेगदर्शी आनि ऋषभ हे चार वानरवीरांक आपोवनुं चार रत्नजडित सुवर्णाचे कलश दीवनुं पट्टाभिषेकाक आवश्यक आशिल्लें चार महासागरांतलें जल घेवनुं येवचाक धाडलें. वेगवेगळे वानरांक वेगवेगळे नदींतल्यान जल हाडचाक धाडलें. जेन्नां ते सर्वांनि महासागरांतल्यान आनि पवित्र नदींतल्यान जल हाडलें तेन्नां शत्रुघ्नान वसिष्ठऋषींकहो समाचार दिलो. तदनंतर वसिष्ठ ऋषीन वामदेव, काश्यप, कात्यायन, सुयज्ञ, गौतम आनि विजय ब्राह्मणांलें सहित काळजीन तें स्वीकारनुं श्रीरामाक सीतेसहित रत्नजडित सिंहासनालागीं व्हेलें. वसिष्ठादि ऋषीनिं पयलें आनि मागिर ब्राह्मणांनिं श्रीरामाले वयर वानरांनि हाडिल्लें पवित्र जल प्रोक्षण केलें, मागिर कुमारिकानिं, अमात्यांनिं, सैनिकांनिं, व्यापारीनिं परंप रानुसार सुगंधित द्रव्यं श्रीरामाले वयर शिंकपलिं. तेचि समय पट्टाभिषेकाचि समारंभ पोळोवचाक जमिले देव , गन्धर्व, यक्षांनि श्रीरामाले वयर पुष्पवृष्टी केलि.

तदनंतर योग्य काळ, मुहूर्त पोळोवनुं देव, गन्धर्व, यक्ष, दिक्पालक, आनि ब्राह्मणांलें सहित, जमिल्ले आप्तबान्धव, प्रजाजनांले मदें वेदमन्त्र घोषित जायत आसताना, मंगलाष्टकं शांतिमंत्र म्हणत आसताना, मंगल वाद्यवृंद वाजयत आसताना, गायक संगीत आनि नर्तकनृत्य करत आसताना, वसिष्ठऋषीन ब्रह्म प्रजापतीन निर्माण केलिलें, ईक्ष्वाकू वंशांचे मूलपुरुष मनून धारण केलिलें, वंशांचे राजाक पट्टाभिषेकाचे स मय परंपरागतधारण करचें, पवित्र, पुण्यश्लोक, रत्नजडित राजमुकुट, श्रीरामाले शिरावयर दवरलें."ब्रह्मणा निर्मितं पूर्वं किरीटं रत्नशोभितम् || अभिषिक्तः पुरा येन मनुस्तंदीप्ततेजसम् | तस्यान्ववाये राजानः क्रमाद्येन अभिषेचिताः || सभायां हेमक्लुप्तायां शोभितायां महाधनैः | रत्नैर्नानाविधैश्चैव चित्रितायां सुशोभनैः || नानार त्नमये पीठे कल्पयित्वा यथाविधि | किरीटेन ततः पश्चाद्वसिष्ठेन महात्मना || ऋत्विग्भिर्भूषणैश्चैव समयोक्ष्य त राघवः |".

पट्टाभिषेकाचो समारंभ चलत आसताना शत्रुघ्न धव्वें शुभ्र छत्र धरनुं आशिल्लो, एक बाजून सुग्रीव दुसरे बा जून विभीषण चामर घेवनुं उभे आशिल्ले, सुवर्णाचे दोरीनबांदिल्ले सहस्र सुगंधित कमलफुलांचि माला श्री रामाक वायुदेवान अर्पण केलि. देवेन्द्राले वतीन सर्वतरेन रत्नमोतीन बांदणीचो सुवर्णान शोभचो मुक्ताहार श्रीरामाक दिवचांतु आयलो. गन्धर्वांनि गीत गायलें, अप्सरांनिं नर्तन केलें. धर्तरी समृद्ध जालिलि, वृक्ष फळांनि आनि झाडं फुल्लांनीं भरलेलिं. पट्टाभिषेकाचो समारंभ सोंपलेंकीं सहस्रान् सहस्र् घोडे गाय बैल दा न दिवचांतु आयले. ब्राह्मणांक अगणित धन, वस्त्राभरण, सुग्रीवाक सुवर्णालंकारान सुशोभित, सूर्यालेतरेन प्रभावित विग्रह, वालीपुत्र अंगदाक तागेले पुष्ट बाहूंक शोभचें सुवर्णमणिरत्नमय बाजूबंद दिवचांतु आयले.

सीतेक चन्द्रप्रकाशातरेन शीतल शुभ्र दिव्य मोतींनभरिल्लो कंठहार दिलो. तो कंठहार हातांतु धरनुं सीतेन जेन्नां वायुपुत्र हनुमंताले दिशेन मोगान आनि आदरान द्रिश्टी फिरयलि, तेन्नां जनकपुत्रि जानकीलें मानस सहर्षसमजून सर्वज्ञानी श्रीरामान मंदस्मित करत म्हळ्ळें, दी, शुभांगी, तो मोतींन भरिल्लो दिव्य

कंठहार कंठहार ताकाचि जो तेजस्वी, यशस्वी, विनम्र, तीक्ष्ण, सामर्थ्यवान्,कर्तुत्ववान्, बुद्धिमान्, परमवीर पराक्रमी म्हण्णुं तूं मानता - ,"प्रदेहि सुभगे हारन् यस्य तुष्टासि भामिनि ॥, तेजो धृतिर्यशो दाक्ष्यं सामर्थ्यं विनयो नयः। पौरुषन् विक्रमो बुद्धिर्यस्मिन्नेतानि नित्यदा ॥". जेन्नां सीतेन दिलिले मोतींन भरिल्लो कंठहार हनुमंतान गळ्यांतु घालनुं घेतलो तेन्नां तो चन्द्राले शुभ्र किरणांन प्रकाशित जालिले मेरु पर्वता तरेन तेजस्वी दिसलो.

श्रीरामान विभीषण सुग्रीव, हनुमंत, जांबुवंत, अंगद इत्यादि राक्षस आनि वानर प्रभूतींक यथोचित भेट दीवनुं तांगेलो यथायोग्य सन्मान केलो. हे तरेन श्रीरामान वानर आनि राक्षसांलो सन्मान केले नंतर ते सर्व संतुष्ट मनान आपआपण्याले देवाक परत गेले. सयत शत्रूंवयर विजय प्राप्त करनुं, सुख समृद्धी अनुभवचें प्रजेवयर राज्य करनुं, आपण्याले बंधु बांधव, मित्र परिवारां सयत सुख समाधानान जीवन अनुभवचाक लागलो. राज्याचो कारभार शीस्तबद्ध आनि योग्यतेनुसार स्थापित जाले नंतर श्रीरामान लक्ष्मणाक आपोवनुं सांगलें, राज्याचो कारभार स्थिर जालिलो आसा, शत्रूंले शक्ति क्षीणजालिली आसा, देकून आतां थोड़ी विश्रांति घेवचि अवश्यकता आसा, म्हण्णुं हांवु मानतां. आतां तूंवे युवराज पद स्वीकारनुं राज्य काराभारांतु मदत करचो समयआयिलो आसा -"आतिष्ठ धर्मज्ञ मया सहेमां। गां पूर्वराजाध्युषितां बलेन। तुल्यं मया त्वं पितृभिर्धृता या। तां यौवराज्ये धुरमुद्वहस्व ॥".

पुण लक्ष्मणाक तें मान्य जालें ना. परत परत सूचयले तरियी जेन्नां तो स्वीकारचाक सिद्ध ना म्हण्णुं दिसले तैन्नां श्रीरामान भरताक युवराजपदावयर अभिषिक्त केलें.अयोध्याराज्याचेंर् सारा वभौमत्य सिद्ध करचे खातीर पौण्डरीक अश्वमेध वाजपेय इत्यादि यज्ञ करनुं श्रीरामान वाजपेय इत्यादि यज्ञ करनुं श्रीरामान देव देवादींलि पूजा केलि. दीर्घ काळ बंधु बांधव, पुत्र पौत्रां सहित राज्य करत अनेक यज्ञकार्य पूर्ण केले, अगणित धन धान्य ब्राह्मणांक आनी समस्त जनसामान्यांक दान दिलें.

श्रीरामाले राज्यांतु काळानुसार पावूस पड़तालो, सुखाचो वारो स व्हांवतालो, झाडावयर फुल्लं फूलतालीं, वृक्षावयर फळं आसतालिं, ब्राह्मण, क्षत्रीय, वैश्य, शूद्रांतु लोभ नाशिल्यान गुण स्वभाव अनुसरून स्वकर्मांतु नित्य निरंतर प्रवृत्त आसताले.जनसामान्य धर्म, यज्ञ, गुण स्वभावानुसार कर्तुत्व सफल करचांतु तत्पर आसताले. श्रीरामाले राज्यांतु सर्व धर्मनिष्ठ, धर्मपरायण आसून सुखाचो संसार जगताले, श्रीरामाले दर्शनान मनांतले दुष्ट बुद्धी नाश जावनुं थंय सद्बुद्धी स्थिर आसतालि. देकूनु, श्रीरामाले राज्यांतु चोरांलो उपद्रव, अकाल मृत्यूवें भय नाशिल्लें, वृद्धांक यौवनावस्थेंतले जनांलें प्रेतकार्य करचें पडनाशिल्लें. दुष्काळ, दुःख, व्याधि, भय, असमाधान, अशांति नाशिल्ली. हे तरेन सहस्रान् सहस्र वर्स श्रीरामसाम्राज्य चलत आसतालें

00000

# अध्याय 30

फलश्रुति

जो मनुष्य अभ्यंग स्नान करनुं, नमस्कार करनुं वाल्मीकिकृत महाकाव्यावयर आधारित श्रीरामकथा श्रद्धेन नित्य निरंतर वाचन, अध्ययन आनि निरूपण करता, तो मनुष्य पापमुक्त जावनुं दीर्घायुष्य

प्राप्त करता, जो मनुष्य वाल्मीकिकृत महाकाव्य श्रद्धेन श्रवण, मनन, चिंतन, ध्यान नित्य निरंतर करता, तो भौतिक, मानसिक, अधिभौतिक तापत्रयांतल्यान मुक्त जावनुं विष्णु परमात्मा आनि अन्य देव देवतेले प्रसादाचें फल जे तरेन कौसल्येक श्रीरामाले तसलो पुत्र, सुमित्रेक लक्ष्मण तसलो, कैकेयीक भरत शत्रुघ्नतसले पुत्र प्राप्त जाले, ते तरेन ताका इहलोकांतु पुत्र- पौत्र संतान, मित्र परिवार, धन धान्य, कीर्ति, ऐश्वर्य, ज्ञान विज्ञान, सुख समाधान आनि परलोकांतु परम सुख, परमानंद प्राप्त जाताले. आनि परलोकांतु परम सुख,परमानंद प्राप्त जाताले – “आदिकाव्यमिदं चार्षं पुरा वाल्मीकिना कृतम् | पठेद्यः शृणुयाल्लोके नरः पापात्प्रमुच्यते || पुत्रकामश्च \ पुत्रान्वै धनकामो धनानि च | लभते मनुजो लोके श्रुत्वारामाभिषेचनम् || महीं विजयते राजारिपूंश्चपिअधितिष्ठति | श्रुत्वा रामायणमिदं दीर्घमायिश्च विन्दति | रामस्य विजयं चैव सर्वमक्लिष्ठकर्मणः || शृणोति य इत्दं काव्यं पुरा वाल्मीकिना कृतम् |श्रद्दधानो जितक्रोधो दुर्गाण्यतितरत्यसौ || ते प्रार्थितान् वरान् सर्वान् प्राप्नुवन्तीह राघवात् | श्रवणेन सुराः सर्वे प्रीयन्ते संप्रशृण्वताम् || प्रीयते सततं रामः सहविष्णुःसनातनः | आदिदेवो महाबाहुर्हरिर्नारायणः प्रभुः ||व्याहरत विस्रब्धं बलं विष्णोः प्रवर्धताम् | देवाश्च सर्वे तुष्यन्ति ग्रहणाच्छ्रवणात्तथा || रामायणस्य श्रवणे तुष्यन्ति पितरः सदा | भक्त्या रामस्य ये चेमांसंहितामृषिणा कृताम् || श्रुत्वा शुभं काव्यमिदं महार्थं | प्रप्नोति सर्वां भुवि चार्थसिद्धिम् || आयुष्यमारोग्यकरं यशस्यं | सौभ्रातृकं बुद्धिकरं शुभं च ||".

ooooo

**हे तरेन श्रीवल्मीकी निर्मित आर्षरामायण आदि काव्यांतलो युद्ध काण्ड समाप्त जालो .**

## || इत्यार्षे इदं पुरा वाल्मीकिकृत श्रीमद्रामायणे आदिकाव्ये संपूर्णम् ||

**ooooo**